मेग्गेलैं तर्क



कोंकणी तर्कशास्त्र
आम्चिगेलि भाषेंतु

डा. मोहन शेणै

Book of Logic in Konkani

5677
GEN-> Deo
MOH

5677
G.DEV
MOH
Konkani Language Mangalore

मेग्गेलें तर्क

डा मोहन शेणैलें तर्कशास्त्र

आम्चिगेलि भाषेंतु

लेखक: डा मोहन शेणै

प्रकाशकु:
अड्यार गोपाल परिवार प्रकाशन
बेंगळूरु, भारत

मेग्गेलें तर्क: हें पुस्तक डा मोहन शेणैन मनूष्याले मनांतु येवचें मस्त प्रश्न्यांक ज्ञान आनि विज्ञानांचे आधारारि उत्तर सोदद्वूक केल्लेले प्रयत्नाचें लेखन. आम्का मनांतु मस्त प्रश्ने उठाय्ताति. हें कशि जाल्लें? हें खँयि ताक्कूनु आय्लें? अशि कोणे केल्लें? अस्सले प्रश्न्याक उत्तर दिव्चाक हें पुस्तकांतु तर्क केल्लाँ. हें पुस्तक तर्कशास्त्राचे पुस्तक.

प्रथम आवर्ति: एप्रिल 2017

5877
G.DEV
MOH

मोल: भारतांतु रुप्पयो ₹900.
विदेशांतु यूएस डालर USD $15.

प्रकाशकु: अड्यार गोपाल परिवार प्रकाशन,
घर नंबर 13/D, 6चो आडरस्तो
राधाकृष्ण लेऔट, पद्मनाभनगर, बेंगलूरु
पिन् 560070. भारत.
फोन: +91-80-26797278

न्हयिकरप: हें पुस्तक वाज्जूनु कोणांकयि बाधा एकयि नष्ट जाल्ल्यारि ते बाधेक एकयि नष्टाक लेखकु जाव्वो प्रकाशकु जाव्वो जवाब्दारु न्हंयि म्होणु हे मुखांतर न्हयिकारु केल्ला.

समर्पण

हें पुस्तक मेग्गेलि मोगाचि नाति कु. आध्याक समर्पित

हक्कु: सक्कड हक्कु राक्कूनु दव्वर्ला.
डि टि पि: डा मोहन शेणै
प्रिंट: क्रियेटस्पेस, यू. एस. ए.
प्रकाशन देश: भारत

विषय सूची

प्रस्तावना - तर्कशास्त्र ---- ------ ------ ----- ---- 1

तर्क कोर्नु ज्ञान वाड्ढोका; हे पुस्तकाचि भास; मीडियांतु कोंकणी भास; कोंकणी भाषेक सरकारी उत्तेजन; क्रिष्चन मिशनरींक कोंकणीचेरि मोगु; कोंकणी भाषेचें प्रथक्करण.

अध्यायु 1 - मनुष्यांक आनि प्राणींक कस्सलो भेदु? - 9

जीवु; जीवु की आत्मु; प्राणीलो जीवु; जीवाचे लक्षण; शरीर आनि आत्मु; मनुष्याक ज्ञान चऽड आस्स; जीवु आनि आहारु, भूंयि आनि प्राणि; प्राणीलो आत्मु; गायि आनि कानूनु;

अध्यायु 2 - ही सृष्टि अस्तित्वाक कशिश आय्लि? - 21

आम्गेले आलोचनेंक मीति आस्स; उत्तर आय्का; आत्तंचो वैज्ञानिक विचारु; भूंचेरि जीवु; मांकड मनीषु जाल्लो; सत्याचो आविश्कारु; मरण आधुनिक विचारु; वैदिक प्रकार.

अध्यायु 3 - मनुष्यांक धर्मु जायिवे? ---- ---- -- -- 37

ईह आनि पऽर; परलोकु आस्सवे? मरणानंतर जीवु खंयि वत्ता? जीवु आंगांतु कशिश आय्लो? धर्मु चित्तांतु स्थापने जात्ता; उत्तमाले संग; इस्कूलाचे शिक्शण.

अध्यायु 4 - नावाक मांत्र ब्राह्मणु --- ---- - ---- 47

केवल नांव मांत्र; इंग्लीष संस्कृति आनि ब्राह्मणु; ब्राह्मणालि सुधारण; ब्राह्मणालि योग्यते; वर्ण भेदु चूकि; जाति भेद निर्मूलन चळुवळि; दोर्के नांव जाय्तवे?

अध्यायु 5 - ब्रह्मचर्य --- --- --- --- --- -- -- 59

उपनयनाचो महत्वु; संधि कोर्का की ना? नवो संस्कारु - प्रवेशनयन; जान्नूवेंचे महत्व; आधुनिक विचारु; ब्रह्मचर्य आनि इंद्रियदमन; फुल्लिळ काणि आत्तँ प्रेय्जन ना; देशाचे संविधान धर्मग्रंथ; बालविवाह; बालविवाह सम की तप्पु? आत्तँ लव मॅरियेज.

अध्यायु 6 - गृहस्थाश्रम ---- ----- ---- ---- - --- - -- --- 73

हिंदू म्यारियेज एक्ट 1955; देणे आनि कानूनु; एंगेजमेंट - निश्चितार्थ; विवाह समारंभ.

अध्यायु 7 - होड्डु मनीषु कोण? ---- ---- ---- --- 81

राजकीय होड्डस्तिका; प्रायेचि होड्डस्तिका; ममतेचि होड्डस्तिका; प्रषस्तीचि होड्डस्तुका; डाक्टरालि होड्डस्तिका; दुड्वाचि होड्डस्तिका; चंद चेल्येलि होड्डस्तिका; गूंडागिरीचि होड्डस्तिका;

अध्यायु 8 - धुव्वोरु ----- ------ ------ --- ---- 93

वायु मालिन्य; सिगरेटाचो धुव्वोरु; तंबाकू विरोधि किरकुळ.

अध्यायु 9 - संगीत ----- ------- ------ ----- ----- 99

नादु उत्पादन; एट्मॉस्फियर; वस्तूचि दाटसाणि; संगीत खेळ्चि कऽला; संगीताचि भास; ब्यांड आनि ओर्केस्ट्रा; कराओके विधान; रॉऽक् संगीत; नृत्य संगीत; भक्ति संगीत; संगीत चिकित्सा.

अध्यायु 10 - दान ---- ----- ----- ----- ------- 111

सौहार्द दान; रिसर्वेशन दान; स्थान दान; ट्याक्स फ्री दान.

अध्यायु 11 - न्याय आनि अन्यायु --- ---- ---- 117

पुराणांतु न्याय अन्यायु; फट्टि आनि बद्द; स्त्री न्यायु; पोलीस विभाग; न्यायालय आनि न्यायाधीश; आनलैन व्यवहारु.

अध्यायु 12 - विचारवादि ---- ----- ---- ---- -- 129

संदर्भु येव्का; भंय कोणांक येत्ता? आशय आनि आकांक्शा; स्थिति आनि पंरगति; आम्का रक्षणे कोऽण कर्ता? विकेंद्रित परुषार्थ, बैपास वृत्त.

अध्यायु 13 - मनुष्यत्व ----- ----- ----- - -- 141

स्त्रीपर सभ्यता; मनुष्यत्वाचि प्रगति; आध्यात्मांतु मनुष्यत्व; शुचित्वांतु मनुष्यत्व.

अध्यायु 14 - वृद्धाप्य ----- ------ ----- ----- 149

पेन्शन; सोशल सेक्यूरिटि; असामान्य जीवन; वृद्धाप्यांतु इन्वेस्टमेंट; वृद्धालें दांपत्य जीवन; वृद्धाप्यांतु हव्यासु.

अध्यायु 15 - वक्कद ----- ------ ------ ------- 159

स्वास्थ्य; प्रकृति राक्ता; वक्दाचो व्यापारु; वक्दाचे वर्गीकरण; ओ. टी. सी. वक्कद; रोगीले स्वातंत्र्य; वक्दाचे नेवान.

अध्यायु 16 - समारोप ----- ------ ------ - ------ 177

पारमार्थिक तर्क; पुनर्जन्मु; मनुष्यालें चित्त; राजकीय तर्क; शैक्शणिक तर्क; विविध तर्कयोग्य विषयु.

उपांग ------ ------ ----- ---- ----- ----- -- 187

कोंकणि लिपि; मनुष्याले भाषेचे यंत्र; शब्धाचि पेऽट; अक्षरमाला; शब्धु आनि वाक्य; कोंकणी विशेषणपद; क्रियापद; कोंकणी प्लूत शब्ध; अर्क शब्ध; कोंकणीकृत कन्नड क्रियापद;

इंडेक्स ------- ------- ------- ------ ------ --- 205

हे पुस्ताकाचे सारांश

हे पुस्ताकांतु हाँवे मस्त विषयांतु मेग्गेलि भावना प्रकट केल्ल्या. प्रतिएक मनुष्याक आप्पण्याले जीवन यषस्वी कोरूंक सक्कड लौकिक आनि पारमार्थिक विषयु जायि जात्ता. हाँव सामान्य मनीषु. मेग्गेलें जीवन एक सामान्य जीवन. 78 वर्साचें सुदीर्घ जीवन. इत्ले वर्स हाँव अपार अनुभवु पाव्लाँ. हो अनुभवु चांगूयि आस्स आनि वाय्टूयि आस्स. सामान्य गौड सारस्वत ब्राह्मण मनुष्याक ताग्गेले जीवनांतु येव्चें कष्ट सूख हाँवे साध्य जाल्लेले तित्ले हे पुस्तकांतु बरैलाँ.

जाल्लेलि संगति स्वत: उल्लोनु जनाले एद्राक एक पटि सांगूयेत. दोनि पटि सांगूयेत. ताग्गेलें भाषण विडियो रेकार्ड कोर्नु जनांक वांटूयेत. एकयि पुस्तक बोरोनु वांटूयेत. विडियों कोर्चे सुलभ. पुस्तक बोरोनु प्रकाशित कोर्चे कष्ट. सद्याक पुस्तक वाज्जीतले जऽण ऊणे जाल्ल्यांति. सद्याक जनानि तांगेले मोबैल फोनारि विडियों पोळोयेत. भाषण आय्कूयेत.

हे पुस्तकांतु मेग्गेलें तर्क सामाचिक, आर्थिक, मानसिक, धार्मिक, वैज्ञानिक, तांत्रिक, इत्यादि सक्कड विषयांतु केल्लाँ. हांतु बरयिलो अभिप्रायु सल्प जनांक सऽम दिस्सनास्चा पूरों. विंगड़ु अभिप्रायु आश्शील्यानि मेग्गेलो अभिप्रायु वाज्जूनु कोप्पूँक नज्ज. बदलाक तांगेलो अभिप्रायु प्रकट कोर्येत.

प्रस्तावना - तर्कशास्त्र

विचारु दोनि नमून्याचो - वास्तविक आनि काल्पनिक. दोळ्याक दिस्चो, कान्नाक आय्कूचो, हात्तानि आप्पोइूंक जाव्चो, इत्यादी विषयु वास्तविक विचारु. मीट तोण्णांतु घाल्ल्यारि मिड्षें लाग्ता. दिव्यांतु तेल आनि वाति दोव्वोर्नु उज्जाचे काड्येन जोळोनु कूडांतु काळोकु आश्शीलो उझ्वाडु कोर्येत. गाद्द्यांतु बी घाल्नु झाढ़ कोर्नु फूल़ आनि फऽल बेळेसूयेत. तांदूलु सिज्जोनु सीत कोर्येत. हें सक्कड वास्तविक दोळ्यानि पोळोचे दृष्य. कान्नानि आय्कूचो विषयु. जिब्बेनि रूचि अनुभवु कोर्येत.

कल्पनिकु विचारु मनांतु लेक्कूयेत. देवु, आत्मु, पाप, पुण्य, प्रारब्ध, भविष्य, इत्यादी काल्पनिक विचारु. वैज्ञानिक अन्वेशण कर्तना सुर्वेक कल्पऽने कर्तातिः वास्तविक ज्ञान उपयोग कोर्नु कल्पऽने केल्लेलें साकार कोर्नु दाक्कय्तातिः

मनुष्यालें देह अध्ययन कोर्चाक मऽडे कात्तोर्नु पोळोका. प्रयोगालयांतु जीवंत प्राणींक प्रयोगाक लाव्नु विविध वेद्यकीय संगति सोद्दूनु काड्ताति. बद्द म्होणु सिद्ध कर्ताति. हे विषयांतु तर्क कर्ताति.

वास्तविक विचारांतु कोर्चें तर्क चडावत जाव्नु मस्त विवादांतु सिर्कऽना. जाल्ल्यारि काल्पनिक विचारु विवादांतु सिर्कूचे सामान्य.

तर्क कोर्नु ज्ञान वाड्ढोका

ज्ञान वाड्ढोचाक आनि वांट्रंक तर्क कोरचें आवश्यक म्हण्ताति. मनुष्यान एक्ळयान ताग्गेले इत्ल्याक बैसूनु चर्चे अथवा

तर्क कोरूंक जाय्ना. दोग्गजणानि बैसूनु तर्क कोर्का. हज़ारकट्ले वर्स फूडेधोर्नु खंचोयि एकु विचारु मुकारि दोव्वोर्नु जणानि चर्चे केल्लेलें आस्स. एक मनुष्यान आन्नेक मनुष्याले लाग्गि खंचेयि विषयांतु चर्चे कोर्येत. तर्क कोरूंक मांत्र खंचोयि एकु सामान्य विषयु पाव्ना. तर्क कोरूंक विशेष विषयु जाव्का.

तर्क म्हळ्यारि कस्सलें? वाद कोर्चाक तर्क कोर्चँ म्हण्ताति. तर्क एक विषयाचे तर्पीन कोर्येत अथवा विरुद्ध कोर्येत. एकु विषयु आन्नेक विषयाकयि चांगु म्होण्चँ तें विषयाचे तर्पीन तर्क कोर्चँ म्हण्ताति. एकु विषयु सऽम ना म्होणु सांगूनु तर्क कोर्चे ते विषयाचे विरुद्ध तर्क कोर्चे म्होणु जात्ता.

तर्क आनि चर्चे हे दोनि एक्कऽचि अर्थाचे दोनि शब्द. चर्चे कर्तना तर्क कर्ताति म्होणु लेक्कूयेत. चर्चे कोरूंक आन्नेकु मनीषु जायि. तर्क कोरूंक समक्शम चर्चे कोर्चे बद्लाक पुस्तक बोरोयेत. तर्क सक्कडांक वाज्जूंक अनुकूल कोर्नु दीव्येत.

तर्कशास्त्राचे पुस्तक प्राचीन काळुधोर्नु भारतांतु मस्त लेखकानि बरैलां. कोलेजांतु तर्कशास्त्राक 'लोजिक' म्होणु नांव दीव्नु तें शास्त्र 'आर्ट्स' क्लासांतु शिकय्ताति.

न्यायलयांतु वाद कोर्चाक तर्क कोर्चँ म्हण्ताति. कम्मीटि मीटिंगांतु वाद कोर्चाक चर्चे कोर्चँ म्हण्ताति. चर्चेंतु प्रश्नोत्तर जात्ता. एकु मनीषु प्रश्ने निम्गीता. आन्नेकु मनीषु उत्तर दित्ता. तर्क कर्तले मनुष्यान प्रश्ने निम्गूचे आनि उत्तर दिव्चे दोन्नीयि एक्ळ्यानंचि कोऽर्येत.

दोग्ग तेऽग जणानि बैसूनु वाद कोर्चाक चर्चे कोर्चे म्हण्ताति. शब्दाचो उपयोगु सऽम केल्ल्यारि अर्थु सऽम कळ्ता. हाँवे हें पुस्तकांतु बोरोचो विषयु तर्क. चर्चे न्हँयि.

चर्चे कर्तना चर्चे कर्तल्यांक आवेशु येव्चाक पूरो. आवेशु येव्नु एक्ळे एक्ळयांक मारामारी जाव्चे संभवु आस्स. एक्केकपटि झग्डो जोरु जाव्नु बोड्यानि मार्नु घेत्तीलें आस्स. पेस्काति घाल्लेलें आस्स. शूट केल्लेले आस्स. चर्चेचि हुन्साणि विपरीत चोणु सान एक युद्ध जाव्चाक पूरो.

तर्क कर्तना शांत रीतीरि तर्क कोर्का. तर्क कर्तल्यान तर्काचि विचारधारा व्यक्त कोर्चें शिवायि व्यक्तीक खंडन कोर्चे न्हंयि. तर्क कर्तल्यान ताग्गेलो शिष्टाचारु पालन कोर्का. अवहेळनकारी वक्तव्य दिव्चाक नज्ज. खंचेयि मनुष्यान तेचि विषयांतु विरोध धोरणे व्यक्त केल्ल्यारि कोणयि कोप्पूंक नज्ज. पर्तूनु तर्क कोर्नु प्रतीकारु कोर्का शिवायि हिंसेक हातु घालूंक्नज्ज..

अनागरिक भाषेक तर्कांतु जागो ना. कित्लेंयि कठिण भाषेन खंडने कोर्येत जाल्ल्यारि सोव्चाक नज्ज. सोव तर्काचे भाषेंतु येना. मर्यादि दीव्नु उल्लोका. बरयिले भाषेंतु मर्यादि दाक्कोका.

हे पुस्तकाचि भास

हाँवे हें पुस्तक आम्चिगेलि भाषेन बरैलाँ. आम्चिगेलि भास म्हळ्यारि गौडसारस्वत ब्राह्मण लोकाली कोंकणी भास. भारत देशाचे कर्नाटक राज्याचे पश्चिमी समुद्र तटारि आस्सूचे दक्शिण कन्नड जिल्लेचे प्रभावी नागरीक गौडसारस्वत ब्राह्मण लोकानि उल्लोचि भास ही अम्चिगेलि कोंकणी भास.

कोंकणी भास दक्शिण कन्नडाचे लोकानि कन्नड लिपीन बोरोचें. गोवा राज्याचे सरकारान कोंकणी भाषेक अधिकृत लिपी देवनागरी लिपी म्होणु स्वीकार्ला.

हाँवें मेग्गेलें कोंकणी पुस्तकँ कन्नड लिपीन बरैल्याँति. जाल्ल्यारि हें प्रस्तुत कोंकणी भासेचे पुस्तक हाँव देवनागरी लिपीन बोरोचाक भाग्रसर्लो.

कोंकणी भास गोंय्चि भास. गोंय्चो भाग्र उत्तर दिक्कांतु आश्शीलो लोकु तांगेलो कोंकणीभाषेंतु अनेक मराठी शब्द उपयोग कर्तांति. गोंय्चे भाग्र पूर्व दिक्काक अनि दक्शिणांक वास कर्तलो कोंकणीलोकु तांगेले कोंकणीभाषेंतु अनेक कन्नड शब्द उपयोगकर्तांति.

आम्चिगेलि भास मस्तनमून्यारि गोंयाचे कोंकणीभाषेचान भिन्न जाव्नु आस्स. आम्चिगेलि भाषेवैरि आम्का गर्व आस्स. हाँव आम्चिगेलि भाषेरि माक्का आश्शीलो मोगु हे भाषेन अनेक पुस्तक बोरोनु दाक्कैताँ.

मीडियांतु कोंकणी भास

ईसवी 2017 वर्सांतु सग्ळे जगत्याचो लोकु प्रतीदिवसु समाचार पत्रांकयि चऽड रेडियो, टेलिविज़न, कंप्यूटर, ल्यापटॉप, स्मार्ट फोनु, इत्यादी पळयतांति आनि वाज्जीतांति. फेसबुक, ट्विट्टर आदी सोशियल मीडियाँतु देवनागरी लिपींतु बोरोचाक साध्य जाय्तधोर्नु कोंकणी भाषेचे पोस्ट दिस्तांति. कन्नड लिपीन कोंकणीभास सोशियल मीडियांतु उपयोग जाय्ना.

कोंकणी भाषेक सरकारी उत्तेजन

फूडेधोर्नु देवळांतु आश्शीले साहित्य सक्कड संस्कृतांतु आश्शीलें. कोंकणीजनालें साहित्य सक्कड संस्कृत भाषेंतु आश्शीलें. कोंकणी भास उल्लोचाक मात्र उपयोग कर्तांति आश्शीलींति. कोंकणीभाषेन बरयिलें पऽद, काण्यो, गादियो, कविता, प्रार्थना, इत्यादी एकराशि

आश्शीलींति जाल्ल्यारि तें सक्कड पोर्तुगीस सैन्यान संस्कृत पुस्तकांचे ओट्ट्र उज्जोदीव्नु गोब्बोरु केल्लो. क्रि.श. 1500 इस्वेकयि फूडे आश्शीलें गोंय्चो साहित्य आत्त खय्यीं मेळ्नाकयि.

गोंय्चे शिलहार म्हळ्ळेले वंशाचे राय क्रि. श. 1187 वर्साकऽयि फूडे कोंकणीन शासन चलय्ताति आश्सीलींतिकयि. क्रि. श. 1187 इस्वेंतु दोन्नींचो अपराजित म्हळ्ळेले राय्यान दिल्लेले एक शिलाशासनांतु कोंकणीभाषेचे बरप आस्सकंयि.

मराठी भाषेचे शिलाशासन क्रि. श. 1200 इस्वेचे नंतर पोळोचाक दिस्ता. शिलाहारांक सोळ्यारि गोंय्चे बाकि सक्कड राय कन्नड, मराठी, फार्सी, अरेबिक, आदी भाषेक उत्तेजन दित्ताति आश्शीलींति विनह कोंकणीक हेकडे चोव्नु समेत पळयिनांति आश्शीले. गोवा राज्याचे जऽन मांत्र घरकडे कोंकणी भास उल्लैता आश्शीले. तांगेलो व्यापारु वहिवाट्ट्र कोंकणींतूंचि चल्ता आश्शीलो.

कोंकणी भास प्राकृत भाषेचि भैणि म्होण्येत. हिंदी, मराठी, गुजराती, आदी भास माग्गीरि सृष्टि जाल्लींति. संत ज्ञानेश्वरान आनि नाम्देवान तांगेले अभंगांतु मराठी भर्शीलेलि कोंकणी उपयोग केल्लि.

कन्नड राय्याले रायभारा वेळारि आम्मी कोंकणी लोकानि कन्नड राय्यांक संतोषु कोरूक कन्नड भाषेनऽचि उल्लोचे बोरोचे आश्शीलें. कोंकणींक आम्मी आम्गेलि घराचि भास मांत्र म्होणु दोव्वोर्नुघेत्लि. विजयनगर राय्याले काळारि कोंकणी भास अनिकयि माक्शीपळ्ळि. तेलुगु आनि कन्नड भाषेक उत्तेजन मेळ्ळें.

गोयांतु राज्य कोर्नु आश्शीले पोर्तुगीस गोरे लोकानि तांगेलि भास प्रचारु जाव्का म्होणु कोंकणी जनाले वैरि दब्बाळिके घाल्ली. गोयांतु सरकारी व्यवहारांतु आनि कोर्टांतु श्रीमंत लोकानि

आनि अनेक ब्राह्मणानि पोर्तुगीस भाषेचो उपयोगु केल्लों. गोवा सोणु कन्नड आनि मलयाळी प्रदेशांतु वलसे येव्नु राब्बीले गौडसारस्वत ब्राह्मणांक कोण रायु जाव्नु आश्शीलोकी ताग्गेलि भास व्यवहारांतु उपयोगु कोर्का जाल्लें.

मैसूर राज्यांचे प्रभुत्व ब्रिटिषाले हात्तांतु आश्शीले वेळारि गौडसारस्वत लोकांक व्यवहारांतु कन्नड आनि इंग्लीष उपयोग कोर्का जाल्लें. ईसवी 1961 वर्सांतु गोवा लिबरेशन् जाव्वोतांयि आम्गेलि कोंकणीभाषेक कोणयि साथदित्तलो रायु अथवा सरकार नाऽआश्शीलें.

क्रि. श. 1835 इस्वेचे वेळारि ईस्ट इंडिया कंपनी सरकारान भारत देशांतु देसी भाषेंक स्कूलांतु शिकोचाक सूरु केल्लें तांगेलीचि लीपि आश्शीले निमित्त कन्नड, मलयाळं, तमिळ, मराठी, बंगालि, आदी भाषेंक स्कूलांतु शिकोचे कतिर पठ्य पुस्तकँ बोरोनु घेव्नु प्रिंट कोरोनु चेईवांक वांट्लींति जाल्ल्यारि कोंकणी भाषेक आप्प्यालि लीपि ना म्होणु सांगूनु कोंकणी पठ्य पुस्तकांक तयार कऽर्नि. कोंकणी भाषेक केवल एक “डयालेक्ट” मांत्र म्होणु सांगूनु स्कूलाचे पठ्य क्रमांतु सेरविसीनि.

क्रि. श. 1961 इस्चेंतु गोवा राज्याक पोर्तुगीसाले कब्जांतु ताक्कूनु स्वातंत्र्य मेळ्ळें. ताज्जे माग्गीरि कोंकणीक राज्य भाषा कोरूक मराठी भाषेचे मित्रानि पंद्रा वर्स विरोध केल्लो. 1975 इस्चेंतु कोंकणींक गोवा राज्याचि अधिकृत भास म्होणु भारतीय संविधानांतु माहिती सेरवीसीलि. देवनागरी लीपि कोंकणीचि अधिकृत लीपि म्होणु संविधानांतु स्वीकार जाल्लें. आत्त 2017 इस्चेंतु गोंयांतु, इतर राज्यांतु, आनि विदेशांतु सक्कड कडेन कोंकणी भास देवनागरी लिपीन बरैताति. कोंकणीभास कर्नाटकांतु कन्नड लिपीन आनि केरळांतु मलयाळं लिपीन बरैताति. ईसवी

1975 धोर्नु कोंकणी भाषेक पुरातन पारंपरिक (क्लासिकल) भास म्होणु उच्छ दर्जो दिल्ला.

गोवा राज्य कोंकणी लोकालि मातृभूमि. गौसाब्रा लोकालि मातृभूमि. गोवा राज्य विस्तीर्णान सान राज्य. गोवा मातृभूमि म्होणु कर्नाटक राज्यांतु वलसे गेल्लेले सक्कड गौसाब्रा लोकानि गोवा राज्यांतु परतूनु आय्ल्यारि तांका घऽर कोर्नु राब्बूंक जागो पाव्ना. गोसाब्रा लोकाले कुलदेवाले देवस्थान सक्कड गोवांतु आस्सति. कर्नाटक राज्यांतु अल्पसंख्यक जनांग म्होणु गोसाब्रा समाजाक मान्यते लेळ्ळया. कर्नाटक राज्यांतु गौसाब्रा लोकांक जीवन कोरूंक आनि तांगेलि संस्कृति राक्कूंक कस्सलेयि कष्ट जाय्ना. गौसाब्रा लोकाले सामाजिक आनि आर्थिक प्रगतीक कर्नाटक राज्यांतु सरकार कांयी अड्डि कर्ना.

क्रिश्चन मिशनरींक कोंकणीचेरि मोगु

क्रि. श. 1614 इस्वेंतु फादर थोमस स्टीफेन्स हाणे कोंकणी बैबल बरैलें. हें पुस्तक हिंदू सनातन धर्माचे ग्रंथसें आस्स. हें ग्रंथ बाय्बल व्हयि की न्हँयी म्होणु संशयु येत्ता

"ॐ नमो विश्व भरिता. देव बाप्पा सर्व समर्था. परमेश्वरा सत्यवंता. स्वर्ग पृथ्वीचा रचनारा." म्होणु हें बैबल सूरु जात्ता.

"तूँ रिद्धि सिद्धीचो दातारु. कृपा निधि करुणाकरु. तूँ सर्वसुखाचा सागरु. आदि अंत ना तुक्का." हें दोन्नींचे मंत्र.

अश्शी क्रिश्चन मिशनरीनि मस्त पुस्तक प्रकाशन केल्लॉं. क्रि. श. 1800 इस्वेकऽयि फूडे प्रिंटिंग टेक्नौलोजी येव्चाकऽयि फूडे खंचेयि एक साहितीन ताग्गेले पुस्तक बोरोनु वांट्रका जाल्ल्यारि ते पुस्तकाच्यो हस्तप्रति काणु वांट्रका आश्शीलें. प्रिंटिंग टेक्नौलोजी आय्ले माग्गीरी कोंकणी भाषेचे मस्त पुस्तकँ प्रिंट

जाल्लींति. गौडसारस्वत ब्राह्मणालि आम्चिगेलि भाषेक आनि दक्शिणकन्नड क्रिस्ताँव लोकानि उल्लोचे कोंकणी भाषेक धाटींतु आनि उच्छारांतु भरपूर व्यत्यासु आस्स.

कोंकणी भाषेचे प्रथक्करण

गोवा राज्य कोंकणी भाषेचें केंद्र स्थान जाल्लेले निमित्त गोंय्चि कोंकणीक सक्कड कडेन अनुकरण कोर्का. सक्कड राज्यांतु कोंकणीक देवनागरी लिपीन बोरोका. जाल्ल्यारी कर्नाटक अनि केरळा राज्यांतु वास कोर्नु आश्शीले कोंकणी लोकानि गोंय्चि कोंकणी भास शिक्चाक आनिकयि पन्नास वर्स वोच्चाक पूरो. सग्ळे जगत्तांतु एक रूपाची कोंकणी भास चालु जाव्चाक म्हळ्यारी कोंकणी भाषेचे प्रथक्करण जाव्चाक मस्तु समयु लाग्तलो.

कोंकणी पुस्तकँ कन्नड लिपीन बैरैल्यारि वाज्जीतलो लोकु अत्यधिक संख्येचे आस्सति. कर्नाटक सरकाराचि कोंकणी साहित्य अकाडेमी प्रोत्साह दित्ता. देवनागरी लिपीन बैरैल्यारि गोवा सरकार आनि तांगेली कोंकणी साहित्य अकाडेमी मान्यता दित्ता. मलयाळं भाषेन बैरैल्यारि केरळाचि अकाडेमी लेखनांक उत्तेजन दित्ता. कोंकणीभाषेक खंचि लीपी उपयोग कोर्का म्होणु सक्कड कोंकणी लोकांक प्रश्ने उठायिलाँ. हे प्रश्न्यांक समाधान आत्तँ दिस्सना.

अध्यायु 1

मनुष्यांक आनि प्राणींक कस्सलो भेदु?

आम्गेलें देशाचे सरकार मनुष्यांक विंगड कानूनु आनि प्राणींक विंगड कानून केल्लांति. मनुष्याले आरोग्य पोळोनु घेव्चाक डाक्ट्र, वक्दँ आनि आस्पत्रे आस्सति. तश्शींचि प्राणींक पोळोनु घेव्चाक आस्सति. मनुष्यान केलवु प्राणींक घरकडे पोस्सूयेत गायि, म्हशी, सूणे, माज्जर, आदी पोस्सूयेत. डुक्कर, मेंढो, बोकोड्ड, कुंकड, इत्यादी घरकडे पोस्सूयेत. हस्ती, वागू, चिरते, करडी, इत्यादी वन्य प्राणींक रान्नांतु स्वच्छंद जाव्नु वास कोरूंक व्यवस्था केल्ल्या.

मनुष्यान ताग्गेले घरकडे दिश्शीले विंद्राक, जल्र्याक, साय्ळ्याक, मुंय्येक, इत्यादी त्रास दिवचे प्राणींक जिवशी मार्येत. हें जगत्तांतु सक्कड प्राणींक वांचोका म्होणु संयुक्त राष्ट्रान ठरावु पारीत केल्ला. जगत्तांतु प्रचलित उद्देशाचे अनुसार प्राणींक रक्शणे कोर्नु वोरोनु घेव्का. खंचेयि प्राणी नाश जाव्चाक नज्ज म्होणु सक्कड देशाचे सरकारानी ध्येय प्रकट केल्लाँ. भारतांतु हस्तेंक, वागाक, सिंहाक, करडींक, हिरणांक, इत्यादी वन्य प्राणींक जिव्शि माल्र्यारि जैल शिक्शा जात्ता.

मनीषु हे जगत्ताचो धऽनि. मनीषु भूमि मोल्लाक घेव्नु घर बांदीता. गाद्द्यांतु बेळें काड्ता. गायि पोस्सूनु गाय्चे दूध आनी दुद्धानि तूप इत्यादी कोर्नु आहारु तयार कर्ता. बोकोड्डु, डुक्कर, इत्यादी पोस्सूनु होड कोर्नु माग्गीरि एक दिवसु कात्तोर्नु ताज्जे मास आहाराक उपयोग कर्ता. कुंकडाचो मोट्टो आहाराक घेव्येत. कुंकड कात्तोर्नु रांदयि कोर्नु मनीषु खात्ता.

केलवु प्राणींक कसायीखानेंतु कत्तल कोर्नु आहाराचे रूपारी उपयोग कर्तातित जाल्ल्यारी मनुष्याक प्राणींले म्हण्के कात्तर्नाति. मनुष्यालें मास खाय्नाति. मनुष्याक जिव्शि मार्ल्यारि जैल शिक्शा जात्ता.

मनुष्याक आनि प्राणींक कस्सलो भेदु?

जीवु

मनुष्याले आंगांतु कश्शि जीवु आस्सकी तश्शींचि प्राणीले आंगांतुयी जीवु आस्स. आव्सूले पोट्टांतु ताक्कूनु जन्मांक येव्नु सान चेडूं क्रमेण होड जात्ता. होड जाल्लेले दार्ले आनि बाय्ले मेळ्नु तांगेलिं चेडूंवँ जन्मांक येत्ताति. चेडूंवांक होड केल्ले माग्गीरि आव्सु आनि बाप्पूसु मर्ताति. होड जाल्लेलि चेडूंवँ पुनह तांगेलीं चेडूंवँ कर्ताति. हें जीवनचक्र सक्कड प्राणीलें जीवनचक्र. पक्शींक, झळक्याँक, चारि पाय्याचे प्राणींक आनी मनुष्याक जीवनचक्र एक्कचि रीतीचे जाव्नु आस्स. जनन आनि मरण. मध्येंतु जीवन.

मनीषु एक प्राणि. विशेष तराचो प्राणि. मनुष्यालो जीवु ताग्गेले आव्सूलो जीवु. हें जगत्त प्रारंभांतु कश्शी अस्तित्वाक आय्लें म्होणु आम्मि लेक्कूयेत मांत्र. खंडित कोणांकयि गोत्तुना. जाल्ल्यारि आत्ताँ सद्याक आम्का गोत्तु आश्शीले म्हण्के आव्सूले गर्भांतु शिवायि विंगड खंय्यीताक्कूनु चेर्डाक जन्मु मेळ्ना.. जन्मांक आय्यीले वेळारि आम्गेले शरीरांतु आय्यीलो जीवु आम्मि मोऽरोतांयि शरीरांतु आस्ता. जीवन अंत्य जात्तना शरीराक मरण येता. शरीरांतु हृदयाची क्रिया राब्ले कूडले जीवु अंत्य जात्ता. जीवु शरीराचे एक लक्शण शिवायि वस्तु न्हंयि. शरीर आस्सोतांयि जीवु आस्स. शरीर जीवंत वोरूक जाय्नाजाल्ले कूड्ले तें थंड जात्ता.

जीवु कीं आत्मु

आम्गेले आंगांतु आश्शीलो जीवु आम्गेलो आत्मु म्होणु सांग्ताति.. आम्मी मेल्लेकूड्ले तो आत्मु उब्बूनु आन्नेक कडेन वत्ता म्हण्ताति.. ते आत्माक शांति मेळ्का जाल्ल्यारि श्राद्ध कोर्का म्होणु सांग्ताति. श्राद्ध, शांती, पिंडदान, तिलांजली, आदी सक्कड आम्गेले दु;ख आनि बेजारु दूर कोरूंक आम्गेले पूर्वजानि तयार केल्लेले वांचूनु वर्लेले संबंधिकांक मानसिक उपशमन दित्ता. खंचेयि घरांतु वास कोर्नु आश्शीले संबंधीकांक तांगेले ओट्टू जीवन कोर्नु आश्शीलो एक व्यक्ती मरण पाव्लो म्होणु जाल्ल्यारि ताग्गेले मरणानंतर हानिकारक मानसिक परिणामु जाव्चाक साध्य आस्स. जगत्ताचे सक्कड जनांगांतु मरणानंतर मेल्लेले व्यक्तीले उड्गासारि कांयिपुणी एकु समारंभु संयोजिसिताति मेल्लेले व्यक्तीलो फोटो दोव्वोर्नु ताक्का माळा घाल्नु नमस्कारु कर्ताति. संबंधीकांक आनि गुर्ताचांक आप्पोनु जेवण घाल्ताति हे कार्य केल्लेले निमित्त वांचूनु वर्लेले जनांक मानसिक समाधान मेळ्ता.

प्राणीलो जीवु

सक्कड जीवु आश्शीले प्राणी जीवजंतु महोणु लेक्कूका. वैरस, बेक्टीरिया, गांयिडोळु, दंतु, फुरंगो (फंगस), आदी सक्कड जीवु आश्शीले प्राणी म्होणु लेक्कूका. झाडकूट, रूकु, कांदो, फऽळ, कात्तो, बी, आदी सस्यांतूंयि जीवु आस्स म्होणु सांग्ताति

मैक्रोस्कोपु सोद्दूनु काड्चे फूडे मनुष्यान बेक्टीरिया पळयिलें ना. फुळ्ळे काळांतु सूक्श्म दर्पण उपयोग कोर्नु सानु वस्तु पळयिताति आश्शीलींति. वज्र, वैडूर्य, रत्न, नऽग, नाण्य, आदी सूक्श्म दर्पण कान्नडी उपयोग कोर्नु परीक्शा कर्ताति

आश्शीलींति. आत्तँचे काळांतु रक्तांतुले कऽण आनि इतर सूक्श्म वस्तु मैक्रोस्कोपानि पळैताति. अति सूक्श्म वैरस समेत इलेक्ट्रोन मैक्रोस्कोपानि पोळोयेत.

जीवाचे लक्शण

जीवु एक लक्शण. शरीराचे लक्शण. शरीराचो गूणु. जीवंत शरीराचो गूणु. जीवु वस्तु न्हँयि. जीवु खंयिताक्कूनु येत्ता? जीवु आपापीचि येना. जीवु खंयी वच्चना. जीवु नात्तीलें शरीर मेल्लेलें मऽडे.

उदाहरणेक एक पक्शीलो जीवु खंयिताक्कूनु येत्ता पोळोयाँ. जीवंत पक्शि गुर्भीणि जात्ता. ती पक्शि मोट्टो दव्वर्ता. मोट्यांतु पिल्लाचो जीवु आस्ता. तो जीवु आव्सुपक्शीलो जीवु. मोट्यांतु हळ्दूवें आनि धऽवें मिश्रण आस्सति. हे मिश्रणांतु जीवु आस्स. आव्सुपक्शेन मोट्टो भाय्र सोळ्ळे माग्गीरि आव्सुपक्शि ताज्जेरि बैसूनु शेँको दित्ता. शेँको दीना जाल्ल्यारि मोट्टो पोट्टु जात्ता.

आव्सुपक्शेन शेँको दिल्ले माग्गीरी तांतु आश्शीलें मिश्रण बेऴवूनु सान एक पील जात्ता. मिश्रणाँक पील जाव्चि शक्ति एकि विशेष शक्ति. पील बेळवले नंतर मोट्टो भेत्तूनु तांतु ताक्कूनु पक्शेचे पील भाय्र येत्ता. ते पिल्लांतु आस्सूचो जीवु आव्सुपक्शेन पिल्लाक दिल्लोलो जीवु.

प्राणींचे प्रति एक कणांतु तरतराचे जैवीक वस्तु आस्सति. हांका मिटोकोंड्रिया म्होणु नांव दिल्लाँ. हे चस्तूचे मूलक शरीर निर्माण जात्ता. कणांतुताक्कूनु शरीर निर्माण जाव्चाक ऊर्जा जायि. ऊर्जा उत्पन्न कोरूंक उद्दाक आनि साक्कर (ग्लुकोस) जायि. आहार ना जाल्ल्यारि ऊर्जा उत्पन्न जाय्ना. निर्जीव वस्तूचे कणांतु हो वस्तु ना.

प्रयोगालयांतु निर्जीव कणांतु जीवु भोरूक विज्ञानी प्रयत्न कर्तऽ आस्सति. विज्ञानींक एद्दोळुतांयि खंचेयि निर्जीव कणांतु जीवु आस्स कोरूक साध्य जाय्नी.

शरीर आनि आत्मु

आत्माक जीवन चलायिसूचाक शरीर जाव्का. जीवु आनि आत्मु दोन्नीयि एक्कऽचि. आत्मु म्हळ्यारि हाँव. मेग्गेले शरीरांतु हाँवे आस्सूका जाल्ल्यारि मेग्गेले शरीरांतु जीवु आस्सूका. हाँवे नात्तीले मेग्गेले शरीर हाँव न्हँयि. ते मेग्गेले मऽडे मांत्र. पारमार्थिक दृष्टीन पळय्ल्यारि आत्मु शरीराचे भाय्र वांचूंक साध्य आस्स म्होणु अभिप्रायु आश्शीलो दिस्ता. मनीषु मर्तना ताग्गेले आंगांतु ताक्कूनु ताग्गेलो आत्मु भाय्र येव्नु उब्बूनु आकाशारि वत्ता म्होणु सल्प जऽण नंम्गऽताति. तो आत्मु आन्नेक शरीरांतु वत्ता म्हण्ताति.

दार्ले वीर्याचे कऽण बाय्ले अंडांतु रिग्गूनु शरीर उत्पन्न कोर्ची प्रक्रिये सूरु जात्ता. शरीर उत्पन्न जाव्चे बाय्ले देहांतु. ते आव्सु जात्ता. अंड आश्शीलें चेर्डुं जात्तना आव्सूलें आश्रय आवश्यक आस्ता. चेर्डाले शरीरांतु चलन जाव्चे दिस्ले माग्गीरि जीवु गोचर जात्ता. शरीर संपूर्ण तयार जाल्ले माग्गीरि जीवाक आव्सूलें आश्रय अनगत्य जात्ता. आव्सूलो आनि बाप्सूलो सम्मिळित जीवु पिल्लांतु येत्ता.

मनुष्याक ज्ञान चऽड आस्स

सक्कड जीवजंतूंक ज्ञान आस्स. ज्ञान आम्गेलें मेंदूंतु आस्स. प्राणीचे देहाचे आनि मेंदूचें गात्राक परिमाण कित्लें आस्सकी ताज्जेरि होंदूनु ते प्राणींले ज्ञानांचे परिमाण चऽड ऊणे जात्ता. परिमाण होड जाल्लेले तित्लें ज्ञान चऽड आस्ता. हस्तीक भारि

होड देह आस्स जाल्ल्यारि ताज्जे मेंदूचे गात्र देहाचे परिमाणाक सान जात्ता. मनुष्यालो मेंदु ताग्गेले देहाचे गात्राचे परिमाण विंगड खंचेयि प्राणींक तुलना केल्ल्यारि चऽड होड्डु आस्स म्हण्ताति.

मेंदूचे गात्र मात्र न्हंयि. मनुष्याले मेंदूंतु चऽड कण आस्सति. चड नराचे तंतु आनि गांट्यो आस्सति. मनुष्यालो मेंदु चऽड आविश्कार जाल्लोलो मेंदु. मनुष्यालो मेंदु चऽड काम कोरूंक फाव आस्स. मनुष्याले मेंदूंतु उड्गासु चऽड समय वर्ता. चऽड विधाचे उड्गासु वर्ता. चऽड विवर वर्ता. प्रयोगशाळेंतु इलेक्ट्रो एन्सेफेलोग्राम (ई. ई. जी) काणु पळयिल्यारि मेंदूंचे विद्युत् संचार जाल्लेले दिस्ता. प्राणीचे ई. ई. जी. काणु पोळोचाक जात्ता. सूण्याले ई. ई. जी. काणु पोळोयेत. सूण्याले आनि मनुष्याले ई. ई. जी. काणु तांगेले मेंदूक व्यत्यासु सोद्‌दूनु काड्येतकी इत्की.

सक्कड जीवजंतूंक स्वाभाविक ज्ञान आस्स. खंचेयि अरिष्ट एद्राक आय्ल्यारि पलायन कोर्चे आनि दूर धांव्का म्होणु कोळचे एक स्वाभाविक ज्ञान. भूक लाग्ल्यरि आहारु सोद्दूचें आहारु मेळ्ळो म्होणु जाल्ल्यारि आप्ण्याले पिल्लांवोट्टु वांट्नु खाव्चें. पिल्लांक राक्चे आनि तांका मोगु कोर्चे सक्कड प्राणींक आश्शीलें स्वाभाविक ज्ञान. गुर्भीणि पक्शीक मुकारि आप्ण्याले पिल्लांक पोस्सूंक गूडु बांदूका म्होणु येव्चे ज्ञान स्वाभाविक ज्ञान अस्सलें स्वाभाविक ज्ञान मनुष्याकयि आस्स. मनुष्यालो मेंदु उत्तम जाल्लेले निमित्त मनुष्याक नैमित्तिक ज्ञान समेत आस्स. नैमित्तिक ज्ञान इतर प्राणींक ना.

नैमित्तिक ज्ञान मनुष्याक मांत्र आस्स. काळोकु जाल्ल्यारि दिव्वो जोळोका म्होणु मनुष्याक कळ्ता. काळोकु दिस्ले कूडले दिव्व्याचो उड्गासु जाव्चे ज्ञान नैमित्तिक ज्ञान. लोखंडाचे खणमात्ती करगसूनु लोखंड तयार कोर्चे ज्ञान नैमित्तिक ज्ञान. काप्पूसु विंड्नु

सूत कोर्चे आनि सुत्तानि आवंगले कोर्चे ज्ञान नैमित्तिक ज्ञान. रोगनिरोधक लसिका तयार केल्लेले ज्ञान नैमित्तिक ज्ञान.

केलवु प्राणींक विशिष्ट ज्ञान आस्स. सूणे विशिष्ट ज्ञान पावीलें मृग. सूणे निद्दता. सूण्याक निद्दलेले वेळारि चिकेचि शब्दु जाल्ल्यारि पुरो. तें जागि जात्ता. सूण्याले नाँकाक भारी प्रबल हुंग्चि शक्ति आस्स सूण्यान हुंगीलो वासने ताक्का मस्त समय उड्गासु वर्ता.

सक्कड प्राणींक नीद येत्ता. गाढ़ निद्देंतु आश्शीले मनुष्याक जागोका जाल्ल्यारि जोरु शब्दु कोर्का. एकयि ताक्का जोरु हाल्लोका. प्रति एक प्राणीक खचेयि एक विशेष ज्ञान आस्स. जाल्ल्यारि मनुष्याले मेंदूक आश्शीले तित्ले विशेष गुण विंगड खचेयि प्राणिक ना. मनुष्यान सक्कड प्राणींक अध्ययन केल्लां. अति सूक्श्म प्राणींकयि मनुष्यान अध्ययन केल्लां. सक्कड होड प्राणींक मनुष्यान पळय्ल्यांति; मनुष्याले इत्ले बुद्धिवंत प्राणी एद्दोळु आम्का दिस्सीलि ना.

जीवु आनि आहारु

सक्कड प्राणींक आहारु जायि. आहारु पचन कोरूंक अन्नकोश जायि. आहारु पचन जाव्नु ग्लुकोस जात्ता. ग्लुकोस जोळोचाक आम्लजनक जायि. आम्लजनक वार्यांतु आस्ता. भूंय्चेरि आस्सूचे प्राण्ीक श्वासकोशु आस्स. श्वासु बंद जाल्ल्यारि जीवु वत्ता. वागु, शींवु, चीतो, आदी प्राण्यो दुसरे प्राणींक जिव्शि मार्नु तांचे जीवें मास खात्ताति.

हस्ती, करडी, मांकड, आदी सस्य खात्ताति. समुद्रांतु जीवन कोर्चे झळक्यांक सान सान झळके खाव्चाक मेळताति.

सक्कड प्राणींक श्वासु काणु आम्लजनक भित्तरि घेव्नु अंगाराम्ल भाय्र सोड्का पडता.

झळक्यांक समुद्राचे उद्कांतु आस्सूचें निकृष्ट मात्रेचें आम्लजनक पूरो जात्ता. मनुष्याक आनि इतर भूंय्चेरि आस्सूचे प्राणींक उद्कांतु बुड्डूनु मस्त वेळु वांचूंक जाय्ना उद्कांतु आश्शीलें मात्रेचे आम्लजनक मनुष्याक आनि इतर भूंय्चेरि आस्सूचे प्राणींक ऊणे जात्ता. झळक्यांक नीद काडूंक समुद्रूचि जायि. उद्कांतु ताक्कूनु भाय्र आय्यीले झळके चऽड समय वांचना. झळक्याक मेंदू आस्स. ताज्जो परिमाण सान.

सूर्यालों प्रकाशु आनि भूंय्चेरि आस्सूचे उद्काचे पऽशें वार्यांतु आस्सूचे आम्लजनकाचे ओट्टु मेळ्नु पामाजी उद्भव जात्ता. पामाजीन तऽण उभ्जता. तऽण खाव्नु गायि दूध दित्ता. दूध मनीषु पित्ता. सान झळक्याक होड झळके खात्ता. झळक्याक पक्शी खात्ता. पक्शीक कोल्लो खात्ता. कोल्ल्याक वागु खात्ता. प्राणी सस्याहारी आनि/अथवा मांसाहारी जाव्नु आस्सति.

भूंयि आनि प्राणी

पृथ्वीचेरि चारींतु एकु वांटो भूंयि आनि तीनि वांटो समुद्रु. मनीषु भूंय्चेरि भोंव्ता. मनुष्याले सक्कड कार्भार भूंय्चेरि चल्ता. पक्ष्यो तांचे पाक्कांक उपयोग कोर्नु आकाशारि उब्तातिं. प्रतीएक प्राणी तांका तांका जायि जाल्लेले खाण खात्तातिं. बी वोव्नु झाड जाल्ले माग्गीरि पुश्प जाव्नु फल जाल्लेले सिज्जोनु खात्तलो मनीषु मांत्र विंगड सक्कड प्राणी तांगेले खाण भूंय्चेरि मेळचे रूपारीचि तर्नें तर्नें खात्तातिं. आहारु सिज्जोनु अथवा भाज्जूनु अथवा विंगड रीतीरि तयार कोर्नु खाव्चि प्राणि मनीषु मांत्र.

मनुष्यान सुर्वेक घर बांद्लें. घरांतु उज्जो केल्लो. बिय्येचे तेल काळ्ळें. बांयि खोंड्डूनु तांतु आय्यीलें उद्दाक उपयोग केल्लें उल्लोचाक भास तयार केल्ली. व्याकरण बरैलें. अक्शर सृष्टि केल्लें. वाक्य बोरोनु ग्रंथ बरैलें. मनुष्यान इत्लें केल्लेमाग्गीरि तो सक्कड पक्शींक, प्राणींक, जंतूंक माक्शि घाल्नु भूंय्चो रायु जाल्लो.

हाक्का कारण मनुष्यालि बुद्धि, विवेक आनि ज्ञान.

प्राणीलो आत्मु

मनुष्याक आत्मु आस्स आनि तो आत्मु ताग्गेलो जीवु. प्राणींक आत्मु आस्सवे? सल्प जडण पाप केल्लोलो मनीषु प्राणि जाव्नु जन्मु घेत्ता म्होणु नंब्गताति. प्राणीक मनुष्याले म्हण्केचि आत्मु आस्स म्होणु तांगेलो अभिप्रायु. जैन मतांचाक सक्कड जीवजंतु एकलेक आत्मु आस्सूचे प्राणी. वार्यांतु आश्शीले क्रीमी आम्मि हूनु श्वासु सोड्तना मर्ताति. दिव्वो जळयल्यारि मूसु उज्जांतु पोणु मर्ताति जाल्लेले निमित्त रात्री दिव्वो जोळोचाक नज्ज.

जैन मताचे अहिंसा सिद्धांत हिंदुस्तानांतु क्रि. पू. संचे शतमानांतु सक्कड कडेन स्वीकार जाल्लें. देवी देवतांक प्राणि बडलि दिव्चे निषिद्ध जाल्लें. ब्राह्मणानि मांसाहार बंद केल्लें. माग्गीरि क्रिस्तानंतर नव्वाचे शतमानांतु दुर्गा पूजा आनि भगवती पूजा जनप्रिय जाल्लेमाग्गीरि प्राणि बडलि पुन: प्रारंभ जाल्लि. प्राणींक जीव्शि माल्र्यारि मनुष्याक जीव्शि माल्र्यावरी जात्ता म्होणु प्रचलित सिद्धांत मुंकारिसीलें. आत्तँ ब्राह्मणांक मांसाहार निषिद्ध जाव्नु आस्स.

क्रिस्तांव आनि इस्लाम सिद्धांत प्राणीक जीवु आस्स जाल्ल्यारि आत्मु ना म्होणु सांग्तातिं. मांसाहारु हिंदू ब्राह्मणांक मांत्र निषिद्ध. बाकी सक्कड जातीचे लोकु मांसाहार घेत्तातिं. गाय मांत्र विशेष प्राणी. गायि दूध दित्ता जाल्लेले निमित्त ती एकि विशेष प्राणी. गायि हिंदुस्तानांतु मांत्र एकि पवित्र प्राणी. विदेशांतु गाय्येक पवित्र स्थान दीनांतिं.

विदेशांतु सामान्य जऽण गोमांस मुख्य आहारु म्होणु लेक्तातिं. हिंदुस्तानांतु गोंवु आनि तांदूलु मुख्या आहारु रागी, जोळ, आदी हिंदुस्तानांतु सामान्य आहारु जाव्नु आस्स. विदेशांतु गोंवु, तांदूलु, रागी, जोळ, मूगु, उडिदु, तोरिदाळि, आदी गोर्वांक घाल्चे खाण. मनुष्यान खाव्चे खाण पशुमांस, पक्शिमांस, झळकें, डुक्करमांस, आदी जाव्नु आस्स. विदेशांतु तणांचे मैदान होड होड पशुले हिंडु चोरोचाक उपयोग कर्तातिं. शेत आनि मऽळ दवसधान्य उत्पन्न कोरूंक उपयोग कोर्चे बदलाक गोर्वांक चोरूंक चारो उत्पन्न कोरूंक उपयोग कर्तातिं. गोर्वांक दष्टपुष्ट कोर्नु प्रतिएक पशूताक्कूनु अत्यधिक मांस मेळचे तशिश दैत्याकाराचे पशूंक वाड्ढैतातिं.

गायि आनि कानूनु

भारत सरकारान गाय्येक कसाइखानेंतु कात्तोरूंक नज्ज म्होणु कानूनु केल्ला. गाय्येक, बैलाक आनि वास्रांक मासाचे कतीर जिव्शिमार्चे कानूनन अपराधु. गाय्चे मास घरांतु आनि दूकानांतु दोव्वोरूंक नज्ज. विक्कूंक नज्ज. हो कानूनु मोडतल्यांक जैल शिक्शा जात्ता. भारत देशांतु आठ्रा प्रतिशत गाय्चे मास खात्तले नागरीक आस्सतिं. मुस्लिम आनि क्रिश्चन धर्माचे नागरीकांक गोहत्या निषेध कानूनु बिलकुल पसंद जाय्नि

ब्राह्मणाले घरकडे गायि पोश्शीताति. वास्रुँ पाड्डो जाल्ल्यारि तो पाड्डो बैलु जाल्ले कूडले ताक्का नाय्त्यांक विक्ताति. नाय्ते कस्सलें जायि तें कोरोंति म्होणु ब्राह्मणाले येच्चना. नाय्त्यानि बैलाक व्होर्नु कसाइखानेंतु कात्तोर्चे ब्राह्मणांक गोतु आस्स. नाय्त्यानि जीवंत बैलांक आनि दूध दीनानात्तीले बंजे गाय्येंक मांत्र मोल्लाक घेव्चें. मेल्लेले पशूंक आदिवासी जऽण व्हाव्नु व्हर्ताति. मेल्लेले पशूंक आत्तँ स्थानीय आडळीताचे सिब्बंदी तांगेले वाहनारि सागिसूनु व्होर्नु पशुस्मशानांतु पुर्ताति

गाय्क जिव्शि मारूंक नज्ज म्होणु हिंदू धर्मांतु नियमु आस्स. भारताचे संविधानांतु सूर्वेकऽचि गोहत्या निषेधाचो प्रस्तापु पास जाल्ला. गांयि दूध दित्ता जाल्लेले निमित्त देशाचे आर्थिक व्यवस्थेक गाय्चे संरक्शण आवश्यक आस्स. चेईवांले आरोग्याक समेत दूध आनि दुद्धाचे उत्पन्न आवश्यक आस्स. बैल शॆण घाल्ता. शॆण शेताक घालूंक उत्तम गोब्बोरु जाव्नु उपयोगु जात्ता. गोहत्या निषेध कानूनांक 2014 इसवी धोर्नु सरकाराचे कानून मंत्रालय आनि गृह मंत्रालय चऽड लक्श दित्ताति.

केंद्र सरकारान गौसंरकंशण कानूनु पारित केल्लेले वरीचि महाराष्ट्र, राजस्थान, मध्यप्रदेश, छत्तीसघढ, आदी अनेक राज्याचे राज्यसरकारानि वरेक गौसंरक्शण कानूनु लागू केल्लांति गायि आनि बैल मांत्र गौसंरक्शण कानूनांतु अन्वय जात्ताति. वास्रांक भी रक्शण मेळ्ता. गोर्वांक वाहनारि चोडोनु कसाइखानेंक व्हर्तलॆ अपराधींक अरेस्ट कर्ताति आनि तांचे वैरि मुकद्दमा चलाइसिताति. होटेलांतु गाय्चे मासाचे खाण अतिथींक वाड्ताति म्होणु कोणयि पोलीस कंप्लेंय्ट दिल्ल्यारि पोलीसांचे होटेल मालीकाचे वैरि मुकद्दमा चलाइसीताति. होटेलाचे लैसेन्स रद्द जाव्चाक पूरो.

वन्यप्राणी संरक्शण कानूनु

भारताचे रान्नांतु वागु, सींवु, चितल, हस्ती, करडी, आदी वैविध्यमय वन्य जीवी आस्संति. संयुक्तराष्ट्र संस्थेन हे भूंय्चेरि मनुष्यान वांचूनु वोर्का जाल्ल्यारि सक्कड प्राणी पक्शी, झळ्के आदी वांचूनु वोरूंक तक्क जाल्लेलें परिसर आस्सकोर्का म्होणु अभिप्रायु केल्ला. सक्कड देशानी तांगेले रान्नांतु आश्शीले वन्यमृगांक संरक्शण कर्ताति म्होणु करारपत्र बोरोनु दिल्लाँ.

मांसाहारी जनानि म्हशीचे आनि रड्याचे मास खाव्येत. मेंडों, बोकोडी मार्नु खाव्येत. कुकडाचो मोट्टो खाव्येत. कुंकड खाव्येत. वन्यप्राणींचे हत्ये कोरूंक नज्ज. सर्कस्स जनप्रिय आश्शीले तवळि सर्कस्सांतु प्राणींक खेळैताति आश्शीलींति. आत्तँ ते प्राणींक मेक्ळोनु रान्नांतु सोळ्ळाँ अथवा मृगालयांतु आश्रय दिल्लाँ.

भारतांतु क्रिश्चन मताचे जऽण हिंदूंक समाधान कोरूंक गाय्चे मास खाय्नानात्तीले बोस्चाक तयार आस्सति. जाल्ल्यारि मुस्लिम जऽण गोहत्या निषेध कानूनाचे बद्दल असमाधान व्यक्त कर्ताति.

वन्यप्राणी जाव्वो गांवटी पाळीव जानवर जाव्वो सक्कडांक मनुष्याक आश्शीलेवरीचि जीवु अथवा आत्मु आस्स सस्याहार मेळ्ना जाल्ल्यारि भूखशमन कोरूंक मास खाव्येत. कोणांक मास, मास्ळी, कुंकड, मेंडों, आदी खाव्चाक इच्छा ना की तान्नि सस्याहारी जाव्नु वोर्येत. मांसाहाराचि रूचि घेत्तल्यानि आहाराचे कतिर प्राणी हत्ये कोर्येत.

अध्याय 2

ही सृष्टि अस्तित्वाक कशिश आय्ली?

आम्गेले दोळ्याचे एद्राक दिश्चि ही सृष्टि कशिश आस्स जाल्लि म्होणु आम्का खंडित गोत्तु ना. सृष्टि जाव्चे फूडे हांगा कस्सले आश्शीलें? सृष्टि देवान केल्लि म्होणु सक्कड सांग्ताति. सृष्टि कर्तना देवु खंयि आश्शीलो? सृष्टीचे भित्तरि आश्शीलो की भाय्र आश्शीलो? खंचे वस्तूचान देवान सृष्टि केल्लि? देवूचि सृष्टींतु परिवर्तित अथवा रूपांतर जाल्लोवें? देवु सर्वांतर्यामि म्हळ्यारि सृष्टीचे कणकणांतु देवु अंतर्गत जाव्नु आस्सवे? सृष्टि विंगडि देवु विंगड्ड म्होणु जाल्ल्यारि आत्तँ देवु खंयि आस्स? देवाक सृष्टि कोर्चे अगत्य कस्सल्याक आय्लें?

सृष्टींतु जीवु आश्शीलें आनि जीवु नात्तीलें म्होणु दोनि विधाचे वस्तु आस्सति. देवाक आनि जीवु आश्शीले वस्तूक कस्सलो संबंधु? हे ब्रह्मांडांतु जीवु आश्शीलो वस्तु सक्कड कडेन आस्सवे? हे भूंय्चेरि मांत्र जीवु आश्शीलो वस्तु आस्स की विंगड ग्रहारि जीवु आश्शीलो वस्तु आस्स? बुध ग्रहारि जीवु आस्सवे? गुरु ग्रहारि जीवु आस्सवे?

आम्गेले आलोचनेंक मीति आस्स

मनुष्याले मऽन कित्ले विशाल आस्ल्यारीयि तांतूले आलोचनेंक एकि मीति आस्स म्होणु हॉव नंब्गताँ. उदाहरणेंक घरकडे वासरेंतु

रांदप जाल्लाँ म्होणु जाल्ल्यारि हाँव जेवणाक बोस्चि आलोचन कोर्येत. माक्का परदेशाक वोच्चूका जाल्ल्यारि विमानारि वोच्चि आलोचन कोर्येत. परीक्शेक बस्लो म्होणु जाल्ल्यारि पास एकयि फेल जाव्चि आलोचन कोर्येत. रात्रि काळकांतु मनुष्यालो आकारु दिस्लो म्होणु जाल्ल्यारि तो कोण एकयि ती कोण म्होणु अंदाजो कोर्येत. परमाणु म्हळ्यारि अत्यंत सूक्श्म वस्तु म्होणु आलोचन कोर्चे कष्ट जाल्ल्यारि एकु अंदाज़ो कोर्येत. परमाणु आम्का दिस्सना जाल्ल्यारियि विज्ञानीन सांग्तना आम्मि ताणे सांगीले सत्य आस्सूका म्होणु लेक्ताति. परमाणूंक मनांतु आलोचन कोर्नु विज्ञानीन सांगीले बद्द म्होणु लेक्ताति. विज्ञानीन सांगिले वरीचि विंगड मनुष्यान सांगीले आम्मि बद्द म्होणु लेक्कूका जाल्ल्यारि आम्का ते मनुष्याले वैरि नंबीके आस्सूका. मनुष्याले मनाक आलोचन कोर्नु घेव्चाक साध्य जाव्चो विषयु मांत्र आम्मी नंब्गताति. आलोचन कोरूंक जाय्ना नातीलो विषयु मनांतु येना.

प्राचीन मनुष्याक ही सृष्टि अद्भूत दिस्लि. ताग्गेले मनांतु उटायिले प्रश्न्यांक ताग्गेले म्हाल्घड्यानि उत्तर सोद्दूनु काळ्ळें. “देवु आस्स न्हवें? देवान ही सृष्टि आस्स केल्लि.” म्हाल्घड्यानि देवालि आलोचन केल्लि. देवाक होड्डु म्होणु केल्लो. सक्कडांकयि चऽड बलवानु केल्लो. ताणेंचि ही सृष्टि केल्लि म्हणालींति. कशिश, खंचान, केद्ना आनि कोणाकतिर केल्लि?

उत्तर आय्का

आम्का प्रश्ने मांत्र दिस्ताति. उत्तर दिस्सना. हे प्रश्न्यांक आप्प्याक उत्तर गोत्तु आस्स म्हण्तले मस्त जऽण आस्सति. तांगेले उत्तर कस्सले म्होणु पोळोयाँ.

उत्तर 1. अद्वैत सिद्धांत: ही सृष्टि एक भ्रऽमे. आम्गेले दोळ्याचे एद्राक दिश्चि ही सृष्टि निज न्हंयि. ही एकि साव्ळि मांत्र. एक सोप्पन. देवान पळय्तना ताक्का भ्रऽमे जाल्ली. नात्तीलि ही सृष्टि ताक्का दोळ्यांतु दिस्लि. आप्पण देवु म्हळ्ळेले तो विसर्लो. ताग्गेले सुत्तु माया आवृत्त जाल्ली. देवु हे मायेंतु मग्न जाल्लो. मायेंतु मग्न जाल्लोलो तो देवु आप्पण परमात्मु म्हळ्ळेले विसर्ता मायेन आवृत्त जाल्लोलो परमात्मु आप्पण जीवात्मु म्होणु लेक्ता. सृष्टींतु भोंव्ता. सृष्टींतु घुंव्ता. जन्मांक येत्ता. सुख दुख भोक्ता. गम्मत कर्ता. हास्ता, रड्ता. कडेरि मर्ता. मेल्लोलो मऽडे मांत्र. परमात्मु मऽरना. तोचि जीवात्मु आनि तोचि परमात्मु. हज़ार हज़ार पटि जन्मु आनि मरण जाल्ले माग्गीरि ते जीवात्मांक तिळुवळिके येत्ता. आप्पण जीवात्मु न्हंयि. आप्पण परमात्मु म्होणु ताक्का कळ्ळेले तवळि देवु जागि जात्ता आनि सृष्टीचे सोप्पन मुग्दता. देवु निद्देंतु ताक्कूनु उटाय्ता हे उत्तरांतु सृष्टीक अस्तित्वा ना. देवु मांत्र आस्सूचें हे सिद्धांताक अद्वैत सिद्धांत म्होणु नांव दिल्लाँ.

उत्तर 2. विशिष्टाद्वैत: ही सृष्टी अद्वैत सिद्धांतांतु सांग्ल्या म्हण्केचि एक भ्रऽमे. भ्रऽमे पाव्तलो परमात्मु न्हंयि. भ्रऽमे पाव्तलो जीवात्मु. परमात्मु बैसूनु पळैता. परमात्मु विंगड्डु जीवात्मु विंगड्डु. जीगात्माक मायासृष्टि खेळैता. जीवात्मु सृष्टीचे मायेंतु बुड्डूनु वत्ता. मायासृष्टि एकि भ्रऽमे म्होणु जीवात्माक सुर्वेक कळना. हळु हळु जीवात्माक ज्ञान येत्ता. कडेरि जीवात्माक संपूर्ण तिळुवळिके आय्ले माग्गीरि ताग्गेले सुत्तु आश्शीलि माये करगूनु वत्ता आनि जीवात्मु परमात्मालि सन्निधींतु येव्नु पाव्ता जीवत्माक भ्रमे ताक्कूनु मुक्ति मेळ्ता.. जीवात्मु परमात्मांतु मेळ्नु ना जात्ता

जीवात्मु परमात्मु जात्ता. हे सिद्धांताक विशिष्टाद्वैत सिद्धांत म्होणु नांव दिल्लाँ.

उत्तर ३. द्वैत सिद्धांत: सृष्टि जड वस्तु. जड वस्तु उपयोग कोर्नु परमात्मु प्रकृतीक सृष्टि कर्ता. परमात्मु आनि जीवात्मु दोनि विंगविंगड चेतन शक्ति. परमात्मु एक्कूचि. सृष्टींतु जीवात्म कोटि कट्लें आस्सति. जीवात्मु अज्ञानांतु बुड्डूनु आस्ता. प्रतिएक जीवात्माक उद्धार कोरूक परमात्मु प्रकृतीक सृष्टि कर्ता. जीवात्मांक ज्ञान येव्चाक प्रकृति आवश्यक म्होणु देवान निश्चय केल्लें. देवान जऽड वस्तूक उपयोग कोर्नु ब्रह्मांडाचि रचने केल्लें. ब्रह्मांडांतु कोटिकट्ले जीवात्म ज्ञान संपादने कोरूंक मस्तपटि जन्मांक येत्ताति. जीवन सागिसीताति आनि शरीर अयोग्य जाल्ले सत्तान ते शरीरांतु ताक्कूनु भाग्र येव्नु आन्नेक शरीरांतु प्रवेश कर्ताति. जीवात्माक संपूर्ण ज्ञान आय्ले माग्गीरि तो परमात्माले समान जात्ता. परमात्माले ऑट्टू मेळ्नु ताग्गेले संगाति जात्ता.

विशिष्टाद्वैताचे प्रकार जीवात्मु स्वयं परमात्मु जात्ता. परंतु द्वैत सिद्धांताचे प्रकार जीवात्मु परमात्मु जाय्ना परमात्मालि उपासनेंतु लाग्गि बैसूनु आस्ता

आर्यसमाजाचे स्वामी दयानंद सरस्वतीन सृष्टीक एक रुक्काक होलिके केल्लाँ. सृष्टीचे रुक्कारि दोनि पक्श्यो परमात्मु आनि जीवात्मु बस्ल्यांति. परमात्मु नुत्तऽचि पळैता. जीवात्मु रुक्कारि जाल्लेले फऽळ खात्ता. प्रकृतीक परिष्कृत कोर्नु सुःख दुःख भोग्ता. परमात्मु प्रकृतीक भोग्गना.

उत्तर 4. शून्य सृष्टि: परमात्मान सृष्टि जाव्वो म्हळ्ळें आनि सृष्टि जाल्लि. सृष्टींतु आस्सूचे सक्कड परमात्माले आज्ञेन उत्पन्न जाल्लाँ. मनीषु जन्मांक येत्ता. जीवन कर्ता आनि मर्ता. मेल्लेलों मड्याक पूर्का. जोळोचाक नज्ज. मड्यांतु मनीषु आस्स.

ताग्गेले कफनांतु (गोरींतु) तो हें जगत्त अंत्य जाव्वोतांयि निद्दोनु आस्ता. जगत्त अंत्य जात्तना देवु सक्कड मनुश्यांक न्याय दिव्चाक स्वार्गारि येय्या म्होणु आप्पैता. सक्कड मनीष एक्ळ्या माक्शि एक्ळो देवाले एद्राक येव्नु राब्ता. ताणे चांग काम कोर्नु देवालि प्रार्थना प्रति दिवसु कोर्नु देवाक संतुषंट केल्ल्यारि ताक्का देवु स्वर्गारि दोव्वोर्नु घेत्ता. ताणे वाय्ट काम केल्लाँ म्होणु जाल्ल्यारि ताक्का नरकाक पेटैता.

हे सिद्धांतांतु आत्मु ना. मनुष्याक पुनर्जन्मु ना प्राणींक मनुष्याले समान लेक्कऽनांति. प्राणींक मनुष्यान आहाराक उपयोगु कोर्येत. प्राणींक कात्तर्ल्यारि हिंसा म्होणु जाय्ना.

5. सात दिसाचि सृष्टि: सुर्वेक देवान स्वर्ग आनि भूमि सृष्टि केल्लि. भूंय्येक आकारु ना आश्शीलो. खालि खाली आश्शीलें. मूळांतु काळोकु आश्शीलो. देवालि चैतन्य उद्कारि भोंव्ता आश्शीलें. देवान सृष्टि जाव्वो म्हळ्ळें आनि सात दीस भित्तरि सृष्टि जाल्लि. एक्काचे दिवसु देवान उझ्वाडु जाव्वो म्हळ्ळें आनि उझ्वाडु जाल्लो. देवान उझ्वाडाक काळ्कातावक्कूनु विंगड केल्लें आनि उझ्वाडाक दीसु म्होणु आनि काळकाक राति म्होणु नांव दिल्लें. दोन्नीचे दिवसु देवान माळो जाव्वो म्हळ्ळें आनि माळो जाल्लो. ते माळ्याक देवान स्वर्गु म्होणु नांव दिल्लें. तिन्नीचे दिवसु देवान उद्काचे मध्येंतु भूंयि जाव्वों म्हळ्ळें आनि भूंयि जाल्लि. ते भूंय्येक देवान पृथ्वी म्होणु नांव दिल्लें. उद्काक समुद्रु म्होणु नांव दिल्लें. देवु म्हणालो प्रथ्वीरि सस्य जाव्वो म्होणु. प्रथ्वीरि भऽरि सस्य जाल्लें. चारीचे दिवसु देवु म्हणालो माळ्यारि सूर्यु आनि चंद्रु जाव्वो म्होणु. आनि सूर्यु आनि चंद्रु जाल्लींति. दीसु, वर्स, लेक कोरूक साध्य केल्लें. पांचाचे दिवसु देवु म्हणालों पृथ्वि पशु पक्शि सृष्टि कोरो म्होणु. कडेरि देवु म्हणालो आम्मि

मनुष्याक आम्गेलेचि आकारारि कोर्यां म्होणु. देवाले प्रतिबिंब जाव्नु मनुष्याक सृष्टि केल्लो. दार्ले आनि बाय्लें व्यक्तींक केल्लें. देवु म्हणालो तुम्का आहाराक हाँवे प्रति एक नमून्याचे सस्य दिल्ला. सात्ताचे दिवसु देवु देवस्थानांतु वोच्चूनु विश्राम कर्ता.

6. जैन सिद्धांत: ही सृष्टि कोणे उत्पन्न केल्लि, केद्ना उत्पन्न केल्लि, कस्सल्याक उत्पन्न केल्लि, कशि उत्पन्न केल्लि इत्यादी प्रश्न्यांक जैन धर्मु लक्ष दीना. जैन धर्मांतु विंगड एकु देवु ना. अरिहंत आनि तीर्थंकर जाल्लेले जीवात्म परमात्म जाल्ल्यांति. प्रति एकु जीवु मुकारि परमात्मु जाव्चाक साध्य आस्स.

हे सृष्टीक आदि ना अंत्य ना. ही सृष्टी सदा काळ आश्शीलि. मुकारि सदा काळ अश्शींचि आस्ता. कोटिकट्ले जीवु सुर्वेलेक्कूनु हे सृष्टींतु आश्शीले हे सृष्टींतु जीवु आनि अजीवु म्होणु दोनि तराचे वस्तु आस्सति.

जीवान कर्म केल्लेले तशि ताक्का फळ मेळ्ता. सूख आनि दु:ख दोन्नीयि जीवात्मु भोग्ता. फळ भोग्चे कतिर जीवात्माक पुन: पुन: जन्मांक येव्का पड्ता. जीवान प्रयत्न कोर्नु कर्मांतु ताक्कूनु सोड्वानु घेव्का.

जीवात्माले उद्देश परमात्मु जाव्चें. जीवात्मान चांग काम कोर्नु पुण्य कमय कोर्का. सक्कड नमून्याचि आशा, लोभ आनि मोह सोणु दीव्का. तेद्ना ताक्का (जीवात्मांक) मुक्ति मेळ्नु तो अरिहंत अथवा तीर्थंकरु जात्ता. ते जीवात्माक निर्वाण मेळ्ता. जैन धर्माचे जनानि तीर्थंकरांक नमस्कारु कोर्का. तीर्थंकर मुक्ति पावीले परमात्मु जाल्लेले जीवात्मु. तान्नि परमात्माले वरीचि परमात्माले स्थानारि आस्सति.

जैन धर्मांतु देवु म्होणु विंगड ना जैन मंदिरांतु तीर्थंकरालि मूर्ति दोव्वोर्नु ताक्का पूजा कर्ताति.

बौध धर्मांचे सिद्धांत अश्शींचि आस्स. बौध मतांतु ही सृष्टि कश्शि, केद्ना, कस्सल्याक आनि कोणे केल्लि म्हळ्ळेलें मुख्य न्हंयि. देवु आस्स की ना म्होणु आम्का कोळचे अगत्य ना. प्रति एक जीवान बोधीसत्व जाव्का. बोधीसत्व जाव्वो तांयि जीवु पुनः पुनः जन्मांक येत्ता. हे सृष्टीक आदि आनि अंत्य ना. जीवात्माले ओट्टु संख्ये चऽड ऊणे जाय्ना. बोधीसत्व जात्तले जिव संपूर्ण सिद्धि पाविले जीव. तांगेलो आत्मु बुद्धाले आत्मांतु मेळ्नु वत्ता.

7. बहु दैव सिद्धांतः चीना देश्तु कंग फू टसे कंग (कन्फूशियस) धर्मांतु भूमि, अंतरिक्षु आनि मनुष्यु हे तीनि बऽग अनादि काळ धोर्नु आस्सति. ही सृष्टि कश्शि, केद्ना, कस्सल्याक आनि कोणे केल्लि म्हळ्ळेलें हे धर्माक मुख्य न्हंयि. अंतरिक्षांतु स्वर्गु आस्स. स्वर्गांतु आम्गेले पुण्य कोर्नु देव जाल्लेले पूर्वज वास कोर्नु आस्सति. स्वर्गांतु भऽरि देव जाल्लेले पूर्वज आस्सति. आम्का इष्त आश्शीले खंचेयि देवाक आम्मी ताग्गेलि मूर्ति कोर्नु पूजा कोर्येत. आम्मि चांग काम कोर्नु आम्गेले देवांक खूश कोर्का. वाय्ट काम केल्ल्यारि तो देवु कोप्ता आनि आम्का त्रास दित्ता. आम्गेले देवांक संतोषु जाल्ल्यारि तान्नि आम्का धन धान्य आरोग्य सक्कड दित्ताति. खंचेयि देवालि मूर्ति तयार कोर्नु पूजा केल्ल्यारि ते मूर्तीतु तो देवु येव्नु बस्ता. देवांक स्वर्गारि ताक्कूनु भूंय्चेरि येव्चाक आनि वापस स्वर्गारि वोच्चाक साध्य आस्स. देवांक फात्राचे रुक्काचे लोक्नडाचे इत्यादि मूर्तीतु येव्नु बैसूनु आम्गेले घरकडे राब्बूंक जात्ता. अथवा खंचेयि मनुष्याले, बाय्लमन्शाले, चेर्डाले, इत्यादि जनाले आंगारि येव्नु तांगेले शरीराचे मुखांतर आम्का उपदेशु आनि बुद्धिवादु दित्ताति. खंचेयि सामानांतु रिग्गूंनु तांका आम्गेले जीवनारि प्रभावु घालूंक जात्ता.

पुण्य संपादन कोर्नु देवु जाय्ना नात्तीले मनीषु कोण मर्ता की तो मनीषु मेल्ले माग्गीरि संपूर्ण नाश जात्ता. ताग्गेले मृत शरीर भूंयेतु मेळ्नु वत्ता.. हे धर्मांतु मेल्लेले मड्याक पूर्येत अथवा जोळोयेत. तांगेतांगेलि खूशि.

8. देवु आम्गेलो बाप्पूसुः क्रैस्त मतांतु देवु सक्कड मनुष्यालो बाप्पूसु. येसु देवालो पूतु. आम्मी सक्कड देवाले चेईवँ. सैतानु आम्का मोसु कर्ता आनि आम्मि पाप कोरूक तो प्रेरेपणे दित्ता. देवु स्वर्गाचो रायु. ताग्गेले राज्य स्वर्गाचे राज्य. मुकारि एक दिवसु भूंय्चेरि देवालें स्वर्गाचे राज्य स्थापने जात्ता. आम्गेले पापाचे परिणाम आम्मि भोग्गनातशिश कोरूक येसून शिलुबेचे वैरि संकट आनि पीडा आम्गेले कतिर भोग्लें. आम्मी सक्कड मनुष्य पापि जऽण. ही सृष्टि देवान सांगूनु जाल्लेलि. सात दीस भित्तरि देवान ही सृष्टि केल्लि. आम्मि सक्कड मेल्ले माग्गीरि आम्गेलें देहांतु निद्दोनु आस्तातिं. न्याय कोरूक न्यायेचो दिवसु जगत्त अंत्य जाल्लेले वेळारि देवु सक्कड मेल्लेले मनुष्यांक आप्पोनु तांका स्वर्गाक पेटैता अथवा नरकाक पेटैता.

9. तावो धर्मुः चीना देशांतु तावो धर्माचे जनांक तांगेलो रायूचि तांगेलो देवु. सृष्टि कोणऽयि केल्लेलि न्हंयि. सृष्टि अनादि आनि अनंत. मनीषु जन्मांक येत्ता. जीवन कर्ता आनि म्हांतारो जाव्नु मरण पाव्ता. मेल्ले माग्गीरि तो प्रकृतींतु विलीन जात्ता. मनुष्याक प्रकृतीचे रहस्य मनाक वच्चना. “यिन” म्हळयारि अंधकारु. महा सर्पु. “यांग” म्हळयारि उज्वाडु. वागु. यिन आनि यांग एक्काक एक विरोध. सक्कड विषयाक एक विरोध विषयु आस्स. सक्कड कडेन तावो भर्ला. सक्कडाक तावोचि कारण. मनीषु तावोंतु जन्मांक येत्ता आनि तावोंतु मरण पाव्ता.

10. ज़ोरोआस्ट्रियन (फार्सी) धर्मु: ज़रातुष्ट्रा नांवाचे धर्मगुरून फार्सी धर्मु स्थापने केल्लो. हे धर्माचो देवु आहु रा माज़्डा मांत्र वर्लेले देव सक्कड आहु रा माज़्डाकयि सान, बलहीन, अल्प ज्ञानि. आहु रा माज़्डा ताक्कूनु दोनि शक्ति उद्देताति. स्टेंटा मैन्यू चांगि शक्ति. अंगरा मैन्यू वाय्ट शक्ति. अंगरा मैन्यूक आहरिमन म्होणु नांव आस्स. आहु रा माज़्डालो संजातु आहरिमन शैतानु आहु रा माज़्डाले विरोध काम कर्ता.

मनुष्याले वाय्ट आलोचन, वाय्ट काम, वाय्ट उत्तर, सक्कड आहरिमनालेंचि प्रचोदनेरि जात्ता.

आहु रा माज़्डा स्वर्गारि भांग्राचे सिंहासनारि बैसूनु आस्स. भूंयि पवित्र जाल्लेले निम्ति फार्सी धर्मांतु मनुष्याले मरण जाल्ले नंतर मड्याक एक एत्तर जाग्यारि वर्तुलाकाराचे बांयि बांदूनु तांतु गरुड पक्शीनि कोंकूनु कोंकूनु खाव्चाक घाल्ताति. भूंय्चेरि उज्जांतु जळय्नांति अथवा मात्येंतु पूर्नांति. मऽडे अशुद्ध जाल्लेले निमित्त पवित्र भूंय्येक मड्याक पूर्नु अपवित्र कर्नांति. ज़ेंड अवेस्टा म्हळ्ळेले गाथाचे ग्रंथांतु ज़ोरोआस्ट्रियन मताचे सक्कड विवर दिल्लाँ.

आहु रा माज़्डा देवान प्रारंभांतु मनुष्याले जीवतत्व, स्वर्गु, नरकु, स्वर्गाचे आनि नरकाचे मध्य प्रदेश, भूंयि, आकाशु, सूर्यु, चंद्रु, नक्षत्र, आदी सृष्टि केल्लें. प्रति एक मनुष्याले शरीरांतु एक जीवतत्व आस्स. नरकांतु मित्रा नांवाचो देवु न्याय कर्तेलो देवु आस्स. मनुष्याले जीवतत्व मरणानंतर मस्त कडेन घूव्नु कडेरि मित्रा देवाले एद्राक येव्नु राब्ता. मित्राले तीर्पाचे प्रकार अधर्मी जीवतत्वाक नरकु आनि धार्मिक जीवतत्वाक स्वर्गु प्राप्त जात्ता.

11. जपानाचो प्राचीन धर्मु शिंतो धर्मु: शिंतो म्हळ्यारि दैविक मार्गु. शिंतो धर्मु बहुदैव धर्मु शिंतो धर्माचे देवांक "कामि" म्होणु नांव. आम्गेले पितृ लोकु तांगेले भूत प्रेत सक्कड कामि देव. सूर्यु, चंद्रु, वारे, पाव्सु, मिंचु, गुडगुडु इत्यादी सक्कड शिंतों देव. फूजी पर्वतु शिंतो धर्मांचो एकु होड्डु देवु. तऽळें, न्हंयि, जलपात, रान, गाद्दो, गुड्डे, इत्यादी तांगेलो देव. अंतरिक्ष देवु न्हंयि. कामि अंतरिक्षारि वास कोर्नु आस्सति. अंतरिक्षारि ताक्कूनु कामि सकल भूंय्चेरि येव्नु दैविक वस्तूंतु रिग्गूनु तांतुवास कोर्नु आस्ताति.. दैविक वस्तु कस्सलेंयि जात्ता. खड्ग, पेंट, मुंडास, पोशाक, बुड्कुळो, झाड, रूकु, फात्तोरु, बैरासु, अस्सलो खंचोयि वस्तु दैविक वस्तु जाव्चाक पूरो.. तांका मंदिरांतु दोव्वोर्नु पूजा कर्ताति. मार्गा बदीन दोव्वोर्नु पूजा कर्ताति. तांका काट्टे बांदूनु फूल माळोनु नमस्कारु कर्ताति. खंचोयि देवु मनुष्याले रूप धारण कर्ना. शिंतो मंदिरांतु मूर्ति नांति.

रायु देवालो दूतु म्होणु शिंतो जऽण नंब्गताति एक हज़ार वर्स फूडे बौध धर्मु जपानांतु प्रचार जाल्लो. बुद्धाक कामीलो मुख्यस्थु म्होणु ताक्का शिंतो धर्मांतु सेरिसूनु घेत्लो. बौध धर्मु आनि शिंतो धर्मु मेळ्नु एकु नवो धर्मु "शिन बुत्सु शिगों" नांवाचो धर्मु अस्तित्वाक आय्लो. दोन्नीचे जागतिक युद्धांतु जपान सल्वऽलें. युद्ध जाल्ले माग्गीरि जपानाचे राय्यान आप्पण देवालो दूतु न्हंयि म्होणु वक्तव्य दिल्लें. तेद्‌ना धार्मिक स्वातंत्र्य मेळ्ळें. बुद्धालि प्रतिमा दोव्वोर्नु पूजा कोर्चो अभ्यासु सूरु जाल्लो. शिंतो धर्मांतु पाप पुण्य लेक्काक घेनांति. व्हलें (सूतक) नंब्गताति. अस्पर्शते ना.

आत्तँचो वैज्ञानिक विचारु

आम्गेलि ही भूंयी एकु चेंडु म्होणु भारताचे ज्योतिष्यांतु धाःपंद्र हज़ार वर्स फूडेचि सांग्लाँ. विंगड पाश्चात्य देशांतु आश्शीले जऽण क्रि. श. पंद्राचे (1400) शताब्धींतु वरेक ही भूंयि समुद्राचे मध्येंतु आस्सूचे पोळ्याचे अकाराचें एक वठार म्होणु नंब्गताति आश्शीलींति.

आत्तं क्रि. श. एक्वीसाचे शतमानांतु वैज्ञानिक विचाराचे प्रकार ही भूंयि आन्नेक ग्रहाचो उस्सोळ्नु गेल्लोलो कुड्को म्होणु अंदाज़ो कर्ताति. सूर्यालो कुड्को आस्सूका म्होणु सल्प विज्ञानी लेक्ताति.

उस्सोळ्नु गेल्लोलो कुडको भूंयि जाल्लि. तो कुड्को सूर्याचे अयस्कांत शक्तींतु पोणु कित्ले दूर जात्ता की तित्ले दूर गेल्लि आनि सूर्याक सुत्तु काड्डूंक लाग्लि ते नंता आप्प्ण्याले स्वंता कक्षेंतु घुंव्चाक लाग्ली.

सुर्वेक सूर्याले वरीचि ही भूंयि एकि उज्जाचो उंडो जाव्नु आश्शीलि. कोटि कट्ले वर्स नंतर हळु हळू भाय्ल्यान नीव्नु कडेरि आत्तँ हे उंड्याचे अग्दि केंद्रांतु मांत्र जोळचे इंगळयाचो उज्जो जाव्नु आस्स म्होणु सांग्ताति. भूंयि प्रकाशमान ना. एकेक कडेन भूंय्चे केंद्राचो उज्जो ज्वालामुखी जाव्नु भाय्र येव्चे आम्का दिस्ता. समऽचि थंड जाल्ले माग्गीरि हे भूंय्चेरि उद्दाक उत्पन्न जाल्लें. उद्दाक आट्टून्नु आकाशारि मोड तयार जाल्लींति. वारे येव्नु मोड आकाशारि भूंय्चे विंगविंगड कडेन वोच्चूनु पाव्सु रोकोचाक सूरु केल्लें. नेल, जल, वायु, आकाश आनि अग्नि (उज्जो) आदी पांच वस्तु आस्स जाल्लींति. हे पांच वस्तु पंचभूत म्होणु सांग्ताति.

भूंयि सूर्याले सुत्तु एक पटि आय्ल्यारि एक वर्स समय गेल्ले म्हणतातित. भूंयि आप्प्याले कक्षेंतु एक पटि घूंव्ल्यारि बारा घंटे दीसु आनि बारा घंटे राति कळवता म्होणु जनांनि लेक घाल्लें. सूर्याले शेक्याक, आकाशाचे मोडाक, पाव्साचे उद्काक, आदीक भूंय्ची गऽतिक चक्रवात वारे, मिंचु, गुडगुडु इत्यादि उत्पन्न जाल्लींति.

सूर्याले दिक्कान आश्शीले भूभागांतु उष्ण चऽड आनि पेल्ले कडेचे भूभागांतु थंडि चऽडि जाल्लि. थंड आश्शीले कडेन उद्दाक घट्टि जाव्नु हीम जाल्लें. उष्ण शेंबरि डिग्रिकयि चऽड जाल्ल्यारि उद्दाक आवि जात्लें.

वार्यांतु आनि भूंय्चेरि विंगविंगड रासायनिक उत्पन्न जाल्लींति. मीट, साक्कर, सिध (सोडियं), पालाश (पोटाशियं), चुन्नो, इत्यादि धातु उत्पन्न जाल्लींति. वार्यांतु आम्लजनक, अंगाराम्ल, हीलियं, इत्यादि क्षार आनि आंब्साण अपान उत्पन्न जाल्लींति. तांबडो, नीळ, पाच्वो, जांबळि, अतिनीळ, नीळ, पाच्वो, हळदुवो, सोन्नारिंगाचो बण्णु, तांबडो बण्णु उत्पन्न जाल्लींति. मिट्टा उद्काचो समुद्रु आनि चेप्पे उद्काचे तऽळे, न्हंयि आस्सजाल्लींति. उद्काचे भाग विंगड आनि सुक्के विंगड स्थऽळ आस्स जाल्लींति. उद्काचे आनि सुक्के स्थळ मिलन जाव्चे कडेन आम्लजनक, साक्कर, सूर्याचो शेंको लाग्गूनु पाच्वे बण्णाचे पामाजि मांड्रक लाग्लि. पामाजिचे ओट्ट्रचि फुरंगो आय्ले नंतर विविध जंतु आस्स जाल्लींति.

भूंय्चेरि जीवु

एक कणाचो जीवु सुर्वेक आस्स जाल्लो. ते कणांतु ताक्कूनु एकु सानु कुडको मेक्कोळ्ळनु विंगड जाल्लो. तो सानु कुडको होडु जाव्नु

5677

दोन्नीचो जीवु जाल्लो. दोनि आश्शीले चारि जाल्लेति. चारि आश्शीले आठ जाल्लींति. आठ आश्शीलिँ सोळा जाल्लींति. अशि विविध गूण स्वभाव आश्शीले एक कणाचे जंतु आस्स जाल्लींति. कोटि कट्ले वर्स सर्लींति. सक्कड प्राणि एक्कांतु ताक्कूनु आन्नेक विधाक हळु हळू आविश्कारु जाव्नु रूपांतर जाल्लींति.

गांय्डोळु आविष्कार जाव्नु गोंटार्लि जाल्लि. गोटार्लि आविष्कार जाव्नु जर्लो जाल्लो. इत्यादि बहु कणाचे जीवजंतु आविष्कार जाव्नु नवे नवे प्राणी आस्स जाल्लींति.

समुद्रांतु झळ्के दिस्लें. भूंय्चेरि सरपु, सोसो, मांकड, इत्यादि दोन्शि तिन्शि वर्स आविष्कार जाव्नु चित्र विचित्र प्राणि आस्स जाल्लीति. सूणे, गायि, म्हऽशि, माज्जर, घोडो, गाड्डव, करें, ऊंट, वागु, सींवु, हस्ति, इत्यादि आविष्कृत जाव्नु भूंय्चेरि आस्स जाल्लींति. आकाशारि उब्चे पक्श्यो आस्स जाल्लींति. गुर्बेजि, पार्वो, कीरु, मैना, काय्ळो, गरुड पक्शि, इत्यादि आविष्कार जाल्लींति.

Konkani Language & Cultural Foundation (R.) Mangaluru

मांकड मनीषु जाल्लो

कोटि कट्ले वर्स जात्तना मांकड आविष्कृत जाव्नु चिंपांझी जाल्ले. चिंपांझी आविश्कार जाव्नु प्रथम मानवु जाल्लो म्होणु सल्प विज्ञानी नंब्गताति. मनुष्याले आविष्कारु जाव्नु आनि एक कोटि वर्स जाल्ले माग्गीरि आत्तंचो मनीषु आस्स जाल्लो.

अशि आविष्कार जात्तना सक्कड प्राणी आविष्कार जाय्नींति. एक कणाचि आनि बहु कणाचि जीवजंतु धर्नु होड होड पक्शि प्राणी सक्कड आत्तंयि भूंय्चेरि आस्सति. आत्तंयि समुद्रांतु आनि न्हंय्तु झळ्के आस्स. भूंय्चेरि सूणे, गायि, वागु, हस्ति,

इत्यादि आनि आकाशारि काय्ळो, कीरु, इत्यादि सक्कड नमून्याचि प्राणी आस्सति. थोडे जातीचे जीवजंतु नाश जाल्ल्यांति. दिनोसोर नांवाचि प्राणि एक उदाहरणे. थोडे वर्गाचे झळ्के, पक्शि, प्राणी आत्तँ दिस्सनांति. बहु पालु जीवु अस्तंगत जाय्नींति.

दृष्टपुष्ट पक्शि आनि प्राणि वांचूनु वर्लींति. प्रकृतीक होंदूनु वोच्चाक जाय्ना नात्तीलो जीवु जंतु नाश जाल्लो. आरोग्यवंत जीव जंतु वांचूनु वर्लींति.

हो आविष्काराचो सिद्धांतु सम म्होणु दिस्सना. हे सिद्धांताचे प्रकार सक्कड जीवजंतु, पक्शि, प्राणी, आविष्कारु जात्ता जात्ता मनीषु जाव्का आश्शीले. प्रति एक एक कणाचे क्रिमिकीट मनीषु जाव्वो वरेक आविष्कार जाव्नु मनीषु जाव्का आश्शीले. इत्ले कोटि वर्स गेल्लेमाग्गीरि एक कणाचे आनि इतर पक्शि प्राणी फुळ्ळेचि अनाविष्कृत स्थितींतु वोरूक नज्ज आश्शीले.

सक्कड जीवजंतु, क्रिमिकीट, पक्शि, प्राणी, मनीषु सृष्टीचे प्रारंभांतूंचि ओट्टूचि आस्स जाल्लींति म्होणु दिस्ता थोडो आविष्कारु जातीचे भित्तरीचि जाव्नु आस्सूंक पूरो. जाल्ल्यारि मांकड आविष्कार जाव्नु मनीषु जाल्लो म्हळ्ळेले सत्य म्होणु दिस्सना. सृष्टि जाय्तधोर्नु मनीषु मनीषु जाव्नूंचि आस्स जाल्लो म्होणु दिस्ता.

सस्याचो आविष्कारु

पामाजि ताक्कूनु तऽण उद्देलें. तणांतु ताक्कूनु झाड़ उठायिलें झाड्डाक फूल आय्लें. फुल्लांतु फऽळ जाल्ले. फळांतु बी जाल्लि. बी किर्लूनु सान झाड जाल्लें. मनुष्यान शेतकरी केल्लि. तोट केल्लें. बेळें केल्लें. धवस धान्य उत्पन्न केल्लें. सस्यलोकाचो

संपूर्ण उपयोगु कोर्नु घेत्लो. मनीषु सुर्वेक सस्याहारि जाव्नु आश्शीलो. जनसंख्ये चऽड जाल्लेलेतश्शींचि आहाराचो अभावु जाल्लो. तेद्दना मनुष्यान केलवु झळक्यांक धोर्नु खाव्चाक सूरु केल्लें. नंतर जनसंख्ये विपरीत चऽड जाल्ले माग्गीरि प्राणीक संहार कोर्नु तांचे मांस खाव्चाक सूरु केल्लें.

मरण - आधुनिक विचारु

ईसवी 2017 हांतु वैज्ञानिक आनि तांत्रिक प्रगति जाल्ले माग्गीरि वैद्यकीय प्रगति मस्त जाल्ल्या. आव्सूलो जीवु चेर्डाले शरीरांतु य़ेत्ता. शरीर मर्तना जीवु नाश जात्ता. आत्मु मरण जाल्ले माग्गीरि उब्बूनु आन्नेक शरीरांतु वत्ता म्हळ्ळेले विचारु वैज्ञानिक न्हंयि. आत्मु म्होणु विंगड ना. एक्क जीवांतु ताक्कूनु मांत्र आन्नेकु जीवु शरीरांतु येत्ता. भूत प्रेत बरी भ्रऽमे. मनांतु येव्चें येच्चना. वास्तविक न्हंयि. मरण पाव्ले माग्गीरि मनीषु शरीर समेत आत्मु समेत संपूर्ण ना जात्ता. वांचूनु वर्लेले संबंधिकांक मेल्लेले मनुष्यालो उड्गासु जात्ता. सोप्पन पड्ता. येच्चना जात्ता. हें सक्कड मनांतुलि उपलब्धि. मनांतुलि परिकल्पने. विंड्गनु विंड्गनु होडि जाव्चि काल्पनिक काणि.

वैदिक प्रकार

ऋग्वेदांतु सांगीले प्रकार सृष्टि, स्थिति, लय, हें तीनि एक्काचे माक्शि एक जात्तऽ आस्ताति. प्रळय जाव्नु लय जात्ता. प्रळय जाल्लेले वेळारि तीनि बऽग मांत्र आस्ताति. एक शाश्वत कारण वस्तु, एकु परमात्मु आनि कोटि कोटि जीवात्मु. परमात्मान कारण वस्तूक मार्नु, धाडानु, वोत्वूनु, चिड्डनु, पीळ्नु सूर्यु चंद्रु, ग्रह,

नक्षत्र, वारे, अंतरिक्ष, समुद्र, भूंयि, इत्यादि कोर्नु जीवजंतुले, झळक्याचे, पक्शीचे, प्राणीचे, मनुष्याले शरिर इत्यादि रचने कोर्नु प्रकृति तयार केल्लि. जीवात्म सक्कड तांका इष्ट जाल्लेले शरीरांतु रिग्गूनु बस्लींति. इत्ले जात्तना प्रकृति तयार जाव्नु स्थिति सूरु जात्ता. स्थितीचो काळु मुग्दले माग्गीरि वापस प्रळय जाव्नु सक्कड लय जात्ता.

सृष्टि, स्थिति आनि लय जाल्लेले वेळारि परमात्माक कस्सलेंयि व्यत्यासु जाय्ना. कारण वस्तु प्रकृतींतु मार्पाट्टु जात्ता जीवास्माक मांत्र खंचे शरीरांतु वोच्चूनु जन्मांक येव्का म्होणु कऽळ्ना. फुळ्ळे सृष्टींतु जीवात्मु लिप्तु जाव्नु आस्ता. लय जाव्चे वेळारि अनेक जीवात्मांक निर्लिप्त जाव्चे साध्य जाय्नि म्होणु लेक्कूयेत. लिप्त जाव्नु आश्शीले जीवात्मांक तांगेले पाप पुण्य तांगेले ओट्टु लयाचे वेळारि समेत येत्ता.

कष्ट आनि सूख मनुष्याक मांत्र येव्चे. विंगड जीव जंतूंक पक्शि प्राणींक कष्ट सूख येना. तांका स्वाभाविक जीवनचक्र मेळ्ता. मनुष्याक नैमित्तिक जीवनचक्र मेळ्ता. मनुष्याक मांत्र मुक्ति मेळ्चे. मनुष्याक मांत्र परमात्मु ज्ञान प्रदान कर्ता. कोटि कोटि जीवात्माले पैकि मनुष्याले शरीरांतु रिग्तले जीवात्म विशेष जीवात्म म्होणु लेक्कूका.

अध्यायु 3

मनुष्यांक धर्मु जायिवे?

मनुष्याक देवु जायि. देवाले ओट्ट्रूचि धर्मूयि जायि. धर्मु आस्स जाल्ल्यारि देवु आस्स. धर्मु ना जाल्ल्यारि देवु ना. देवु मनुष्याक मांत्र जाव्का. प्राणींक देवु नाक्का. देवु आस्स म्हणतल्याक धर्मु आस्स. नास्तिक मनुष्याक देवु ना. सरकारी दाखलेचे कतिर नास्तिक हिंदून आप्ण्यालो धर्मु हिंदू धर्मु म्होणु सांगूयेत हिंदू नास्तिकाले मनांतु देवु ना जाल्ल्यारि धर्मु आस्स दाखलेंतु धर्मु आस्स. ही परिस्थिति आत्तंचे काळांतु हिंदू जनांक साध्य आस्स.

सामान्य जाव्नु प्रतिएक मनुष्याक एकु देवु आनि एकु धर्मु आस्स. सरकाराक दाखलेंतु बोरोचाक मांत्र आस्स न्हंयि. समाजाचे व्यवहारांतु आम्मि मेळ्का जाल्ल्यारि आम्का एक गुर्तु जाव्का. आम्गेले संबंधिकाले ओट्टु संपर्क दोव्वोरूंक आम्मी आम्गेलि जाति, धर्मु, भास, वृत्ति, इत्यादि अनुकूल कोर्नु घेव्का

ईह आनि पऽर

धर्माचे विषयांतु तर्क कर्तना मानव धर्मु विचारांतु येत्ता मानवान ईहांतु धर्मु पालन केल्ल्यारि ताक्का परांतु मोक्शु मेळ्ता म्हण्तातित ईह म्हळ्यारि आम्गेले दोळ्याक दिश्चें विश्व. पऽर म्हळ्यारि कस्सलें म्होणु सांग्चे कष्ट. इहलोक आनि परलोक म्होणु मनुष्याले अस्तित्वाक दोनि वांटो केल्ल्यांति.

इहलोक प्रापंचिक लोकु. भौतिक लोकु. परलोक मेल्लेमाग्गीरि मेळ्चो लोकु.

इहलोकांतु मनुष्यान जीवन कोरूंक ताक्का धर्मु जाव्का. धर्मु एकु जीवन मार्गु. आम्गेलो धर्मु आम्का जीवन कोरूंक मार्गु दाक्कैता. हे जीवनमार्गांतु आम्मि भौतिक साधना आनि कर्म कोर्नु आहार, पानीय, वस्त्र, कुटुंब, बायल, बाम्मूणु, चेर्डुंव, एक घऽर, शेत, तोंट, आंगडि, इस्कूल, आस्पत्रि, मार्गु, मार्केट, सरकार, वाहन, इत्यादि अनेक सवलत्तु प्राप्त कोर्नु घेव्येत. आम्गेले प्रतिएक कार्याक एकु धार्मिक मार्गु आस्स.

आम्गेले जीवन शाश्वत न्हंयि. एकु दिवसु प्रति एकु व्यक्ति मर्ता. जीवन म्हळ्यारि जन्मु धोर्नु मोरोतांयि वांचूनु वोर्चे समृद्ध जीवन संपूर्ण जीवन. बाल्यांतु मरण आय्ल्यारि जीवन अपूर्ण जात्ता. व्हार्डीक जाल्लेल्याक समृद्ध जीवन कोरूंक अवकाशु मेळ्ता. व्हार्डीक जाय्ना नात्तील्याक जीवन अपूर्ण जात्ता. ब्रह्मचारि जाव्नु अथवा सन्यासि जाव्नु काळ्ळेलें जीवन समृद्ध जीवन जाय्ना. सन्यासि जाव्नु मठाधिपति इत्यादि जाव्नु काळ्ळेलें जीवन महापुरुषालें जीवन. व्हार्डीक जाव्नु ग्रहस्थु जाव्नु नंतर सन्यासि जाल्ल्यारि समृद्ध जीवन जाव्चाक पूरो.

व्हार्डीक जाव्चे फूडे मरण पाव्ल्लारि जीवन प्रारंभ कऽर्नि म्होणु जात्ता. प्रारंभ कोर्चे फूडेचि मेल्लो म्होणु जात्ता. व्यक्तीक व्हार्डीक जाव्नु चेर्डुंव जाव्नु नंतर मेल्लो म्होणु जाल्ल्यारि ताक्का अथवा तिक्का जीवन कोरूंक अवकाशु मेळ्ळा म्होणु अर्थु. जीवनांचो अवकाशु मेळ्ळोलो मनीषु सार्थक जात्ता.

जीवन कोरूंक अवकाशु मेळ्ळेले व्यक्तीन धार्मिक मार्गारि चोल्नु जीवनांक जायि जाल्लेले समस्त सुविधा प्राप्त कोर्का.

समृद्ध जीवन मुग्दूनु तो व्यक्ति मेल्लो म्होणु जाल्ल्यारि तो परलोकांतु मोक्श पाव्ता.

पूर्ण जीवन म्हळ्यारि व्हार्डिक जाव्नु चेईंव जाव्नु चेईवालि व्हार्डिक जाव्नु तांका चेईंव जाल्लेले व्यक्तीलें जीवन. अस्सले जीवनांतु कोण धार्मिक मार्गारि चल्त की ताक्का परलोकांतु मोक्शु मेळ्ता.

परलोकु आस्सवे?

आत्तंचे वैज्ञानिक माहितीचे प्रकार वास्तविक परलोकु ना. आम्गेले मेंदूंतु आश्शीले चित्त आनि मऽन आलोचन विस्तृत कोर्नु परलोकाचे चित्रण कर्ताति. आम्गेले परिसरांतु एकि शक्ति आम्गेले सुत्तु घूंव्ता भूंय्चि, सूर्याचि, विविध दूर दूर अंतरिक्षारि आस्सूचे ग्रहांचि, प्रभावु ही शक्ति. प्रपंच हे शक्तीन चल्ता. हे शक्तीचो प्रभावु आम्गेले वैरि पडता.

अंतरिक्षारि उत्पन्न जाव्चे अयस्कांतीय विद्युत्चक्ति (इलेक्ट्रोमेग्नेटिक वेव्स) आम्गेले शरीराचे सुत्तु वृत्ताकारारि घूंव्तऽ आस्सति. हे शक्तीचे प्रभावारि आम्गेले चित्त आनि मऽन दोळ्याक दिस्सनात्तीले, कान्नाक आय्कनात्तीले, आप्पोइंक हात्थाक लाग्गनात्तीले, नांकाक हुगूंक मेळ्नानात्तीले संगतींक चित्रण कर्ताति. एक भ्रामक लोकु (वर्चुवल वऽर्लड) सृष्टि कर्ताति. तोचि आम्गेलो परलोकु.

ते परलोकांतु आम्मि मनांतु आय्यीलें संगति चित्रण कोर्येत. आम्का विचारु आय्यीलेतश्शि आम्मि आम्गेले परलोकांतु बिंब बांदूयेत. आम्गेले हे भ्रामक लोकांतु आम्मि देवाक सृष्टि केल्ल्या. चांग आनि वाय्ट, सऽम आनि चूकि, पाप आनि पुण्य,

आत्मु आनि परमात्मु, स्वर्गु आनि नरकु, शुद्ध आनि अशुद्ध, इत्यादि पारमार्थिक विषयांक हे मनांतु बांदीलेले परलोकांतु रूपित केल्ल्यांति. सक्कड पारामार्थिक आलोचन हे भ्रामिक लोकांतु उत्पन्न जात्ता. भ्रामिक लोकांतु आम्गेलो धर्मु आम्मि सृष्टि केल्ला.

हे भ्रामिक परलोकाक विद्वांसानि सत्य म्होणु प्रमाणित केल्लाँ. प्राचीन शास्त्रांतु स्वर्गु परलोकांतु आस्स म्होणु प्रतिपादन केल्लाँ. धर्मांचे मार्गारि चल्तल्यांक मुक्ति आनि मोक्शु प्राप्त जात्ता म्हळ्ळाँ. सल्प विद्वांसानि भूंय्चेरि आस्सूचे पर्वताक नदीक, प्राणीक, इत्यादींक पारमार्थिक वैशिष्ट्य दीव्नु परलोकांतु विशेष स्थान दिल्लाँ. भूंय्चेरि मनुष्यानि बरयिलें थोडे शास्त्र देवानंऽचि विद्वांसाले कान्नांतु सांगीलें अथवा सोप्नांतु येव्नु सांगीलें फट्टि न्हंयि बद्दऽचि म्होणु आण घाल्नु सांग्लाँ. हाक्का कारण आम्गेलें चित्त आनि मऽन. मनांतु कल्पने केल्लेले सत्य म्होणु नंब्गूचाक भ्रामक मंथन कारण.

आम्गेले जीवन आम्गेलें मनांतु रूपधारण कर्ता. आम्गेलि बुद्धि, ज्ञान, विवेक, इत्यादि मनांतु येव्चे आलोचनेक मूळांतु ताक्कूनु रचने कर्ता. दोळ्याक दिस्सनात्तीले आलोचनेंतु आस्सकोर्नु फात्राचे वैरि फात्तोरु दोव्वोर्नु हळु हळु बांदीता. आम्गेलि विस्तृत आलोचन आम्गेले परलोकाक स्वरूप दित्ता. आम्गेलो जीवनानुभवु आम्गेले परलोकाक सत्य म्होणु पुष्टि दित्ता.

इहलोकु दोळेद्राक दिस्ता. परलोकु आम्गेले मनांक दिस्ता. परलोकाचि आलोचन कोर्नु चूकि केल्लोलो मनीषु भित्ता. धर्मारि चल्तलो मनीषु संतोषु पाव्ता.. आम्गेले पुण्यकर्मानि आम्का मोक्ष मेळता म्होणु चित्रण कर्तातिं. पाप केल्ल्यारि वोच्चो जागो नरकु

म्होणु निश्चय कर्तातिं. शास्त्रांतु वाज्जीलें नरकाचे चित्रण मनांचे दोळ्यानि पोळोनु बद्द म्होणु लेक्कूनु पाप कोरूंक माक्शेताति..

मनुष्याक धर्मु जायि. स्नेह जायि. संगाति जायि. संबंधीक जायि. मित्र जायि. बाय्ल चेर्डूव जायि. हे सक्कड सुर्वेक आम्गेले मनांतु आम्का जाव्का म्होणु निश्चय कर्ताति. हे सक्कड मेळोचे कतिर प्रयत्न कर्ताति. चांग गुणस्वभाव संपादन कर्ताति. उत्तम शिक्शण प्राप्त कर्ताति. दुड्डु वरैताति. मनस्पूर्वक घोळ्ताति. चांग वर्तऽने आनि व्यवहारु कर्ताति. दगलबाज़ि, मोसु, चोरणिका, कपट, हिंसे, खूनि, इत्यादि कर्ना नात्तीले आम्मि समृद्ध जीवन आस्स कर्ताति.

आम्गेलि प्रीति, मोगु, विश्वासु, अनुकंप, दयाभाव, भक्तिभाव, रागु, द्वेशु, जाळ, हंकारु, इत्यादि आम्गेले मनांतु उद्भव जाव्चो परलोकु. आम्गेले परलोकाक आम्मि स्वच्छ आनि व्यवस्थित दव्वल्यारि आम्गेलो इहलोकु अनुकूलकर जात्ता. आम्गेले जीवन इहलोकांतु सफल जाल्ल्यारि आम्गेलो पारमार्थिक परलोकु सुखदायक जात्ता.

मरणानंतर जीवु खंयि वत्ता?

मरण पाव्ले माग्गीरि मनुष्यालें शरीर निष्क्रिय जात्ता. हृदय राब्ता. मेंदु स्तब्ध जात्ता. नाडि हात्थाक लाग्गना. शरीरांतु जीवु ना म्होणु डाक्ट्रु सांग्ता. जीवु गेल्लो म्हण्ता.

आंग मिनुट मिनुटाक थंड जात्तऽ वत्ता.. कडेरि सग्ळें आँग थंड जात्ता. हातु पायु हळु हळु राक्कूड जात्ताति.. चारि पांच घंटे नंतर राक्कूड जाल्लेले देह हळु हळु मोवु जाव्चाक लाग्ता. सग्ळे

देह सुक्ता आनि तोँड निव्वळ्ता. चोवीस घंटे जात्तना मड्याक घाणि येव्चाक सूरु जात्ता. मऽडे कुस्सूंक सूरु जात्ता

जीवु खँयि गेल्लो? जीवाचो उज्जो नीव्नु गेल्लो.

जीवु आंगांतु कशिश आय्लो?

गाबु बस्तना चेर्डाले आंगांतु जीवु येत्ता. आव्सूले गर्भकोशांतु अंडो आकृत जात्ता. अंड्यांतु वीर्याणु रिग्गूनु अंडो दोनि चारि, आठ, सोळा, अशिश विभजने जाव्नु अंकुरबीज जात्ता. एक चेर्डाक जन्माक हाड्ंक जाव्का जाल्लोलो जीवु आनि गुणस्वभावु अंकुरबीजांतु आस्स.

अंकुरबीजांतु आय्यीलो जीवु आव्सूलो जीवु. अंड्यांतु आनि वीर्याणूंतु ताक्कूनु जीवु आनि गुणस्वभावु अंकुरबीजांतु स्थापने जात्ता.. अंकुरबीजांतु आय्यीले गूण आनि भाव आव्सूले आनि बाप्सूले दोग्गालेयि..

अर्ध गुणस्वभावु आव्सूलो आनि अर्ध बाप्सूलो गुणस्वभावु येत्ता. आव्सूले मातापितालो गुणस्वभावु आनि बाप्सूले मातापितालो गुणस्वभावु समेत अंकुरबीजांतु गर्भधारण जात्तऽनांचि स्थापन जात्ता. हे अकुरबीजांतु ताक्कूनु जाव्चे चेर्इु ताज्जे आव्सूले आनि बाप्सूले वंशाचे प्रतीक जात्ता. ते चेर्डालें रूपरेखे, आंगाचो बण्णु, दोळ्याचो बण्णु, केसाचो नमूनो, नांक, कान, तोंड, तोंडाचि चंदायि, इत्यादि आव्सुले आनि बाप्सूले आनि तांगेले पूर्वजाले वरीचि आकृत जात्ताति. आव्सुले आरोग्य सम आस्ल्यारि अंकुरबीजाचें तथा चेर्डालें आरोग्य सम आस्ता.

आव्सु मेल्लि जाल्ल्यारि अंकुरबीजाकयि मरण येत्ता. आव्सूलो जीवु अंकुरबीजांतु येव्नु बस्लेमाग्गीरि अंकुरबीज भ्रूण जात्ता.

हे भ्रूणांतु जीवु आव्सूलो जाल्ल्यारि भ्रूणाचे शरीरांतु आव्सूले आनि बाप्सूले दोग्गालेंयि वांटो आस्स. कोणालो कित्लो वांटो भ्रूणांतु येत्ता म्होणु सांगूक जाय्ना. आव्सूले शारीरिक गूण बाप्सूले शारीरिक गुणांकयि चऽड तेजोमय जाल्ल्यारि चेर्डाले शरीरांतु आव्सूले गूण उद्देनु दिस्ताति.. चेर्डालो तेजस्सु आव्सु बाप्सूलो तेजस्सारि होंदूनु आस्स. दोग्गालेयि मेळ्नु चेर्डालें शरीराचो आकारु, प्रकारु, गुण स्वभाव, इत्यादि विंगऽड नवेंचि व्यक्तित्वाचे जात्ता.

जीवु म्हळ्यारि एक गूणु, एकि शक्ति. चेर्डाले आंगातु हो गूणु आनि ही शक्ति स्थापन जात्ता.. मरणांतु हो गूणु आनि ही शक्ति दोन्नीयि वाड्वता. नीव्नु वत्ता. अदृश्य जात्ता.

धर्मु चित्तांतु स्थापने जात्ता

चेर्डाले शरीरांतु मेंदूतु चित्त (कान्शन्स) आस्स. चित्तांतु स्वाभाविक ज्ञान आस्स. गर्भकोश्तु चेर्डान हाथु पायु हाल्लोचे स्वाभाविक क्रिया. चेर्डान जन्मांक आय्ले कूड्ले रोड्चें स्वाभाविक गूणु. चिव्वेंक चेर्डाले तोंडालाग्गि धर्ले कूड्ले चेर्डु दूध चिंव्चे एक स्वाभाविक ज्ञानांचें परिणाम. भूक लाग्ल्यारि रोड्चे आनि चींवेचे दूध पॉटभरि पिल्ले माग्गीरि चिंव्चे राब्बोचे स्वाभाविक ज्ञान. चेर्डु वाड्डीले तश्शींचि विवेक आनि बुद्धि वाढ़ताति. विवेक आनि बुद्धि नैमित्तिक ज्ञान.

आम्गेलो मेंदु एक जैविक गणकयंत्र (कंप्यूटर). आम्गेलो जीवु हे गणकयंत्राक विद्युत्छक्ति प्रदान कर्ता. उड्गासु गणकयंत्रांतु शेखर जात्ता. आम्गेले पंच ज्ञानेंद्रिय आम्गेले मेंदूक भाय्ले जगत्ताचे ओट्टु संपर्क साधन (कनेक्टिविटि) जाव्नु आस्स.

आनि आम्गेले पंच कर्मेंद्रिय मेंदूक आप्प्याले काम कोरूंक सौलभ्य कोर्नु दित्ता. चित्ताक जागृत, स्वप्न आनि सुषुप्ति म्होणु तीनि स्थीति आस्सति. सुषुप्तींतु चित्ताक विश्राम मेळ्ता. चेर्डान प्रायेन होड जाल्लेले तश्शींचि चित्तांतु भास, गुर्तु, आशा, भय्यँ, ममता, संशयु, विश्वासु, इत्यादि स्वाभाविक ज्ञान वृद्धि जात्ताति.

चेर्डालि प्राय दोनि तीनि वर्स जाल्ले माग्गीरि घरकडे आश्शीले जनानि उल्लयिले आय्कूनु तांगेलि भास उल्लोचाक चेर्डु शिक्ता. तीनि चारि वर्स प्रायेरि वाक्य कोर्नु उल्लोचाक येत्ता. माग्गीरि स्कूलाक वोच्चूनु थंयि बोरोचाक शिक्कूका जात्ता

चेर्डालो खाणांचो अभ्यासु घराचे जनाले खाणाचे अभ्यासाचे वरीचि आस्ता. आव्सून दिल्लेले खाण चेर्डालें इष्टाचे खाण जात्ता. घरांतु झळ्क्याचि रांदयि कर्तीति जाल्ल्यारि चेर्डाक झळ्क्याचि रूचि लाग्ता. क्रिश्चन कुटुंबांतु चेर्डूंवँ डुक्राचे मास खात्ताति. मुस्लिम कुटुंबांतु चेर्डूंवँ गाय्चे मास खात्ताति हिंदू ब्राह्मणाले घरकडे दूध, धंय, तूप आनि शीत, चपाति, दाळितोय, धान्य, इत्यादि खाण खात्ताति. जेवणाचि रूचि आनि इच्छा आम्गेले चित्तांतु स्थापन जात्ता.

साताठ वर्स जाल्ले माग्गीरि चेर्डाक आप्प्याले जाति, धर्मु, देवु, देवस्थान, भट्टमामु, सत्य, असत्य, चांग, वाय्ट, इत्यादीचे नैमित्तिक ज्ञान चित्तांतु येत्ता. चेर्डालि प्राय तेराचौदा वर्स जात्तना ताग्गेले चित्तांतु परलोकाचि परिकल्पने निर्माण जात्ता. देवु, देवि, पाप पुण्य, स्वर्गु नरकु, इत्यादि पारमार्थिक आलोचन चेर्डाले चित्ताचे गुंडींतु येव्नु मुक्कामु घाल्ताति.

उत्तमालें संग

चेईवँ चारि पांच वर्सारीचि तांगेले संगातीले गुणस्वभावानि प्रभावित जात्ताति. मनुष्यान वाय्ट गूणु जोळ्नु घेव्चे सान प्रायेरीचि. दोस्ताले गुणस्वभावु वाय्ट जाल्ल्यारि चेईवालि बुद्धि वाय्ट जाव्चाक सूरु जात्ता. हे प्रायेरि वाय्ट बुद्धि आय्लि म्होणु जाल्ल्यारि ते चेड्डु मुकारि वाय्ट्टु मनीषु जात्ता. मध्येंतु खंचेयि एक परिस्थितींतु ताणे चांगु मनीषु जाव्चहाक नज्ज म्होणु ना जाल्ल्यारि चोऽर फटिंग चेईवालि दोस्ति कोर्नु चेईवँ वाय्ट जाव्चे स्वाभाविक.

चेईवांक सेज़ाराचे चेईवालि दोस्ति वग्गि लाग्ता. आव्सून सेज़ाराचे चेईवाले वैरि एकि दृष्टि दोव्वोर्का. तांगेलि बुद्धि वाय्ट म्होणु जाल्ल्यारि तिग्गेले चेईवांक सेज़ाराचे चेईवालें ओट्ट्र दोस्ति कोरूक सोड्डूंक नज्ज. चांग बुद्ध्येचे चेड्डुवांक तिग्गेले चेर्डाले ओट्ट्र दोस्ति कोरूक प्रचोदन कोर्का.

धा बारा वर्साचे चेईवांक एक वर्सांतु नौव धा म्हैने इस्कूल आस्ता. आय्ताराचे तांका रजा आश्शीले दिवसु खंचेयि काम दीव्का. श्रीमंताले चेईवांक विशेष हव्यासाचे शिक्शण दिवोचाक सवलत्तु आस्ता. दुर्बळ्याले चेईवांक घरकडे कामांक लाव्येत.

किशोर नौकरी कानूनु घरकडे कोर्चे कामांक लाग्गना. सांब्ळाक चौद वर्साचे आनि ताज्जाकयि ऊणे प्रायेचे चेईवांक काम कोरोचाक नज्ज. चौद वर्स जाल्लेल्यांक आठ्रा वर्स तांयि लघु कामाचि नौकरी कोर्येत. आठ्रा वर्सतांयि खंचेयि एक चेर्डान इस्कूलाक वोच्चूका म्हळ्ळेलें हे कानूनाचो उद्देशु.

इस्कूलाचे शिक्शण

खंचेयि एक चेर्डान आत्तंचे कालांतु इस्कूलाक वच्चनात्तीले घरकडे बोस्चाक जाय्ना. ताग्गेले वारसुदारांक दुड्वाचे कष्ट आस्स जाल्ल्यारि ताणे सरकाराचे अथवा सेवा संस्थेचो सहायु घेव्नु ताग्गेले चेर्डाक इस्कूलाक पेटोका.

चेर्डूवांक वाय्ट बुद्धि इस्कूलाक वत्तनाऽयि येव्चाक साध्य आस्स. रजेचे समयारि चेर्डूवँ स्वैर आनि मेक्ळें (बेकार, फ्री) आस्ताति. हात्तांतु दुड्डु आस्ल्यारि सोरो पिव्चो अभ्यासु सूरु कोरूक पुरोति. चेडियेतंयि वोच्चो अभ्यासु वग्गि लाग्ता. चेर्डुवालें चित्त शुद्ध आस्स जाल्ल्यारि तांका वाय्ट बुद्धि शीघ्र येना.

पुस्तक वाज्जूचो अभ्यासु कोणांक आस्सकी तें चेर्डु चांग पुस्तक वाज्जूंक बस्ता. चांग दोस्तु मेळ्ना जाल्ल्यारि चांग पुस्तक ते चेर्डालो चांग दोस्तु जात्ता.

चेर्डाले चित्तांतु ईह आनि पऽर दोन्नीयि लोक क्रियाशील जात्ताति. पुस्तक वाज्जूनु चेर्डुवांक धर्मांचो आनि अधर्मांचो भेदु कळ्ता. अधर्मु नाक्का जात्ता. धर्मु नाक्क जाय्ना.

अध्यायु 4

नावाक मांत्र ब्राह्मणु

गौड सारस्वत ब्राह्मण नांवाचे एक गौंडीय ब्राह्मण जनांग क्रि. श. चौदाचे शतमान धोर्नु कन्नड करावळींतु कोंकण देशांतु वलसे येव्नु आत्तँ 2017 इस्वींतु सातशे वर्स धोर्नु हांगा वास कोर्नु आस्सति. हान्नि बंगाळाचे ब्राह्मण जनांग. बंगाळाक गौड देश म्होणु नांव आस्स. गौड देशाचे ब्राह्मणांक फूडेधोर्नु गौंडीय ब्राह्मण म्होणु नांव आस्स. ब्राह्मणु जाव्नु आश्शीले हे जनांक गोंय्चे (गोवाचे) एक सारस्वत मठाचे स्वामेन तांगेले देवस्थानांतु भट्ट वृत्ति कोरूक बंगाळांतु ताक्कूनु आप्पोनु हाळ्ळेले निमित्त तांका सारस्वत ब्राह्मण म्होणु नांव आय्लें. हांगेलो गूरु गौडपाद आचार्य म्हळ्ळेले स्वामेन बंगाळांतु ताक्कूनु गोयांक येत्तना मस्त शिश्यांक सांगाति हाळ्ळेलें.

गौडपादाचार्याले शिश्यांक गोयांचे स्थानीय चेल्ल्याले ओट्टु लग्न जाल्ले. तांका जाल्लेले संततीक गौड सारस्वत ब्राह्मण म्होणु नांव आय्लें. विशेष म्हळ्यारि हो बंगाळी ब्राह्मण लोकु बंगाळांतु झळ्के खाव्चे ब्राह्मण जाव्नु आश्शीलेति. गोवांतु स्थानीय ब्राह्मण लोकु झळ्के खाय्नांति. बंगाळाचे गौड ब्राह्मणानि गोयांतु झळ्के खेल्लें. हे गौड सारस्वत ब्राह्मणांक झळ्के खाव्चे ब्राह्मण म्होणु आप्पैताति.

क्रि. श. 1783 इस्वेचे नंतर कन्नड देश ईस्ट इंडिया कंपनीचे शासनांतु आय्लें. कंपनीन हे देशाक उत्तर कन्नड आनि दक्शिण कन्नड म्होणु दोनि ज़िल्लेंतु वांटूनु घाल्लें.

केवल नांव मांत्र

आत्तँ ईसवी 2017 वर्सांतु ब्राह्मण एक नांव मांत्र. ब्राह्मणांक आत्तँ सरकारान सामान्य वर्गांतु (जेनेरल केटेगरींतु) सेरवाय्लाँ. ब्राह्मणांक आत्तँ विशेष स्थानमान दीनांति. अर्चक वृत्ति कर्तले ब्राह्मणांक तांगेले वृत्तीचे आधारारि तांका मेळ्का जाल्लेले स्थानमान तांका नेमक केल्लेले यजमान दित्ताति. वर्लेले ब्राह्मणाले जातींतु जन्मांक आय्यीले लोकांक आप्पण ब्राह्मण म्होणु सांगूनु घेव्चो संधर्भु आत्तंचे समाजांतु येना.

क्रि. श. एकुणीसाचे शतमानांतु 1818 इसवींतु ईस्ट इंडिया कंपनीचे सैन्यान सतारांतु मराठा पेश्वाले सैनांचे ओट्टु लढाइ कोर्नु युद्धांतु विजय मेळोनु घेत्ले. ताज्जे फूडे इंग्लीष कंपनीन मराठा पेश्वाक सोणु बाकीचे हिंदुस्तानांचे सक्कड राय्यांक युद्धांतु सल्वायिलें. पेश्वाले सैन्याक सल्वाय्ले माग्गीरि सग्ळे हिंदुस्तानांचे वैरि राज्य कोर्चोक अधिकारु प्राप्त केल्लोलो. पेश्वाले राज्याचे ओट्टूचि पश्चिम हिंदुस्तानांचे इतर सान सान राज्य सक्कड इंग्लीष सैन्याचे हात्मुळांतु आय्लें.. इत्लें जात्तना कंपनीक सग्ळें हिंदुस्तानांचे वैरि राज्य कोर्चो अधिकारु मेळ्ळो.

इंग्लीष संस्कृति आनि ब्राह्मणु

इंग्लेंड देश युरोपांतु सक्कड देशांकयि अधिक विकसित देश जाव्नु आश्शीलें. इग्लेंड द्वीपाचे सुत्तु समुद्रु जाल्लेले निमित्त तें एक

नाविक देश जाव्नु आश्शीलें. पोर्चुगल, स्पेय्न, फ्रान्स, डचल्यांड, जर्मनि, इत्यादि युरोपाचे देशांतु सत्राचे शतमान धोर्नु औद्योगिक क्रांति सूरु जाल्लेलि. हिंदुस्तान इंग्लेंडाचि कोलोनि जाल्ले माग्गीरि इंग्लीष संस्कृतीचो प्रभावु हिंदुस्तानांचे जनाले वैरि पोड्रूंक प्रारंभ जाल्लें.

हाज्जे फूडे ह्दिुस्तानांतु बरप शिक्वण ब्राह्मणांक मांत्र मेळ्ता आश्शीलि. इंग्लीष सरकारान प्रती एक शहरांतु तांगेले देशांतुले नमून्याचे इस्कूल स्थापने केल्लें. सक्कड जातीचे लोकांक इस्कूलांतु उणेंचि शुल्क दीव्नु प्रवेश मेळ्चो सवलत्तु केल्लो. जाल्ल्यारि अत्यंत दुर्बळ्यांक अत्यल्प शुल्कयि दिव्चो ताकत्तु नात्तीले निमित्त थोडे जनांक इस्कूलाक वोच्चूनु शिक्शण पाव्चाक साध्य जाय्नि.

ब्रिटिष हिंदुस्तानाचे प्रति एक नागरीकाक शिक्शण मेळ्नु ब्राह्मणेतर लोकु समाजांतु उन्नति पाव्लींति. ब्राह्मणालि ऊंचायि कम्मि जाल्लि. इंग्लीष संस्कृतींतु जाति भेदु ना. इंग्लेंडांतु लार्ड म्होणु केलवु लोकांक शीर्षक दित्ताति. तांका इंग्लेंडांतु विशाल ज़मीनांचो आनि आस्तीचो मालकी हक्कु प्राचीन काळधोर्नु मेळ्नु आय्लॉं. इंग्लेंडांतु श्रीमंत धऽनि, मध्यम धऽनि आनि कनिष्ट धऽनि म्होणु वर्ग आस्सति. इंग्लेंडाचे जनालो वर्ग भेदु जनाले हात्तांतु आश्शीले आस्ति कित्लि आनि कित्लो दुड्डु तांगेलेलाग्गि आस्स की ताज्जेरि होंदूनू आस्स. जन्मांचे वैरि होंदूनु जाति भेदु इंग्लेंडांतु ना. इंडियांतु जन्माचे वेरि होंदूनु जाति भेदु आस्स म्होणु कंपनी सरकाराक कळ्ळें.

ब्राह्मणालि सुधारण

वेद शास्त्रांतु जगत्ताचे जनांक विराट पुरुषाक होलिके केल्लाँ. जगत्ताचे सक्कड मनुष्यांक ओट्ट्रूचि लेक्काक घेव्नु एकैक जनसमूह एकु विराट पुरुषु म्होणु वर्ण्मि केल्लाँ.. जगत्ताचे जऽण एक लेक नांति म्होणु हाज्जो अर्थु. जनालि योग्यते विंगविंगडि जाव्नु आस्स. जनालि योग्यतेचे प्रकार तांका चारि विभाग केल्ल्यांति. विभागाचे नांव वर्ण म्होणु सांग्लाँ. जनालो आंगाचो बण्णु लेक्काक घेत्ला म्होणु दिस्ता. आंगाचो बण्णु मस्त विधाचो आस्स व्हयि. युरोपाचे जऽण गोरे. आफ्रिकाचे जऽण काळे. विभाग वृत्तीचे अथवा बुद्धिवंतिकेचे आधारारि केल्लाँ म्होणु सांगनि. खंचे आधारारि केल्ला म्होणु सांगनि. जाल्ल्यारि जनालि योग्यतेचे प्रकार कोर्नु आस्सूंक पूरो म्होणु दिस्ता.

आन्नेक कडेन वेद शास्त्रांतु मनुष्याले पैकि कोणयि होड्डु ना अथवा सानु ना. सक्कड बाब्भाव जाव्नु आस्सति. पृथ्वि सक्कडांक सौभाग्य आनि उत्तम शक्ति दित्ता म्होणु सांग्लाँ.

आन्नेक कडेन विंगविंगड मनुष्याक विंगविंगड बगेचि बुद्धि आस्स. विंगविंगड संकल्प आनि रीति आस्सति. तांगेले योग्यते एक लेक ना. योग्यतेचे अनुसार तांका संसारांतु स्थान मेळ्ता म्होणु वेद सांग्ता.

मनुष्यलि योग्यते कस्सल्याक चऽड ऊणे जात्ता? खंचेयि मनुष्यालि योग्यते कित्लि आस्सूका म्होणु कोण निश्चय कर्ता? मनुष्यालि योग्यते ताग्गेले पूर्वजाले योग्यतेक तकीत आस्ता. मनुष्यान चांग वंशांतु जन्मु घेत्ल्यारि ताग्गेलि योग्यते चऽडि आस्स. आम्गेले पूर्वजानि सात्विक जीवन पालने केल्लाँ म्होणु जाल्ल्यारि आम्मि समाजांतु उन्नतीरि चल्ताति.

जगत्ताचे जनांक ब्राह्मण, क्षत्रिय, वैश्य आनि शूद्र म्होणु चारि विभाग केल्ल्यांति. ब्राह्मणांक हे विराट पुरुषाले मात्तें आस्ल्या म्हण्के, क्षत्रियांक हे विराट पुरुषालें बाहु आनि भूज आस्ल्या म्हण्के, वैश्यांक ताग्गेलि जांग आनि शूद्रांक ताग्गेले पाव्लँ आस्ल्या म्हण्के म्होणु सागूनु जगत्ताचे समाजांतु जाति भेदु स्थापने केल्लो. हे प्रमाणारि भारतांतु फूडेधोर्नु जाति भेदु चोल्नु आय्ला म्होणु लेक्कूयेत.

वेद शास्त्रांतु बरैलाँ म्हळ्ळे सतान तें चूकि म्होणु कोणयि सांगनांति. वेद शास्त्रांतु बरयिलें हिंदु लोक देवालें वक्तव्य म्होणु स्वीकार कर्तांति. वेदिक शास्त्रज्ञ विराट पुरुषु म्हळ्यारि देवु म्होणु अर्थु सांग्तांति. हे विराट पुरषाक जगत्तांतुले जनसमूह म्होणु अर्थु केल्ल्यारि सम जात्ता.

ब्राह्मणालि योग्यते

खंचेयि मनुष्यालि योग्यते ताग्गेले शारीरिक परिश्रम, बाहुबल संयोजन, व्यापारोद्यम आनि कृषिसाधन हांचेरि निर्भर जात्ता. मनुष्याले व्यक्तिगत सामर्थ्य आनि अभिरुचि ताग्गेले योग्यतेक अनुसार आस्ता. सल्प जऽण बुद्धिजीवि जात्तांति. सल्प जऽण शक्तिजीवि जात्तांति. सल्प जऽण व्यापारोद्यमजीवि जात्तांति. सल्प जऽण श्रमजीवि जात्तांति.

बुद्धिजीवीक ब्राह्मणु जाव्चे योग्यते आस्स. ब्राह्मणाक आश्शीलि योग्यते खंचेयि मनुष्याक येव्चाक साध्य आस्स. बुद्धिजीवि जाव्का जाल्ल्यारि शिक्शण अगत्य. शिक्शण दित्तले गुरून सक्कड शिश्यांक एकलेक्काचे अवकाशु दीव्का. सकल्चे जातीचांक वैले जातीचान शिक्शणांक संदर्भु कोर्नु दीना जाल्ल्यारि

सकल्चे जातीचांक अन्यायु केल्ल्या म्हण्के जात्ता. वेद शास्त्रांतु ब्राह्मणांक वैरि बोसोनु तांका समाजांतु अग्र स्थान मेळ्ळें. राय्यानि ब्राह्मणालें उपदेशु देवालि आज्ञेचे समान म्होणु लेक्लें. ब्राह्मणानि आप्ण्याले स्वार्थाचे कतिर तांगेले जनांक मांत्र शिक्शण मेळ्चो अवकाशु कोर्नु दिल्लो. ब्राह्मणाले चेर्डुवांक मांत्र बरप शिकय्ले. शास्त्र वाज्जूंक आनि बुद्धिजीवि जाव्चाक अनुकूल कोर्नु दिल्लें. समाजांतु ब्राह्मणांक मांत्र योग्यते आय्लि. वर्लेले जनांक योग्यते येव्चाक ब्राह्मणानि सोणि.

वेद शास्त्रांतु जनसमूहाक चारि वर्णांतु विभजन केल्लेलों न्हंयि जाल्लेले जाल्ल्यारि ब्राह्मणु आनि इतर जाति हिंदू धर्मांतु प्रस्तुत जाय्नांति आश्शीलींति. आत्तँ हिंदुस्तानांतु सरकाराले प्रयत्नान जाति भेदु नाश जाल्ला. भारताचे संविधानांतु खंचेयि धर्मांक राष्ट्राचो धर्मु म्होणु गणने कऽर्नि. ब्राह्मणु म्होणु वर्ग ना. ब्राह्मणांक आनि इतर उज्छ जातीचांक सामान्य वर्गांतु (जेनेरल केटेगरिंतु) मेळय्लाँ.

ब्राह्मणाले लक्शण - भगवदुपासने कोर्नु आनंद प्राप्त कोर्चे, अहिंसातत्व अनुष्टान, तपस्वी जाव्चे, ब्रह्मज्ञान प्रसार कोर्चे आनि आत्मशक्ति वर्धने कोर्चें.

क्षत्रियाले लक्शण - सत्य, अहिंसा, व्रत पालने कोर्चे, शुभकर्म कोर्चे, महातेजस्वि जाव्चें, अग्निहोत्र कोर्चें, द्रोह कर्ना नात्तीले, शत्रूंक युद्धांतु सल्वाय्तले, साहस कर्तले.

वैश्याले लक्शण - ऐश्वर्य संपादने कोर्चें, सक्कडांक आर्थिक उन्नति मेळ्चेतश्शि कोर्चें, स्वार्थ त्याग, चोऽर्वणेंक बहिष्कारु घाल्तले, उदार दानभावने आश्शीले.

शूद्राले लक्शण - मोहबंधरहित जाव्चें, श्रऽम कोरूंक माक्शेना नात्तीले, परिश्रम कर्तले, रोग नात्तीले, म्हांतारेपणांक भीनानात्तीले, धृढ़काय आश्शीले, लोभरहित जाव्नु आश्शीले.

सक्कड मनुष्यांक आस्सूका जाल्लेले लक्शण - भगवदुपासने कोर्नु आनंद प्राप्त कोर्चे, अहिंसातत्व अनुष्टान कोर्चें, तपस्वी जाव्चे, ब्रह्मज्ञान प्रसार कोर्चे आनि आत्मशक्ति वर्धने कोर्चें, सत्य, अहिंसा, व्रत पालने कोर्चे, शुभकर्म कोर्चे, महातेजस्वि जाव्चें, अग्निहोत्र कोर्चें, द्रोह कर्ना नात्तीले, शत्रूंक युद्धांतु साहस कर्तले, ऎश्वर्य संपादने कोर्चें, सक्कडांक आर्थिक उन्नति मेळ्चेतश्शि कोर्चें, स्वार्थ त्याग, चोऽर्वणेंक बहिष्कारु घाल्तले, उदार दानभावने आश्शीले, मोहबंधरहित जाव्चें, श्रऽम कोरूंक माक्शेना नात्तीले, परिश्रम कर्तले, रोग नात्तीले, म्हांतारेपणांक भीनानात्तीले, धृढ़काय आश्शीले, लोभरहित जाव्नु आश्शीले.

ब्राह्मणाले लक्शण वर्लेले वर्णांचांक येव्चाक नज्ज म्होणु ना. कोणालेयि लक्शण कोणांकयि येव्येत. तश्शि आस्तना जनसमूहाक चारि वर्णांतु विभजने कोर्चें अनावश्यक जात्ता.

वर्ण भेदु चूकि

वर्ण भेदु प्रतिपादन कोर्नु वेदानि चूकि केल्लि म्होणु दिस्ता. जगत्ताचे जनसमूहाक योग्यते कमय कोरूंक समान अवकाशु दिल्ल्यारि सक्कडानि उत्तम योग्यते प्राप्त कोर्येत.

हो जाति भेदु जन्माचे वैरि होंदूनु ना. जनाले वृत्तीरि होंदूनु आस्स म्होणु ब्राह्मण पंडित सांग्ताति. जाल्ल्यारि वास्तविक जाव्नु हो जाति भेदु जन्मारि होंदूनु आस्स. जाति भेदु सम न्हंयि म्होणु क्रि. पू. संचे शतमानांतु बुद्धान आनि जैन मुनीन सांग्लॉं.

तांगेले धर्मांतु जनसमूहाक खंचेयि रीतीरि विभजन कऽर्नि. सक्कड मनुश्यांक निर्वाण संपादन कोरूंक एक समान अवकाशु मेळ्का म्होणु प्रतिपादन केल्लाँ.

हिंदुस्तानांतु क्रि. श. नव्वाचे शतमानांतु वरेक बौध आनि जैन धर्मु चालु आश्शीलो. सक्कड राय्यानि आनि तांगेले प्रजेनि बौध अथवा जैन धर्मु स्वीकार केल्लोलो. सुमार एक हज़ार तिन्शि वर्स हिंदुस्तानांतु जाति भेदु ना जाल्लोलो. हे वेळारि ब्राह्मणांक कोणयि हुंगनांति आश्शीलींति.

क्रिस्तानंतर नव्वाचे शतमानांतु सनातन धर्मांचे पुनरुज्जीवान जाल्लें. वर्ण भेदु वोपास हिंदुस्तानांतु प्रवेश जाल्लो. सनातन धर्माक जनप्रिय धर्मु कोरूंक सनातन धर्माचे विद्वांसानि पुराण बरैलें. पौराणिक धर्मु संतोषकर धर्मु. वैदिक धर्मु ज्ञानांचो धर्मु. बौध आनि जैन धर्मु त्यागाचो आनि अहिंसेचो धर्मु.

पौराणिक धर्मु पालनेक सुलभ आनि संतोषजनक जाव्नु आस्स. पौराणिक धर्मांतु आडंबर आनि विनोद आस्स. पुराण बरयिले विद्वांसानि यहूदि धर्मांचे, क्रिश्चन धर्मांचे आनि इस्लाम धर्मांचे शास्त्रांक अध्ययन केल्लें. हे धर्मांचे शास्त्रांतु आश्शीले वरीचि पुराणाचि काण्यो बरैल्यो. मूर्तिपूजन प्रारंभ केल्लें. देवस्थान आनि मऽठु, आश्रम आनि तीर्थस्थान निर्माण केल्लींति. निराकार परमात्माले स्तूति कोरूंक हवनाचे बदलाक मूर्तींक आरति दाक्कोचि पद्धति सूरु केल्लि.

शंकराचार्यान बौध आनि जैन धर्मांचे पंडिताले ओट्टु सनातन धर्माचे पर (तर्फी) तर्क कोर्नु बौध आनि जैन धार्मिक सिद्धांत चूकि म्होणु सिद्ध केल्लें. बौध आनि जैन मताचे विद्वांसानि सोलु स्वीकार केल्लो. ते काळाचे राय्यानि वोपास

सनातन धर्मु स्वीकार केल्लो. शंकराचार्यान अद्वैत मऽतु स्थापने केल्ले माग्गीरि हळु हळु सनातन धर्माचे पुनरुज्जीवन जाल्लें.

शंकराचार्यान ब्राह्मणांक वेद शास्त्रांतु सांगीले वरीचि उत्कृष्ट स्थान दिल्लें. वोपास हिंदुस्तानांतु जाति भेदु बऽल जाल्लो. ब्राह्मणांक तांगेलो फुळ्ळो सम्मानु वोपास मेळ्ळो. वेद पठण, यज्ञ याग हवन इत्यादि कोर्चे, देवस्थानांतु व्यवस्थापक जाव्चें, पाठशाला चलायिसूचें, शोडष संस्कारांक भट्टपण कोर्चे इत्यादि अधिकारु वोपास ब्राह्मणाले हात्तांतु आय्लो.

ब्राह्मणानि नवे नवे नियम घाल्नु शुद्धाशुद्ध, सूतक, अस्पर्शता, इत्यादि निर्बंध हिंदू समाजारि चालु केल्लें. मटाधिपतींक समाजाचे धार्मिक अधिकारि म्होणु राय्यानि तांका पीठाधिपत्य दिल्लें. मठाधिपतीनि सांगीले प्रकार धार्मिक गतिविधि चोल्का म्होणु राय्यानि प्रजेंक राजाज्ञे दिल्लि. ताग्गेलि आज्ञा पालन कर्नानात्तील्यांक जातींतु ताक्कूनु भाय्र घाल्चे सामान्य जाल्लें.

ब्राह्मणाले उद्धटतनान मस्त कडेन मनुष्याक जातीतु ताक्कूनु बहिष्कारु (जातिभाय्र) कोर्नु गांवांतु ताक्कूनु रान्नांक पेटोचे आश्शीलें.. सकल्चे जातीचान ब्राह्मणाले पंक्तीरि जेवणांक बोस्चे निषेध केल्लें. सकल्चे जातीचानि उद्दाक हात्तांतु घेव्नु पीव्का. तान्नि उद्काचे बुड्कुळ्याक जाव्वो चेंबूक जाव्वो आप्पोङ्क्क नज्ज म्होणु नियमु केल्लो.. हे सक्कड पोळोनु इंग्लीष शिक्शण पाविले हिंदुस्तानाचे नागरीकानि जाति भेदु निर्मूल कोर्का म्होणु चळुवळि सूरु केल्लि.

जाति भेद निर्मूलन चळुवळि

क्रि. श. आठ्राचे शतमानांतु हिंदुस्तानांतु पुस्तक छाप कोर्चे यंत्र आय्लींति. संस्कृत भाषेचे सनातन धर्मांचे ग्रंथ सामान्य जनांक तेद्दोळु तांयि मेळ्नांति आश्शीलींति. छाप कोर्चे यंत्रांक आम्गेले देशांतु आमदु कोरूंक ब्रिटिष सरकारान उत्तेजन दिल्लें. अक्षर जोडणे कोर्नु संस्कृत ग्रंथं सक्कड पुस्तकाचे रूपारि बुक्काचे आंग्डी विक्कूंक दव्वलींति. विद्वांसानि हे पुस्तक घेव्नु वाज्लें. ते वाज्जूनु इंग्लीश शिक्शण केल्लेले हिंदूंक तांतु आश्शीले मस्त सक्कड विचारु सम दिस्सनि. हिंदू धर्मु सुधारणे कोर्का म्होणु क्रि. श. 1866 इस्वींतु बंगालांतु केशव चंद्र सेन म्हळ्ळेले एक महानुभावान ब्राह्म समाज नांवांचे एक संस्था स्थापन केल्लि. ब्राह्म समाजान वेद पुराण सम ना म्हळ्ळें. जातिभेदु चूकि म्हळ्ळें. विष्णु, शीवु, ब्रह्मु, रामु, कृऽष्णु, दुर्गा, काळी, इत्यादि देविदेवता न्हंयि म्हळ्ळें. संस्कृत भाषेन मंत्र पठण कोर्चे अगत्य ना म्हळ्ळें. ब्राह्मणाले उन्नत स्थान रद्द केल्लें.

क्रि. श. 1875 ईसवींतु स्वामी दयानंद सरस्वतीन आर्य समाज म्होणु एक संस्था स्थापने केल्लि. आर्य समाजान जाति भेदु सम न्हंयि म्हळ्ळें.. वेद मांत्र हिंदू शास्त्र. पुराण आनि मूर्ति पूजन चूकि म्हळ्ळें महाभारत आनि रामायण चारित्रिक ग्रंथं. धार्मिक शास्त्र न्हंयि म्हळ्ळें. ब्राह्मणांक आनि इतर वर्णाचे जनांक एक लेक स्थानमान दिल्लें.

क्रि. श. 1939 इस्वेंतु ब्रिटिष सरकारान तांगेले कोलोनि हिंदुस्तानांतु तांगेले उपनागरीक अस्पर्शता अभ्यासु कोर्चें सम न्हंयि म्होणु सांगूनु तांका चुनावणेंतु विंगड विभाग कोर्नु दिल्लें

क्रि. श. 1920 इस्वेंतु महात्मा गांधीन अस्पर्शताचे विरोध चळुवळि सूरु केल्लि. अस्पर्शता हिंदुस्तानांतु सक्कड लोकु अभ्यास

कर्ता आश्शीले, ब्राह्मणानि मांत्र न्हंयि. अस्पर्श लोकांक अत्यंत गलीज़ काम दीव्नु हिंदुस्तानाचे वर्लेले नागरीक बेसुमार लाभ प्राप्त कोर्नु घेत्ताति आश्शीलींति. ते अस्पर्श लोकांक हीन रीतिरि अवमर्यादित कर्ताति आश्शीलींति. महात्मा गांधीन हें पोळोनु हिंदुस्तानांचे जनानि अस्पर्शता अभ्यासु कोरूंक नज्ज म्होणु चळुवळि सूरु केल्लि. गांधीन आमरण उपवासु कोरूंक सिद्धते केल्लें.

क्रि. श. 1947 इस्वींतु भारताक स्वातंत्र मेळ्ळेकूड्ले स्वतंत्र भारताचे सरकारान अस्पर्शता निर्मूलन कानूनु लागु केल्लो स्वतंत्र भारतांतु आत्तँ खंचीयि जाति नीच जाति जाय्ना.

क्रि. श. 1950 इस्वेंतु स्वतंत्र भारत गणराज्य जाल्लें. स्वतंत्र भारताचे संविधान लागु जाल्ले.. संविधान लेखन बेनेगल नरसिंग रायान केल्लें. संविधान सभेचो अध्यक्शु बाबासाहेब अंबेड्कर जाव्नु आश्शीलो. संविधानांचे मूलक स्वतंत्र भारतांतु जाति भेदु निर्मूल जाल्लो.

भारताचे संविधानांतु कशिश वेद शास्त्रांतु जगत्ताचे जनसमूहाक चारि वर्ण म्होणु विभजन केल्ल्या म्हणके स्वतंत्र भारताचे नागरीकांक जातीचे आधारारि चारि वर्ग (केटेगरि) म्होणु विभजन केल्लाँ. सामान्य वर्ग, अनुसूचिक जाति व्रग, अनुसूचित जनजाति वर्ग आनि इतर माक्शि पळ्ळेले वर्ग म्होणु चारि वर्ग केल्ल्यांति. सामान्य वर्गांतु ब्राह्मण जातीचे सेर्वल्यांति. सामान्य जातीचांक कालेजांतु आनि इतर उंचि शिक्शण संस्थेंतु शिक्शणांतु आरक्शण मेळ्ना. आनि सरकारी नौकरींतु आरक्शण मेळ्ना. अनुसूचित जातीचांक आनि इतर सक्कड वर्गाचांक ओट्टु पन्नाश प्रतिशत आरक्शण मेळ्ता. आरक्शण नीतीचे निम्ति ब्राह्मणाले चेर्डूवांक एस. एस. एल. सी. परीक्शेंतु चांग मार्क मेळ्ना जाल्ल्यारि

कालेजांतु सीट मेळ्ना. जाल्ल्यारि आत्तँ कालेजांचि संदणि अधिक जाल्लेले निम्ति सक्कड चेर्डुवांक एक न्हंयि जाल्ल्यारि आन्नेक कालेजांतु सीट मेळ्ता.

दोर्के नांव जाय्तवे?

ब्राह्मण नांव जाति सूचक जाव्नु आस्स. प्राचीन ब्राह्मणालें चारित्र्य ते नावांतु सम्मिळित जाव्नु आस्स. आत्तंचे काळांतु ब्राह्मण नांव अवमर्यादेचे नांव जाल्लाँ. हाली सरकार ब्राह्मणांक कांयी विशेष मोऽल दीना. सामान्य जनांकयि आम्मि ब्राह्मण म्होणु सांगूनु गर्व पाव्चे सम दिस्सना.

गौड सारसवत ब्राह्मणांक (गौसाब्रा) स्थानीय जनानि दोर्के म्होणु नांव दिल्लाँ. स्थानीय क्रिश्चन लोकु गौसाब्रा जातीचांक कोंक्णो म्होणु आप्पैताति. कन्नड लोकु गौसाब्रा जनांक कोंकणि ब्राह्मणरु म्होणु आप्पैताति. गौसाब्रा लोकु कष्टीग लोकु समाजाक लाभदायक लोकु खंचेयि तोंदरेक पणांति. मस्त ब्यांक, शिक्शण संस्थें, इस्कूल, कालेज, देवस्थान, होटेल, इत्यादि गौसाब्रा लोकु चलाय्सीताति. कोणांकयि वाय्ट लेक्कनांति म्होणु नांव पावीले निमित्त आम्का स्थानीय जनानि स्वीकार केल्लाँ. आम्गेलि योग्यता निज जाव्नु ब्राह्मणालि योग्यतेक समान जाव्नु आस्स.

अध्यायु 5

ब्रह्मचर्य

हिंदू धर्मांतु ब्रह्मचर्याक विशेष स्थान दिल्लाँ. ब्रह्म म्हळ्यारि परमात्मु. चर्य म्हळ्यारि विहार. ब्रह्माले ओट्टु विहार. ब्रह्मचर्य चडावत जाव्नु दार्ले चेर्डुवांक लागु जात्ता. ब्रह्माले ओट्टु विहार कोर्नु चेर्डान आप्प्याल्लि शक्ति वर्धने कोर्नु घेव्का. ब्रह्माले ओट्टु विहार कोरूक चेर्डाक उपनयन संस्कारु कोर्का. उपनयन संस्कारु जाल्ले माग्गीरि चेर्डु द्विज जात्ता. उपनयन जाव्वोतांयि चेर्डु बालकु जाव्नु आस्ता. सामान्य जाव्नु एक चेर्डाले उपनयन नव्व वर्स प्रायेरि कर्तातित. नव्व वर्स प्रायेचे चेर्डुं ब्रह्म ज्ञान संपादने कोरूक सशक्त जात्ता. उपनयन जाल्ले माग्गीरि ताणे शिक्वणेंतु मऽन दीव्का.

उपनयन जाव्वोतांयि चेर्डुं ब्रह्माले ओट्टु विहार कोरूक सिद्ध जाव्नु आस्सना. जन्मांक आय्यीले दीसु धोर्नु उपनयन जाव्वोतांयि चेर्डुं बालकु जाव्नु आस्ता. उपनयन जात्तना चेर्डाक संकल्प कोर्का जात्ता. “हाँव आन्नि मुकारि ज्ञान संपादने कोरूक आनि शारीरिक तथा मानसिक शक्ति वाड्डोनु घेव्चाक रातिदीसु कार्यशील जात्ताँ,” म्होणु संकल्प कोर्का.

उपनयन जाल्ले माग्गीरि बालकु ब्रह्मचारि जात्ता. ब्रह्मचारि गुरुकुलांतु वोच्चूनु राब्ता. गुरुकुल एक गृहशाले. हे गृहशालेंतु चेर्डुंव शिक्शण प्राप्त कर्तातित आनि थय्यींचि जेव्तातित खात्तातित पित्तातित आनि निद्दतातित.

गुरुकुलांतु गुरुन सांगीलेतश्शि आय्कूका गुरुकुलांतु कित्ले वर्स राब्बूका म्होणु गुरून आनि चेर्डाले बाप्सून विचारु कोर्नु निश्चय कोर्येत. म्हैन्याक एक पटि अमावास्येक एकु दिवसु चेर्डुं ताग्गेले घरकडे स्वजनाले ओट्टु राब्बूंक येत्ता.

उपनयनाचो महत्वु

आत्तँ 2017 इस्वींतु उपनयन एक केवल विधिविषयु जाव्नु आस्स आत्तँ चेर्डुवांक तीनि वर्सांरि नर्सरी इस्कूलांतु किडरगार्टन (के. जी.) क्लासाक सेरिसीतातिं. चारि वर्सांरि लोवर नर्सरी आनि पाँच वर्सांरि हायर नर्सरी क्लासाक घाल्तातिं. नव्वाचे वर्सांरि तें चेर्डुं थर्ड स्टांडर्डांतु वत्ता. उपनयनाक मूंजि म्होणुयि नांव आस्स.

फुळ्ळे काळांतु गुरुकुलाक आनि उपनयनाक संबंधु आश्शीलो. आत्तँ गुरुकुल नांतिं. गृहशाले आस्सति जाल्ल्यारि गृहशालेक चेर्डुवांक पेटैतले कुटुंब भारि ऊणे. आत्तँ चेर्डूवँ दिसाचें इस्कूलाक वत्तातिं आनि रात्ति घरकडे येत्तातिं. रजे दिवसु चेर्डूवँ घरकडेची आस्तातिं. आत्तँ शिक्शणाक आनि मुंजीक संबंधु ना.

मस्त कुटुंबांतु चेर्डूवांक उपनयन समारंभु कोर्चें एक धार्मिक कर्तव्य जाव्नु आस्स. भट्टमाम्माक आप्पोनु मुंजीचे लग्न निश्चय करैतातिं. समारंभु कोरूंक एक सभाभवन बुक्क कर्तातिं. आह्वान पत्रिके छापैतातिं. कुटुंबाचांक आनि मित्रांक आमंत्रण पत्रिके वांटीतातिं. विधि प्रकार भट्टमाम्मान सांगीले वरीचि उपनयन जात्ता. वडुट्टु भिक्शेक बस्ता. “भवति भिक्शान देहि” म्होणु बाय्लेमन्शांक आनि “भवान भीक्शान ददातु,” म्होणु दार्लेमन्शांक निम्गीता.

आय्यीले गेस्ट कांयि पुणी उडुगीरें भिक्शेचे पोळेरांतु घाल्तातिं. सल्प गेस्ट शेंबरि, दोन्शि, पांय्शी, हज़ार इत्यादि

रुप्पयो कवरांतु घाल्नु पोळेरांतु घाल्तातिभावु भैणि, मामु मांयि भांग्राचे चैन या मुद्दि वट्रूक उड्गीरें दित्ताति. आय्यीले सक्कडांक भर्जरि जेवण वाड्ताति.

हॅर्दूसु धोर्नु भट्टुमामु चेर्डाक संधि कोर्चि वीधि शिकोचाक येत्ता. एक दोनि दीस चेर्ड्ँ भट्टमाम्मान सांगीले वरीचि संधि कर्ता. नंतर भट्टमामु येना. चेर्डाक फुर्सति ना. इस्कूलाक वोच्चाक आस्स. इस्कूल घराचे लाग्गि आस्ल्यारि आव्सु चेर्डाक चम्कानु इस्कूलाक व्होर्नु सोणु येत्ता इस्कूल दूर आस्स जाल्ल्यारि बाप्पूसु ताग्गेले वेहिकलारि चेर्डाक इस्कूलाक व्होर्नु सोणु येत्ता. माग्गीरि चेर्डान संधि कोर्चें संधर्भु भारि ऊणे.

संधि कोर्कीकी ना?

उपनयन केल्ले माग्गीरि संधि कोर्का म्होणु नियमु आस्स. तीनि वर्साचे चेर्डाक के. जी. क्लासांतु इंग्लीष आल्फाबेट्स एबीसीडी शिकैताति. थर्ड स्टांडर्डांतु चेर्डाक गणनीय शिक्शण मेळ्ता. जाल्ल्यारि संधि कोरूक फुर्सति मेळ्ना. फुळ्ळे काळांतु संधीक मस्त प्रामुख्यता आश्शीलि. संधि दिसाक आनि रात्तीक मध्येंतु आस्स. सकाणि सूर्यु उद्देनु आम्का उपकारु कर्ता सांजे सूर्यु बुड्ता आनि राति येत्ता. रात्ति कस्सलेंयि अवघड जाव्चाक सोणाक्का म्होणु देवाक संधीचे मूलक प्रार्थने कोर्चें जनांक आवश्यक म्होणु दिस्लें.

फुळ्ळे काळांतु विद्युत्छक्ति नात्तीले निमित्त रात्रीचें घरांतु काळोकु निवारणे कोरूक दिव्वो जळय्ताति आश्शीलींति. सांजे भजन कोर्नु देवाले मूर्तीक आर्ति दाक्कोनु वग्गि जेवण कैद कोर्नु निद्दतांति आश्शीलींति. आत्तँ सक्कड घरकडे विद्युत्छक्ति वितरणे जात्ता आनि लैटः जोळोनु घरांतु भऽरि उझ्वाडु येव्चेतश्शि

कर्तातिं. जनांक मध्रात्री वरेक काम कोरूंक साध्य आस्स. कित्लेकी कडेन सग्ळे रात्रि काम चल्ता. संध्याकाळाचि प्रामुख्यते असंबद्ध जाल्ल्या. जनानि भजन कोर्चें ऊणे जाल्लाँ. चेर्डुवांनि संधिकोर्चे बहुदा ना जाल्लाँ.

आत्तँ रजेचे दिवसु सामूहिक भजन कर्तातिं. देवस्थानांक वत्तले देवाक देवस्थानांतु पांयपड्ताति. घरकडे देवाले मूर्तींचे एदुरु दिव्वो लाय्ताति. प्रतिदिवसु भजन कोर्चे एकयि आर्ति दाक्कोचे ऊणे. संधि कोर्का म्होणु ना.

नऽवो संस्कारु - प्रवेशनयन

आन्नि मुकारि मूंजि कोर्चे बदलाक इस्कूलाक प्रवेश कोर्चो समारंभु कोर्का. चेर्डाक तीनि वर्सारि के. जी. क्लासाक प्रवेश मेळ्ळेकूड्ले एकु दिवसु निश्चय कोर्नु संबंधिकांक आनि मित्रांक आप्पोनु खाव्चाक पिव्चाक दीव्नु समारंभु कोर्का. भिक्शा माग्गूंक ना. आय्यील्यानि चेर्डाक उडुगीरें दीव्येत.

“प्रवेशनयन” म्होणु हे संस्काराक नांव दिल्लाँ. हे संस्कारांतु मुहूर्तु पोळोचाक ना. सांजे पाँच घंटे दोर्नु रात्रि बारा घंटेतांयि हो समारंभु कोर्येत. अधिक जनांक आप्पोचे जाल्ल्यारि घरकडे कोर्चे बदलाक सभाभवनांतु व्यवस्थे कोर्येत. स्टेज डेकोरेशन, फोटो विडियो, संगीत, वाज्जप, इत्यादि व्यवस्थे कोर्येत. प्रवेशनयन जाल्ले नंतर मूंजि आवश्यक ना. तिन्नींचे वर्सारि कोरूंक अनुकूल जाय्नि म्होणु जाल्ल्यारि फस्ट स्टँडर्डांतु भर्ति जात्तना अथवा थर्ड स्टांडर्डाक वोच्चे वेळारि प्रवेशनयन कोर्येत.

जान्नूवेंचे महत्व

जान्नूवें घाल्नु घेव्चें (यज्ञोपवीत घाल्नु घेव्चें) उपनयनांचे वेळारि कर्तातिः जान्नूवें तीनि सुत्ताचें दार. चारि हाथि दीग्गायेचे तीनि सुत्ताचें दार एक गांटींतु बांदीतातिः सूत तीनि. गांटि एकि. चेर्डाक बाब्सून उपनयनाचे वेळारि जान्नूवें न्हेस्सोका. आत्त उपनयनाचे बदलाक प्रवेशनयन कर्तातिः प्रवेशनयन कर्तना बाब्सून चेर्डाक जान्नूवें न्हेस्सोका.

आत्तंचे मूंजि जाल्लेले नवयुवक तांगेले मुंजीचे वेळारि घाल्नु घेत्तीले जान्नूवें वग्गि काणु उडैतातिः जान्नूवे कस्सल्याक घाल्नु घेव्का म्होणु तांका कोणयि सांगनांतिः जान्नूवे घाल्ना नात्तीलो ब्राह्मणु चूकि कर्ता. आम्मि ब्राह्मण म्होणु कोळ्ंक नज्जवे? तरि जान्नूवें घाल्चे नाक्का. आम्मि ब्राह्मणु म्होणु दाक्कोनु दिल्ल्यारि आम्का लाभ आस्स. ब्राह्मणु साधु मनीशु म्होणु सक्कड नंब्गतातिः ब्राह्मणु धर्मात्मु म्होणु सक्कडांक गोत्तु आस्स. आम्गेले नांव ब्राह्मणाले नांव म्होणु जाल्ल्यारि सक्कड लोकु आम्मि जान्नुवें घाल्ना जाल्ल्यारि आम्मि सांप्रदायिक ब्राह्मण न्हंयि म्होणु लेक्तातिः जान्नूवें आम्गेलि सांप्रदायिक चिन्हे. जान्नूवें दावे भुजारि बस्ता. उज्वो हाथु भित्तरि घाल्नु जान्नूवें उज्वे बदीन सकल वत्ता.

बाप्सून चेर्डाक जान्नूवें न्हेस्सोनु संकल्प कोर्का. “हाँव मेग्गेले चेर्डाक ज्ञान संपादने कोरूंक उत्तेजन दित्ताँ. मेग्गेले चेर्डान मनाचि आनि देहाचि शक्ति वर्धन कोर्चे प्रयत्नांतु संपूर्ण सहकारु दित्ताँ,” म्होणु. चेर्डाक आव्सु बाप्सूले सहकारु नात्तीलें इस्कूलाक वोच्चाक जाय्ना. शिक्षण पाव्नु चेर्डान दुड्डु कमय कोरूंक प्रारंभ कोरोतांयि ताक्का आव्सुन आनि बाप्सून पोळोनु घेव्का जात्ता. धनसहायु, आहारु, राब्बूंक जाग्याचि व्यवस्थे, परीक्षेचे वेळारि

सांत्वन, इस्कूलाक वोच्चाक आनि घरकडे वोपास येव्चाक प्रयाणाचो खर्चु, इत्यादि सक्कड आव्सुन आनि बाप्सून पोळोनु घेत्ल्यारि मांत्र चेर्डाक इस्कूलाक, कॉलेजाक, उन्नत शिक्शण संस्थेक सेरवूनु डाक्त्रु इंजिनियरु, विज्ञानि, वकीलु, मास्त्रु, प्रोफेस्सरु, उद्यमि, सरकारी नौकरु, ऐ. ए. एस., अथवा इतर उन्नत सरकारी अधिकारि, शेतकरी इत्यादि जीवन वृत्ति आप्ण्यालि कोर्नु घेव्येत.

चेर्डानयि जान्नूवें घाल्नु घेत्तना सक्ल्प कोर्का. “हाँव काया वाचा मनसा धर्मु पालन कर्ताँ,” म्होणु. “तीनि सुत्ताचें हें जान्नूवें मेग्गेले हे संकल्पाक साक्षि.” चेर्डान इस्कूलाक वोच्चे वेळारि तीनि नियमांक ध्यान दीव्का. काया म्हळ्यारि कार्यानि. मेग्गेले सक्कड काम धार्मिक जाव्नु आस्सूका. वाचा म्हळ्यारि उत्तरानि. हाँवें उल्लोचे उत्रँ सक्कड धार्मिक जाव्नु आस्सूका. मनसा म्हळ्यारि मनानि. मेग्गेले काम आनि उत्रँ मनस्पूरवक धार्मिक जाव्नु आस्सूका.

जान्नूवें एक पटि घाल्नु घेत्ले माग्गीरि तें काणु दोव्वोरूंक नज्ज. प्रति एक नवीन कर्माक प्रारंभ कर्तना नवें एक जान्नूवें घाल्नु घेव्नु ते कर्माक काया वाचा मनसा फलदायक कर्ताँ म्होणु संकल्प कोर्का.

जान्नूवें आम्गेले शुभ संकल्पाचि साक्षि जान्नूवें घाल्नु घेतीले मनुष्यान फट्टि मारूंक नज्ज. मोसु कोरूंक नज्ज. हिंसेक हाथु घालूंक नज्ज.. सूरु आनि सोरो पिव्चाक नज्ज. बायलमन्शांक आदर दीव्का. बलात्कारु कोरूंक नज्ज. सक्कडांक प्रीतीन पोळोका. सोव्चाक नज्ज. अश्लील उत्रँ उल्लोचाक नज्ज.

उपनयनाचे बदलाक प्रवेशनयन समारंभु कर्तातित म्होणु जाल्ल्यारि जान्नूवें चेर्डाले खंचेयि एक समारंभ केल्लेले वेळारि

धारणे कोर्येत. प्रथम प्रवेशनयनाचे वेळारि जान्नूवें धारणे कर्नो जाल्ल्यारि कांयि अड्डि ना. फर्स्ट स्टांडर्डाक प्रवेश जात्तना जान्नूवें घाल्येत. थर्ड स्टांडर्ड प्रवेश कर्तना प्रवेशनयन समारंभु कोर्नु तेचि वेळारि जान्नूवें धारणे कोर्चें शास्त्र पूर्ण कोर्येत. जान्नूवेचो महत्वु चेर्डाक अर्थु जाव्का जाल्ल्यारि ताक्का नव्व धा वर्स प्राय जाल्ल्यारि चांग.

आधुनिक विचारु

क्रि. श. 1866 इस्वींतु ब्राहम समाज आनि 1875 इस्वींतु आर्य समाज स्थापने जाल्लींति. ब्राह्म समाजाचे आधुनिक हिंदूंक जान्नूवेचे आवश्यकता देक्कि पऽणा. जान्नूवे घाल्चे नॊवनारि हिंदू धर्मांतु जाति भेदु अधिक जाल्ला म्होणु ब्राह्म समाजाचो विचारु.. ब्राह्म समाजाक मेळ्ळेले हिंदूनि जान्नूवें काणु उड्डोका.. जान्नूवें घाल्नि जाल्ल्यारि मनीषु ब्राहमणु की न्हंयि म्होणु संशयु येत्ता ब्राह्म समाजान हि्दू धर्माचे सक्कड संस्कृत ग्रंथांक धर्म ग्रंथं म्होणु स्वीकारु कर्नि. वेद, पुराण, महाभारत, रामायण, इत्यादि संस्कृत ग्रंथांक मिथ्या म्होणु दूर केल्लींति.

आर्य समाजान वेद, वेदांग, उपनिषद्, इत्यादि हिंदू धर्माचे शास्त्र म्होणु स्वीकार केल्लें. महाभारत आनि रामायण चारित्रिक ग्रंथ म्होणु ओप्पवऽलींति. जान्नुवे धार्मिक मनुष्याले प्रतीक म्होणु स्पष्ट केल्लें. सॊळा संस्कारु आचरण कोर्काति म्होणु आग्रह केल्लें. उपनयन केल्ल्यारि चेर्डाक मुकारि जीवनांक एक अमूल्य उद्देशु मेळ्ता म्होणु स्वामी दयानंद सरस्वतीन सांग्लाँ. सामान्य जाव्नु आत्तँ उपनयन उच्छ जातीचे हिंदु जऽण तांगेले चेर्डूवांक अनुष्टान कर्तांति. जाल्ल्यारि उपनयनाचो उद्देशु सार्थक जाय्ना.

ब्रह्मचर्य आनि इद्रियदमन

ब्रह्मचर्य म्हळ्यारि मुख्यतह व्हार्डीक जाय्नि म्होणु अर्थु. व्हार्डीक जाल्ले माग्गीरि ग्रहस्थाश्रम जात्ता. इंद्रियदमन ब्रह्मचर्याक आवश्यक आस्स जाल्ल्यारि वीर्य संगोपन साध्य जाय्ना. ब्रह्मचर्याचो मुख्य उद्देशु वीर्य जोपान कोर्चे न्हंयि. वीर्यस्खलन जाल्ल्यारि ते स्वाभाविक म्होणु लेक्कूयेत. हस्थमैथुन केल्ल्यारि विशेष हानि जाय्ना म्होणु आधुनिक विज्ञान सांग्ता. वीर्यस्खलन जाय्नि जाल्ल्यारि युवकाले आरोग्य पाड जात्ता.

विज्ञान गोत्तु नात्तीले पारामार्थिक भाषण दित्तले अल्पज्ञानि लोकु वीर्याक व्युत्पत्ति आस्स म्होणु असमंजस माहिति दित्ताति. वीर्य संवर्धन केल्ल्यारि बाहुबल अधिक जात्ता म्हण्ताति मित मात्रेचे वीर्यस्खलन जाल्ल्यारि निरबलता येना. ओट्टारे ब्रह्मचारीन व्हार्डीक कोर्नु घेव्चाक नज्ज.

ब्रह्मचारीन सात्विक आहारु खाव्का. संगीत नृत्य चित्रकला, शिल्पकला, इत्यादि कलेंतु आसक्ति घेव्का. सकाणि वग्गि उठाका. थंड उद्कानि न्हाव्का. मास, मासळी खाय्ना जाल्ल्यारि चांग. सूरु पीना जाल्ल्यारि चांग. ज़ुगारु खेळूंक नज्ज

फुळिळ काणि आत्तँ प्रेय्जन ना

प्राचीन काळांतु कश्शि चेईवँ गुरुकुलाक वोच्चूनु थंयि धाबारा वर्स काणु नंतर वोपास घरकडे येत्ताति आश्शीलींति. वोपास घरकडे येव्चे वेळारि तान्नि कित्लो चंदु युवकु जाव्नु आस्ताति आश्शीलींति म्होणु 2017 इस्वींतु सांग्ल्यारि ताक्का कांयी अर्थु ना. आत्तँ कित्ले जऽण चेईवँ गुरुकुलाक वत्ताति?

आत्तँ इस्कूलांतु वेद पुराण शिकय्नांति. फूडे संस्कृताक प्रामुख्यते दित्ताति आश्शीलींति. गुरुकुलांतु एकु गुरु मांत्र आस्ता आश्शीलो. तो गुरु चेर्डुवालें चलन वलन खाण जेवण वस्त्र पोशाकु, उश्शे मांद्रि, न्हाणि पाय्कणो, पंचे बैरासु, पाय्यांक पादुका, इत्यादि सक्कड पोळोनु घेत्त आश्शीलो. गुरुकुलांतु आय्यीले वेळारि आश्शीलोचि गुरु गुरुकुल सोड्तना समेत तोची आस्ता आश्शीलो.. आत्तंचा म्हण्के विंगविंगड विषयाक विंगविंगड क्लासँ नांति आश्शीलें. सक्कड विषयांक एक्कूचि गुरु शिकोचो गुरु जाव्नु आश्शीलो.

आत्तंचे चेर्डूवांक फुळ्ळे काळांतु अश्शि आश्शीले तश्शि आश्शीले म्होणु काणि सांग्चे व्यर्थ. हे एक्वीसाचे शतमानांतु वीसाचे शतमानांचि जीवनशैलि समेत अन्वय जाय्ना. हिंदू जनालि जीवनशैलि बदल्सल्या म्होणु धर्म गुरूक गोत्तु आस्स. जाल्ल्यारि आम्गेले शास्त्रांतु आश्शीले प्राचीन रीति नियम बदल्सूचाक समय जाव्का. कार्यगत जीवनशैलि आपापीचि बदल्सता. शास्त्र आनि सिद्धांत बदल्सूचाल समयु वत्ता.

देशाचे संविधान धर्मग्रंथ

भारत देशाचे संविधान आत्तँ हिंदू धर्मांचे धर्मग्रंथ जाल्लाँ. हिंदू शास्त्रांतु आश्शीले नीतिनियमु खंचेयि हिंदून पालने कर्ना जाल्ल्यारि जात्ता. धर्मांक आनि धर्माधिकारींक चूकि केल्लेल्यांक दंड दिव्चो अधिकारु सरकारान रद्द केल्ला. मठाधिपतीन तांगेले जातीचे लोकांक दंड दीव्का जाल्ल्यारि सरकारान बसयिले न्यायालयांतु दूरु दाखल कोर्का. मठाधिपतीन न्याय तीर्पु दिव्चाक जाय्ना. देशाचे दंड संहितेचे प्रकार चूकि केल्लेल्यांक दंड दित्ताति. सल्प जऽण तांगेले चूकीक मुकावय्ले जन्मांतु दंड मेळ्ता म्होणु

नंब्गताति. शापु दिव्चे जाल्ल्यारि गुप्त रीतीरि दीव्येत. शापु दिल्लेले बग्गे प्रचारु केल्ल्यारि मानहानीचो कंप्लेंट पोलीस थाणेंतु दाखल कोर्येत.

भारत देशातु 2017 इस्वेंतु खंचेयि गुरुकुलांक चोलोचे संस्थेन इस्कूल, कौलेज, इत्यादी शिक्शण संस्थेचे कानूनांचे प्रकार तांगेले गुरुकुल सरकारी आफीसांतु नांव रेजिस्टर कोर्नु घेव्का. इस्कूलांक लागु जाव्चो कानूनु गुरुकुलांकयि लागु जात्ता गुरुकुलांतु एड्मिट जाल्लेले छात्रांक फुळ्ळे काळांतु विविध रीतीचे क्रूर शारीरिक दंड दिव्चो अभ्यासु गुरूंक आश्शीलो. आत्तँ छात्रांक शारीरिक दंड दिल्ल्यारि छात्रानि पोलीस कंप्लेंय्ट दीव्येत. छात्राक घायु जाल्ल्यारि अथवा छात्राले मरण जाल्ल्यारि गुरूले विरोध न्यायालयांतु प्रकरण दाखल जात्ता.

श्रीमंत व्यापारि, उद्यमी, ज़मीनदार, सरकारी अधिकारि, दंडाधिकारी, ब्राह्मण, इत्यादि समाजाचे शक्तिमान व्यक्तीन निर्धन, नौकर, भागेदार, सकल्चे जातीचे, इत्यादि सामान्य व्यक्तीले वैरि दब्बाळिके, ज़बरद्सति, अन्यायु, हिंसा, खूनि, इत्यादि कर्ना तश्शि भारताचे कानूनांतु दंड निगदि केल्लाँ. पाप केल्लेल्यांक देवु दंड दित्ता म्होणु सांगूनु नुत्तऽ बस्तल्यांक न्यायु मेळ्ना. पाप केल्लेले जनाले विरोध पोलीस कंप्लेंट दिल्ल्यारि मांत्र तांका न्यायु मेळ्ता.

फुळ्ळे काळांतु शक्तिमान जऽण बलहीन जनाले वैरि अधिकारु चलाय्सिताति आश्शीलींति. बलहीनाले रक्षणेंक कोणयि येनांति आश्शीलींत. बलहीन जनानि तोंड धांपूनु शक्तिमानालि दब्बाळिके नुत्तऽचि सहिसूनु घेव्का आश्शीलें. कडेरि चूकि कर्तले शक्तिमान जनांक देवु शिक्शे दित्तलो म्होणु बलहीन जऽण गपचिप बस्ताति आश्शीलींति.

बाल विवाह

“चेल्लि जाल्लि,” म्होणु आय्कले कूड्ले बाप्सूले कडेचांक बेजारु जात्ता आनि बाळांतीले कडेचे संबाधीकांक अनुकंप येत्ता. प्रकृतीक मांत्र समाधान जात्ता.

स्त्री एकि प्रकृतीचि सैनिक. स्त्रीलो जीवु घट्टि मुट्टु आस्ता. गर्भकोशु प्रकृतीचि खजाने. प्रकृतीन चेल्येचेड्वांक मनुष्यालो वंशु वाड्ढोचाक भरपूर सवलत्तु कोर्नु दिल्ला तांगेले आंगांतु दोनि अंडाशय आस्सति. अंडाशयांतु ताक्कूनु अंडो म्हैन्यांक एक पटि भाय्र येत्ता. अंडाशयांतु ईस्ट्रोजेन आनि प्रोजेस्टेरोन म्हळ्ळेले हार्मोन उत्पन्न जात्ताति. मेंदूंतु आस्सूचे पिट्यूटरि ग्रंथीचे गोनाडोट्रोफिक हार्मोनु हे ईस्ट्रोजेन आनि प्रोजेस्टेरोन हार्मोनांक उत्पत्ति करैता. चेल्ये चेड्डु जन्मांक येत्तना तिग्गेले देह मुकारि संतान सृष्टि कोरूंक सन्नद्ध (तयार) जाव्नु आस्ता.

चेल्येक इक्रा बारा वर्स प्राय जात्तना तिग्गेले छातीरि चिंव्वो उद्देताति. तिग्गेले अंडाशय तांगेले दोनि हार्मोन एक नियमानुसार रक्तांतु सोड्ताति.

हार्मोनांचे प्रभावान चेल्येले गर्भकोशाचे भित्तवैले पऽरें एंडोमेट्रियं गर्भु स्वीकार कोरूंक तयार जात्ता. अंडाशयांतु ताक्कूनु एकु अंडो फेल्लोपि नळियेंतु येव्नु गर्भकोशांतु येव्नु बस्ता. हो अंडो फर्टिलैज़ जाय्नि जाल्ल्यारि गर्भकोशाचे एंडोमेट्रियं कळचूनु थोडे रक्ताचे ओट्टु भाय्र पड्ता. हाक्का ऋतुस्राव म्होणु नांव दिल्लॉं. अशिश प्रतिम्हैन्यांतु चारि वाराक एक पटि चेल्लि ऋतुवंति (ऋतुमति) जात्ता.

ऋतुवंति जाल्लेलि चेल्लि व्हार्डीकेक तयार जाल्ल्या म्होणु अर्थु कोर्नु घेव्येत. सामान्य जाव्नु प्रतिशत सत्तर अंय्शि चेल्यो

तेऽर वर्स प्रायेरि ऋतुवंति जात्ताति. मनुष्यान एक प्राणीवरि जीवन कोर्चे जाल्ल्यारि हे वेळारि दार्ले प्राणियोँ हे बाय्ले प्राणीले ओट्टु लैंगिक संबंधु कोरूक उत्साहु दाक्कैताति. धा बारा दार्ले प्राणी हे एक बाय्ले प्राणीलो लेंगिक संबंधाचे कतिर लडायि कोर्नु घेत्ताति. लाडायेंतु जिंकीलि प्राणीक ही बाय्लि प्राणि स्वाभिवक जाव्नु मनस्पूर्वक लेंगिक संबंधु कोर्नु घेव्नु घेत्ता..

लैंगिक संबंधु जाल्लेले वेळारि दार्ले वीर्य बाय्ले योनीचे मुखांतर गर्भकोशांतु वोच्चूनु थंयि एंडोमेट्रियम्मांतु बश्शीले अंड्यांतु रिग्गूनु ते अंड्याक फर्टिलैज़ कर्ता.. बाय्ले गुर्भीणि जात्ता. प्राणीले आनि मनुष्याले देह प्रकृति शेकडा नव्वद समान होलिके जात्ता. ते आधारारि प्राचीन काळांतु भूंय्चेरि जनस्तोम ऊणे आश्शीले निमित्त चेल्यांक जाल्ले तित्ले वग्गि व्हार्डीक कर्ताति आश्शीलींति.

बाल विवाह सम की तप्पु?

आत्तँ 2017 इस्वीतु भारत देशांतु बाल विवाह तप्पु म्होणु कानूनु सांग्ता. 1868 इस्वे वरेक हिंदुस्तानांतु बाल विवाह अती सामान्य संगति जाव्नु आश्शीलि. ऋतुवंति चेल्यांक रक्षणे ना आश्शीलि. ह्यूमन ट्राफिक् कर्तले जनांक खंचेयि भंय ना आश्शीलें. चेल्यांक किड्न्याप कोर्नु व्हर्तले सक्कड कडेन कार्यगत जाव्नु आश्शीलेति. बाप्सूंक तांगेले चेल्येक व्हार्डिक जाय्नि जाल्ल्यारि तिक्का गूंडा आनि मवालि जऽण मार्नु व्हर्ताति जाल्लेले निम्ति चेल्यांक वग्गि व्हार्डीक कोर्का जाल्लें..

हिंदुस्तानांतु वेद, पुराण, उपनिषद्, महाभारत, रामायण, इत्यादि कम्मि म्हळ्यारि धा हज़ार वर्स फुळ्ळें हिंदू धार्मिक ग्रंथ आजीकयि मान्य आस्सति. तांतु खंचांतूंयि चेल्ये चेर्डुवांक व्हारडिक कित्ले वर्साक कोर्का म्होणु सांगीले ना. ऋतुवंति

जाल्लेलि चेल्लि बाम्णाले घरकडे गेल्लेलि आस्सूका. ऋतुवंति जाव्नु तिग्गेले आव्सूले घरकडे वर्लि म्होणु जाल्ल्यारि बाप्सूक अवमर्यादि म्होणु गांव्चे जऽण माक्शीचान उल्लैताति.

अत्यंत दुखदायक विषयु राय्याले बंटानि ऋतुवंति धुव्वेक खाख्यांतु मार्नु व्होर्चे जाव्नु आश्शीले. रायु मुसलमानु जाल्ल्यारि ताग्गेलो बंट्रयि मुसलमानु जाव्नु आस्ता आश्शीलो. चेल्येक उक्कोळ्नु व्हर्तलो बंटु चेल्येले जातिचोचि जाल्ल्यारि तित्लो बेजारु जाय्ना आश्शीलो. जाल्ल्यारि तो मुसलमानु जाल्ल्यारि हिंदु बाप्सूक भारि दुःख जात्ता आश्शीलें. बाराचे शतमान धोर्नु भारतांतु मस्त कडेन रायु मुसलमानु जाव्नु आश्शीलो. तांगेले सैन्यान युद्धाक येव्नु जिंकूनु राज्य स्वाधीन कर्तना गांवांतु व्हार्डीक जाय्ना नात्तीले चेल्यांक उठानु व्होर्चे आश्शीलें. ब्रिटिष सरकारान 1868 इस्वेंतु कानूनु कोर्नु बाल विवाह निषेध केल्लें. ताज्जे माग्गीरि समेत हिंदुस्तानांतु बाल विवाह चल्तऽ आश्शीलें. स्वामी दयानंद सरस्वतीन चेल्येले वऽय सौळा वर्स जाल्ल्यारि ती व्हार्डिकेक सम प्राय म्होणु ताग्गेले सत्यार्थ प्रकाश म्हळ्ळेले पुस्तकांतु बरय्लाँ.

इकुणीसाचे शतमानांचे बाय्लमनीषि कोणयि आत्तँ 2017 इस्वेंतु जीवंत ना. ते काळाचे काण्येंचे पुस्तक वाज्ल्यारि तांतु चेल्येलि व्हार्डीक कित्ले वर्सारि जाल्लि म्होणु बरयिलें आस्सूंक पूरो. सह सात वर्सारि व्हार्डीक जाल्लेलि चेल्यांक पोळोचें सामान्य जाव्नु आश्शीलें. 1911 इस्वेचे नंतर चेल्येक तेरा चौदा वर्सारि व्हार्डीक कोर्नु दिव्चि पद्धति आय्लि.

नंतर स्वतंत्र भारतांतु कनिष्ट 18 वर्स जाल्ले शिवायि व्हार्डिक जाव्चाक नज्ज म्होणु कानूनु आय्लो. चेल्यांक आत्तँ 2017 इस्वेंतु इस्कूल मांत्र न्हंयि कालेज शिक्शण सुता जात्ता..

तांका चांग सांब्ळाचे काम आस्ता. शिक्शण पूर्ति जाव्नु काम मेळतना तांका 20-22 वर्स प्राय जाव्नु आस्ता. माग्गीरि पळयिलों पळयिलो चेल्लो नाक्का म्होण्चे सामान्य जाल्लाँ.

आत्तँ लौव मॅरियेज

आत्तँ कॉलेजाक वत्तले चेल्यो तांगेले क्लासमेटाले ओट्ट्रु प्रेम कोर्नु जातक ताळि कर्नानात्तीलें व्हार्डीक कोर्नु घेत्ताति. चॅल्यांक 26 आनि चेक्र्यांक 32 वर्स प्राय जाल्ले शिवायि व्हारडिक जाय्ना. दोग्गांकयि दिगऽ ब्रह्मचर्य आश्रम प्राप्त जात्ताँ.

धुव्वेन अथवा पुत्तान लौव कोर्नु व्हार्डीक कोर्नु घेत्तना आव्सु भाप्सूंक एकु कठिण परिस्थिति एद्राक येव्नु राब्ता. जाति आनि धर्मु विंगविंगड जाल्ल्यारि जाय्त म्होण्चे सुलभ जाय्ना. प्राय सानि जाल्ल्यारि लौव मॅरियेज जाल्लेले चेईंव कष्ट पाव्चे चऽड. चेईंवालि प्राय 35-40 जाल्ल्यारि लौव कोर्नु जाल्लेलि व्हार्डीक घट्टि जाव्चे चऽड.

अध्यायु 6
गृहस्थाश्रम

आव्सु बाप्सूंक आप्ण्याले चेर्डान व्हार्डीक कोर्नु घेव्नु गृहस्थु जाव्नु सुख पाव्का म्होणु आशा आस्ता. चेल्येक येच्चना आप्ण्याक कस्सलो नमून्याचो बाम्मूणु मेळ्ता म्होणु.. चेक्र्याक आप्ण्यान व्हार्डीक कोर्नु घेत्ल्यारि आप्ण्याले बाय्लेक पोस्सूंक आप्ण्यांक साध्य जात्तलेवें?

चेल्यांक जाव्वो चेक्र्यांक जाव्वो आत्तँ व्हार्डीक कोर्नु घेव्चे जीवनांचो उद्देशु म्होणु दिस्सना. तांका दोग्गांकयि दिस्ता की आप्ण्यान व्हार्डीक कोर्नु घेव्चे फूडे जाल्ले तित्लें उच्च शिक्शण पाव्नु डिग्रि, डिप्लोमा, इत्यादि योग्यते प्राप्त कोर्नु घेव्का म्होणु. व्हार्डीक कोर्नु घेत्ले माग्गीरि राब्चें खंयि? खाव्चे जेव्चँ खंयि? सुर्वेक सुभद्र जीवनोपायाचि व्यवस्थे मेळोनु माग्गीरि व्हार्डीक कोर्नु घेव्का म्होणु इच्छा जात्ता.

चेल्येक आप्ण्याले बाम्णाले ओट्टु संसारु कर्तना आप्ण्याले आव्सु बाप्सूले सहायाचे वैरि अवलंबित जाव्नु आस्सूंक नज्ज म्होणु इच्छा. चेल्येले आव्सु बाप्सूंक ही चेल्लि नंता विंगड चेईंवँ आस्सति म्होणु जाल्ल्यारि तांगेले भविष्याचि जवाब्दारि आस्ता. एक्कीचि चेल्लि म्होणु जाल्ल्यारि चेल्येले आव्सु बाप्पूसु तांका साध्य जाव्चे तित्लो दुड्डु भांगर चेल्येक तिग्गेलि व्हार्डिक जात्तना तिक्का बाम्णांतयि व्होरूक दित्ताति.

ह्दू म्यारियेज एक्ट 1955

स्वतंत्र भारताचे सरकाराना 1955 इस्वींतु हिंदू बाय्लमन्शाले रक्शणेचे कतिर एक कानूनु हिंदू म्यारियेज एक्ट लागु केल्लो. हो कानूनु अनुसूचित जनजाति (आदिवासि जनांग) पंगडांक लागु जाय्ना. अनुसूचित जनजातीचे जनांग सक्कड हिंदु धर्मांक मेळ्ळेले जनांग जाल्ल्यारि तांगेलि व्हार्डीकेचो नियमु आनि संप्रदायु वर्लेले हिंदु विवाह पद्धतींक होलिके जाय्ना. अनुसूचित्त जनजातीचे लोकानि तांगेलि व्हारडिक तांगेले संप्रदायाचे प्रकार कोरूंक स्वतंत्र म्होणु सरकारान आदेश प्रकट केल्लाँ.

चेल्येक आनि चेर्क्याक सुर्वेकऽचि रक्त संबंधु आस्सकी ना म्होणु पोळोका. चेल्येक चेर्को सुर्वेकऽचि लेक्तवे म्होणु सोद्दूनु काड्का. सान समुदायांतु कॉऽण कॉणाक लेक्ता म्होणु सोद्दूनु काड्चें सुलभ. हिंदू समुदाय विशाल आस्स. व्हार्डीक जात्तलि चेल्लि व्हार्डीक जात्तले चेर्क्याक कशिश लेक्ता म्होणु आम्गेले कुळाचि वंशावळिचि काणि पळय्ल्यारि कळ्ता.

लाग्गीचो रक्त संबंधु आस्स जाल्ल्यारि व्हार्डीक कऽर्नाति. माव्ळ्याक आनि भाच्चेक रक्त संबाधु आस्स. भाच्चेलो आनु विंगड गोत्राचो जाव्नु आस्ता. भाच्चेलि आवसु चेर्क्याले बाप्सूलि भैणि. जाल्ल्यारीयि माव्ळो-भाच्चि व्हार्डीक गौडसारस्वत ब्राह्मणांले (गौसाब्राले) समुदायांतु कर्ताति. आत्तँ माव्ळो-भाच्चि सौरीक भारि ऊणे कडेन जात्ता.

“सगोत्र” म्हळ्यारि दोग्गालेयि गोत्र एक्कऽचि म्होणु अर्थु. सगोत्राचे (एक्कऽ गोत्राचे) चेल्येक आनि चेर्क्याक व्हार्डीक कर्नाति. आम्गेले कुटुंबाचें गोत्र, कुलदेवु, बाप्सूलें, आव्सूलें, आज्जालें आनि आज्जेलें नाव्वँ आम्का गोत्तु आस्सूका. आम्गेले गॉत्र आम्गेले

कुळाचो मूल पुरुषालें नाँव.. भारद्वाज गोत्र म्हळ्यारि ते कुटुंबाचो मूल पुरुषु भारद्वाजु जाव्नु आश्शीलो म्होणु अर्थु.

रक्त संबंधु वंशावळींतु सात पीळिगे वरेक मांत्र आस्ता म्होणु विज्ञानि सांग्ताति. गोत्राक गणने केल्ल्यारि एक लक्शाकयि अधिक पीळिगेचे माक्शि संबंधु पळैल्या म्हण्के जात्ता. सात पीळिगेचे वंशावळि लेक्काक घेव्चि म्होणु जाल्ल्यारि आम्गेले गोत्राचे नांव आधुनिक जात्ता. उदाहरणेक “सुब्बण्ण” गीत्र. सात पीळिगेचे माक्शि सुब्बण्ण मूल पुरुषु जाव्नु आश्शीलो म्होणु अर्थु. आधुनिक गोत्रांक गौसाब्रालो भट्टमामु स्वीकार कऽर्ना.

गॊत्र विंगविंगड आश्शीले चेल्येक आनि चेर्क्याक जातक मेळ्नु आय्ल्यारि व्हार्डीक कोर्येत. व्हार्डीक कोर्चे फूडे तांगेले जातक मेळ्नु येत्तवे म्होणु पळैताति. जातकांचि मेळामेळि उच्छतम छत्तीस अंक आस्ता. कनिष्ट आठ्रा अंक आस्सूका. आठ्रा अंकांकयि ऊणे जाल्ल्यारि व्हार्डीक कऽर्नाति. अथवा तांगेले इष्टदेवतेक भट्टमाम्माले सलहेचे अनुसार एकि विशेष पूजा कोर्नु आनि “शांति होमु” कोर्नु माग्गीरि व्हार्डीक कर्ताति. जाल्ल्यारि जातकांक नम्गऽनात्तीले जऽण जातकाचि मेळामेळि पोळोचाक वच्चनांति. “लव म्यारियेज” (प्रेम विवाह) म्होणु जाल्ल्यारि गॊत्र, जातक, इत्यादि पळैनांति.

देणे आनि कानूनु

देणे म्हळ्यारि चेल्ये तर्फीचान व्हरेताक दुड्डु, भांगर, संदूकु, सैट, घऽर, आंगडि, इत्यादि व्हार्डीकेचे वेळारि दिव्चो संपत्तु. देणे दिव्चो उद्देशु चेर्क्यान चेल्येक चंद कोर्नु पोळोनु घेव्का म्होणु देणे दीव्नु तोंडा उत्रानि सांग्चें. चेल्येलो बाप्पूसु श्रीमंतु जाल्ल्यारि देणे चऽड दीव्नु चेर्को धुव्वेक चंद कोर्नु पोळोचे तशिश मज़बूर कर्ता

व्हरेतु मस्त शिक्कीलो म्होणु जाल्ल्यारि देणे कोण चSड दित्तकी ते चेल्ल्येक व्हरेतु व्हार्डीक कोर्नु घेव्चाक ओप्वता. व्हरेतु ताक्का मेळ्ळेले देणे उपयोगु कोर्नु व्हार्डीक जाल्ले माग्गीरि राब्बूंक एक घSर भाड्याक घेत्ता. देणे म्होणु दिल्लेले भांगर वक्लेलो सोत्तु जात्ता. सैट, घSर अथवा फ्ल्याट वक्लेले नावारि कर्ताति. नगदि दुड्डु व्हरेतु ताग्गेले व्यारांतु भंडवाळाक घाल्ता अथवा व्हरेतु डाक्ट्र जाल्ल्यारि प्राक्टीस सूरु कोरूंक (सेट अप कोरूंक) खर्चु कर्ता. दिल्लेले देणे ऊणे जाल्लें म्होणु व्हरेतान अथवा ताग्गेले आव्सुबाप्सून नेवान काणु वक्लेक बाधा दिव्चाक नज्ज सांगीले तित्ले मोबलगु दीनि म्होणु व्हरेताचे तर्फीचानि केलवु पटि वक्लेक कुळार पेटोनु विव्चे आस्स. पूरा देणे घेव्नु यो, न्हंयि जाल्ल्यारि येव्नाक्का म्हण्तले व्हरेतSयि आस्सति.

देणे डिमांड कोर्नु अश्शि वक्लेंक बाधा दित्ताति म्होणु सरकारान आत्तँ भारत देशांतु सुमार चाळीस वर्स धोर्नु म्हळ्यारि 1962 धोर्नु व्हार्डीकेचे वेळारि देणे दिव्चे घेव्चें अपराधु म्होणु "डौरि प्रोहिबिषन ऍक्ट" कानूनु केल्ला. ते कानूनाचे प्रकार व्हार्डीक कर्तना व्हरेतान देणे दी म्होणु निम्गूचाक नज्ज चेल्येन तिग्गेले खुशीरि व्हार्डीके वेळारि दुड्डु, भांगर, संदूकु, इत्यादि खंचोयि संपत्तु बाम्णाले घरकडे हाड्येत. व्हक्लेले बाप्सून ताग्गेले स्वंत खुशीरि सैट, घSर, आंगडि, इत्यादि व्हरेताक दीव्येत.

देणे दिव्चे आनि घेव्चे बंद जाल्ले माग्गीरि भारत देशांतु व्हारडीकेचे स्वरूप बदल जाल्लें. चेल्येन अथवा चेल्येले तर्फीचान पोलीस कंप्लेंट दिल्ले कूड्ले देणे निषेध कानूनाचे सेकशन 498A मूलक चेर्क्याक पोलीसांचे एरेस्ट कर्ताति. पोलीसांचाले तपासणे जाल्ले माग्गीरि अपराधु सिद्ध जाल्ल्यारि चेर्क्याक आनि ताग्गेले बाप्सूक तीनि वर्स कारागृह दंड जात्ता. हे सेक्शन 1983 इस्वेंतु

"डौरि प्रोहिबिषन ऎक्ट" कानूनांतु मेळैले माग्गीरि हज़ार कत्ले प्रकरण जाल्लींति आनि चेर्क्यांक आनि चेर्क्याले आव्सुबाप्सूंक जैल शिक्शा तथा ज़ुर्मानो जाल्लो.

आत्तँ 2017 इस्वींतु खंचोयि चेर्कों अथवा चेर्क्याले तर्फीचे जडण देण्याचि सुद्धि काणांति. आत्तँ चेर्क्यालि योग्यते कम्मि म्होणु जाल्ल्यारि ते चेर्क्याक योत्यते ऊणे आश्शीलि चेल्लि मेळ्ता. फूडे देणे चडड दीव्नु योग्यते कम्मि आश्शीले चेल्येक चडड योग्यते आश्शीलो चेर्को व्हार्डीक कोर्नु घेत्ता आश्शीलो.

चडड योग्यतें आश्शीले चेल्यांक ऊणे देणे दिल्ल्यारि पाव्ता आश्शीलें. आत्तँ देणे दिव्चें प्रश्नेंचि येना. जाल्ल्यारि व्हार्डीकेचो सक्कड खर्चु चेल्येले बाप्सून निभायिसूका म्होणु रूढि जाल्ल्या.. कम्मि योग्यते आश्शीले चेल्यांक व्हार्डीक जाव्का जाल्ल्यारि तीणे कम्मि योग्यते आश्शीले चॊक्र्याक सोद्दूका. देणेंचें आमिश दाक्कोनु चडड योग्यते आश्शीले चेर्क्याक जावँयि कोर्नु घेव्चो काळु गेल्लो.

राज्य सरकारान हिंदू म्यारियेज एक्टाचे नियमावळीक लागु कोर्नु व्हार्डीक जाल्ल्या म्होण्का जाल्ल्यारि व्हारडीकेचो क्रडमु दिल्ला. चेल्येन आनि चेर्क्यान दोग्गानीयि व्हार्डीकेचे समारंभांतु हाज़र आस्सूका. कनिष्ट तीनि साक्शिदाराले एद्राक व्हार्डीक कोर्नु घेव्का. समुदायांतु रूढि आश्शीलेवरि व्हार्डीकेचो समारंभु चोलोका. व्हरेतान व्हक्लेलो हातु धोर्नु तिग्गेले ओट्टु पवित्र अग्नीचे सुत्तु सप्त पदि (हवन कुंडाचे समक्शम सात पावुलँ) काड्काति. सात्ताचि पदि (पावूल) काळ्ळे तक्शण व्हार्डीक कानून प्रकार जाल्लि म्होणु लेक्कूयेत.

व्हार्डीक जाल्ल्या म्होणु 'म्यारियेज सर्टिफिकेट' कोर्नु घेव्का. राज्य सरकाराचे सब-रजिस्ट्रार आफीसांतु दोग्गानीयि

वोच्चूनु अर्जि दीव्नु सर्टिफिकेट माग्गूयेत एक वर्स भित्तरि सर्टिफिकेट कोर्नु घेनि जाल्ल्यारि माग्गीरि केद्ना जायि तेद्ना "स्पेशल म्यारियेज" एक्टाचे प्रकार व्हार्डीक कोर्नु घेव्का. सब-रजिस्ट्राराले आफीसांतु अर्जि दीव्नु एक म्हैन्याचे नंतर वोपास तीनि साक्शिदाराले समक्शम एक्ळयान एक्ळेक माळा घाल्नु दाक्कोका. हाज़र आश्शीलो सरकारी आफीसरु व्हार्डीकेचें सर्टिफिकेट बोरोनु सहि घाल्नु दित्ता.

हिंदू म्यारियेज एक्टाचे प्रकार चेल्येक आनि चेक्र्याक तांगेले आठ्राचे जन्मदिवसाकयि फूडे व्हार्डीक कोरूक नज्ज. आठ्र वर्साकयि फूडे जाल्लेलि व्हार्डीक कानून भाग्र जात्ता. जन्म पत्रिकेरि बरयिले जन्म तारीक पोळोनु चेर्डुवालि प्राय निश्चय कर्ताति. आठ्र वर्स तांयि चेर्डूवँ "मैनर" जाव्नु आस्ताति. मैनर चेर्डूवांक व्हार्डीक केल्लेले वारीसदारांक कानूनु दंड दित्ता.

चेक्र्यालि प्राय एक्वीस वर्स जाव्का. कानूनाचे प्रकार चेक्र्याक कनिष्ट आठ्रा वर्स प्राय जाव्का. रूढीचे प्रकार चेल्लि चेक्र्याकयि चार वर्स सानि आस्सूका. चेक्र्यानि अष्टेचाळीस वर्स भित्तरि आनि चेल्ल्यानि बत्तीस वर्स भित्तरि व्हार्डीक जाव्का. आधुनिक जगत्तांतु चेल्लो सानु जाल्ल्यारीयि चेल्लि होडि जाल्ल्यारीयि व्हार्डीक कोर्नु घेत्ताति. दोग्गऽयि आठ्र वर्साकयि चऽड प्रायेचे जाव्नु आस्सूका.

एंगेजमेंट - निश्चितार्थ

एक पटि चेल्येन आनि चेक्र्यान व्हार्डीक कोर्चि म्होणु ओप्पवऽल्यारि निश्चितार्थाक तयारि सूरु जात्ता. ही चेल्लि हे चेक्र्याक अम्के दिवसु व्हार्डीक कोर्नु घेत्ता म्होणु प्रकट कोरूक आनि समाजाक

तिळिसूचाक निश्चितार्थ कर्ताति. समारंभाक घरकडेचि कोर्येत अथवा मस्त जनांक आप्पोनु सभाभवनांतु व्यवस्थे कोर्येत. चेल्येक भांग्राचे चैन दीव्नु चेक्र्याक वज्राचि मुद्दि दिव्चो क्रऽमु आस्स. हे समारंभाचो खर्चु चेल्येलो बाप्पूसु पोळोनु घेत्ता. निश्चय जाल्ले माग्गीरि कित्ले दीस भित्तरि व्हारडीक जाव्का म्होणु खंचोयि नियमु ना. निश्चय जाव्नु एक वर्स भित्तरि व्हार्डीक जाल्ल्यारि चांग..

निश्चय जाल्ले माग्गीरि चेल्लि आनि चेल्लो अन्योन्य जाव्नु आस्सूयेत. ओट्टूचि निद्दोचे सोणु विंगड सक्कड कोरूंक तान्नि स्वतंत्र आस्ताति. व्हार्डीक जाल्ले माग्गीरि राब्बूंक घऽर तयार कोरूंक निश्चितार्थ जाल्ले नंतर समयु मेळ्ता. विंगड सक्कड विषयांतु व्हरानि चर्चे कोर्नु एक्ळान एक्ळाक समझूनु घेव्येत. एक्केक पटि व्हार्डीक तुंट्रनु वत्ता. तुंट्रनु वोच्चूनु व्हरेतान दिल्लेले चैन चेल्लि वापस कर्ता आनि चेल्येन दिल्लेलि मुद्दि चेल्लो वापस कर्ता.

व्हार्डीक जाव्चे फूडेचि निश्चय तुंट्रनु गेल्ल्यारि आत्तँ कस्सलेंयि विशेष तोंद्रे जाय्ना. दोग्गांकयि व्हार्डीक नाक्का जाल्ल्यारि अव्सु बाप्सूंक मांत्र बेजारु.. चेल्येक चेर्को नाक्का दिस्लो म्होणु जाल्ल्यारि चेल्लो मस्त बेजारु कोर्नु बैसना. चेक्र्यान चेल्लि नाक्का म्होणु म्हळ्ळे जाल्ल्यारि चेल्येक खूब बेजारु जात्ता. चेल्येक चेक्र्याले वैरि मोगु वाड्डीलो म्होणु जाल्ल्यारि निश्चय तुट्रनु गेल्ल्यारि तिक्का मस्त दुःख जाव्चे साध्यते चऽड.

आमंत्रण पत्रिके छाप कोर्नु सक्कडांक पेटोनु जाल्ले माग्गीरि निश्चय तुंट्रनु गेल्लेले म्होणु जाल्ल्यारि सक्कडांक बेजारु जात्ता. व्हार्डीक रद्द जाल्लि म्होणु सक्कडांक सांगूनु पेटोका जात्ता

चेल्येक, चेर्क्याक, तांगेले आव्सु बाप्सूंक सक्कडांक अवमर्यादेचो विषयु जात्ता.

विवाह समारंभ

निश्चय जाल्लेले दीसु व्हार्डीक सुगम जाव्नु संपन्न जात्ता संबंधिकाले एद्राक जाव्चो हो समारंभु सामान्य जाव्नु खंचीयि अडचणे नात्तीले चोलूंक सक्कड सहकारु कर्तातिः गांव्चे मित्रँ, सेज़ाराचे घरांतु वास कर्तले जऽण, व्यारांतु गुर्तु जाल्लेले गिराकी लोकु, आफीसांतुले सहकामगार, चेल्येले आनि चेर्क्याले क्लासमेट, इत्यादि लोकान व्हार्डीकेक येव्नु समारंभ चोल्चे पळैतातिः जेवण जेव्नु तांबूल स्वीकार कोर्नु वत्ताति

व्हार्डीक जाल्ले माग्गीरि दोग्गालेँयि जीवन शैलि बदल्सता. चेल्लि बाय्ल जात्ता आनि चेर्कों बाम्मूणु जात्ता. विवाह जाल्लेले दंपतींक जवाब्दारि चऽडि. समाजाचे, देशाचे आनि सग्ळे विश्वाचे हिताचे कतिर तान्नि काम कोर्का जात्ता. साध्य जाल्लेले तित्ले परोपकारु कोर्का जात्ता. मर्यादेचें जीवन चोलोका जाल्ल्यारि बाय्लेन बाम्णांक आनि बाम्णान बाय्लेक संपूर्ण सहकारु दीव्का.

अध्यायु 7
होडु मनीषु कोण?

मृत्यु सक्कडांक येत्ता. होड्डांकयि सान्नांकयि येत्ता. प्रायेन होडु, अधिकारान होडु, डिग्रीन होडु, प्रषस्ति मेळ्ळेले निम्ति होडु, आव्सु जाल्लेले निम्ति होडि, बाप्पूसु, मांवुँ, म्हान्तु, अण्णा, आक्का, मांयिँ, म्हाव, इत्यादि जाल्लेले निम्ति होड जाव्चाक साध्य आस्स. तांका सक्कडांक एक दिवसु मरण येत्ता. मृत्यु जाल्ले नंतर तान्नि ना जात्ताति जाल्ल्यारि तांगेलि होड्डस्तिका शाश्वत वर्ता.

मृत्यु पावीले म्हाल्घडे धाक्ल्यांक होड मनीष. मरण पावीले व्यक्ति आन्नि नांति. कोणयि मेल्ले नंतर तान्नि सोणु गेल्लेले तांगेले वारीसदार वर्ताति. जीवित वर्लेले व्यक्तीक जवाब्दारि येत्ता. आप्प्यालें जीवन चलायिसुचांतु जवाब्दारि चडड जात्ता.

जगत्तांतु प्रति एक व्यक्तीक एक मॊल बांदूयेत. ताणे जीवित आश्शीले वेळारि ताग्गेले मॊल ताग्गेले आस्ती वैरि होंदूनु आस्स. ताग्गेले नावारि कित्लि ज़मीन आस्स? कित्ले होड घडर आस्स, कित्ले सैट, कित्ले भांगर, नगद, ब्यांक डिपॊसिट, इत्यादि सोत्तु आस्स म्होणु पळैताति. ताग्गेलि कमय कित्लि? तो कित्लें आदाय कडर दित्ता? ताग्गेले बिज़िनेस टर्नॊवर कित्लें? ताग्गेले अंडर कित्ले नौकर काम कर्ताति? ताग्गेले फ्याक्टरींतु प्रोडक्शन कित्लें? अश्शि सक्कड ग़णित कोर्नु एक व्यक्तीले मॊल (क्रेडिट) मोज्जूयेत.

कोणाले मॊल जास्ति आस्स की तो होड्डु म्होणु लेक्कूका. चऽड मोल्लाचे व्यक्तीलि बाय्ल आपापीचि होडि जात्ता. ताग्गेलि चेईूवँ समाजाचे दृष्टीरि होडि मर्यादेक फाव जाल्लेलिँ जात्ताति. होड मनुष्याले सुत्तु आश्शीले सक्कड होडि मर्यादेक फाव आपापीचि जात्ताति.

राजकीय होड्डस्तिका

देशाचो राष्ट्राध्यक्षु सक्कडांकयि होड्डु अधिकारि. प्रधान मंत्रि, गृह मंत्रि, वित्त मंत्रि, रक्षा मंत्रि, इत्यादि मंत्रींक होड मनीषु म्होणु मर्यादि दित्ताति. प्रजाप्रभुत्वांतु खंचेयि नागरीकान उमेदुवारु जाव्नु चुनावणेंतु भाग घेव्येत. चुनावणेंतु जिंकूनु आय्ल्यारि ताक्का सांसदु, विधायकु, कार्पोरिटरु, ज़िल्ला पंचायत मेंबरु, इत्यादि प्रतिष्टेचे स्थानारि अधिकारु चलायिसुचाक अवकाशु मेळ्ता. पाँच वर्स ताणे ते आसनारि बैसूनु अधिकाराचि गोड आनि चेप्पे फऽळ खाव्येत.

प्रजाप्रभुत्वांतु चुनावणेंतु जिंकूनु आय्यीले सीधा राज कारिणी जात्ताति. राज कारिणींक राज्याचे मालीक आस्ल्या वरि पाँच वर्साक राज्यपालनेंतु श्रीमंतिके भोग्गूयेत. राष्ट्रपति, प्रधान मंत्रि, राज्याचे मुख्य मंत्रि, राज्याचे राज्याध्यक्षु (गवर्नर) इत्यादि हुद्देरि आश्शील्यांक फुळ्ळे काळांतु राय्यांक आश्शीले तित्ले मर्यादि, बंग्लो, वाहन, नौकर, सिब्बंदी, इत्यादि मेळ्ता. सरकारी कामांतु जायि जाल्लेले सिब्बंदींक नेमक कोर्चो अधिकारु हांका आस्स. न्यायालयाक, सेनेक, खजानेक, इत्यादि सक्कड कडेन सरकारी नौकरांक नेमक कोर्चो अधिकारु आस्स.

प्रायेचि होड्डस्तिका

प्रायेन प्राप्त जाव्चि होड्डस्तिका प्रति एक व्यक्तीक मेळ्ता. चेर्डु जन्मांक आय्ले कूड्ले ताक्का ताग्गेले कुटुंबाचे सक्कड संबंधीकँ ताग्गेल्याकयि अथवा बाय्लें चेर्डु जाल्ल्यारि तिग्गेल्याकयि होड आस्तातित. ते चेर्डाक व्हारडीक जाव्नु चेर्डूवँ जाल्लेसत्तान बाय्ल बाम्मूणु आव्सु आनि बाप्पूसु जात्तातित.

आव्सु चेर्डुवांक सदाकाळ होडि. तीणे तिग्गेले चिव्वें दूध दीव्नु चेर्डाक होड केल्लाँ. चेर्डाक कष्ट पाव्नु खावय्ला, पिवय्ला, निदाय्लाँ, न्हाणय्लाँ. ताक्का चोगो घाल्ला, उल्लोचाक शिकय्लाँ. खेळय्ला. खेळय्तना पोणु घायु कोर्नु घेना तश्शि राक्लाँ. इस्कूलाक भर्ति कोर्नु शिक्शण मेळो म्होणु चेर्डाक शिक्वणेक जायि जाल्लेले प्रति एक व्यवास्थे केल्ल्या. चेर्डाक इस्कूलाक व्होर्चे, जेवण होर्नु दिव्चें, इस्कूल सोळ्ळेकूड्ले भाय्र राक्कूनु राब्बूनु चेर्डाक घरकडे हाड्चँ इत्यादि सक्कड सहायु केल्ला.

मस्त घरांतु आव्सु चेर्डाक सान क्लासांतु तिक्का गोत्तु जाव्चे तित्लो पाठु शिकय्ता. अगत्य पळ्यारि ट्युयिशन दिवैता. परीक्षेचे वेळारि चेर्डाक खंचेयि रीतीरि कष्ट जाय्ना तश्शि पोळोनु घेत्ता. चेर्डाले वैरि सहानुभूति दाक्कैता. धांचे क्लास पास जाल्ले माग्गीरि मुकारि खंचो विषयु शिक्कूका म्होणु मार्ग दर्शन दित्ता चेर्डु वाय्ट चेर्डूवालि दोस्ति कोर्नु वाय्ट अभ्यासांतु पणातश्शि पोळोनु घेत्ता. चौद वर्स प्राय जाल्ले माग्गीरि चेर्डूवांक वाय्ट बुद्धि येना तश्शि आव्सु जाग्रते कर्ता.

चेल्ये चेर्डूवांक आव्सूले मार्ग दर्शन तांका भष्टिपऽण आय्यीले तवळि जाव्का ज़ात्ता. भष्टिपण म्हळ्यारि कस्सलें आनि ताक्का कश्शि सुधारिसूनु घेव्का म्होणु आव्सु चेर्डाक विवरिसीता भष्टि जाल्लेले वेळारि रगत पोळोनु घाब्रेना तश्शि विवरिसीता.

भष्टि जाव्चे चेईूवांनि दार्ले चेईूवाले ओट्टु खेळूंक नज्ज तांगेलेलाग्गि एक्ळीचि आस्सूंक नज्ज. तो दार्लो सानु जाव्वो होड्ड जाव्वो, मामु, म्हांतु, बाप्पा, गुर्ताचो या गुर्तु नात्तीलो, ड्रायवरु, पीयोनु, क्लार्कु, आफीसरु, मास्ट्रु, डाक्ट्रु, लायरु, पोलीसु, इत्यादि कोणयि जाव्वो ताग्गेले ओट्टु एक्ळीचि आस्सूंक नज्ज. म्होणु आव्सु धुव्वेक विवरिसीता आनि तांगेले कन्यापण (कुमारिके) राक्कोनु घेत्ता. व्हार्डीक जाव्वोतांयि तिग्गेले चेर्डान कन्यावस्था राक्कूनु घेत्ल्यारि चांग म्होणु आव्सु सलहे दित्ता.

बाप्पूसु चेर्डाक पोस्सूंक जायि जाल्लेले आर्थिक व्ववस्थे कर्ता. चेईूवांक जेवणाचि आनि खाणाचि व्यवस्थे, राबंबूंक घऽर इत्यादि बाप्सूनऽचि ताग्गेले कमयाचो दुड्डु खर्चूनु कोर्चें बाप्सून लाय्क दुड्डु कमय कोर्नु हाणु बाय्ल चेईूवांक पोस्सूका.

ममतेचि होड्डस्तिका

कुटुंबांतु आव्सु बाप्सूंक चेर्डाचेरि आश्शीलि ममता होडि. चेल्ये चेर्डाले वैरि बाप्सूक मोगु चऽड्डु आस्ता. दार्ले चेर्डाले वैरि आव्सूक चऽड्डु मोगु आस्ता. एक चेईु जाल्ले माग्गीरि बाय्लेक तिग्गेले बाम्णाले वैरि तीणे दिव्चे लक्ष ऊणे जात्ता. चेर्डाले अभ्युदयाचे कतिर बाय्ल तिग्गेले बाम्णांक संपूर्ण निर्लक्ष कऽर्ना. बाम्णान चेर्डाले पोळवणेंक आर्थिक सहायु दिव्चो राब्बैल्यारि माग्गीरि आप्ण्यांक एक्ळेक चेर्डालि जवाब्दारि व्हॉव्चाक जाय्ना म्होणु तिक्का गोत्तु आस्स. बाम्णांक ताक्का जायि जाल्लेले दिल्ल्यारि तो चेर्डाक पोळोनु घेव्चाक कस्सलेंयि ऊणे कऽर्ना म्होणु तिक्का गोत्तु आस्स. आव्सूक चेर्डाले वैरि मोगु केद्नायि ऊणे जाय्ना.

बाम्मूणु आप्ण्यान सांगीले आय्कना म्होणु बात्लेक मनांतु गेल्ले म्होणु जाल्ल्यारि ती बाम्णांक बाधा दिव्चाक सूरु कर्ता. आफीसांतु काम कोर्नु थक्कूनु (टायर्ड जाव्नु) आय्यीले बाम्णाले करान घर्चे कामयि करय्ता. आय्दन घासूचें काम बाम्णांक दित्ता. आवंगले सुक्कत घाल्चे काम ताक्का दित्ता. फूडे चा कोर्नु दित्तऽलि आत्तँ चा तूंचि कोर्नु पी म्ह्ण्ता.. ताणे दोस्ताँले ओट्टु भोंव्चाक वोच्चाक नज्ज. दोस्ताले कतिर बाम्मूणु अनावश्यक दुड्डु खर्चीता म्होणु बाम्णाले लाग्गि झगडो कर्ता. बाम्णाले आव्सु बाप्सूंक अथवा भावु भैण्यांक दुड्वाचो सहायु केल्ल्यारि बाम्णान होळ्ळि चूकि केल्लेले वरि ताग्गेले लाग्गि झगड्ता. बाम्णाले ब्यांक खातेरि दोळे दव्वर्ता. बाम्णाले ब्यांक खातेंतु जाल्लेलि प्रति एक डेबिट एंट्रिचि विवरणे बाम्णालॆ लाग्गि निम्गीता. विवरणे फट्टि म्होणु दिस्ल्यारि झगडता.

बाम्मूणु खर्चीना म्होणु जाल्ल्यारि बाय्ल बाम्णाले लाग्गि दुड्डु निम्गूनु घेव्नु आप्पण एक्ळीचि पेंटांतु वोच्चूनु अनावश्यक सामानु खरीदि कोर्नु घेव्नु येत्ता. “सेल” म्होणु सांगूनु एक्काचे बदलाक धा वस्तु घेव्नु येत्ता.. प्रति दिवसु बाम्णाले आव्सु बाप्सूंक तांगेलें खंचेयि फुळ्ळे कर्म किडोनु काणु बाम्णाले लाग्गि झगडता. आप्ण्याक “एक काप्पड पुणि केद्नायि हाणु दिल्लेवें तूकें” म्होणु बाम्णांक प्रश्ने कर्ता. बाम्णान चऽड खर्चूचाक नज्ज. ऊणेयि खर्चूचाक नज्ज.

चेर्डाले वैरि बाम्णांक ममते आश्शीले निम्ति तो बाय्लेले वर्तने सहिसूनु घेत्ता. चेर्डाक बाधा जाव्चाक नज्ज म्होणु तो ताग्गेले बाय्लेन कित्लि बाधा दिल्ल्यारियि सहिसूनु घेत्ता. डिवोरसु घेत्ल्यारि मर्यादि वत्तां म्होणु डिवोर्साचि सुद्दि काणा.

मनुष्याक प्रकृतीन ममतेचो गूणु दिल्ला. ममता आप्प्ण्यालि होड्डस्तिका दाक्कोनु कुटुंब भेत्तनातशिश पळैता.

प्रशस्तीचि होड्डस्तिका

ओलिंपिक मेडल मेळ्यारि तो या ती होडि जात्ता. सरकार तांका कोटिकट्ले रुप्पयो इनाम दित्ता. क्रिकेट म्याच विन जाल्लींति म्होणु जाल्ल्यारि टीमाचे सदस्यांक कोटिकट्ले रुप्पयो बक्शीस मेळ्ता. प्रति एक स्पर्धेंतु प्रथम स्थान जोणु घेत्तील्यांक समाज होड स्थान दीव्नु गौरव प्रदान कर्ता.

आप्प्ण्यालि साधने दाक्कोनु प्रशस्ति मेळोचें खंचेयि व्यक्तीक असामान्य स्थान दित्ता. संगीत नाटक अकाडेमीन अथवा साहित्य अकाडेमीन खचेयि कलाविदाक अथवा लेखकाक प्रशस्ति दिव्चेंयि गणनीय विषयु. देशाचे नागरीकांक उत्तेजन दिव्चे कतिर विविध स्पोर्टांतु साधने केल्लेले खेलकारांक, विशेष समाज सेवे केल्लेल्यांक, डाक्ट्रांक, कलाविदांक, राजकारणींक, इत्यादि होड मन्शांक सरकार पद्म प्रशस्ति दीव्नु सम्मान कर्ता. पद्मश्री, पद्मभूषण, पद्मविभूषण, भारतरत्न म्होणु विविध प्रशस्ति दित्ता. प्रशस्ति मेळ्ळेले नागरीक निज जाव्नु होड मनीष.

डाक्ट्रालि होड्डस्तिका

आम्गेलो डाक्टरु आम्का होड्डु मनिषु. कित्लेकी पटि डाक्टरु हुषार नात्तील्यांक परीक्षे कोर्नु वक्कद दीव्नु हुषारु कर्ता एक मनुष्याक आरोग्य अत्यंत आवश्यक. मनीषु हुषार ना जाल्ल्यारि ताणे घरकडे निददोनु आस्सूका जात्ता. विद्यार्थीक इस्कूलाक वोच्चाक जाय्ना. एकु पाठु चुक्कूनु गेल्ल्यारि तो विषयु पुस्तकांतु वाज्जूनु

शिक्कूयेत परंतु मास्ट्रान क्लासांतु कस्सले शिकय्लांकी ते पुस्तकांतु ना जाल्ल्यारि परीक्षेंतु उत्तर बोरोचाक कष्ट जात्ता. साताठ दीस इस्कूलाक वच्चना जाल्ल्यारि चुक्कूनु गेल्लेले पाठ सक्कड क्लासमेटाले लाग्गि नोट्स कापि कोर्नु शिक्कूका जात्ता.

हुषार नात्तीले दिवसु नौकरांक कामांक वोच्चाक जाय्ना खासगी आंग्डींतु नौकरु जाल्ल्यारि यजमानाक नौकरान कामांक येना जाल्ल्यारि तो कोप्ता. होडि कंपनि जाल्ल्यारि मेडिकल रजेंतु कट जात्ता. सरकारी नौकरि जाल्ल्यारि बॉसाक बेजारु जात्ता. गैरु हाज़र जाव्चें खंचेयि नौकराक एक काळे चिन्हें. दैहिक काम कर्तले नौकरांक विशेष कष्ट जात्ता. शरीराक बऽल ना जाल्ल्यारि खोंड्तल्यांक, सामानु व्हांव्तल्यांक, लैनारि वोच्चूनु व्यापारु कर्तल्यांक, इत्यादि दिनकूलि कमय कर्तल्यांक आदायु शून्य जात्ता

गृहिणीन हुषार नात्तीले निद्दल्यारि घरांतु अव्यवस्थे जाव्नु सक्कडांक अनानुकूलते जात्ता कापि चा कोर्नु दित्तलि ना. रांदप कोर्नु वाड्तलि ना. सुक्कीले आवंगले मडचूनु दव्वर्तलि ना घरांतु सामानु पूरा अस्तव्यस्त जाव्नु पोणु आस्ता..

डाक्टराले लाग्गि वच्चनात्तीलो वक्कद घेना नात्तीलो कित्ले दीस हुषार नात्तीलें निद्दतलो? डाक्टराले लाग्गि वोच्चूनु परीक्षे कोरोनु घेव्नु हुषार जात्तल्यान वग्गि आरोग्य पाव्येत.

डाक्टराले फीस मांत्र आत्तँ विपरीत चऽड जाल्लाँ. खंचेयि एक युवकान डाक्टरु जाव्का जाल्ल्यारि ताक्का परीक्षेंतु चांगु मार्कु मेळ्का. मेडिकल कॉलेजांतु प्रवेश मेळ्का जाल्ल्यारि कॉलेजाचे विपरीत चऽड फिस दीव्का. पांच वर्स मेडिकल कालेजांतु हाज़र जाव्का. स्पेशलिस्टु जाव्का जाल्ल्यारि आनिकयि दोनि तीनि वर्स मेडिकल कॉलेजांतु डिप्लोमा या डिग्रि मेळोका. इत्ले सक्कड जाल्ले माग्गीरि शॉप या क्लिनिक या आस्पत्रे सेट्ट कोर्का. ते

लेक्कारि डाक्टरानि घेव्चे फीस चऽड न्हंयि. चऽड शिक्कीले डाक्टराँलो प्रारंभिक खर्चु सामान्य डाक्टराँले खर्चाकयि मस्त अधिक आस्ता. क्लिनिक्कांतु आधुनिक आयुधँ, यंत्रँ, फर्नीचर, इत्यादि व्यवस्थे केल्ल्यारि तांका सेट्ट कोरूंक डाक्टरान मस्त दुड्डु भोर्का जात्ता. क्लिनिक्कांतु एक रिसेप्शनिस्ट आनि एक नर्स कामांक दव्वर्ल्यारि तांका सांबोळु आत्तँचे धारणेरि दित्ताति. अस्सले उत्तम डाक्टराले लाग्गि चिकित्से कोरोनु घेव्चें सक्कडांकयि साध्य जाय्ना. अशिश उत्तम डाक्टराले लाग्गि चिकित्से कोरोनु घेव्चाक मेडिकल इन्शूनरेन्स उपयोगाक येत्ता. मेडिकल इन्शूरेन्स आस्पत्रेंतु एड्मिट जाल्ल्यारि मांत्र मेळ्ता. होड आस्पत्रेक वोच्चूनु होड डाक्टराले लाग्गि परीक्षे कोरोनु घेव्नु चिकित्से कोरूंक जायि जाल्लोलो तित्लो दुड्डु आनि सवलत्तु आश्शीलो व्यक्ति धन्य व्यक्ति.

एम् बि बि एस डिग्रि पास जाल्लेले डाक्टरांक आधुनिक डाक्टर (अलोपथि डाक्टर) म्हण्ताति. आयुर्वेद, यूनानि, होमोपथि, योगा, म्होणु विंगड डाक्टर आस्सँति. तांगेले फीस ऊणे आस्ता. भारतांतु पन्नास प्रतिशत मध्यम वर्गाचे जनांक आयुर्वेद, युनानि या होमोपथि डाक्टर चिकित्से दित्ताति. आयुर्वेद डाक्टरीका शिक्कूका जाल्ल्यारि आयुर्वेद मेडिकल कौलेजांतु पांच वर्स शिक्कूका. होमोपथि, सिद्ध, युनानि, योगा, इत्यादि डाक्टरु जाव्चाक दोनि धोर्नु चारि वर्स सेकेंड पी यू सी पास जाल्ले माग्गीरि कौलेजाक वोच्चूनु शिक्कूका. मस्त कष्ट पाव्नु डाक्टर जाल्लेले हे युवक सक्कड होड मनिष जाव्नु आस्सति.

दुड्वाचि होड्डस्तिका

“दुड्डिद्दवने दोड्डप्प” म्होणु कन्नड गादे आस्स. दुड्डु आस्स जाल्ल्यारि खंचेयि काम सुलभ जात्ता. आव्सु सोणु विंगड कस्सले जाल्ल्यारीयि मोल्लाक घेव्येत. एक श्रीमंत मनीषु ताग्गेले सग्ळे जीवनांतु ताग्गेले स्वंत विलासाचे कतिर दुड्डु खर्चीनात्तीले अगत्य आश्शीले वस्तु घेव्चाक मांत्र खर्चूनु दुड्डु वरैता. ताणे वरयिलो दुड्डु, ज़मीन, घऽर, नगद, ब्यांक ठेवणि, भांगर, इत्यादि सक्कड ताग्गेले मरणांचे नंतर ताग्गेले वारीसदारांक मेळ्ता. ताग्गेलि बाय्ल चांग नमून्यारि अन्योन्य जाव्नु आश्शीलि जाल्ल्यारि तिक्का वारीसदार कर्ता. पूतु, धूव, भावु, भैणि, इत्यादि संबाधीक ताग्गेले ओट्टु मनस्ताप कर्ना नात्तीले आश्शीलींति जाल्ल्यारि तांगेले नावारि ताग्गेले मरण शासन (विल्ल्) बरैता.

आश्शि श्रीमंतालो वारीसदार जाव्नु दुड्डु मेळोनु घेव्चो संदर्भु सक्कडांक ना. स्वंत कष्ट पाव्नु रातदीस श्रऽम कोर्नु दुड्डु वोरोनु श्रीमंतु जाव्चें जीवन अमूल्य जीवन. उच्छ शिक्शण पाव्नु होड बिसिनेस की, उद्योगु की, चलायिसूनू श्रीमंतु जात्तलो धर्मारि चल्ता. हिंसा, दगलबाज़ी कर्ना. सक्कड लोकाले ओट्टु सौहार्दतेन चल्ता. दुरहंकारु नात्तीलो दुड्वाळु मनीषु निज जाव्नु होड्डु मनीषु.

दुड्डु आश्शीले जनांक पार्लिमेंटांतु, विधानसभेंतु, नगर सभेंतु, इत्यादि शासन सभेचो सदस्यु जाव्चाक सुलभ.. राजकीय पार्टीतु सदस्यु जाव्नु पार्टीचो कार्यकर्ता जाव्नु मुकारि ताग्गेलो दुड्डु पार्टीचे है-कमांडाक दीव्नु खंचेयि एक चुनावणेंतु पार्टीचो उमेदुवारु जाव्नु राब्ता. चुनावणेंतु तो मतदारांक दुड्डु दीव्नु तान्नि ताग्गेले चिन्हेक व्होट्टु दिव्चेतश्शि कर्ता. माग्गीरि चुनावणेंतु विन जाल्ल्यारि वोपास दुड्डु दीव्नु मंत्रि जात्ता. कोटि कट्ले रुप्पयो दीव्नु तो मुख्यमंत्रि जाव्चाक साध्य आस्स. भारत देशांतु अस्सले

प्रजाप्रभुत्व राजकीय आस्स. दुड्वाचे बलारि चोल्चे प्रजाप्रभुत्व दुर्बळ्यांक उद्धारु कऽर्ना. दुड्वाचे बलान मंत्रि जाल्लोलो ताग्गेलो दुड्डु दुगुण कोरूक लंचु घेत्ता. खंचेयि सरकारी काम जाव्का जाल्ल्यारि लंचु दिल्लेशिवायि जाय्ना म्होणु जाल्ल्यारि सामान्य मनुष्याले जीवन कठिण जात्ता.

चंद चेल्येलि होड्डस्तिका

चंद चेल्येक आप्पण चंदि म्होणु पांच सह वर्स प्रायेरीचि कळ्ता. गोरि जाव्नु, मुलायम केसु आस्सूनु पिंक्शे दोळे जाव्नु हरिणशी दिस्तलि चेल्लि चंदि चेल्लि. चेल्लि काळि जाल्ल्यारीयि चंदि आस्सूंक साध्य आस्स. चंदायि पळय्तल्याले दोळ्यांतु आस्स. सोळ सत्रह वर्साचि चेल्लि चंदि म्होणु जाल्ल्यारि तिक्का चंदु चेल्लो माक्शि लाग्ता. तो चेल्लो तिग्गेलो बॉयफ्रेंड्ड (प्रेमि) जात्ता.

चंद चेल्यानि तांगेले प्रेमि चेक्र्यांक बदल्सूचे सामान्य. एक प्रेमीक सोणु दुसरे प्रेमीक धर्तीति. भरपूर दुड्डु आश्शीलो चेर्को मांत्र चंद चेल्ल्योलो प्रेमि जाव्चाक फावु जात्ता.

चंद चेल्लि गुणशीले जाल्ल्यारि तिक्का व्हार्डिक कोर्नु घेत्तिलो चेल्लो कष्टांतु पऽणा. बाम्मूणु श्रीमंतु जाल्ल्यारि चंदि बायल एक झग्झग्चे लक्षण जात्ता. बुद्धिवंति चंदि चेल्लि गुणशीले जाल्ल्यारि तस्सले चेल्येलो बाम्मूणु भाय्ल्यान पोळोचाक संतुष्टु म्होणु दिस्ता. विद्यावंत चंदि चेल्यो व्हार्डीक जाव्नु चेर्डुवांक जन्मु दिल्ले माग्गीरि मोगाचि आव्सु जाल्ल्यारि सौभाग्य. चंद चेल्यांक दुरहंकारु वग्गि येत्ता. दया, क्षमा, सहने, इत्यादि चांग स्त्री गुण चंद चेल्ल्यांक आय्लींति म्होणु जाल्ल्यारि तान्नि सून जाव्नु आय्यीलें कुटुंब समाजांतु नांव पाव्ता. चंदि गुणवंते मॉयि तिग्गेले

सुन्नेक तिग्गेलि स्वंत धुव्वे म्हण्के पोळोनु घेत्ता म्होणु जाल्ल्यारि ती बाय्लमनीषि एक होडि मनीषि जात्ता.

बाय्लमन्शॉले होड्डस्तिका देहाचि चंदायेंतु मांत्र ना. देह चंद आस्सूनु, ज्ञान, विवेक, गुणस्वभावु, इत्यादि चंद आस्ल्यारि ती बाय्लमनीशि साक्षात देवि म्होणु प्रसिद्ध जात्ता.

गूंडागिरीचि होड्डस्तिका

गूंडा म्हळ्यारि कानूनांक भीनानात्तीले जऽण. गूंडा लोकांक फाटिबलान राजकारणि आस्तातिं. खचेयि एक सामाजिक या सांस्कृतिक कारण सांगूनु तोड्फोड कर्तले गूंडा जाव्नु आस्तातिं. राजकारणि तांका सांबोळु दित्ता. तांका दुड्डु जायि जाल्ल्यारि उषिणे दित्ता. तांका ताग्गेले कंपनींतु, फ्याक्टरींतु, फार्मांतु, अथवा गुर्ताचे सरकारी आफीसराले इन्फ्लुयेन्सारि खंचेयि एक नौकरि दिवैता.

गूंडागिरि म्हळ्यारि गूंडाले हिंसात्मक कार्य. रास्ता रोको म्हळ्यारि धा पंद्रा गूंडान मार्गाचे मध्येंतु राब्बूनु वाहन संचार बंद कोर्चे. पोलीस राजकारणीन सांगीलवरि चल्तातिं. पोलीस गूंडानि रास्ता रोको केल्लेले कडेन जायिम्होणूंचि तोडोवु कोर्नु येत्तातिं.. जाग्यारि आय्ले माग्गीरि तक्शण गूंडांक मार्नु धांव्डाय्नांतिं. मार्गु बंद जाल्लोलो वग्गि खालि कर्नांतिं. जनांक कष्ट जाल्लेले पोळोनु बस्तातिं शिवायि मार्गु क्लियर कर्नांतिं. गूंडाले लीडराले ओट्टु उल्लोनु बस्तातिं. माग्गीरियि गूंडान मार्गु सोणु दीनि म्होणु जाल्ल्यारि तांगेले पैकि थोडे मूख्यस्थांक अरेस्ट कर्तातिं. गूंडाले गलाटेचे निमित्त कोणांकयि जखं जाल्लॉं जाल्ल्यारि सल्प गूंडांक म्याजिस्ट्रेट कोर्टांतु सादर कर्तातिं. तांका बेय्लारि सोणु सोड्तातिं.

गूंडा एकु लीडरु. ताग्गेले काम मस्त जनांक मेळोनु सामूहिक हरकत कोर्नु विरोध प्रदर्शन कोर्चें. मुंबै नगरांतु मराठी भाषेचे उजागरण कोरूंक दक्शिण कन्नड जिल्लेचे तुळु जनाले होटेल सक्कड फात्तोरु उड्डोनु, फर्निचर आनि सामानु ध्वंस केल्लेले गूंडा पंगड आजि आत्तँ एक राजकीय पक्श जाव्नु तें संघठण चुनावणेंतु बह्हुमत मेळोनु सरकारांतु अधिकारु चलाय्सीता.

सान्नांक जीवन सुलभ

साधने कोर्नु होड जात्तल्यांक तांगेले उच्छ स्थऽर राक्कूनु घेव्चें कष्टाचे काम. सान्नांक जवाब्दारि ऊणे आनि जीवन आसान. दुर्बऽळ्यालो संसारु सरकाराचे दृष्टींतु पडता. बी पी एल (बिलो पवर्टि लैन) लोकांक गोँवु, तांदूलु, तेल, ग्यासाचे सिलिंडर, इत्यादि सामग्रि सरकार फुक्सटे दित्ता. सल्प पाश्चात्य देशांतु नौकरी नात्तीले बेरोज़गारांक सरकार मासिक भात्तो पे कर्ता.

भाड्याक घऽर घेव्नु राब्तल्याक बिल्डिंगाचि रिपेरीचे कणकण ना. सैट या घऽर मोल्लाक घेनानात्तील्याक सेटाक या घराक राक्चे खटखट ना. मस्त नगद, भांगर, इत्यादि घराचे भित्तरि दव्वर्लेल्याक चोरालि भीति आस्स. कार ओनराक पार्क कोरूंक जागो मेळता कीना म्होणु चिंते आस्ता.

सानु मनीषु निज जाव्नु होड्डु मनीषु..

अध्यायु 8

धुव्वोरु

धुव्वोरु दोनि प्रकाराचो आस्स. चांगु आनि वाय्टु. जळाराक धावंडाचे कतिर वक्कद लाय्यीलि तुस्शयाचि सुरुळि जोळोनु धुव्वोरु घाल्ताति. तो धुव्वोरु चांगु धुव्वोरु. चांगु इत्याक म्हळ्यारि ते धुव्रान जळार धाव्नु वत्ताति जळार चाबल्यारि मलेरिया, डेंगु, चिकनगुन्या, इत्यादि रोगु येव्चाक साध्य आस्स. ते धुव्रांतु आश्शीले वक्कद सान चेईवांक चांग न्हंयि म्होणु सांग्ताति. तश्शि जाव्नु जळयिलि वक्दाचि सुरुळि सान चेर्डालें लाग्गि दोव्वोरूंक नज्ज.

मनुष्याक काराचे एग्सास्ट नळियेंतु ताक्कूनु भाय्र येव्चो धुव्वोरु वाय्ट धुव्वोरु. होमु, हवन, यज्ञु, यागू कर्तना येव्चो धुव्वोरु चांग धुव्वोरु. राक्डा उज्जाक रांदप कर्तना येव्चो धुव्वोरु आम्गेले पुप्पुसांतु वोच्चूनु पुप्पुसांक पाड कर्ता मस्त वर्स राक्डाचो धुव्वोरु श्वासांतु घेत्तीले बाय्लमन्शेक वग्गि श्वासकोशांचो रोगु येत्ता.

धुव्वोरु आश्शीले कडेन उज्जो आस्स म्होणु लेक्कूका. शिंयाचे काळांतु उज्जाचे लाग्गि बेसूनु शीं धावंडाय्ताति. काश्मीरांतु मात्येचे बुड्कुळ्यांतु उज्जाचो इंगळो घाल्नु बुड्कुळो पोट्टाक बांदूनु शिय्यांतु आंग बेप्पु दोव्वोर्नु घेत्ताति.. उज्जो जोळोचाक कोळसो उपयोगाक पड्ता. भूयेंतु कोळसाचे खऽणि आस्सति. खणियेंतु ताक्कूनु खोंड्नु काणु हाळ्ळोलो कोळसो वग्गि गोब्बोरु जाय्ना. जळयिले कोळशाक इंगळो म्हण्ताति. उज्जांतु

ज्वाले आश्शीले वेळारि धुव्वोरु ऊणे आस्ता. उज्जो लाग्गनात्तीलो हून जाय्ना नात्तीलो वस्तु प्रकृतींतु मेळ्ताति

उज्जो जोळ्का जाल्ल्यारि जोळचो वस्तु जाव्का. सामान्य जाव्नु राक्कूड जोळोनु उज्जो कर्ताति. जोळचे वस्तूचें उष्ण चळ्ळेले तश्शींचि ज्वाले उटाय्ता. राक्कूड सुक्के जाल्ल्यारि ज्वाले येत्ता. राक्डांतु उद्काचें पऽशें आस्स म्होणु जाल्ल्यारि उज्जाचे उष्ण ऊणे जात्ता आनि धुव्वोरु येत्ता. राक्कूड जोळ्नु गोब्बोरु जात्ता. "चिम्णि" म्हळयारि चिम्णे तेल्लाचो दिव्वो. एक बाट्लेक तगडाचे धांग्णे आस्ता. ते धांग्ण्याक वाति घालूंक एकि तगडाचि नऽळि आस्ता. ते नळियेंतु काप्साचि वाति गांतीताति. बाट्लेंतु चिम्णे तेल घाल्ताति. वाति तेल्लांतु बुड्डूका आनि ताज्जि तूदि भाग्र नळियेंतुल्यान कालु इंच एत्तर दिस्सूका उज्जापेट्टेन काड्डि जोळोनु वाति जळय्ल्यारि ज्वालेचो उज्जो जळ्ता. हे ज्वालेंतु ताक्कूनु येव्चो धुव्वोरु चिम्णेंचे वैरि दव्वर्लेले प्लेटारि संग्रह जाव्नु काळो वस्तु मांड्ता. हे काळे वस्तूक काजळ म्होणु नांव. काजळांतु अंगार (कार्बन) आस्स.

आम्का उज्जो जाव्का. उज्ज्याचे मस्त उपयोग आस्सति. आम्का धुव्वोरु नाक्का. धुव्रा निम्ति हानि चऽडि आस्स. धुव्रांतु अंगार, गंधक, नैट्रोजन, इत्यादि वार्यांतु मेळ्नु जनांक हानिकारक जाव्चे विषवस्तु आस्सति. हे विषवस्तु जनाले श्वासांतु देहाचे भित्तरि वत्ता आनि नमुनमून्याचे कायिलेक कारण जात्ता. वार्याक धुव्वोरु उब्बूनु वत्ता. वारे ना जाल्ल्यारि धुव्वोरु उज्जो जोळचे कडेनऽचि संग्रह जात्ता. कुडांतु धुव्वोरु संग्रह जाल्ल्यारि कंड्येचे बागिल उदारे कोर्का. आत्तंचे नवे एपार्टमेंट बिल्डिंगांतु वारे घुंव्चाक व्यवस्थे कर्ताति.

वायु मालिन्य

धुव्रानि वायु मालिन्य जात्ता. दोळ्याक दिस्चें वायु मालिन्य धुव्वोरु संग्रह जाव्नु जात्ता. जोरु वारे येव्नु धुव्वोरु विरळ जात्ता. मोड जाल्लेले वेळारि वारे येनि जाल्ल्यारि वायु स्तब्ध जात्ता आनि धुव्वोरु दाट जात्ता. पाव्सु येत्तना भूंय्चे वातावरणांतु आश्शीले सक्कड मलिनवस्तु पाव्साचे उद्काचे ओट्टु सकल देव्नु येत्ता.

वायु मालिन्याक मुख्य कारण औद्योगीकरण.. बिल्डिंग बांदूक, रस्तो बांदूक, रैल मार्गु, अणेकट्टु इत्यादि निर्माण कोरूक जायि जाल्लोलो वस्तु उत्पादन कर्तना धुव्वोरु उत्पन्न जात्ता. विद्युत्छक्ति उत्पादन कर्तना, कार, बस्स, बैक, इत्यादि वाहन उत्पादन कर्तना, काप्पड, वस्त्र, लोकंडाचो सामानु, मशीन, आयुध, बंदूक, इत्यादि उत्पादन कर्तना धुव्वोरु उत्पन्न जात्ता. पेट्रोलु जोळोनु वाहनाचे इंजिन चालु कोर्येत म्होणु सोद्दूनु काडित धोर्नु वायु मालिन्य चऽड जाल्लाँ. पेट्रोलु इंजीनांतु जळ्तना अंगार, गंधक, नैट्रोजन आनि इतर विविध विषवस्तु एग्सास्ट नळियेंतु ताक्कूनु भाय्र येव्नु वारें प्रदूशित कर्ता. डीसेल इंधन जोळोनु चोल्चे वाहनांतु चऽड प्रदूशित धुव्वोरु उत्पन्न जात्ता. प्रदेशाचे विस्तीर्ण सान आस्सूनु वाहनांचो दट्टणे जास्ति आस्ल्यारि वायु मालिन्य मोज्जूचें मीटर होड अंके दाक्कैता. जनसंदणि जास्ति जाल्लेले तश्शींचि वाहनांचो उपयोगु जास्ति जात्ता.

पेट्रोलांतु आनि डीसेलांतु परिष्करण कोर्नु आनि इंजिनाचे डिसैन बदल कोर्नु एग्सास्टांतु विषवस्तु ऊणे कोरूक विज्ञानीन प्रयत्न केल्लाँ. कारांक श्रेणि निगदि केल्ल्यांति. भारत vi श्रेणि अत्याधुनिक श्रेणि जाल्ल्या.

अणुविद्युत्स्तावरानि आनि फोटोवोल्टेयिक पेनेलानि उत्पन्न जाव्चो विद्युत्तु वायु मालिन्य कऽर्ना.

सिगरेटाचो धुव्वोरु

सिगरेट तांड्ल्यारि क्यान्सर येत्ता. सिगरेटाचो धुव्वोरु वायु मालिन्य कर्ता. सिगरेट तांडीनात्तिल्यानि सिगरेट तांडीतले व्यक्तीले लाग्गि राबल्यारि ताक्का धुव्राचो परिणामु पन्नास प्रतिशताकयि चSड जात्ता म्होणु जनांक भिवैतातिं. सिगरेट तांड्नु श्वासकोशाचे क्यान्सर येव्चे चान्स भारी ऊणे म्होणु मेग्गेलि नंबीके. सिगरेटानि येव्चो धुव्वोरु अत्यल्प जाव्नु ताज्जे निम्ति वायु मालिन्य जात्ता म्हळ्ळेले फट्टि. लाग्गि राब्बीले व्यक्तीक बाधा येत्ता म्हळ्ळेलेयि फट्टि.

मनुष्यान सिगरेट तांड्क निषेध केल्ल्यारि ताक्का विंगड वाय्टु अभ्यासु लाग्तातिं. प्रति एक मनुष्याक खंचोयि एकु नशीलि वस्तु सेवने कSर्ना जाल्ल्यारि जीवनांतु वग्गि बेजारु येत्ता. पंद्रा सोळा वर्सारीचि काफि, चहा, सेवनेंचो अभ्यासु चेर्डूवांक येत्ता. माग्गीरि केलवु जनांक बीडि सिगरेट तांड्चो अभ्यासु लाग्ता सार्वजनिक प्रदेशांतु सिगरेट तांड्क नज्ज म्होणु कानूनु केल्ला.. ते निमित्त चेर्डूवँ सोरो पित्तातिं अथवा ड्रग्स सेवने कर्तातिं. सिगरेटाकयि वाय्ट वस्तु सेवन कोर्नु क्यान्सराचे बदलाक लिवर रोगु येव्नु मरण पाव्ता. ड्रग्स सेवने कर्तले विपरीत मानसिक अस्वस्थते जाव्नु सान प्रायेरीचि मर्तातिं.

तंबाकू विरोधि किरकुळ

तंबाकु खाव्चें आनि बीडि तांड्चें भारतांतु केद्ना धोर्नु चालु आस्स म्होणु निम्गील्यारि हज़ार कट्ले वर्स धोर्नु म्होणु सांगूयेत.. अपीम खाव्चें अनि भांगि तांड्चें समेत हज़ार कट्ले वर्स धोर्नु आस्स. हशीश, मारिह्युवाना, इत्यादि नशीले पदार्थ उपयोग कोर्चे

पाश्चात्य देशांतु शेंबरि वर्स धोर्नु जोरु जाल्लें. मस्त कडेन भारतांतु साधु लोकु भांगि तांइूनु इंद्रियनिग्रह कोर्नु घेत्ताति. आधुनिक अंताराष्ट्रीय कानूनांचे प्रकार नशीले पदार्थ सेवने कोर्नु ओलिंपिक क्रीडेंतु भागु घेत्तल्यांक खंडने जात्ता.

तंबाकु, अपीम, मारिह्युवाना, इत्यादि वस्तु सस्यजन्य वस्तु. स्वंत ज़मीन आश्शीले जनांक हें सस्यांचे फसल विक्कूनु दुड्डु कोर्येत. विज्ञानीनि केलवु रोगांक चिकित्सेक वक्कद म्होणु तयार केल्लेले औषध आस्संति. अस्सले औषध चऽड घेत्ल्यारि ते मनुष्याक नऽशा आस्स जात्ता. अपीम आनि अपीमांचे विंगविंगड नशीले अंश आत्तँ प्रयोगालयांतु रासायनिक शास्त्र लाव्नु उत्पादन कर्ताति. अस्सले औषधांक सरकारान स्केड्यूल केल्ल्यांति. जनांक सुलभेरि हात्तांतु मेळ्ना तश्शि नशीले औषधांक विक्कूंक सरकारान नियंत्रण केल्ल्यांति.

सल्प वैद्यकीय माहिति आश्शीले जऽण हे नशीले औषधांचो दुरुपयोगु कोर्नु ते औषधारि अवलंब जात्ताति. ड्रग एडिक्ट जात्ताति. ड्रग एडिक्ट जाल्लेले जनांक ते ड्रग्गाचि खरीदि आवश्यक जात्ता. मुक्त बज़ारांतु स्केड्यूल ड्रग मेळ्ना जाल्लेले निमित्त ते ड्रग्गारि अवलंबित जनांक अस्सले औषध चऽड मोल्लाक खरीदि कोर्का जात्ता. नशीले औषधारि अवलंबित विद्यार्थींक शाळेंतु पाठांतु ध्यान दिव्चाक जाय्ना. तांका व्यारु, नौकरि, उद्योगु, इत्यादि खंचेयि लाग्गना. जीवनांतु नशीले औषध सेवने शिवाय विंगड खंचेयि तांका आवडना. चोरणीकेरि अस्सले नशीलि औषध विक्कूनु दुड्डु कर्तल्यांक जनांक आनि देशाक हानि जाल्लेले मनांतु वच्चना. देशाक दुर्दशे आय्ल्यारि येव्वो म्होणु हे "ड्रग डीलर्स" चोरमार्केट चालु दोव्वोर्चाकं यत्न कर्ताति. युवकांक आनि युवतींक

चेप्पूनु चेप्पूनु चोरणीकेरि ड्रग्स विक्तातित हांका “ड्रग चेप्पण मंडळ” (ड्रग लाबि) म्होणु नांव.

तंबाकु, बीडि, सिगरेट इत्यादि सेवने केल्ल्यारि अभ्यासु जात्ता अवलंबने जाय्ना. तंबाकु इत्यादि मेळ्ना जाल्ल्यारि सूरु सोरो (लिक्कर) चऽड विक्कूनु वत्ता. सिगरेट निषेध केल्ल्यारि चेईवँ ड्रग्स घेव्चाक प्रारंभ कर्तातित. तंबाकु विरोधि मंडळान भारी अपप्रचारु कोर्नु चेईवँ सिगरेट तांडीना तश्शि सरकाराचे करान नमुनमून्याचे अडचणे घालैल्यांतित. सिगरेट बीडी बिक्रि ऊणे जात्ता. लिक्कर आनि ड्रग्स बिक्रि चऽड जात्ता.

ड्रग्स आनि लिक्कर लाबि तंबाकु विरोधि मंडळाक गुप्त रीतीरि सहकारु दीव्नु सामान्य जनांक सिगरेटाचे बदलाक लिक्कर या ड्रग्स घेव्चे तश्शि कर्ता. सिगरेटानि जाव्चे थोडी हानि चुक्कोचाक लिक्कर आनि ड्रग्साक सेवने कोरूंक स्फूर्ति दिवय्ता. देशाक हानि जाल्लेलि सरकाराक दिस्सना.

अध्यायु 9
संगीत

जगत्तांतु सदाकाळ एक न्हंयि एकु नादु उत्पन्न जात्ता आनि तो नादु वातावरणांतु अले अले जाव्नु सक्कड कडेन वत्ता. भूंय्चे सुत्तु आश्शीले वातावरणाक एट्मॉस्फियर म्हण्ताति. एट्मॉस्फियर भूंय्चेरि आश्शीले सक्कड विषयांक पांगुर्नु घेव्नु रक्षऽणे दित्ता. आम्मि जन्मांक आय्यीले क्षऽण धोर्नु वातावरणांतु जीवन काड्ताति. वातावरणांतु थोडो व्यत्यासु जाल्ल्यारि आम्का श्वासु बांद्ल्या म्हण्के जात्ता. कश्शि समुद्रांतु झळ्के जीवन कर्ताकी तश्शींचि आम्मि वातावरणांतु जीवन कर्ताति. झळ्क्याक समुद्रांतु ताक्कूनु भाय्र काळ्ळ्यारि झळ्के धा बारा मिनुट भित्तरि कश्शि मर्ताकी तश्शींचि आम्मि एट्मॉस्फियरांतु ताक्कूनु भाय्र पळ्यारि तीस मिनुटयि वांचनांति.

भूंय्चे सुत्तु आश्शीले हें एट्मॉस्फियर भूंय्चेरि आश्शीले सक्कड अणु रेणु तृण काष्ट, जिवु, जंतु, चर्तले, उब्तले, उद्कांतू पोंव्तले, चारि पाय्याचे आनि दोनि पाय्याचे प्राणींक सूर्याले प्रकाशु सीधा लाग्गना तश्शि तडिसूनु रक्षऽणे दित्ता. सूर्यालो प्रभावु ऊणे कर्ता.

नाद उत्पादन

हे नादाक (सौंड) कोंकणी भाषेंतु नादु म्हण्ताति. प्रारंभांतु मनुष्यान आप्ण्यान उल्लोचे नादाक गुर्तु केल्लो. मनुष्यान उल्लैतना सृष्टि जाव्चे नादाक अक्षर आनि शब्धु म्होणु नांव दिल्लें.. माग्गीरि सक्कड नमून्याचे नादांक शब्धु म्हणालींति.. संगीताचे शब्धांक नादु म्हणालींति.

दोनि वस्तु घर्शणे जाल्लेले कडेन तो वस्तु हाल्ता. थरथरता. कडकडता. कंपन जात्ता. कंपनांचे निमित्त पाळँ (अले, वेव्स) उद्देताँति. पाळँ एट्मॉस्फियराचे वार्यांतु गतिशील जात्ताँति. कंपनाचो बिंदु खंयि आस्सकी थंयि ताक्कूनु बिंदूचे सुत्तु आश्शीले वार्यांतु पाळँ सक्कड दिक्कांतु पसर्ताँति. पाळांक खंचोयि वस्तु आड आय्ल्यारि पाळँ पर्तऽताति. परत वत्ताति. बंद कूडांतु चप्पाळे मार्नु शब्दु केल्ल्यारि ते शब्दाचे पाळँ कूडाचे वोणतीक मार्नु वापस वापस पर्तऽताति. सान कूड्तु एकु शब्दु अगणित शब्दु जात्ताति. होड हॉलांतु पाळांचे वेग वग्गि कम्मि जात्ता. वेग शून्य जाव्वोतांयि पाळँ पसर्ताति. खंचोयि वस्तु आड येव्नु पाळांक तड्सूवोतांयि पाळँ पसर्ताँति.

आम्गेले कान्नांतु एकु पात्तळ फड्दो आस्स. कंपनारि उठायिले पाळँ आम्गेले कान्नांतु आश्शीले पात्तळ फड्द्यारि येव्नु मार्ताँति. कान्नांचो फड्दो आम्गेले मेंदूक अनेक नरांचे मूलक जोडला. आम्गेले मेंदूतु कान्नाचे फड्द्यारि मार्लेले पाळाँचे अध्ययन तक्षण जात्ता. पाळाँक मेंदु गुर्तु कर्ता. गुर्तु कोर्नु शब्धाचों अर्थु कोर्नु घेत्ता.

एट्मॉस्फियर

नादु प्रकृतीचो गूणु. नादु आनि कानु बाम्मूणु आनि बाय्ल कान्नांक नादु आय्कूचि शक्ति प्रकृति प्रदान. कान्नांक शब्धु उत्पन्न कोरूक जाय्ना. शब्धाचे पाळँ एट्मॉस्फियरांतु चोल्नु कान्नांक पाव्ताति.

क्रि. श. इकुणीसाचे शतमान ताक्कूनु वेज्ञानिक संशोधन जाव्नु जनांक संगीताचे विषयांतु भारी माहिति प्राप्त जाल्ल्या. आधुनिक विचाराचे अनुसार भूंय्चेरि सुर्वेक लेक्कूनु वायु म्हळयारि वारें घुंव्वतऽ आस्स. भूंयी प्रारंभांतु एकु उज्जाचो चेंडु जाव्नु आश्शीलो. क्रमेण भूंय्चो उज्जो निव्वत गेल्लो. भूंयि निव्तना वायु आनि धुव्वोरु उठाय्लो. भूंय्चेरि घट्टि नेऽल सृष्टि जाव्चे फूडे उद्दाक सृष्टि जाल्लें. भूंय्चेवैले उद्दाक पूरा ओट्टु जाव्नु भूंय्चे सुत्तु समुद्रु सृष्टि जाल्लो. समुद्राचे उद्कांतु ताक्कूनु वाफ़ (वेपर) उत्पन्न जाल्लें. भूंय्चे नेऽल निव्ले माग्गीरि नेलांतु मात्ति, गोब्बोरु, शिलेफात्तोरु, रेंवँ, कोळसो, इत्यादि सृष्टि जाल्लींति. धुव्वोरु भाय्र आय्लो. धुव्वोरु भूंय्चे सुत्तु दाट मांड्नु आच्छादन (कवर) जाल्लें. हें आच्छादन भूंय्चें एट्मॉस्फियर.

अंतरिक्षांतु वातावरण (एट्मोस्फियर) नात्तीले निम्ति नादु अंतरिक्षांतु उत्पन्न जाय्ना म्होणु विज्ञानी सांग्ताति. नादु गतिशील जाव्चें भूंय्चे एत्मॉस्फियरांतु. भुंय्चे गुरुत्वाकर्षणांचे निम्ति धूव्रांतु आश्शीलो वायु आनि धूळि भूंय्चे सुत्तु नेलाक चाब्बु बस्लींति. वायूंतु आश्शीले अंगार, गंधक, नैट्रोजेन, अंगाराम्ल, आम्लजनक, उद्दाक, इत्यादि वस्तुचे अत्यंत सूक्श्म कऽण वार्यांतु चेप्पूनु बस्लींति. धूळि, वायु, धुव्वोरु, इत्यादि चेप्पूनु आश्शीले हें बांधण भूंय्चे सुत्तु सुत्वायिलें वस्त्र जाल्लॉं. हे बांधणांक एट्मोस्फियर म्होणु नांव दिल्लें.

हें एट्मॉस्फियर नेलाचे लाग्गि चsड दाट आस्स. नेलारि ताक्कूनु अंतरिक्षाक गेल्लेले तश्शींचि एट्मोस्फियराचि दाटसाणि विरळ विरळ जात्ता. नेलारि ताक्कूनु सुमार शेंबरि किलोमीटर एत्तरारि वरेक एट्मोस्फियर भारि दाट आस्स.

नेsल थंड जात्तना धुव्वोरु उठाय्लो. समुद्रांतु उठायिलें वाफ़ भूंय्चे वैले धुव्रांतु मेळ्नु एट्मोस्फियरांतु वैरि पोव्नु गेल्लें वैरि गेल्लेले वाफ़ाचें उद्दाक ओट्ट्रु जाव्नु गूळो गुळो जाव्नु मोंड जात्ता.. मोड दाट जाल्लेले तश्शींचि पाव्सु पडता. पाव्साचे उद्दाक भूंय्चे गुरुत्वाकर्षणाचे कारण सकल पड्ता.

वस्तूचि दाटसाणि

खंचोयि वस्तु धाडाय्ल्यारि तो वस्तु कांप्ता आनि तांतूल्यान शब्धु येत्ता. घन वस्तु जाल्ल्यारि कंपनाचो विस्तारु (वेवलेंत) सानु आनि आवृत्ति (फ्रीक्वेंन्सि) ऊणे. पात्तळ वस्तु जाल्ल्यारि कंपनाचो विस्तार चsड दीग अनि चsड रूंद. पात्तळ वस्तु हाल्तना आवृत्ति चsडि आस्ता. विस्तारु दीग जाव्नु आवृत्ति चsडि जाल्ल्यारि श्रुति तारक जात्ता.

खंचोयि वस्तु कंपन जात्तना वस्तूचे सुत्तु आश्शीले वार्यांतु पाळँ उत्पन्न जात्ताति. दाट वस्तूक माल्र्यारि मंद शब्धु येत्ता.. पात्तळ वस्तूक सपूर काड्येनि माल्र्यारि तीव्र शब्धु येत्ता वाशाचि नsळि फुंकूनु नादु काड्येत म्होणु मनुष्यांक कळ्ळें.

मनुष्यान नादु उत्पादन कोरूक शिक्ले नंतर विविध नाद यंत्र सोद्दूनु काळ्ळें. नाद यंत्रांक वाद्य म्होणु नांव दिल्लें. विंगविंगड जनांगान विंगविंगड वाद्य तयार केल्लींति. प्रारंभांतु

वाद्य कोळेल (फ्लूट) सोद्दून काळ्ळें. माग्गीरि तंति तांझ्नु कुव्वाळ्याक सिर्कानु वाद्य तंबूरि सोद्दूनु काळ्ळि

प्राणीचे चर्म हऽद कोर्नु रुक्काचे आय्दनाचे तोंडाक बांदूनु ताज्जेरि गुद्दो घाल्ल्यारि जायि जाल्लोलो शब्धु जात्ता म्होणु कळ्ळे माग्गीरि वाद्य मृदंग सोद्दूनु काळ्ळें. अश्शि मनुष्यान पऽद म्होण्चे नंता संगीताचे अनेक वाद्यँ सोद्दूनु काळ्ळींति. जागंट, ताळ, शंखु, हार्मनि, जलतरंग, इत्यादि नमुनमून्याचे वाद्य मनुष्यान तयार केल्लींति. विंगविंगड वाद्य ओट्ट्रूचि एक्कऽ श्रुतीरि खेळय्ल्यारि नादाचि तीक्श्णता (टिंबर) चड्ता. तीनि विधाचि श्रुतींक गुर्तु केल्लो मंद्र, मध्य आनि तारक.

संगीत - खेळिच कऽला

नादु आश्शीलो संगीत जाव्का जाल्ल्यारि तोंडांतु उत्पन्न जाल्लेले नादांक विविध रीतीरि खेळोका. वाद्यानि उत्पन्न केल्लेले नादांक कान्नांक इंपु जाव्चेतश्शि क्रमारि खेळोका. नादु कान्नांक किरकिर जाय्ना तश्शि नादाचे स्वरांक क्रमान जोड्सूका. क्रऽमु नात्तीले नाद बोवाळ (बोंब्डि) जात्ताति. करकश आवाज़ जात्ताति. स्वरांक एक माळेंतु गांतूनु खेळय्ल्यारि कान्नांक मधुर जाव्चें संगीत (मेलोडि) कोर्येत.

सक्कड कलाकारांक तांगेलि स्वंत बुद्वंत्कायि (टेलेंट) आस्ता. संगीत कलाकारांक श्रुतीचे ज्ञान आस्सूका. स्वरांक गाव्तना सुर्वेक लेकुनु कडेरि तांयि स्वराचि प्रथम आवृत्ति तीचि एक्कीचि आस्सूका. मनुष्यान सुर्वेक स्वरांचि माळा गांतूनु बोरोनु दव्वर्लि. ते माळेंक रागु म्होणु नांव दिल्लें. मुकारि स्वराचे माळेंक मनुष्यान ताग्गेले तोंडांतु म्हण्तना ताक्का लयाचे ज्ञान जाल्लें.

लऽय म्हळ्यारि दोनि स्वराचो मध्येचो वेळु (मध्यंतर). हो मध्येचो वेळु खंचेयि एक व्यवस्थेरि दोव्वोर्का. संगीत खेळय्तना लऽय ना जाल्ल्यारि ते संगीत बरी बोवाळ जात्ता. मनुष्यान लयांचि माळा गांत्लि आनि ते माळेंक ताळ म्होणु नांव दिल्लें.

पऽद म्हण्तना रागबद्ध आनि ताळबद्ध जाल्ल्यारि मांत्र तें पऽद कान्नांक मधुर जात्ता. वैदिक काळांतु जनानि केलवु वेद मंत्र म्हण्तना रागारि म्हळ्ळें. सामवेदाचे मंत्रांक रागान म्होणु सामगान गाव्लें. तोंडानि काळ्ळेले शब्धांक अर्थु आस्ल्यारि आय्कतले मनुष्याक कान्नांतु आय्कलेले मेंदूतु वोच्चूनु गायन अर्थभरित जात्ता.

तोंडांतु शब्धु कोर्नु केल्लेले संगीताक गायन म्हण्ताति. वाद्यांतुले संगीताक गायनाचे ओट्टु साथ दीव्नु खेळोयेत गायन नातीलें वाद्यानि केल्लेले संगीत वाद्यसंगीत जात्ता. गायन एक कलाकारान अथवा अनेक कलाकारान ओट्टूचि तेऽचि रागारि आनि ताळारि म्होण्येत. रागांक आनि ताळांक बोरोनु दोव्वोर्चाक स्वरांक गुर्तु कोर्नु अक्षर रचने केल्ल्यांति.. विद्यार्थींक शिकोचाक सुलभ कोरूंक विंगविंगड स्थानीय भाषेंतु स्वरांक बोरोनु प्रकाशित केल्लेले पुस्तकँ लैब्रेरींतु मेळ्ताति. पुस्तकाचे आंग्डींतु गायनांचे पुस्तकँ विक्कूंक मेळ्ताति.

संगीताचि भास

भारतीय संगीतांतु स्वरांचे सात अक्षर अशिश आस्सति: स (षड्ज), रि (ऋषभ), ग (गांधार), म (मध्यम), प (पंचम), द (धैवत), नि (निषाद). पाश्चात्य संगीतांतु स्वरांचॆ अक्षर अशिश आस्सति: डो, रे, मी, फा, सो, ला, सी (टी).

विंगड देशांतु स्वराचे अक्षर अशिश आस्सतिः
जपान - हा, नि, हो, हे, तो, इ, रो.
बैज़ानटैन (ग्रीस) - नि, पा, वु, गा, डि, के, ज़ो.
इंग्लेंड, अमेरिका, इत्यादि - सि, डि, इ, एफ, जि, ए, बि.
जर्मनि - सि, डि, इ, एफ, जि, ए, हॅच्.

ओक्टेव म्हळ्यारि आठ स्वऽर जात्ताति. प्रथम स्वऽरु वोपास आखैरीक ताज्जि आवृत्ति दुगुणि कोर्नु कूडिसूका.. भारतीय ओक्टेव सरिगमपदनिस जात्ता आनि पाश्चात्य ओक्टेव डोरेमिफासोलासिडो जात्ता. गायनांतु प्रथम स्वऽरु श्रूति जात्ता.

भारतीय संगीतांतु दोनि प्रमुख नमूनें आस्सति. हि्दुस्तानि आनि कर्नाटक. दोन्नींकयि ओक्टेव तोचि. हिंदुस्तानि संगीतांतु दोनि स्वरांचे मध्येचो सोरु 'कोमल' आनि 'तीव्र' म्होणु दोनि सोरँ आस्सति.

कर्नाटक संगीतांतु कोमलाक 'शुद्ध', 'साधर्न', 'चतुस्रुति', 'अंतर', 'कैसिक', 'षट्स्रुति', म्होणु नांव दिल्लाँ. आनि तीव्र स्वराक 'प्रति' म्हण्ताति. 'कैकालि' म्होणु एक सोरु आस्स.

भारतांतु संगीताचि रजना (कंपोज़िशन) बरैतना अक्षर उपयोग कर्ताति. रागु विंगड आनि ताळ विंगड बरैताति. विंगड देशांतु संगीताक रचने कोर्नु बरैतना रचनेंतु लऽय मेळोनु बरैताति. रचने अक्षरानि बरैनांति. रेखेरि गुर्तु कर्ताति. पांच रेखेचो सालु तांड्नु ताक्का 'स्टाफ' म्होणु नांव दिल्लाँ. दावे बदिन ताक्कूनु उज्वे बदीक आड्डायेन सालु तांड्नु रेखेचे वैरि स्वरांचो गुर्तु कर्ताति. लयाचे तकीत स्वरांचो गुर्तु दूर दूर कर्ताति.

संगीत म्हण्तना श्रुति धोर्का. सामान्य जाव्नु श्रुति षड्जारि धर्ताति. हार्मनि वाद्य येव्चे फूडे श्रुतीक अंदाज़ारि धर्ताति आश्शीलींति. हार्मनींतु ताक्कूनु येव्चो सोरांचि आवृत्ति (फ्रीक्वेन्सि)

हार्मनीचे कार्यागारांतु धृड केल्ल्यांति. संगीत रेकार्ड कर्तले कलाकार तांगेले संगीताक श्रूति वैज्ञानिक रीतीरि धर्तातिं. सोराचि आवृत्ति गोत्तु कोर्चाक 'ट्यूनिंग फोर्क' म्हळ्ळेले आयुध उपयोग कर्तातिं.

ब्यांड आनि ओर्केस्ट्रा

भारतांतु तंबूरि, तब्लें, खंजीरा, ताळ, मृदंग, मादाळे, चेंडु, इत्यादि वाद्य नाटकांतु, खेळांतु (बयलाटांतु), व्हार्डीकेंतु, सभेंतु, इत्यादि समारंभांतु वाज्जीतातिं. उदाहरणेंक खेळांतु भागवतु ताळ घेव्नु बस्ता. लाग्गि मृदंग वाज्जीतलो बस्ता. चेंडे वाज्जीतलो गळ्याक चेंडे लांबोनु लाग्गि राब्बूनु आस्ता. नाटकांतु हार्मनि आनि तब्लें वाज्जीतले आस्तातिं.

भजनेंतु ताळ, हार्मनि आनि तब्लें आस्तातिं. व्हार्डीकेक आनि इतर सामाजिक समारंभांतु घराचे भित्तरि या भाग्र वाज्जऽप आस्ता. वाज्जपांतु नादस्वर, मृदंग, ताळ; हें तीनि बग आस्ल्यारि जाल्लें. नादस्वराचे जाग्यारि क्लेरनेट या सॅक्सॉफोनु वाज्जीतातिं.

क्रि. श. इकुणीसाचे शतमानांतु ब्रिटिष आधिपत्यचे मुळांतु पाश्चात्य वाद्याचे सामानु भारतांतु हाळ्ळींति. पाश्चात्य वाद्य समूहाक 'ब्यांड' म्होणु नांव. एक ब्यांडांतु ट्रंपेट, क्लॅरनेट, एक होड आनि दोनि सान ड्रम्म, हार्मनि आनि ताळ, अश्शि सात जऽण कलाकार आस्तातिं.

माग्गीरि व्हार्डीकेचि मेरवणिगे वत्तना 'ब्यांड' वाज्जितले आय्लेतिं. प्रति एक ब्यांडांतु 'ट्रंपेट' म्हळ्ळेले तोंडानि फुंकूनु वाज्जूचे वाद्य आस्स. नमुनमून्याचे पित्तळेचे झगझगी दिश्चे ड्रम् आस्सतिं. एक या दोनि होड आनि सान ड्रम्मँ आस्सतिं.

सिनेमांतु संगीत येऽत धोर्नु एक्केक दृश्यांतु फिल्मी पऽदँ घाल्ताति. हें पऽदँ फिल्मांतु रेकार्ड जाव्का. फिल्मांतु अदृश्य संगीत (ब्याकग्रौंड म्यूसिक) जाव्का. अदृश्य संगीताक फिल्मांतु 'ओर्केस्ट्रा' उपयोग कर्ताति. ओर्केस्ट्रांतु पंद्रा वीस कलाकार ओट्टू क्रमारि वाद्य वाज्जूनु संगीत कर्ताति. फिलहार्मोनिक ओर्केस्ट्रा म्हळ्यारि पाश्चात्य संगीताचे वाद्यसमूह. हे ओर्केस्ट्रांतु कलाकार अत्यधिक आस्ताति. दोन्शि वरेक कलाकार आस्ताति.

कराओके विधान

संगीत विज्ञान वृद्धि जाल्लेले तश्शींचि पऽद म्हण्तना साथ दिव्चाक वाद्य कलाकारांक बोसोचे बदलाक रेकार्ड केल्लेले ओर्केस्ट्राक उपयोगु कोर्येत.

कराओके विधान जपानांतु संगीतकारान सुमार पन्नास वर्स फूडे सोद्दूनु काळ्ळेले. रेकार्ड जाल्लेले पऽद मांत्र कराओके कोर्येत. कसेट टेपु अथवा सीडी (डीवीडी) सुर्वेक तयार कोर्का. कसेट प्लेयर अथवा सीडी प्लेयर जायि. सौंड मिक्सर जायि. स्पीकर जायि. मेक्रोफोनु जायि. हें सक्कड विद्युत्छक्तीन चोल्चे इलेक्ट्रानिक उपकरण जापानाचे तंत्रज्ञानीनि तयार केल्लें.

कराओकॆ संगीत कर्तना कसेट या सीडींतुले संगीत प्रारंभ कोर्का. संगीताचे ओर्केस्ट्रा प्ले जात्ता. स्पीकरांतु आय्कता. पदाचे साहित्य खंयि म्होण्काकी थंयि मांत्र गीतकारान मेक्रोफोनांतु पऽद म्होण्चे. स्पीकरांतु कसेटाचे ओर्केस्ट्रा म्यूसिक आनि गीतकारान म्हळ्ळेले साहित्य हें दोन्नीयि मिश्रण जात्ता. दोनि कडेन ताक्कूनु येव्चे संगीत मिलन जाव्नु स्पीकरांतु एक पऽद जाव्नु आय्कता ओर्केस्ट्रा रेकार्ड कित्ले लाय्क आस्सकी तित्ले कराओके संगीत कान्नांक मधूर जात्ता. गीत म्हण्तल्याक ओर्केस्ट्राचे आनि पदाचे

साहित्याचे ज्ञान आस्सूका. खंचे कडेन ओर्केस्टरा म्यूसिक येत्ता आनि खंचे कडेन साहित्य येत्ता म्होणु ज्ञान आस्सूका.

रॊऽक् संगीत

रॊऽक् म्हळ्यारि धोळचें. रॊऽक् संगीत म्हण्तले आनि आय्कताले धोळ्तातिं. 'रॊक् एन रॊल्' म्हळ्यारि धोळचे आनि लोळचें. रॊऽक् संगीत पाश्चात्य देशांतु जनप्रिय जाल्लें. रॊऽक् संगीत म्हण्तलो गीतकारु ताग्गेले हात्तांतु एक गिटार वाद्य धोर्नु उंचि गतीरि नांत नांत पऽद म्हण्ता. गिटार ना जाल्ल्यारि तें संगीत रॊऽक् संगीत जाय्ना. थोडे भाग निम्न गतीरि म्होण्येत. अधिकांश पऽद उंचि गतीरि म्होण्का. इलेक्ट्रोनिक गिटार जाव्का.

रॊऽक् संगीत जगत्तांतु सक्कड कडेन जऽण आय्कूंक इष्ट पाव्तातिं. रॊऽक् संगीताचे साहित्य सामान्य जाव्नु इंग्लीष जाव्नु आस्स. भारतांतु रॊऽक् संगीत सक्कड स्थानीय भाषेचे साहित्यनि म्हण्तातिं. सिनेमांतु रॊऽक् संगीताचे रचने उपयोग कोर्चे चऽड जाल्लाँ. टेलिविज़न् संगीतांतु सामान्य संगीत रॊऽक.

रॊऽक् संगीताक साथ दिव्चाक ड्रम्म आनि सिंबल् (होडि ताळ) उपयोग कर्तातिं. गिटाराचे ओट्ट्रचि क्लेरनेट, सॊक्सोफोन्, फ्लूट, सम्मेत उपयोग कर्तातिं.

नृत्य संगीत

खंचेयि संगीत आय्कतना मनुष्याक नांचूका म्होणु दिस्ल्यारि तें संगीत नृत्यसंगीत जात्ता. मनुष्यान नांचूंक ताळ अगत्य नृत्य, वाद्य आनि गायन ताळंचे क्रमारि मेळोका. ताळबद्ध संगीत नृत्याक प्रचोदन कर्ता.

नांतलो कलाकारु ताग्गेले सग्ळे शरीराक ताळाचे गतीरि हाल्लैता. दोळे घुंवडाय्ता. मात्ते हे बदीन ते बदीन चलाय्सिता. हातु तिरपीता. गांडि हाल्लैता. पायु नेलाक धाडाय्ता. ताळाक सम जाव्नु सक्कड कर्ता. तेद्दना ताग्गेले वर्तने नर्तन जात्ता.

नृत्य संगीतांतु गायन आस्स. गायनाक अर्थभरित साहित्य आस्ता. नाटक जाल्ल्यारि नाटकांतु नृत्य मध्येंतु कूडिसीताति. ताक्का नृत्यनाटक म्हण्ताति. कविवेचें पऽद गाव्ताति. गीतकारु ताग्गेले गायनांतु कस्सले साहित्य सांग्तकी ताज्जे अनुसार नांतलो ताग्गेले अंगांग नांचैता. नांतले कलाकाराक विशेष बुद्वंत्कायि (टेलेंट) आस्ता. ही बुद्वंत्कायि सक्कडांक ना. गायन आनि नांचन दोन्नीयि प्रकृतिदत्त विशिष्ट गुण-स्वभावु.

भक्ति संगीत

भजन संगीत एक भक्ति संगीत. देवालि भक्ति व्यक्त कोरूंक भजन संगीत म्हण्ताति. भक्ति एकि भावना. भावना मेंदूंतु उत्पन्न जात्ता. भजन म्हण्तलो भक्तु संगीताचे मूलक ताग्गेलि भावना व्यक्त कर्ता. संगीत एक साधन. हे साधनेचे लक्ष सभेंतु भर्लेले प्रेक्षक लोकु. भजन म्हण्तना नटने केल्ल्यारि आनि नृत्य नाच्ल्यारि श्रोतृगण चऽड प्रभावित जात्ताति. भजन म्हण्तल्यान भक्तालो वेसु घाल्नुघेत्ल्यारि प्रभावु उत्तम जात्ता भक्तालो ताळो (कंठ) श्रोतृगणारि विशेष परिणामु कर्ता. पुरुष कंठ जाव्वो स्त्री कंठ जाव्वो तांगेले कंठाचे स्वरमाधुर्य संगीताक तेजस्सु दित्ता.

भक्ति एक वैयक्तिक विषयु. भक्तान आप्प्याक देवाले वैरि भक्ति आस्स म्होणु क़ोणांकयि सांगूका म्होणु ना जाल्ल्यारि एक भक्तान भजन सांगूनु नृत्य कोर्नु जनाले एद्राक ताग्गेलि भक्ति प्रदर्शन केल्ल्यारि तो प्रख्यात जात्ता. निज जाव्नु भजन

सांग्तलो भक्तु की न्हंयि म्होणु कोणांकयि कऽळ्ना. भक्तालि नटने कोर्नु जनांक फूल (पिस्सो) कोर्चाक मधुर गायन आनि सुंदर नृत्य कर्तले कलाकाराक भारी आसान काम. जनांक दाक्कोचाक तोंडारि भावने हाडोनु भक्तालि नटने कोर्नु भारी गोड भजन म्हणतले प्रपंचांतु मस्त जऽण आस्सति.

संगीत चिकित्सा

बेजारु जाल्लेल्यांक संगीत एक औषध. बेजारु जाल्लेले वेळारि सिनेॅऽम पोळोका. टि. वी. सीरियल् पोळोका. टी. वी. कार्यक्रमांतु संगीत आनि नृत्य आश्शीले पोळोका. सागीत नृत्य आश्शीले कसेट अथवा सी. डी. प्लेयरांतु प्ले कोर्नु पोळोका. मनांक आह्लाद दिव्चाक संगीत उपयोगाक येत्ता. खंचेयि चिकित्सा प्रेय्जन जाय्नि जाल्ल्यारि संगीत चिकित्सा दीव्नु पोळोयेत.

देवालि प्रार्थना होडाऽन रागारि आनि ताळारि म्हळ्यारि मऽन हगुर जात्ता. प्रार्थना कर्तल्यान भजनसंगीत आय्कूचाकयि आप्ण्याले तोंडानि भजन म्हळ्यारि जीवारि प्रभावु चऽड्डु जात्ता. होड्डु ताळो कोर्नु प्रार्थनेंचे मंत्र सांग्ल्यारि सांग्तल्याले कान्नांतु ताक्कूनु संगीत मेंदूक वोच्चूनु मनाक समाधान आनि संतोषु पावैता. मुक्त कंठान गौजि घाल्नु गीत गाव्ल्यारि जीवाक तृप्ति मेळ्ता. रोगु म्हळ्यारि दुःख. दुःख जाल्लेलॅ तवळि रोड्का. रळ्या म्हण्के कोर्नु दुःखभावाचे गीत म्हळ्यारि मऽन हगुर जात्ता.

अध्यायु 10
दान

दान दीना जाल्ल्यारि आम्गेलि आस्ति आम्मि मर्तना आम्गेले हात्थांतु ताक्कूनु आपापीचि पोणु वत्ता. दान दिल्ल्यारि पुण्य मेळता म्हण्ताति. बाय्ल सानि प्रायेचि जाल्ल्यारि तिक्का आम्गेले आस्तीरि प्रथम हक्कु आस्स. बाय्ल मेल्ल्या म्होणु जाल्ल्यारि चेईवांक आस्तीरि हक्कु ना जाल्ल्यारियि तांका आस्तीचे वैरि आशा आस्ता.

आम्गेले लाग्गि आश्शीलो सामानु (भूमि, बिल्डिंग, भांगर, नगद, इत्यादि) आनि आम्मि दिव्चि सेवा दोन्नींकयि मॉल आस्स. सेवेक मॉल बांदूचें कष्ट. सेवे कोर्नु दुड्डु घेना जाल्ल्यारि सेवे दान केल्ल्या म्हण्के जात्ता.

सौहार्द दान

मनुष्यान ताग्गेले संबंधीक, सेज़ारि जडण, गॉवॉचे जडण, संपर्कांतु येव्चे सक्कड जडण, इत्यादि प्रति एक मनुष्याले लाग्गि सौहार्दतेन वर्तने केल्ल्यारि तीचि एकि होडि सेवा जात्ता. मनुष्याक रक्षणे कर्तले ताग्गेले सेज़ारि जडण, गॉव्चे जडण, गॉवॉतु आश्शीले ताग्गेले जातीचे, ताग्गेले भास उल्लैतले जडण.

मनुष्यान रक्षणे कर्तले जनाले लाग्गि निष्ट्रूर केल्ल्यारि मुकारि ताक्का कष्ट आय्यीले वेळारि कष्ट निवारण कोरूंक

कोणयि येनांति. मनुष्यान सौहार्दतेन आस्ल्यारि तांका प्रीति वाढ़ता. आम्मि तांगेले कष्टकालांतु तांका सहायु कोर्का.

सौहार्द चुक्कूंक कारण विचार भेध. कोणालो विचारु आम्गेले विचारान भिन्न आस्सकी तांगेले ओट्टु सौहार्दानि आस्सूचें कष्ट. विचारांतु भेधु आस्सूनु चर्चे कोर्येत जाल्ल्यारि द्वेशु कोरूंक नज्ज. विचार भिन्न आस्सूनु सौहार्दान आस्सूचें एक रीतीरि सेवा केल्ल्या म्हण्के जात्ता.

आम्का कोणऽयि वैरि ना म्होणु लेक्कूका. कोणालेयि लाग्गि आम्मि उत्रँ राब्बोचाक नज्ज. आम्गेले लाग्गि कोप्पीले मनुष्यान आम्का उल्लैतना आम्का बेजारु जात्ता. तो बेजारु सहिसूनु घेव्का. ताणे उल्लयिलें आम्का आय्कऽनि म्होणु लेक्कूका.

आम्मि चिकेचि अहितकर उत्रँ उल्लयिल्यारि दुस्र्यांक बेजारु जात्ता. अहितकर उत्रँ उल्लोचाक नज्ज.

रिसर्वेशन् दान

भारतांतु सरकार अनुसूचित जातीक, अनुसूचित जनजातीक आनि वर्लेले माक्शि पळ्ळेले दलित नागरीकांक आरक्षण दित्ता. सरकारी नौकरींतु अर्जी घाल्लेले जनाले पैकि परीक्षेंतु चऽड मार्क मेळ्ळेल्याक काम दित्ताति. एक खालि स्थान भोरूंक आरक्षण पावीले अर्जिदारु ना जाल्ल्यारि मांत्र विंगड अर्जिदारांक तें काम मेळ्ता. धा खालि स्थान आस्स जाल्ल्यारि पाँच आरक्षण पावीलें अजिदारांक दित्ताति. आरक्षण पन्नास प्रतिशत जाव्नु आस्स. आरक्षण पावीले वर्गाचे विद्यार्थींक मेडिकल् आनि इंजिनियरिंग् कालेजांतु सीट ओट्टु पन्नास प्रतिशत आरक्षण केल्लाँ.

अशिश भारतांतु आरक्षण नीती चालु केल्लेले वेळारि ऊँच जातीचे जऽण संविधान आनि कानूनु तयार कोर्चे अधिकारि जाव्नु आश्शीले. संविधान मंडळींचे सदस्यांले पेकि बहुसंख्या ऊंचि जातीचे आश्शीलेति. सकल्चे जातीचे सदस्य अल्पसंख्यक जाव्नु आश्शीलेति. आरक्षण नीति लागु कोरूक मऽन नात्तीले जाल्ल्यारि बहुसंख्यक ऊंचि जातीचानि आरक्षण दिव्चाक विरोधु प्रकट कोर्नु आरक्षण दीनांती म्होण्येत आश्शीलें. बहुसंख्यक उंचि जातीचानंऽचि आरक्षण नीति चालु कोर्चाक मऽन केल्लें. संविधान निर्मापकानि देशाचे दलितांक आरक्षणांचो दान दिल्लें. फुळ्ळे कालांतु हज़ारकट्ले वर्स ऊंचि जातीचानि सकल्चे जातीचांक मानव अधिकारु दीनानात्तीलें तांका कष्ट दिल्लेले म्होणु इतिहासांतु दिल्लाँ. वैदिक काळांतु सकल्चे जातीचे जऽण समाजांतु माक्शि पळ्ळींति. तांगेलो विकासु जाय्नि. तांका शिक्शणांतु वैले जातीचान अवकाशवंचित केल्लें.

हे पापकृत्य केल्लेले उंचि जातीचे जनाले वैदिक काळांतु केल्लेले चूकीक परिहारु म्होणु आत्तँचे पीळिगेक दंड दीव्का म्होणु ही आरक्षण नीति चालु केल्लेलि न्हंयि. आत्तँचे उंचि जातीचे पीळिगेन कांयि चूकि कऽर्नि. आरक्षणांचे व्यवस्थेन आत्तँचे उंचि जातीचे जनांक थोडी अनानुकूलते जात्ता. थोडे दंड दिल्ल्यावरि जात्ता. परंतु सक्कड जातीचे नागरीकानि प्रगति पाव्ल्यारि देशाचि अभिवृद्धि एकल्याक जात्ता.

उंचि जातीचान सकल्चे जातीचांक वैदिक आनि पौराणिक काळांतु अविकसित दोव्वोर्नु अन्यायु केल्ला व्हयि. ते चूकीक जवाब्दारि आत्तँचे उंचि जातीचे जाय्नांति. बाबराले आनि अक्बराले काळांतु हिंदू लोकांक अन्यायु जाल्लो म्होणु आत्तँचे मुस्लिम जनांक जवाब्दारि कोरूक जाय्ना. पोर्तुगीस शासनांचे काळांतु

क्रिश्चन मिशनरी लोकांनि केल्लेले पापांक आत्तँचे क्रिश्चन जनांक जवाब्दारि कोर्चाक जाय्ना.

मांक्शि पळ्ळेले नागरीकांक मुकारि हाड्ंक आरक्षण दिल्लेशिवाय तांगेलि अभिवृद्धि जाय्ना म्होणु संविधान मंडळीन तीर्मान केल्लें. बरे धा वर्स आरक्षण दिल्ल्यारि पूरो म्होणु संविधान मंडळीन ठरावु पारित केल्लोलो. 1951 इस्वेंतु प्रारंभ कोर्नु 1961 इस्वेंतु बंद कोर्का म्होणु ठराव केल्लेलें.

धा वर्स जात्तना दोनि जेनेरल चुनावणे जाल्लींति. चुनावणेंतु उमेदवारींतु आरक्षण नीतीचे कारणान मांक्शि पळ्ळेले अनेक जातीचे जऽण लोकसभेंचे सदस्य जाल्लेति. मांक्शि पळ्ळेले जातीचे जऽण व्होटर लिस्टांतु बहु संख्यक आस्सति.. तांगेलो व्होटाचे कतिर सक्कड राजनैतिक पार्टीचानि आरक्षण बंद कोरूंक नज्ज म्होणु सांग्लें. अनिर्दिष्ट काळ आरछण नीति चालु दोव्वोर्का म्होणु सक्कड राजनैतिक पार्टीचे लीडरानि सांग्लें आनि सदस्यानि अनुमोदने केल्लें. लोकसभेंतु दलितपर सदस्य बहु संख्यक जाल्लींति. लोकसभेन आरक्षण केल्लेले पूरो म्होणु सांगोतांयि ही नीति चालु आस्ता.

सक्कड नागरीकाले उद्धाराचे कतिर आरक्षण नीति चालु दव्वल्र्या. साठ वर्साकयि चऽड काळ आरक्षण चालु आश्शीलें. परंतु सक्कड जनालें विकास जाय्नि. मांक्शि पळ्ळोलो लोकु मस्त आनकयि आस्सति.

फुळ्ळे काळाचि सामाजिक व्यवस्था आत्तँ ना. आत्तँ भारताचे संविधानांचे अनुसार सक्कड नागरीकांक समान हक्कु आस्स. परंतु फूडे कश्शि उंचि जातीचे आप्पण ब्राह्मणु म्होणु सांगूंक गर्व पाव्ता आश्शीलो तश्शींचि आत्तँ दलित म्होणु सांगूंक

गर्व पाव्ताति. विकास आनि अभिवृद्धि जाल्लेले जातीचे आन्नि आप्ण्याक आरक्षण नाक्का म्हणांति.

फूडे अनुसूचित जातीचे, जनजातीचे अथवा माक्शि पळ्ळेले जातीचे जनाले लिस्ट कर्तना आप्ण्यालि जाति लिस्टांतु मेळोचे नाक्का म्हळ्ळेले जातीचे लोकु आत्तँ साठ वर्साचे नंतर आप्ण्यालि जाति दलित जातीचे लिस्टांतु मेळोका म्होणु आंदोलन कर्तऽ आस्सति.

स्थान दान

आम्गेले स्थान आम्का मेळूंक आम्गेले सुत्तु आश्शीलॆ जनानि 'हूँ' म्हळ्यारि मांत्र जात्ता. प्रकृति सक्कडांक स्थान कोर्नु दित्ता. जन्मांक आय्यीले चेर्डालि वारेचो देंटु कात्तोर्नु आंग पुसूनु चेर्डाक आवंगल्यांतु गुट्लानु निदाचे वैजिणीन.. वेजिणीले सेवेक आम्मि आभार जाव्नु आस्सति. आत्तँ बाळांतीरो आस्पत्रेंतु जात्ता. वैजिणीले काम नर्स या डाक्टरु कर्ता. चेर्डाक आव्सूले पोट्टांतु ताक्कूनु भूंय्चेरि स्वागत कोर्नु स्थान दिल्लेले स्थान दान म्होणु लेक्कूयेत. ही सेवा एक नमून्याचे दान.

चिव्वेंचे दूध दिव्चे आव्सून. आव्सून चेर्डाक तिग्गेले वोंटींतु स्थान दान दिल्लें. तिग्गेले ममतेक पात्र जाल्लेले चेर्डाक तीणे रक्षणे दिल्ल्या. बाप्सून चेर्डाक इस्कूलाक पेटोनु, कालेजाक पेटोनु कामांक मेळूंक तयार केल्लां. शेतकरी, नौकरी अथवा व्यारु आम्गेले जीवनांचे स्थान. ठिकाणि. मनुष्याक संचारी जीवन कोर्चाकयि चांग स्थायी जीवन म्होणु कळ्ळॉं. एक चूरु भूंयि मोल्लाक घेव्नु ताज्जेरि एक सान घऽर बांदूनु बाय्ल चेर्डाले ओट्टु राब्बूंक मनीषु खूशि पाव्ता

बाप्सूले मरणानंतर ताग्गेलें शेत पुत्तान पोळोनु घेत्ल्यारि तो बाप्पूसु आनि पूतु दोग्गऽयि धन्य. बाप्सूलि आंगडि पुत्तान बाप्सूले मरणानंतर चलायिसूचि जाल्ल्यारि सक्कडांक संतोषु जात्ता. सान प्रायेचे जीवनाधाराक जागो खंयि खालि आस्स म्होणु सोद्दीताति. म्हाल्घडे भावान धाक्ले भावाक सक्कड रीतीरि सहायु कोर्नु भावान ताग्गेले जीवनांतु ताग्गेले स्थान सुनिश्चित कोरूंक आप्प्याक साध्य जाल्लेले तित्लें दान दीव्का.

ट्याक्स फ्री दान

मस्त आदायु आश्शीलो सरकाराक आदाय ट्याक्स दित्ता. सरकारान ताग्गेले आदायांतुलो थोडो दुड्डु सरकारान अनुसूचित केल्लेले संस्थेक नगद दान दिल्लें म्होणु जाल्ल्यारि दानांचो अर्ध रकम् आदायांतु कळ्वूयेत. प्रधान मंत्रीले योजनेक अथवा सैनिक निधीक दान दिल्लेले पूरा रकम्म ट्याक्स फ्री जात्ता.

आम्गेले कुटुंबाचे कोणांकयि आम्मि दुड्डु दान म्होणु दिल्ल्यारि तें दान ट्याक्स फ्री जाय्ना. खासगी संस्थेंक दिल्लेलें दान ट्याक्स फ्री जाय्ना. सरकाराक आम्मि दिव्चे खंचेंयि ट्याक्स एक नमून्याचे दान जात्ता.

देशाचे सक्कड नागरीकांक समान रीतीरि दानांचो उपयोगु जाव्का म्होणु सरकारान नियमु केल्ला. सक्कड जातीचांक, सक्कड धर्मांचाक, सेवे पावय्तले संस्थेक नोंदणी कोर्नु सरकाराचे करविभाग तांका एक प्यान संख्ये दित्ता. आदाय ट्याक्स भर्तना ट्याक्स रिलीफ मेळ्का जाल्ल्यारि तें संख्ये नमूद कोर्का.

अध्यायु 11

न्याय आनि अन्याय

चूकि केल्लेले मनुष्याक दंड दिव्चाक न्यायाधीशु आनि न्यायालय जाव्का. तप्पु कोर्नु पश्चात्तापु पाव्तल्याक दंड दिल्ल्यारि तो दंड स्वीकार कर्ता. आप्ण्यान चूकि केल्लेलि ना म्होणु सांग्तलो फट्टि मार्ता की बद्द सांग्ता म्होणु गोत्तु जाव्चें सुलभ ना.. “देवाक सक्कड दिस्ता. तो न्याय कर्ता. तप्पु केल्लेल्यांक शिक्शे दित्ता. चांग केल्लेल्यांक रक्षणे दित्ता,” म्हण्ताति जऽण.

सामान्य न्याय म्हळ्यारि चोरि कोरूंक नज्ज. हिंसे दिव्चाक नज्ज. फट्टि उल्लोनु मोसु कोरूंक नज्ज. जिव्शि मारूंक नज्ज. बाय्लमन्शेरि बलात्कारु आनि अत्याचारु कोरूंक नज्ज. हाज्जें विपरीत सक्कड अन्यायु.

एक मनुष्याले लाग्गि मस्तु दुड्डु आस्सूचे वाय्ट न्हंयि. अधिकारु आस्सूचे वाय्ट न्हंयि. परंतु मनुष्यान ताग्गेले दुड्वाचो दुरुपयोगु कोर्नु जनांक अन्यायु कोर्चे वाय्ट. स्वार्थाचे कतिर अधिकारीन चूकि केल्लेले मनुष्यालो दुड्डु घेव्नु कानूनाक उल्लंघन कोर्चे एकु सामान्य अन्यायु. अपराधीले लाग्गि लंचु घेव्नु ताक्का दंड दीना नात्तीले सोणु सोड्चे सामान्य अन्यायु. सरकारी पियोनु धोर्नु चीफ सेक्रेटरि तांइ अधिकारीन लंचु दिल्ले शिवाय काम कऽर्ना म्हळ्यारि तो अधिकाराचो दुरुपयोगु जाल्लो.

पुराणांतु न्यायु अन्यायु

भारतांतु हज़ार कट्ले वर्स धोर्नु पुराणांक महत्व दिल्लाँ

भारताचे संविधान तयार कर्तले महानुभावानि आधुनिक विचारु मुकारि दोव्वोर्नु संविधान बरैलें. आठ्राचे शतमान धोर्नु इंग्लीष आनि इतर युरोपियन देशाचे विद्वांसानि हिंदुस्तानांचे आनि इतर पूर्वात्य देशांतुले प्राचीन साहित्य अध्ययन कोर्नु तांगेले न्याय नीति परिष्कृत केल्लि. ती नवी न्याय नीति तांगेले देशांतु लागु केल्लेलि. ते नवी न्याय नीतीक इंग्लेंडाचे पार्लिमेंटान तांगेलि कोलोनि जाव्नु आश्शीले भारतांतूंयि चालु केल्लि. अमेरिकांतु, युरोपांतु आनि जगत्ताचे बहुतेक देशांतु इंग्लेंडाचे नवे न्याय नीतीक स्वागत मेळ्ळें.

क्रि. श. 1947 इस्वेंतु भारत स्वतंत्र जाल्लेले वेळारि नवें एक संविधान बोरोचाक बश्शीले सामाजिक आर्थिक आनि राजकीय धुरीण पूरा इंग्लीष शिक्शण पावीले भारतीय पंडित जाव्नु आश्शीलींति. हिंदुस्तानाचि संस्कृति, साहित्य, रूढ़ि रिवाज़ कस्सली म्होणु तांका गोत्तु आश्शीलें. तांगेलो देशप्रेमांक सम जाव्नु आनि स्वतंत्र भारताचे उत्तम भविष्याक लक्षांतु दोव्वोर्नु तान्नि भारताचे संविधान बरैलें म्होणु लेक्कूयेत.

भारताचे संविधानांतु पुराणांतु आश्शीलो पारमार्थिक विचारु संविधान रचनाकारानि गणनेक घेनि. भारताचि संस्कृति पुराणांचे प्रभावारि वाड्डीलि. पुराणांतु मनुष्यान हे जन्मांतु केल्लेले पापाचें आनि पुण्याचें फल ताक्का ताग्गेले मुकावैले जन्मांतु मेळ्ता म्होणु सांग्लाँ. देवाले भक्तांक कष्टाचे काळारि तांगेलि रक्षणे देवु कर्ता म्होणु सांग्लाँ. भक्तान केल्लेलि चूकि हिंदू देवु माफि कऽरना. हिंदू धर्माचे अनुसार मनुष्यान चूकि केल्ल्यारि ताज्जे प्रतिफल ते मनुष्याक मेळ्नूंचि तीर्वूका. ताग्गेलि चूकीक

प्रतिफल भोग्लेशिवाय मनीषु मुक्ति पाव्ना. देवु चूकि कर्नानात्तीले भक्ताले रक्षणे कर्ता परंतु भक्तान चूकि केल्ल्यारि देवु माफि कऽर्ना. मनुष्याक पुनर्जन्मु आस्स की ना म्हळ्ळेले संविधानांतु ताज्जि सुद्दि काणि. परंतु हि्दू लोकांक पुराणाचे काण्यो तांगेले चलन वलनांतु मार्गदर्शन दित्ताति. हिंदू लोकु पुनर्जन्मांतु नंब्गताति. पापाचे आनि पुण्याचे फऽल आजि न्हंयि जाल्ल्यारि फायि खंडित मेळता म्होणु नंब्गताति.

पुराणांचे न्यायाचे आनि अन्यायाचे काण्यो आधुनिक न्यायालयांतु उपयोगाक येनांति. सामान्य जाव्नु साक्शिदारान आण घाल्नु आप्पण सत्य मांत्र सांग्ता. खंचेयि असत्य सांगना म्होणु देवाले नावारि आण घाल्चि पद्धति आस्स. ताग्गेले धर्मग्रंथारि हाथु दोव्वोर्नु आण घाल्येत. फट्टि साक्शि दित्तल्याक देवाले नावारि आण घाल्नु समेत फट्टि उल्लोचाक भंय जाय्ना. आप्प्यान चांग उद्देशान फट्टि मार्चे म्होणु साक्शिदारु सांग्ता.

फट्टि आनि बद्द

सान चेर्डु कशिश फट्टि मारूक शिक्ता म्होणु सक्कडांक गोत्तु आस्स. आव्सून भिष्टाय्ल्यारि माल्र्यारि चेर्डु भित्ता. चेर्डाक सुर्वेक फट्टि खंचे आनि बद्द खंचे म्होणु गोत्तु आस्सना. सऽम खंचे आनि चूकि खंचे म्होणु ज्ञान आस्सना. आव्सून दोळे घुर घुरानु चेर्डाक भिष्टाय्तना चेर्डाक कऽर्ना नात्तीले केल्लाँ म्हळ्यारि फट्टि आनि केल्लेले कऽर्नि म्हळ्यारि फट्टि म्होणु मनांतु वत्ता. चेर्डान होड्डु जाल्ले माग्गीरि ताक्का फट्टि मार्चें पाप म्हळ्ळेले सामान्य जनाले सिद्धांत स्वीकार कोर्का जात्ता.

कोणाकयि बद्द सांग्ल्यारि बेजारु जात्ता अथवा कोपु येत्ता आनि कोपु येव्नु लडाइ जाव्चे साध्य आस्स म्होणु जाल्ल्यारि

तांका बद्द सांगूंक नज्ज. फट्टि मार्चें अगत्य ना म्होणु जाल्ल्यारि कस्सलेंयि उल्लोचाक नज्ज. "सत्यं ब्रूयात्. प्रियं ब्रूयात्. न ब्रूयात् सत्यमप्रियम्" म्होणु संस्कृत श्लोकु आस्स.

घरांतु सान सान विषयांतु बाम्णान बाय्लेक फट्टि मार्चे सामान्य संगति. बाय्लेक संबंधु नात्तीले व्यवहाराचे विषयांतु बाम्मूणु, "तुक्का नाक्का तें," म्हणता. बाय्ल क्षुल्लक विषयांतु फट्टि मार्ता. परंतु घरांतु शांतिभंग जात्ता म्होणु जाल्ल्यारि बाम्णान आनि बाय्लेन परस्पर फट्टि माल्र्यारि चांग न्हंयि.

बाम्णान दुस्रे बाय्लमन्शेले ओट्टु दोस्ति केल्ल्यारि बाय्लेक अन्यायु जात्ता. भारतांतु हिंदू विवाह कानूनांचे प्रकार एक्कीचि व्हार्डीक कोर्नु घेव्येत. बाय्लेन सात म्हैन्याचि गुर्बिणि जाय्त धोर्नु बाळांति जाव्नु तीन म्हैने जाव्वो वरेक दांपत्य स्थगित जात्ता. तेद्दना रामायणांतु सांगीले एकपत्नीवृत उड्गासु येत्ता. पुरुषांक स्त्रीसंगु नात्तीलें राब्बूंक भारि कष्ट जात्ता. बाम्णान दोन्नींचि व्हार्डीक कोरूंक बिलकुल नज्ज.

बाय्लेन बाळांतिर्याक गेल्लेले तवळि बाम्मूणु दुस्रे बाय्लमन्शालि दोस्तीक आशय कर्ता. हो विषयु बाय्लेक सांगना. हो विषयु संपूर्ण गुट्टु कोर्नु दव्वर्ता. स्नेहितांकयि सांगनात्तीलो आनि कोणेयि निम्गील्यारि ना म्हणतलो बाम्मूणु वांच्लो. बहु तेक पुरुषांक अस्सलि दोस्ति अनिवार्य जात्ता. दोस्ति कोर्चे फूडे ते दुस्रे बाय्लेमन्शेक हो संबंधु तात्कालिक जाय्त्वे म्होणु निम्गूनु ही तुग्गेलि आनि मेग्गेलि व्हार्डीक न्हंयि म्होणु खडाखडि सांगूका.

बाय्लेन बाळांतिरो जाव्नु बाम्णांतयि आय्यीले तवळि बाम्णान ते दुस्रे बाय्लमन्शेलि दोस्ति सोणु सोड्का. ती दुस्रि बाय्लमनीषि बुद्धवंति जाल्ल्यारि बाम्णांक माग्गीरि बाधा दीना.

बाम्णान तिक्का सोड्तना हाथभरि दुड्डु दिल्लो म्होणु जाल्ल्यारि माग्गीरि तीणे बाधा दिव्चाक कारण आस्सना.

जुगारु खेळ्तले, सूरु पित्तले, सान सान वैयक्तिक चूकि कर्तल्यानि फट्टि उल्लोचे चडड. बद्द उल्लोचे ऊणे. मनीषु एक प्राणि. सक्कड प्राणीले वरीचि मनुष्याले गुणस्वभावु प्रकृतीचे प्रमाणारि चल्ता. पुरुषान स्त्रीसंग कोर्चें एक प्रकृतीचो नियमु. हे नियमाक नियंत्रणारि दोव्वोरूंक सरकारानि कानूनु केल्ला. मनुष्यालि प्राणिबुद्धि सामाजिक व्यवस्थेक सम पडणा. समाजांतु मनुष्यान ताग्गेलि प्राणिस्वभावु कानूनांचे अनुसार नियंत्रणारि दोव्वोर्का.

स्त्री न्यायु

पुरुषु जगत्ताचो अधिपति म्होणु वैल्यान दिस्ता. निज जाव्नु स्त्री जगत्ताक चलायिसीता. तिग्गेले विशेष गुणस्वभावाचे कारणान परुषाले फाटिमाक्शि राब्बूनु पुरुषाकरान स्त्री जगत्ताक चलायिसीता. पुरुषु सिंहासनारि बस्ता. ताग्गेले शारीरिक आनि मानसिक बडल उपयोग कोर्नु पुरुषु घडर दार, संसारु, आहार उत्पादन, वस्त्र पोषाक तयारि, आरोग्य रक्षण, न्याय रक्षण, क्षेत्र रक्षण, संपन्मूल रक्षण, इत्यादि व्यवस्थे कर्ता. स्त्री पुरुषालि प्राकृतिक सहभागिणि. पुरुषाले जीवनांतु स्त्री प्रकृतीले प्रतिनिधित्व कर्ता. पुरुषान प्रकृतीक सोणु घाल्नातश्शि स्त्री पोळोनु घेत्ता पुरुषान ताग्गेले राजकीय, सामाजिक, आर्थिक कर्तव्याचे मध्ये प्रकृतीक विसर्ना तश्शि स्त्री पोळोनु घेत्ता.

पुरुषाक जन्मु दींव्नु, ताक्का होड्डु कोर्नु, पूतु म्होणु मोगु कोर्नु ताग्गेलो स्वार्थु साधिसुचाक अनुवु कोर्नु दित्तलि स्त्री. स्वगोत्राचे पुरुषांक दूर कोर्नु विंगड गोत्राचे पुरुषाले ओट्टु संसारु

कोर्चो स्वभावु पळैल्यारि स्त्री संतान स्वत: प्रकृति स्वरूप म्होणु कळ्ता. स्त्रीक लाग्गि कोर्नु पुरुषु प्रकृतीक अर्धांगिणि कोर्नु घेत्ता. अर्धांगिणि जाल्लेले निमित्त पुरुषु स्त्रीचेरि अवलंबित जाव्नु आस्स.. प्रकृतीन स्त्रीक पुरुषालि आव्सु केल्ल्या. बाय्ल केल्ल्या. धूव केल्ल्या. नाति, पोन्ति, पाच्चि, म्हाव, मांयि, सून, माममा, बापमा, आनमा, होडेमा, इत्यादि कोर्नु घाल्ल्या.

स्त्रीक आम्चिगेलि भाषेन बाय्लमनीषि म्हण्ताति. बाय्लमन्शांक पुरुषान द्वेशु कोरूक नज्ज. पुरुषान बाय्लमन्शांक दयाभावान आनि क्षमाभावान पोळोका. विविध कारणान विचारांतु आनि आचारांतु मतभेधु येव्नु बाय्लमन्शांक पुरुषु दूर कोरूक प्रयत्न कर्ता. ताग्गेले प्रयत्न प्रकृतीक विरुद्ध जाल्लेले निमित्त पुरुषाले हें प्रयत्न सफल जाय्ना.

काम, क्रोध, लोभ, मोह, मद, मत्सर, शोक, दु:ख, सुख, इत्यादि प्रकृतीचे गुणस्वभावु सक्कड मानव जातींतु आस्स. परुषांतुयि बाय्लमन्शांतूयि आस्स. हे गुणस्वभावु सदाकाळ आनि प्रतिएक परिस्थितींतु वाय्ट म्होणूंक जाय्ना. केलवु परिस्थितींतु हे गुणस्वभावु प्रयोग जात्ता आनि आवश्यक जात्ता. पुरुषु हे गुणस्वभावांक नियंत्रण कोरूक प्रयत्न कर्ता. ताग्गेले सामाजिक शांति आनि सद्भावाक पुष्टि दिव्चे कतिर हे गुणस्वभावांक नियंत्रण कोर्चे प्रयत्न कर्ता. परंतु हे प्रकृतिदत्त गुणस्वभावु बाय्लमन्शांक मेक्कोळ्नु उड्डोचाक जाय्ना.

बाय्लमन्शांक पुरुषान दया, क्षमा, सहिष्णुता, नंता आत्मीयता दाक्कोनु लाग्गि कोर्नु घेव्का.

पुरुषान खंचेयि परिस्थींतु बाय्लेक शारीरिक दंड दिव्चाक नज्ज. ती भिष्टाय्ता, सोव्ता, किरकिर कर्ता, म्होणु तिज्जे वैरि हाथुउक्कोळ्चाक नज्ज. तिग्गेलि सोऽव आनि भिष्टावण कान्नांतु

व्होरूंक नज्ज. ती एक मुग्ध, बुद्धिनात्तीलि, निरर्थक उत्रँ उल्लैतलि बालबुद्धीचें चेईं म्होणु समाधान कोर्का.. झगडो विपरीत जाव्चाक सोडूंक नज्ज.

बाय्लेले उत्रँ कित्ले तीक्ष्ण आस्ताति म्हळ्यारि पुरुषाक भयंकर कोपु येत्ता. तो बाय्लेक जिव्शि मारूंक तयार जात्ता. नंतर तिक्का जिव्शि मार्नु आप्प्यान जैलाक वोच्चूका जात्ता म्होणु ज्ञान आय्ले नंतर स्वत: गळपासु घेव्नु मोर्चाक तयारि जात्ता. बांय्तु उड्डूनु मेल्लेले घटने मस्त कडेन जाल्ल्यांति.

पुरुषाक आनि स्त्रीक धैर्य येव्चे आर्थिक समृद्धि आस्स जाल्ल्यारि मांत्र. बाय्लबाम्णाले मध्ये झगडो जाव्चो घऽर, सैट, भांगर, नगद, इत्यादि विषयांतु. विंगड दंपतीन विमानारि परगाँवु भोव्नु आय्ल्यारि, आस्ति खरीदि केल्ल्यारि, नवें होड कार घेत्ल्यारि, इत्यादि होड्डस्तिका दाक्कैल्यारि तें पोळोनु हे दंपतीक पोट्टांतु उज्जो येत्ता. समृद्ध आस्ति आनि कमय आश्शीले दंपतींक समेत आप्प्याले संबंधीकानि होड्डस्तिका प्रदर्शन केल्ल्यारि जाळ येत्ता. असूये नियंत्रण कोर्का. हे विषयांतु बाय्ल बाम्णांक झगडो जाल्ल्यारि ताक्का तांगेली अल्पबुद्धि कारण.

स्त्री स्वातंत्र्य म्हळ्यारि बाय्लमन्शांक तांका जाव्का जाल्लेले तित्लें इस्कूलांतु आनि कालेजांतु शिक्शण पाव्चे स्वातंत्र्य. व्हार्डीकेचे चेरक्याक स्वत: पोळोचे, तो चेर्को मेग्गेलो बाम्मूणु जाव्चाक योग्य आस्स कि ना, आनि तो चेर्को जाय्त अथवा नाक्का म्होण्चें स्वातंत्र्य. गुर्बिणि केद्ना जाव्चें, कित्लिँ चेईंवँ कोर्चे आनि कर्नानात्तीलें राब्चे, इत्यादि विषयांतु स्वातंत्र्य. विवाह विच्छेदन कोर्चे स्वातंत्र्य. गर्भपात कोर्चे, आस्तीचि मालिक जाव्चे, व्यारु धंधो कोर्चे, नौकरि कोर्चे, निवृत्ति केद्ना जायि की तेद्ना घेव्चे, इत्यादिचे स्वातंत्र्य. 2017 इस्वेंतु भारत सरकारान

आनि सर्व पुरुषानि हे सक्कड विषयांतु सहकारु कोर्नु बाय्लमन्शांक स्वातंत्र्य दीव्नु निश्चिंत जीवन चलाय्सुचाक अनुवु कोर्नु दिल्ला.

वीसाचे शतमानाचे मध्येंतु तांयि बाय्लमन्शांक उणेऽ म्हळ्यारि सात आठ चेर्डूवँ जात्तात‌ि आश्शीलींति. सल्प दंपतींक चौदा आनि सल्प दंपतींक आठ्रा बाळांतीरो जाल्लेलें आस्स. बाय्लमन्शांक चेर्डूवँ जाव्काति म्होणु भारी आशा आस्ता. एक दोनि चेर्डूवँ जाल्ल्यारि पूरो म्होणु दिस्चें सामान्य. बाम्णांक चांगि कमय आस्स जाल्ल्यारि चारि पाँच चेर्डूवँ जाव्वोति म्होणु आशा आस्ता. जाल्ल्यारि तांगेली बाय्लो तित्ले नाक्का म्हण्ताति. धैर्य कोर्नु वैजिणीकरान गर्भु पाडोनु घेत्ताति आश्शीलींति व्हार्डीक जाय्ना नात्तीलि चेल्लि परमोशु जाव्नु अकस्मात् गर्भिणि जाल्लि जाल्ल्यारि अवमर्यादि जात्ता म्होणु गुट्टारि तिग्गेलो गर्भु वैजिणीकरान पाडोनु घेत्ताति आश्शीलींति.

1955 इस्वेचे नंतर डाक्टरानि बाय्लमन्शांक गर्भु बैसना तश्शि उपाय कश्शि कोर्का म्होणु दाक्कोनु दिल्लें.. भष्टि जाल्ले माग्गीरि चारि पाँच दीस 'सुरक्षित काळु (सेफ पीरियड)' म्होणु प्रचार केल्लो. कोंडोमु घाल्नु घेव्चें. कापर-टि गर्भकोशांतु सिर्काचि. दोनिकडेचि फेल्लोपालि नऽळि ओपरेशन कोर्नु कट कोर्चें आनि गर्भपात ओपरेशन कोर्नुघेव्चें इत्यादि उपाय सांगूनु दिल्लें इत्ले जाल्ले माग्गीरि भारतांतु जनसंख्ये ऊणे जाल्लॉ. आन्नेक स्वातंत्र्य चेर्डालें लिंग पोळोचाक स्क्यान कोरोचें. म्हळ्यारि बाय्लमन्शांक तांका जाव्चे चेर्डालें लिंग पुरुष अथवा स्त्री लिंग म्होणु स्क्यान कोर्नु गोतु जात्ता. सरकारान चेल्ल्येचे चेर्डूवाँक वांचोचे कतिर कानूनु कोर्नु लिंग तपासणे कर्तले डाक्टरांक जैल शिक्शा म्होणु हें स्त्री स्वातंत्र्य बाय्लमन्शांक दीनि. 'बेटी बचाओ, बेटी पढ़ाओ,' म्होणु बोंब मार्ताति.

बाय्लमन्शांक एक की दोनि की चेईवँ जाल्ले माग्गीरि चेईवँ होड जाव्वो तांयि बाम्णान सहकारु कोर्का म्होणु अव्यक्त आशय आस्ता. बाम्णान सहकारु कर्ना जाल्ल्यारि चेईवांक पोळोचाक कष्ट जात्ता. चेईवांक पोळोनु घेव्चाक घडर जायि. खर्चाक दुड्डु जायि. चेईवाँले शिक्शण जाव्नु काम मेळ्नु व्हार्डीक कोर्नु घेव्नु विंगड गेल्लींति म्होणु जाल्ल्यारि माग्गीरि बाय्लेक बाम्णालि खयालि पडणि. माग्गीरि बाम्णान घराचे कामांतु सहायु कोर्का. थोडे रांदप कोर्का, कोय्रु काणु नेडल पुस्सूका थोडे आय्दन धूव्का, इत्यादि घराचे कामांतु सहायु कोर्का.

पोलीस विभाग

फुळ्ळे काळांतु कोतवालु म्होणु गांवाचे श्रीमंत लोकु तांगेली आस्ति राक्कूक आनि रात्रि पहरे कोरूक एक बलाढ्य मनुष्याक नियुक्त कर्ताति आश्शीलींति. अफघान अथवा नेपाळि मनीषु हे कामांक योग्य जाल्लोलो. सैन्यांतु ताक्कूनु काम सोणु विश्राम कर्तले दीगरूद भर्ति आश्शीलो मनीष हे काम सोद्दूनु येत्ताति आश्शीलींति. कोतवालाक सांबोळु गावांचे श्रीमंत लोकु दित्ताति आश्शीलींति. इंग्लीष सरकारान पोलीस विभाग म्होणु कोर्नु तांतु विंगविंगड स्थराचे अधिकारिले स्थान निश्चय केल्लें. सैन्यांतु पाय्दळ आश्शीले वरीचि पोलीस विभागांतु कडेचे अधिकारी आस्सति. तांका कान्स्टेबल म्होणु नांव दिल्लें. सैन्यांतु आस्ल्या म्हण्केचि पोलीसांचांक युनिफार्म शिवय्लें. मार्च कोरूक शिकय्लें.

पोलीस विभागांतु स्थानीय लोकांक काम मेळ्ळें. लाय्क सांबोळु दिल्लो. तांगेले वासस्थळ घरांक व्यवस्थे केल्लि. तांगेले चेईवांक शिक्शण दिव्चाक इस्कूल स्थापने केल्लींति.

पोलीसांचाक अधिकारु आस्स जाल्लेले निम्ति तान्नि चूकि केल्लेले मनुष्याक एरेस्ट कोर्नु पोलीस स्टेशन्नांतु व्होर्नु लाकप्पांतु बंद कोर्येत. पोलीस स्टेशनांतु सबिनस्पेक्टरु अपराधाचि रिपोर्टु बरैता. चूकि केल्लेल्यांक दंड (फैन) घाल्ता. हो दंडाचो दुड्डु सरकारी खजानेंतु भर्ताति. होडि चूकि केल्याजाल्ल्यारि न्यायाधीशाले एद्राक हाज़र करैता.

सरकाराक नुक्सान जाल्ल्यारि जाव्वो म्होणु चूकि केल्लेल्यांक दंड घाल्चे बदलाक स्थानीय राजकारणी कोण मुनिसिपल कौन्सिलर जाल्लाकी तो पोलीस विभागाचे सिब्बंदीचे ओट्टु मेळ्नु चूकि केल्लेले जनाले लाग्गि लंचु घेव्नु सरकाराक येव्चे दंडाचो दुड्डु येनातशिश कर्ता. लंचु दीनानात्तील्यांक बुद्धि शिकोचाक तांचे वैरि फट्टि दूरु बोरोनु स्टेशनांतु बसैता. तांगेलो एकु एजंटु "तुम्मि मुनिसिपल कौन्सिलराक आप्पोनु परिस्थिति सुधारिसूनु घेय्याति" म्होणु सलहे दित्ता. अशिश नाटक कोर्नु नागरीकाक तोंदरे दित्ताति. कौन्सिलरु नागरीकाले लाग्गि हज़ार दोनि हज़ार रुप्पयो सबिनस्पेक्टराक दीव्का म्होणु वसूलि कर्ता.

मार्गारि वत्तना कोणेऽकी पर्स मार्नु व्हेल्ले म्होणु पोलीस कंप्लेट दिव्चाक गेल्लेल्याक ताग्गेले कंप्लेट बोरोनु घेव्चे बदलाक ताज्जे वैरीचि अपराधाचो जुलमु घाल्नु लंचु वसूलि केल्लेले आस्स..

अशिश पोलीस विभागाक वाय्ट नांव आय्ला. मार्गारि अपघात जाव्नु पळ्ळेले नागरीकाक लाग्गि आश्शीले नागरीकानि उक्कोळ्नु व्होर्नु आस्पत्रेंतु सेरिसूका. पोलीसांचे कर्ताति म्होणु नुत्तऽचि बस्ल्यारि तान्नि येव्चे वेळारि अपघातांतु पेट्टु जाल्लेलो मोर्नु आस्ता. जनाले रक्षणे कोर्का जाल्लेले पोलीस विभागाक नंब्गूनु बोस्चाक जाय्ना.

इंडियन पिनल कोड आनि इंडियन सिविल कोड म्होणु पुस्तक खंचे अपराधाक कश्शि शिक्शे दीव्का म्होणु पोलीस विभागाक, न्यायाधीशांक आनि वकीलांक उपयोगु जात्ता. क्रिमिनल प्रोसीजर कोड आनि सिविल प्रोसीजर कोड म्होणु चूकि केल्लेल्यांक खंचे रीतीरि न्यायु दिवोका म्होणु विवर दिल्लेले पुस्तकँ आस्सति.

न्यायालय आनि न्यायाधीश

स्वतंत्र भारतांतु म्याजिस्ट्रेट कोर्ट, सेशन्स कोर्ट, हैकोर्ट आनि सुप्रीम कोर्ट म्होणु न्यायालय आस्सति. वादि आनि प्रतिवादि तांगेलो खट्लो तीर्मान कोर्चाक न्यायालयांतु वकीलाचे करान दाखलु करैताति. वकीलांक ला कालेजांतु पांच वर्स शिक्कूनु माग्गीरि वृत्ति कोर्का जाल्ल्यारि लैसेन्स कोरोका. वकील वृत्ति कोर्नु न्यायलयाचे कार्यांतु अनुभवु पावीले क्लेवु ला ग्राजुवेटांक न्यायाधीशु म्होणु सरकार आनि हैकोर्ट नेमक कर्ताति.. हैकोर्टाचे न्यायाधीशांक सुप्रीम कोर्टाचे न्यायाधीश आनि केंद्र सरकार नेमक कर्ताति.

अपराधीक दंड दिव्चो अधिकारु कोर्टाक मांत्र आस्स. आत्मरक्षणे कोर्चे कतिर एक मनुष्यान ताक्का पेस्काति घालूंक आय्यीले व्यक्तीक गुंडु मार्नु जिव्शि मार्लें म्होणु जाल्ल्यारि पोलीस विभागान तपासणे कोर्नु न्यायाधीशाक रिपोर्ट दिव्वोतांयि तीर्मानु जाय्ना.

जामीनु म्हळ्ळेले एक वाट आरोपित व्यक्तीक मेळ्ता. अपराधाचे वैरि होंदूनु जामीनु मेळ्ता. जामीनु मेळ्ळेले आरोपित व्यक्तीक जैलांतु घाल्चें नाक्का म्होणु न्यायाधीशु तीर्पु दित्ता.

आनलैन व्यवहारु

एक्वीसाचे शतमानांतु सामान्य जनांक भारी उपयोग जाव्चे सलकरणे इंटरनेट (अंतर्जाल). नांव सादा आनि सान. काम होड होड कर्ता. इंटरनेट्टांतु कोर्चे व्यवहाराक आनलैन व्यवहारु म्होणु नांव. उदाहरणेंक 1994 इस्वेंतु घराचे प्रापर्टि ट्याक्स भोरूंक मुनिसिपाल्टीचे आफीसांतु वोच्चूनु फार्म घेव्नु भोर्नु आफीसराले सैन कोरोनु दुड्डु भोर्का आश्शीलो. आफीसरु ताग्गेले जाग्यारि बैसूनु आस्सना आश्शीलो. तो केद्ना येत्ता म्होणु आफीसांतु कोणांकयि गोत्तु ना म्हण्ताति आश्शीलींति. आफीसरु मेळ्ळो म्होणु जाल्ल्यारि फार्म मेळ्ना आश्शीलें. सुर्वेक नगद रूपारि ट्याक्स दीव्का म्होणु आश्शीलें. माग्गीरि चेक् मुखांतर दिल्लें. क्रेडिट कार्ड उपयोग कोरूंक जाय्ना आश्शीलें. लंचु दिल्ल्यारि काम वग्गि जात्ता आश्शीलें.

आत्तँ 2017 इस्वेंतु प्रापर्टि ट्याक्स आनलैन वाट्टेन क्रेडिट कार्ड उपयोग कोर्नु दीव्येत. पोलीसांचाले फैन डिजिटल वाट्टेन दीव्का म्होणु जाल्लेले निम्ति सरकाराक येव्चो फैनांचो दुड्डु सरकाराचे खजानेक सीधा येत्ता. डिजिटल व्यवहारु कंप्यूटरांतु कोर्चे आनलैन व्यवहाराचे वरीचि नगद व्यवहारु कोर्चे बदलाक प्लास्टिक कार्डाचे मूलक कोर्चाक अनुकूल कोर्नु दित्ता.

अध्यायु 12
विचारवादि

संप्रदाय विरोधि मनिषु आप्पण विचारवादि म्होणु सांग्ता. हिंदू जनालो संप्रदायु विचारवादीक खंडन कोरूक भारताचे संविधानांतु स्वातंत्र्य दिल्लाँ म्होणु विचारवादि सांग्ता. खंडन कोर्येत परंतु निंदन कोरूक नज्ज. निंदन कोर्चे म्हळ्यारि अश्लील भाषेन एक धर्मांक अथवा ते धर्माचे देवांक सोव्चे. खंचेयि धर्मांक सोव्ल्यारि ते धर्मांचे नागरीकांक सोव्ल्या म्हण्के जात्ता. अवमानु केल्ल्या म्हण्के जात्ता. भारताचे संविधानांतु नागरीकांक धार्मिक स्वातंत्र्य दिल्लाँ. नागरीकानि तांका इष्ट आश्शीले रीतीरि विंगडांक बाधा जाय्ना तश्शि आप्प्ण्यालो धर्मु पालन कोर्येत. कोणऽयि आक्षेपु काड्डूंक नज्ज. धार्मिक कार्य देशाचे कानूनांचे अनुकूल जाव्नु आस्सूका. धर्माचे आनि देवाले नांवारि खंचेयि काम कर्तना देशाचे कानूनांक निर्लक्ष कोरूक नज्ज.

एक मनुष्यान विचारवादि जाव्नु संप्रदायाक खंडन कोर्का जाल्ल्यारि ताक्का अखंड ज्ञान आस्सूका. एद्दोळु तांयि चोल्नु आय्यीलें संप्रदाय चूकि म्होणु सांगूंक धैर्य आस्सूका. वैज्ञानिक साक्षि आस्सूका. संप्रदायवादि लोकानि विचारवादिले लाग्गि शांत रीतीरि तर्क कोर्का. विचार्वादीन निंदन केल्ल्या म्होणु जाल्ल्यारि कोर्टांतु मुकद्दमो दाखल कोर्का. हिंसेक हाथु घालूंक नज्ज. कानून

प्रकार विचारवादीन चूकि केल्ल्या म्होणु जाल्ल्यारि ताक्का न्यायाधीशु शिक्शे दित्ता.

जगत्तांतु वैज्ञानिक आनि तांत्रिक प्रगति जाल्लेले तश्शि जनालें ज्ञान वाढ़ला. धर्मशास्त्र प्राचीन जगत्तांतु रचने केल्लेले शास्त्र. प्राचीन काळांतु जनांक आश्शीले माहितीचे अनुसार प्राचीन धर्मशास्त्र रचने जाल्लाँ. परंतु धर्मशास्त्राक आधुनिक वैज्ञानिक आनि तांत्रिक माहितीचे अनुसार शुद्धीकरण कोर्नु तांतु सुधारणे कोर्नु आधुनिक कोरूक जाय्ना म्होणु धार्मिक धुरीण वादु कर्तातिं.

हिंदू धर्माचे इतिहासांतु मस्तपटि धार्मिक विद्वांसानि हिंदू धर्मांचे सिद्धांत रिपेरि केल्लाँ. शुद्धीकरण केल्लाँ. सुधारणे केल्लाँ. धार्मिक कार्य प्रणालींतु बदलावणे केल्लाँ.

जगत्ताचे मनुष्याले जीवनांतु बदलावणे भारि मंदगतीरि जात्ता. बदलावणे जाल्ला म्होणु मनांतु वच्चना. बदलावणे जाल्लेलें कोळ्का जाल्ल्यारि साठि सत्तर वर्स वत्ताति. तेद्दना मनीषु वांचूनु वऽर्नो. आम्मि जन्मांक येव्चे फूडे परिस्थिति कश्शि आश्शीलि म्होणु चरित्रेचे पुस्तक वाज्जूनु कोळ्का. सुमार शेंबरि वर्स फुळ्ळे सिनॆम पोळोयेत. ताज्जाकयि फूडे सिनॆम ना आश्शीलें. फुळ्ळे सश्शि साश्शि आठ्शि वर्स ताक्कूनु हिंदू धर्मांचे आचार विचारांतु, आहारांतु, घरांतु, कामांतु, व्यापारांतु, शेतकरींतु, आर्थिक व्यवस्थेंतु, दार्ले आनि बाय्ले मन्शाले जीवन शैलींतु, मूंजि, व्हार्डीक, श्राद्ध कोर्चे विधानांतु, युगादि, दसरा, दीपावळि इत्यादि पर्बो आचरण कोर्चे विधानांतु जाल्लेले बदलावणे कित्ले आनि खंचे खंचे म्होणु कोळ्का जाल्ल्यारि ते काळाचे कोणयि एक्ळयान येव्नु सांगूका. न्हंयि जाल्ल्यारि कळना.

फोटोग्राफि येऽत धोर्नु फुळ्ळे जनाले तोंड पोळोचाक जात्ता. चलनचित्र (फिल्म) आय्ले माग्गीरि युद्ध विमान उब्चें पळैलें.

विडियो येऽत धोर्नु फूडे जाल्लेले घटने यथास्थिति पोळोचाक जाल्लें. साठि सत्तर वर्स फुळ्ळे सिनेम आनि अत्याधुनिक सिनेम तुलने केल्ल्यारि समाजांतु बदलावणे जाल्लाँ म्होणु मनांतु वत्ता.

संदर्भु येव्का

संदर्भु आय्ले शिवायि काम जाय्ना. संदर्भु मेळ्यारि संगीतकारु संगीत संयोजन कर्ता. गीतकारु गायन सांग्ता. पक्कवाद्याचे तांगेतांगेले वाद्य वाज्जीतातति. इंग्लीष भास गोत्तु आश्शीलो मांत्र वकीलु, डाक्टरु, इंजिनियरु जात्ता. शेऽत उब्वितलो रैतु, किसानु, शेतकरी, प्लांटरु, जात्ता. एक ज्योतिष्यालो पूतु निगमागम पाठशाळेंतु आगम शास्त्र अध्ययन कोर्नु पुरोहितु जात्ता. पुरोहित वृत्ति स्वयंनेमित वृत्ति. अभ्यासारि पुरोहित वृत्तीचि आनि खंचेयि वृत्तीचि निपुणते येत्ता. आन्नेक ज्योतिष्यालो पूतु इस्कूलाक वत्ता आनि वेळु मेळ्ळेले तश्शि घरांतु बाप्पूले लाग्गि आगम शास्त्र अध्ययन कर्ता. कालेजाक मेळ्ता. डिग्रि संपादन कर्ता. मुकारि शिक्कूनु विज्ञानांतु डाक्टरु पदवि संपादन कोर्नु कालेजांतु अध्यापकु जात्ता. संदर्भु मेळ्यारि पाव्ना. मेळ्ळोलो संदर्भु उपयोग कोर्नु घेव्का. संदर्भु उपयोग कऽरिरे चेर्डो म्होणु हुरुपु आनि मार्गदर्शन कर्तलो बाप्पूसु जाव्का.

शारीरिक बऽल, आर्थिक समृद्धि, सामाजिक परिसर, इत्यादि सक्कड संगति मेळ्नु आय्ल्यारि संदर्भु येत्ता. संदर्भू आय्यीले वेळारि तें काम कर्ना जाल्ल्यारि माग्गीरि तो संदर्भु वोपास येत्ता म्होणु सांगूंक जाय्ना.

भंय कोणाक येत्ता?

विचारवादींक भंय येना. विचारवादि मस्त शिक्किलो जाव्नु आस्ता. लायरु, इंजिनियरु, डाक्टरु, आनि इतर मस्त शिक्कीले व्यक्तींक भंय जाव्चे ऊणे. मस्त शिक्कीले बाय्लमनीशेकयि भंय जाय्ना. भंय म्हळ्यारि मनांतुलि एक भावने. ज्ञान आश्शीलि बाय्लमनीशि परिस्थिति पोळोनु विचारु कर्ता आनि भंयाचे कारण सोद्‌दूनु काणु ताक्का परिहार कर्ता.

बुद्धि आनि माहिति आश्शील्यांक आनि आत्मविश्वासु आश्शील्यांक भंय येना. बाय्लांक तांगेले बाम्णाचेरि विश्वासु आस्ता. साधारण शिक्कीले बाय्लमनिशेक तिग्गेलो बाम्मूणु रक्षणे कर्ता म्होणु विश्वासु आस्ता. बाय्लेकयि बाम्मूणु प्रायेन होड्डु आस्ता. व्यवहार ज्ञान बाम्णांक चऽड आस्ता. मस्त बाय्लमन्शों बाम्णांक आप्ण्यालो देवु म्होणु लेक्ताति. रक्षणे कर्तलो देवु म्होणु लेक्ताति.

आप्ण्यालो बाम्मूणु रक्षणे कोरूंक अशक्तु म्होणु खंचेयि बाय्लेक मनांतु गेल्ल्यारि माग्गीरि ती बाम्णाले वैरि विश्वासु दव्वर्ना. ती देवस्थानांतु वोच्चूनु थंयि आश्शीले देवाक शरणु वत्ता. देवस्थनांतु आश्शीले देव रामा की कृष्णा की आप्ण्याक रक्षणे कऽरि देवा म्होणु प्रार्थने कर्ता. मस्त शिक्कीले बाय्लमनीशेलो बाम्मूणु मस्त शिक्कीलो आनि श्रीमंतु ना जाल्ल्यारि ते बाय्लमनिशेक तिग्गेले बाम्णाचेरि विश्वासु ऊणे जात्ता. मस्त शिक्कीले बाय्लमनिशेक भंय जाव्चे ऊणे. तीवयि विचारु कोर्नु भंयाचे कारण सोद्‌दूनु ताक्का परिहारु कर्ता.

विचारु ऊणे कर्तल्यांक भंय जाल्लेले वेळारि रक्षणे कर्तलो एकु देवु जाव्का जात्ता. तांका देवु ना म्होणु सांग्ल्यारि गोंदोळु जात्ता. विचारवादि नास्तिकु जाव्नु आस्ता. सामान्य जनांक आनि

मस्त विचारु कऽर्नानात्तील्यांक देवु ना म्होणु सांगूंक नज्ज 'माक्का रक्षणे कर्तलो' मेग्गेलो देवु म्होणु सांग्तले मनुष्याक देवु ना म्होणु सांग्ल्यारि तो मनीषु नंब्गना. ताक्का मनश्शांतीचे कतिर देवु जायि.

आशय आनि आकांक्षा

मनुष्याक आप्पण एक होड्डु मनीषु जाव्का म्होणु आशा आस्ता.. ताणे होड्डु जाव्चाक ताग्गेले संबंधीकान ताक्का आशीर्वादु दीव्का म्होणु ताक्का आकांक्षा आस्ता. समाजांतुले जनानि ताग्गेलि प्रतिभा पोळोनु ताक्का मान्यता दीव्का म्होणु तो आशा कर्ता. तान्नि मान्यता दीनि जाल्ल्यारि तो आनकयि चांग काम कोर्नु कष्ट पाव्नु ताणे केल्लेले उत्तम काम तांका दाक्कैता.

मनुष्यान जन्मांक येत्तनांचि संबंधीक, ते चेर्डु होड जाव्नु नांव पाव्तलें, आस्ति आनि दुड्डु संपादने कोर्नु सक्कडाले प्रीतीक पात्र जात्तलें म्होणु आशा दव्वर्तातिं. मनुष्यान मेल्ले माग्गीरीयि ताग्गेले चांग नांव, ताणे केल्लेले दान धर्मु, ताग्गेलि ख्याति, कीर्ति, इत्यादि मस्त वर्स उड्गासु वर्ता.

मनुष्यान आप्प्णयालि आशय आनि आकांक्षा पूर्ति कोर्का जाल्ल्यारि ताणे पुरुषार्थ कोर्का. मनुष्याले जीवन ब्रह्मांडाचे लेक्कारि क्षणिक जाव्नु आस्स म्होणु सांगूनु ताणे पुरुषार्थ ऊणे कोरूंक नज्ज. ब्रह्मांडाचे लेऽक विंगड. जीवनाचे लेऽक विंगड. जीवनाचे साठि सत्तर वर्स कांयि सान समय न्हंयि. मनुष्यान ताग्गेले जीवमानांतु भरपूर श्रऽम कोर्नु आत्मसाक्षीचे अनुकूल जाव्नु भूंयि, घऽर, दुड्डु भांगर यथेच्छ कमय कोर्नु श्रीमंतु जाव्का.

मनुष्याले बाय्ल चेर्डूवॉनि सहयोगु दिल्ल्यारि मांत्र ताणे पुरुषार्थ कोर्येत. बाय्लेन बाम्णांक विधेयता दाक्कोका. चांग

बलाढ्य संतान प्राप्ति कोर्नु दान धर्मु कोर्नु यषस्सु संपादने कोरूक मनुष्याक बायलेलो सहकारु जाव्का. अशिश कोरूक जीवन क्षणिक म्होणु बस्ल्यारि जाय्ना. जीवनांचो उद्देशु पुरुषार्ध कोर्नु आशय आनि आकांक्षा शमन कोर्चे. जीवनांचो उद्देशु पूर्ति कोर्का जाल्ल्यारि मनुष्याक आशय आनि आकांक्षा आवश्यक.

स्थिति आनि प्रगति

सत्य तीनि तराचें आस्सति. पारमार्थिक, प्रापंचिक आनि प्रायोगिक. पारमार्थिक सत्य आम्मि सांगीलो विषयु. आम्मि लेक्कीलो विषयु. आम्मि नंब्गलोलो विषयु. प्रापंचिक सत्य अर्थु कोर्नु घेव्चाक कष्ट जाय्ना. प्रापंचिक सत्य दोळ्याक दिस्ता. कान्नांक आय्कता. नांकानि हुंगूयेत. आंगाक लाग्ल्यारि ताज्जे स्पर्श जात्ता. खाव्चो वस्तु जाल्ल्यारि जिब्बेन रूचि पोळोयेत. प्रायोगिक सत्य मनुष्यले संस्कारारि होंदूनु आस्स. राजकीयांतु प्रायोगिक सत्याक सेक्युलरिसम् म्होणु अर्थु कोर्येत. प्रायोगिक सत्य नागरीकालो चांगु गुणस्वभावु.

देशाचि स्थिति प्रायोगिक सत्यारि होंदूनु आस्स. नागरीकानि जिव्शि मारूक नज्ज. चोरि कोरूक नज्ज. कोणांकयि मोसु कोरूक नज्ज. समयानुसार आनि संदर्भानुसार अहिंसेचे तत्व पालन कोर्का. बलहीन व्यक्तींले शोषणे कोरूक नज्ज. बलहीन व्यक्तींक पीडे दिव्चाक नज्ज. प्राणींक हिंसे दिव्चाक नज्ज. प्रजेनि क्षमाभाव आनि करुणाभाव धारणे कोर्का. विनयशील, प्रामाणिक, कृतज्ञ मनोस्थैर्य धारणे कोर्का. इत्ले पुणि कोर्नु देशाचि स्थीति प्रायोगिक सत्य कोर्नु घेव्का.

सत्यान्वेशण कोर्नु सृष्टि, स्थिति आनि लय, हे तीनि बऽग विद्वांसानि अध्ययन केल्लें. सृष्टीचे विषयांतु आम्का ज्ञान

ऊणे आस्स. सृष्टि कशिश जाल्लि म्होणु आम्का गोत्तु ना. गोत्तु जाव्चे अगत्य ना. गोत्तु जाव्का जाल्लेलें आत्तंचि स्थीति. देशाचि आत्तंचि स्थीति फुळ्ळे काळ धोर्नु जाल्लेलि प्रगति. प्रगति जाल्ल्यारि ती मुकावैलि स्थीति. जगत्तांतु मनीषु प्रगति कर्तऽ अस्ता. प्रतिएक बाळांतिरो जाव्चो प्रगतीचो द्योतक. प्रति एकघऽर बांदीले प्रगतीचे फल. मनुष्यान प्रकृतीक रूपांतर कोर्नु स्वत सृष्टि केल्लेलें सक्कड वस्तु प्रायोगिक सत्यांतु मेळ्ता.

सूर्योदयु आनि नवे दिसाचे प्रारंभ प्रगतीचे चिन्ह. बी बित्वलेलि चिगुरु येव्नु झाड जाव्चें आनि ताक्का फूल जाव्नु फल जाव्चे प्रगतीचे पावल.

मनुष्यान लयाचे विषयांतु येच्चन काणु प्रेय्जन ना लऽय जात्ता की ना म्होणु कोणांकयि खंडित सांगूंक जाय्ना. लऽय जाव्चाकयि हज़ार दोनि हज़ार वर्स फूडेचि भूंय्चेरि जीवु जाव्वो सस्य जाव्वो कस्सलेयि आस्सना. भूंयि बोळु जाव्नु प्रलयाचे उद्दाक भोर्नु उव्वारु येव्नु जगत्त नेलसम जात्ता.

आम्का रक्षणे कोऽण कर्ता?

आम्मि मनांतु आलोचन कर्तना दोऽळे सोणु अथवा दोऽळे बंद कोर्नु आलोचन कोर्येत. भंय जात्तना आम्मि दोऽळे सोणु सुत्तु पळय्ताति. कान्नांतु पोड्चे शब्धांक कानु दीव्नु आय्कताति. खंचेयि अपाय संभव जात्ता म्होणु दिस्ल्यारि ताक्का जाय्ना तश्शि उपाय कर्ताति. थंडि आस्स म्होणु जाल्ल्यारि स्वेट्टर घाल्नु घेत्ताति. पाव्सु येत्ता म्होणु जाल्ल्यारि लाग्गि सात्तें घेव्नु वत्ताति. भाय्र वत्तना पर्स घेव्नु वत्ताति. थोडो दुड्डु घेव्नु वत्ताति. ऐडी कार्ड, क्रेडिट कार्ड, मोबैल फोनु, इत्यादि सांगाति आस्सूका.

आम्गेले शरीराचे आरैके कोर्नु घेत्ल्यारि आरोग्य आस्ता. हीत जाव्चे आहार सेवन कोर्का. घन पदार्थ समऽ चाब्बूनु खाव्का. द्रव पदार्थ आनि उद्दाक चऽड सेवन कोर्का. शरीर शुद्ध कोरूक दिवसाक एक पटि पुणि न्हाव्का. दोनि पटि दांतु घासुका. खाड, मीसे आनि खाक्यांतु आनि जांगेंतु वाड्डूचो केसु तत्तवळि शेव कोर्नु घेव्का. वाकिंग्गाक वोच्चूका. घरकडे ट्रेडमिल्ल आस्स जाल्ल्यारि धा मिनिट भित्तरि वाकिंगाचे बदलाक व्यायाम पूर्ति कोर्येत. दिनंप्रति पाँच धा मिनिट सहज आसन प्राणायाम कोर्का. नीद समऽचि पळ्ळयारि आरोग्याचि रक्षणे नंता आम्गेलि रक्षणे जात्ता. घरांतु मनशांति मेळ्का जाल्ल्यारि सक्कड जनाले लाग्गि हसन्मुखि जाव्नु उल्लोका. समय व्यर्थ कोरूक नज्ज. कांयि पुणि काम क्रतऽ आस्सूका. अगत्य आश्शीले तित्ले वेळु टी. वी. पोळोका. घराचे कामाक प्राद्यते दीव्का. इष्ट जाल्लेले पुस्तक आनि समाचार पत्रिके वाज्जूका.

आम्मि समाजाचे ओट्टु सहकारु केल्ल्यारि समाज आम्का रक्षणे कर्ता. आम्गेले व्यवहाराचे मूलक, कामाचे, सेवेचे मूलक आम्मि समाजाक उपकारु कोर्का. गावाँतु आम्मि काम धंधो कोर्नु समाजांचो एकु उपयुक्त सदस्यु जाव्नु जीवन कोर्का. आम्गेले निमित्त समाज अभिवृद्दि पाव्का. शेतकरी कोर्नु भात, धान्य, नार्लु, कोब्बु, इत्यादि बेंऽळे उत्पादने कोर्नु समाजाक उणे मोल्लाक दीव्का. डाक्टरु जाव्नु गांवाँचे रोगग्रस्त जनांक थोडे फीस घेव्नु चिकित्से कोर्का. इजिनियर जाव्नु गांवाँचे जनानि आप्पयिले तवळि वोच्चूनु तांगेले काम ते घर बांदूचे जाव्वो, बिल्डिंग बांदूचे जाव्वो मऽन दीव्नु मोसु धगलबाज़ि कर्ना नात्तीले मस्त फीस घेना नात्तीलें उत्तम काम सुलभेरि कोर्नु दीव्का. सरकारी आफीसरु जाल्ल्यारि लंचु घेव्चाक नज्ज. जनांक वेळेरि तांगेले

काम कोर्नु दीव्का. कानूनांक लागु कर्तना जनालि कष्ट अर्थु कोर्नु घेव्नु लागु कोर्का. कानूनु सढ़िल केल्लो म्होणु जाल्ल्यारि अनुचित लाभ पाव्चाक नज्ज. मानवीयता राक्कूनु घेव्का. इस्कूलांतु या कालेजांतु शिक्शकु जाल्ल्यारि विद्यार्थींक समयानुसार आनि विशयानुसार भोदने प्रदान कोर्का. चांगु मास्ट्रु म्होणु नांव पाव्का.. आम्गेले व्यक्तित्व पोळोनु गांवाँचे जऽण आम्का रक्षणे मांत्र न्हंयि मर्यादि दित्ताति. आम्का सम्मानु कर्ताति. तांगेले संघटनेचो चेयरम्यान कर्ताति. पंचायत सदस्य आनि सरकारी अधिकारि सक्कड आम्का गौरव दीव्नु उल्लैताति. पोलीसांचे आम्का अगत्य पळ्ळेले तवळि तत्काल सेवे दित्ताति.

दिसाचे आम्का समाजान रक्षणे केल्ल्यारि रात्तीचे आम्मि घरांतु भित्तरि आस्तना रक्षणे घराचे चारि वोण्त्यों कर्ताति. घराचे वोण्त्यों दिसाचे आम्गेले बाय्लमन्शांक रक्षणे कर्ताति. समाजाक अन्यायु केल्ल्यारि जऽण आम्गेले घराक फात्तोरु मार्ताति. उज्जो दित्ताति. गांवाँतु ताक्कूनु धावंडाय्ताति आम्गेले ज्ञान आनि बुद्धि उपयोग कोर्नु आम्मि जनाले लाग्गि राज़ि कोर्नु घेव्का. कोपु हिडितांतु दोव्वोर्का. असूये, जाळ, दाक्कोचाक नज्ज.

विकेंद्रित पुरुषार्थ

आम्गेले पुरुषार्थ केंद्रित जाल्ल्यारि धर्लेलें काम सफल जात्ता. खंचेयि काम कोर्चे फूडे एक प्लान तयार कोर्का. जायि जाल्लोलो सामानु सरंजामु नौकर चाकर आनि धऽन वेळेरि मेळ्चे तश्शि आस्सूका. सक्कड लेक्कीले तश्शि जाल्ल्यारि संतोष पाव्का. सक्कडाले सहकाराक पर्याप्त संभावने दीव्का.

परंतु सदाकाळ आम्का सफलता मेळ्ना म्हळ्ळेलें मनांतु दोव्वोर्नु घेव्का. फेल जाल्लों म्होणु मात्त्यारि हाथु दोव्वोर्नु बोस्चाक

नज्ज. आम्गेले पुरुषार्थ निष्फल जाल्लेले तवळि आम्का अशांति आनि क्लेश जाय्ना तश्शि आम्मि पुरुषार्थ विकेंद्रित कोर्नु घेव्का. खंचे काम चुक्कूनु गेल्लें की तें काम वोपास नवें जाव्नु आन्नेक विंगड प्लान घाल्नु कोरूक प्रयत्न कोर्का. लक्ष आनि उद्देशु फुळ्ळोचि परंतु वाट विंगडि धोर्का. बेजारु कोर्नु बोस्चाक नज्ज. एकेकपटि असफल जाल्लेले काम संपूर्ण सोणु सोड्का जात्ता. तश्शि जाल्ल्यारि दु:ख कोर्नु अधैर्य कोर्नु पुरुषार्थ त्याग कोरूक नज्ज.

विचारवादि होड्ड विद्वांसु आनि ज्ञानि जाव्नु आस्ता जाल्लेलों निमित्त तस्सले विचारवादीन नास्तिक जाव्चे अपरूब न्हंयि. नास्तिक जाल्लेल्यान ताग्गेले जीवन वाय्ट कोरूक नज्ज. “हाँव खंचेयि धर्मु नंब्गना,” म्होणु सांगूनु ते आळशे जात्ताति. देवस्थानाक वच्चनांति. पूजा कर्नांति. पर्बो आचरण कर्नांति. श्रादध कर्नांति. खंचेयि देवता कार्यांतु भागु घेनांति. पाश्चात्य शिक्शण तांका तश्शि परिवर्तन कर्ता. तान्नि सदाकाळ इंग्लीष भाषेन उल्लोचें. तांगेले ज्ञान अर्ध ज्ञान. तांका मेळ्ळेले शिक्शण नुप्रो. संप्रदायांक पालने कोरूक मऽन नात्तीलें जऽण नास्तिक जात्ताति. व्यापारांतु सफल जाय्नांति. नौकरी बदल्सूनु कडेरि कामांक वोच्चे बंद कर्ताति. साहुकार आनि उद्योगपति तांका कामांरि राब्बैनांति. बाराक वोच्चूनु फ्रेंड्साले ओट्टु पेग्ग घाल्चे तांका एक शोकु. आप्पण आधुनिक विचाराचो म्होणु सांगूनु घेत्ताति. तान्नि सूरु पिव्चो अभ्यासु कोर्नु घेत्ताति. तांका सामाजिक प्रज्ञे आस्सना. माध्यमांतु जाहीरातु पोळोनु तश्शींचि कर्ताति. आव्सूक बाप्सूक म्हाल्घड्यांक तिरस्कारु कर्ताति. तांगेले पाय धोर्चे धर्मु म्होणु लेक्कऽनांति. भारताचे प्राचीन संप्रदायांक मान्यते दीनांति. तांगेली आर्थिक परिस्थिति दारुण जात्ता. सुर्वेक मार्गारि पळ्ळोलो दुड्डु वेंचीताति. नंतर चोरूक सूरु कर्ताति. कामांक वच्चनात्तीले कष्ट

पाव्ना नात्तीले वंचने कोर्नु मोसु कोर्नु दुड्डु कोरूक प्रयत्न कर्तातिं. लोन घेव्नु कंतु भऽर्ना नात्तीले ब्यांकाक मोसु कर्तातिं. उषिणे घेव्नु दिल्लेल्यान निम्मिगल्यारि मारूक येत्तातिं. पेस्कातिं घालूंकयि रेडी आस्तातिं. नास्तिक जाल्ल्यारि होड न्हंयि. देवु ना म्हळ्यारि होड न्हंयि. सदाचार सोड्डूंक नज्ज.

आप्पण ज्ञानि. माक्का सक्कड गोत्तु आस्स म्हण्तलो मनुष्याले ज्ञानांक एकि मीति आस्स म्हळ्ळेलें शिक्कऽनि. ज्ञान कित्ले विशाल आस्स म्हळ्यारि संपूर्ण ज्ञान संपादने कोरूक आम्गेले जीवमान पाव्ना. सक्कड शिक्कूनु काड्चे फुडेचि आम्मि मर्तातिं. आम्गेलो आचारु विचारु समाजाक बाधा दिव्चेवरि जाव्चाक नज्ज.

धर्मु म्हळ्यारि नुस्तें देवाले नामस्मरण मांत्र न्हंयि. आम्गेलि जीवन आनि वृत्ति समाजाक उपयोगकर जाव्चे तशिश कोर्चें धर्मु. आम्का जेवण, खाण, वस्त्र, राब्बूंक घऽर, बायल चेर्डूवांक पोस्सूचाक जाव्का जाल्लेले तित्लि कमय, इत्यादि समाजाक लाभदायक रीतीरि कोर्चेंचि धर्मु.

बैपास्स वृत्त

सरकारान गाँवांतु नऽवो मार्गु कोर्नु संचार व्यवस्था सुधारणे कोर्नु बैपास मार्गु निर्माण केल्ल्यारि तीनि चारि मार्गु कूड्वूचे कडेन एक वृत्त स्थापने जात्ता. हे वृत्ताक यात्रीन येव्नु खंचो मार्गु धोर्का म्होणु निश्चय कोरूक सुलभ जाव्चाक सरकार दिक्सूचि बोर्डु घाल्ता.

तश्शींचि आम्गेले जीवनांतु एकेकपटि विंगविंगड तीनि चारि विधाचे प्रसंग एद्राक येव्नु राब्तातिं. ते पैकि आम्मि खंचेयि एक प्रसंग वेंचूनु घेव्का. आम्मि वेंचीले प्रसंग आनि धर्लोलो मार्गु लाभदायक कोरूक आम्मि सतत प्रयत्न कोर्का. प्रति एक मनुष्याक

ताग्गेलीचि एकि प्रतिभा आस्ता. ताग्गेलि बुद्धि, विवेक आनि माहिति प्रयोग कोर्नु ताणे सफल जाव्का. प्रचलित काळांतु खंचे सडम की तेंचि कोर्नु ताग्गेले स्वहित रक्षणे कोर्नु घेव्का. ताग्गेले जीवनांतु सल्वना तशि काम कोर्चेचि ताग्गेलो उद्देशु जाव्नु आस्सूका.

खंचो मार्गु धोर्का म्होणु निम्गील्यारि सल्प ढोंगि जडण यात्रीक वाट चुक्कैताति. आनि सल्प मिथ्यावादि सवाइ बुद्वंत पारमार्थिक भावुक जडण, “आय्यीलें कडळ्नि. गेल्लेले कडळ्नि. कस्सल्याक आयल्यांति, खंयि वत्ताति, हें खंचेयि गोत्तु ना,” म्होणु मनांतु गोंदोळु हाडैताति. हाक्का तांगेलि भावुक प्रवृत्ति कारण. “जीवन एक भयंकर काळोकु भर्लेले रान,” म्होणु सांगूनु आम्का निष्क्रिय कोरूक प्रयत्न कर्ताति.

आत्मविश्वासु आनि धैर्य दाक्कोनु मुकारि वोच्चूका. काम कर्ना जाल्ल्यारि पोट्टाक घालूंक खंयि ताक्कूनु हाड्चें?

अध्याय 13

मनुष्यत्व

दऽये आनि करुणे मनुष्यत्वाक बुनादि. क्षऽमा गूणु मनुष्याक होड्डु कर्ता. दऽया एक अंतर्याचो विषयु. मनुष्याले व्यक्तित्वांतु ताणे दयेक अभ्यास कोर्का. दयेचे ओट्ट्रूचि मनुष्यान धर्मु, सत्य, ज्ञान, शांति आनि क्षऽमा अभ्यास कोर्का. कोणयि दऽया दाक्कोचाक शक्तिवान जाव्का म्होणु ना. अत्यंत बलहीनानयि दऽया दाक्कोचाक जात्ता. एक्ळयाक दऽये दाक्कैतना अकस्मात् आन्नेक्ळयाक निर्दये जाव्चाक नज्ज. क्षमेक प्रयोग कोरूक दऽये जाव्का. आम्मि कोणांक क्षऽमे कर्तीति की तांचे वैरि आम्का दऽये आस्स जाल्ल्यारि मांत्र आम्मि ताक्का क्षऽमे कोर्येत. सात्विक गुणस्वभावु आश्शीलो मनीषु दऽये दाक्कैता आनि क्षऽमे कर्ता. विंगड जनालि चूकि धोर्चे बदलाक आम्मि आम्गेलि वर्तने सम कोर्नु घेव्चेंचि दऽये आनि धर्मु.

क्षऽमा कोरूक सक्कड जनांक साध्य ना. उंचे स्थानारि आश्शील्यान क्षऽमे कोर्येत. क्षऽमा म्हळ्यारि कारण नात्तीले कोर्चो विषयु न्हंयि. वाय्ट काम केल्लेल्याक क्षऽमा कोरूक नज्ज. वाय्ट काम केल्लेल्याक निर्लक्ष कोर्नु अथवा क्षऽमा कोर्नु ताक्का उत्तेजन दिव्चाक नज्ज. वाय्ट कामांक दंड दिव्चि जवाब्दारि चुक्कोनु घेव्चाक नज्ज. चोराक धोर्नु पोलीसांचाक दीव्का की क्षऽमा कोर्नु सोणु सोड्का? चोराक क्षऽमा कोरूक नज्ज म्होणु सक्कडांक गोत्तु

आस्स. नौकर चाकरानि चूकि केल्ल्यारि एक पटि क्षऽमा कोर्येत. तान्नि वोपास चूकि कर्नो तश्शि उपाय सांगूका. तान्नि दोन्नींचे पटि चूकि केल्ल्यारि तांका लघू दंड दीव्का. तिन्नींचे पटि भारी दंड दीव्का.

आवंसून, बाप्सून, पुत्तान, धुव्वेन, आनि इतर संबाधिकानि चूकि केल्ल्यारि क्षऽमा मांत्र न्हंयि तांका वोपास ती चूकि कर्नो तश्शि सहायु आनि सहकारु दीव्का. चूकि इत्त्याक केल्लि म्होणु पोळोनु चूकीचें कारण सोदद्नु काणु तें कारण नाश कोर्को अथवा निर्मूल कोरूक उपाय सांगूका.

बाय्लेन चूकि केल्ल्यारि बाम्णांक हून उद्काचो घोट्टु जात्ता. बाम्णान बाय्लेक क्षऽमा शिवाय आनि कस्सलेंयि कोरूक जाय्ना. बाम्णान केल्लेले क्षमेक क्षऽमा म्हणांति. सुधारणे म्हण्ताति. बाम्मूणु-बाय्ल संबंधु दोनि व्यक्तीलें ऐक्य आनि बंधन. बाय्लेन चूकि केल्ल्यारि ती चूकि बाम्णालि जवाब्दारि जात्ता. बाय्लेले चूकींतु बाम्णालो पात्रु आस्स. बाम्मूणु बाय्ल विंगविंगड न्हंयि. आप्प्यान चूकि केल्ल्यारि कश्शि बाम्मूणु सुधारिसूनु घेत्ता की तश्शींचि बाय्लेन केल्लेलि चूकि सुधारिसूनु घेत्ता. बाय्लेन चूकि केल्ल्यारि तिक्का भिष्टाय्तलो, मार्तलॉ, हिंसे दित्तलो बाम्मूणु नेलारि ना. तो अविवेकि. बुद्धिहीनु. पिस्सो. तो मनीषु न्हंयि. तो प्राणि.

स्त्रीपर सभ्यता

मनुष्यत्व राक्कूनु घेव्चाक पुरुषानि स्त्रीपर सभ्यता अभ्यास कोर्को. पुरुषान स्त्रीक सभ्य रीतीरि पोळोचे अत्यावश्यक. स्त्रीन सहज जाव्नु आन्नेक स्त्रीक सभ्य रीतीरि पोळोनु घेव्का. बाय्ल जाव्वो आनि इतर संबंधि स्त्रीक प्रति एक पुरुषानि आदर कोर्को.

स्त्री कित्लीयि वाय्ट जाल्ल्यारियि तिग्गेले लाग्गि सभ्य रीतीरि व्यवहारु कोर्का. ताळो काणु उल्लोचाक नज्ज. सोव्चाक नज्ज. भिष्टाचाक नज्ज. मर्यादेरि उत्तर दीव्का. अशिश कोर्चे सुलभ ना. साधारण मनीषु नारीले लाग्गि प्रतीकारान वर्तने कर्ता. सामान्य व्यक्तीक सल्प स्त्रींले वर्तनेक सहने कोरूंक जाय्ना. खंचे नारीले वर्तनेन आप्ण्याक नष्ट जात्ता की ते नारीक सोव्तातिं. मार्तातिं. हिंसे दित्तातिं. परंतु तशिश केल्ल्यारि मनुष्यत्वाक तिलांजलि दिल्ल्या म्हणके जाल्लें.

प्रकृतीन स्त्रीक विशेष दर्जो दिल्ला. स्त्री एकि अबले. ती प्रकृतीचि भागिणि. स्त्री प्रकृतीचि वांटेलि. पुरुषाले कर्तव्य स्त्रीक लाग्गि कोर्नु मोगु कोर्नु अभय दिव्चें. तिग्गेले जीवन सार्थक कोर्चें. तिक्का पोस्सूनु रक्षणे दीव्नु तिग्गेलि लीला पोळोचें. तिग्गेले संग कोर्नु सूख पाव्चे. तीणे गर्भीणि जाल्ल्यारि तिक्का गर्भिणिपणांतु रक्षणे दिव्चें. तिग्गेलो बाळांतीरो सुरक्षित कोर्चें. तीणे ज्नमु दिल्लेले चेर्डाक राक्चें. बाळांतीक सक्कड सवलत्तु कोर्नु दिव्चें. चेर्डाक पोळोनु घेव्चेंयि ते चेर्डाले आव्सु जाव्नु आश्शीले स्त्रीक कोर्चो आवश्यक मनुष्यत्वाचें कर्तव्य.

"भारत माता" म्होण्चाक कारण देशाक एक आव्सूक तुलने केल्लेले निमित्त. कर्नाटक राज्यांतु "कर्नाटक माता" म्हणतातिं. विचारु केल्ल्यारि देश आनि राज्य नारि न्हंयि. परंतु नागरीकांक मनुष्यत्वाचि भावुकता विचाराधीन जाय्ना. ही "माता" एकि देवि. देवता स्वरूपिणि. "गो माता" म्होणु गाय्येक मातेले स्थान दित्तातिं. गायि नारि न्हंयि. देशाचेरि, राज्याचेरि, गाय्येरि पूज्य भाव व्यक्त कोरूंक आम्मि तांका आव्सूलें स्थान दिल्लाँ. देशवासींक आनि राज्यवासींक मांत्र ही भावुकता येत्ता. मनुष्यत्व संस्कृतीक सम्मान कर्ता. देशप्रेमु संस्कृतीचो वांटो.

मनुष्यत्वाचि प्रगति

जातिभेदु अमानवीय संगति म्होणु प्रतिपादने कोर्नु जातिभेदु काणु उड्डोका म्होणु जगत्तांतु मनुष्यत्वाचि प्रगति जाल्लि. इंग्लेंडान प्रजाप्रभुत्व स्थापने कोर्नु मानवांक राजकीय अधिकारु एक समान मेळचे तशिश कोर्नु दिल्लो. संयुक्त राष्ट्र संस्थे स्तापने जाल्ले माग्गीरि जनांगीय (रेसियल) असमानते निर्मूल कोर्का म्होणु सक्कड देशानि ठरावु पारित केल्लो. सक्कड मानव एक्कऽचि कुळाराचे म्होणु संयुक्त राष्ट्र संस्थेन घोषणे केल्लि. अशिश मनुष्यत्वाचि प्रगति प्रदर्शन केल्लें.

"मानव हक्कु" स्थापने कोरूंक जगत्ताचे प्रगतिशील देशानि फुळ्ळे शेंबरि वर्स धोर्नु मस्त प्रयत्न केल्लाँ. युद्धांतु शरणागत जाल्लेले सैनिकांक आनि वैरि देशाचे नागरीकांक अनेक तराचे "मानव हक्कु" दीव्का म्होणु निर्धार सक्कड देशानि निर्णय केल्लें. हे निर्धाराचे प्रकार खंचेयि अपराधीक मौन धारण कोरूंक अधिकारु आस्स म्होणु घोषणे केल्लि. पोलीसांचानि अपराधीन मौन धारण केल्ल्यारि बलात्कारु कोर्नु तांचे करान उत्तर दिवोचाक हे कानूनाचे प्रकार जाय्ना. अपराधि विरोधि देशाचो नागरीकु जाल्ल्यारीयि ताक्का मौन धारण कोर्चो अधिकारु अंताराष्ट्रीय ओप्पंदाचे प्रकार आस्स. ही फुळ्ळे शेंबरि वर्सांतु जगत्ताचे जनानि दाक्कयिलि मानव धर्माचि प्रगति.

भारतांतु क्रि. श. 1858 वरेक ब्रिटिष शासनांचे मुळांतु बोंबे, मद्रास, बेंगाल, सेंट्रल प्रोविन्सस, इत्यादि प्रांतँ नंताँ विंगविंगड सान सान राय्यालें (प्रिन्स्ली) राज्य आश्शीलींति. मैसूरु, तिरुवांकूरु, वडोदरा, जामनगर, हैदराबाद, इत्यादि हिंदू आनि मुस्लिम राय्याले राज्य आश्शीलींति. ते काळांतु हिंदू समाजांतु ब्राहमण, क्षत्रिय, वैश्य आनि शूद्र म्होणु चारि मुख्य जाति नंताँ

हज़ार कट्ले उपजाति आनि जनजाति आश्शीलींति. हे व्यवस्थेक विरोध कर्तलो कोणयि ना आश्शीलो. सकल्चे जातीचांक शिक्शण मेळ्ना आश्शीलें. परंतु सकल्चे जातीचांक शिक्शणाचो प्राधान्य गोत्तु ना आश्शीलें. स्लेट, काड्डि, पुस्तक, पेन्सिल, पेन्न, इत्यादि नात्तीले निमित्त जनांक शिक्वण कष्टाचो विषयु जाव्नु आश्शीलो. शिक्शण नात्तीले आप्प्याले जातीचांक भारि नष्ट जात्ता म्होणु सकल्चे जातीचांक खयालि ना आश्शीलि. हे परिस्थितींतु जातिभेदु हानिकारक म्होणु कोणयि सांगनांति आश्शीलींति.

ब्रिटिष पार्लिमेंटान सक्कड जातीचे भारतीयांक शिक्शण मेळ्का म्होणु इस्कूल आनि कालेजँ स्थापने केल्लींति. 1939 इस्वेंतु “चेप्पीलें जनांग” (डिप्रेस्ड क्लासस) म्होणु आखेरिचे जातीचांक विंगऽड विशेष सवलत्तु दीव्नु तांगेलि मनुष्यत्वाचि प्रगति दाक्कोनु दिल्लि. विलायति शिक्शण संपादने केल्लेले हिंदू जनानि चळुवळि कोर्नु अस्पर्शता निवारण कोरूक प्रयत्न केल्लें. महात्मा गांधीन अस्पर्श जनांक “हरिजन” म्होणु नांव दीव्नु तांगेले कडेन भिन्न वर्तने कोरूक नज्ज म्होणु अपील केल्लें. भारताक स्वातंत्र्य मेळ्ळे माग्गीरि सरकारान कानूनु हाणु जातिभेदु एक धूर्तता (एट्रोसिटि) म्होणु सांगूनु हे अपराधीक जैल शिक्शे दीव्का म्होणु कानूनु जारि केल्लो.

क्रि. पू. संचे शतमानांतु गौतम बुद्ध म्हळ्ळेले श्रेश्टान ताग्गेलो नवो बौध धर्मु प्रचारु कोर्नु जातिभेदु निरमूलन केल्लोलो. तेचि शतमानांतु जैन तीर्थाकरान जातिभेदु नात्तीलो जैन धर्मु स्थापनें केल्लो. क्रिस्तानंतर तेराचे शतमानांतु बसवण्णा म्हळ्ळेले श्रेश्टान लिंगायत धर्मु आनि चोदाचे शतमानांतु गुरु नानक म्हळ्ळेले श्रेश्टान सिख धर्मु स्थापने कोर्नु जातिभेदु अगत्य ना

म्होणु केल्लें. अशिश भारतांतु गेल्लेले काळांतु मनुष्यत्वाक प्रामुख्यते दिल्लेले मस्त जऽण महापुरुष जाव्नु गेल्ल्यांति.

आनकयि विविध आधुनिक रीति नीति चालु कोर्नु जगत्तांतु मनुष्यत्वाचि प्रगति जाल्ल्या.

आध्यात्मांतु मनुष्यत्व

विज्ञान आध्यात्माक विरोध कर्ना. आध्यात्म मनुष्यत्वाक विरोध कर्ना. विचारवादि नास्तिक जऽण आध्यात्माक विरोध कर्तति. हि्दू जनांक आध्यात्म हानि कर्ता म्होणु विचारवादि सांग्तति. जाल्ल्यारि आध्यात्म अभ्यासु कर्तले अल्पसंख्यक जाल्ल्यांति. मनुष्याक जीवनांतु कष्ट आय्ल्यारि कशिश मुक्ति पाव्चे म्होणु चिंते जात्ता. मुक्ति म्हळ्यारि कष्टांतु ताक्कूनु पार जाव्चे. विज्ञान आनि तंत्रज्ञान जीवनांतु इलेक्ट्रिकल आनि इलेक्ट्रोनिक साधन येव्चेतशिश केल्लें. जाल्ल्यारि मनुष्याले कष्टाक ताग्गेले मनोवृत्ति कारण जाल्ल्यारि विज्ञान आनि तंत्रज्ञान कांयी सहायाक येनांति. काम, क्रोध, लोभ, मोह, मद, मत्सर हे सऽ षड्वैरि गूणु मनांतु अशांति आनि क्लेशु हाणु घाल्ता. हे षड्वैरींक निर्नाम केल्ल्यारि माग्गीरि आध्यात्म जायि म्होणु ना. पुरुषान स्त्रीसंगाक आशा कोर्चे कांयि पाप न्हंयि. स्त्रीसंग मेळ्ना जाल्ल्यारि उत्पन्न जाव्चे दुरिच्छा आड वाट धोरूक प्रेरण दित्ता. दुड्डु पळय्ल्यारि लोभ उत्पन्न जाव्चें, श्रीमंत जनाले संभ्रम पोळोनु जाव्चे मत्सर, हें ऊणे कोर्का जाल्ल्यारि आध्यात्म जाव्का म्हण्तति. वाय्ट जनालि दोस्ति कोर्नु आड वाट धोर्नु सूरु पिव्चो अभ्यासु लाग्ल्यारि विज्ञान आनि तंत्रज्ञान उपयोगाक येना. चांग गूणु आनि सात्विक स्वभावु येव्का जाल्ल्यारि मनाचि एकाग्रते जाव्का. ज्ञान आनि विवेक

जाव्का. सत्यनिष्टा आनि कानूनांचे भंय आस्सूका. धैर्य आनि प्रामाणिकता मनांतु स्थापने कोर्का.

शुचित्वांतु मनुष्यत्व

प्रकृतीक शुचित्व आनि मैलत्व म्होणु व्यत्यासु दिस्सना. प्रकृति पंच महाभूताचे अधीन आस्स. अग्नि, वायु, जऽल, भूमि आनि आकाशु सदा प्रकृतींतु मैलत्वानि जाव्चे व्यत्यासाक प्रतिक्रिये कोर्नु सामान्य स्थीति हाडोचे प्रयत्नारि आस्ताति.

मनुष्यान उद्दाक पीव्नु आहारु खाव्नु जीर्ण कोर्नु ताग्गेले देहांतु सृष्टि जाव्चे मूत गू आनि इतर त्याज्य वस्तु प्रकृतीक मनीषु वोपास दित्ता. प्रकृतीक त्याज्य वस्तूयि स्वीकार्य. मनुष्यान सृष्टि केल्लेले परिसर प्रदूषण प्रकृतीचे अस्तित्वाक नष्टकारक जाय्ना. प्रकृतीक शुचित्व जायि म्होणु ना.

सस्यांक, प्राणींक आनि मनुष्याक प्रकृतींतु जाव्चे प्रदूषण बाधा दित्ता. तांगेले जीवन संकुचित कर्ता. भूंय्चेरि आश्शीले सस्यराशीक प्राणींक आनि मनुष्याक तांगेले सुरक्षेक आनि आरोग्याक शुचित्व जायि. मनुष्याले ज्ञानेंद्रियांक आनि कर्मेंद्रियांक म्हळ्यारि दोळ्यान पोळोचे चंदायेक, कान्नानि आय्कूचे माधुर्याक, जिब्बेचे रुचीक, आंगाचे स्पर्शाक, आनि नांकाचे सुगंधाक शुचित्व जायि. परिसर मैलि जाल्ल्यारि सस्यराशीक प्राणींक आनि मनुष्याक हानि जात्ता. मालिन्य सस्यराशीक प्राणींक आनि मनुष्याक सुखारि संतोषारि जीवन कोरूंक बाधा कर्ता.

मनुष्याले सामाजिक आनि सा्स्कृतिक उन्नति चऽड जाल्लेले तश्शि ताक्का ताग्गेले वैयक्तिक आनि सामूहिक स्वच्छतेचे वैरि ध्यान वत्ता. मनुष्यलें ज्ञान, विवेक आनि बुद्धि वाड्डीले तश्शि ताक्का स्वच्छता अनिवार्य म्होणु कळ्ता. खंचे

व्यक्तीक उन्नत शिक्शण मेळ्ळांकी ती व्यक्ति आप्ण्याले देह प्रति दिवसु शुद्ध कर्ता. प्रति दिवसु न्हात्ता. दिसाक दोनि पटि दांत घाशीता. नांकूट वाड्डूंक सोणा. दैहिक सौंदर्याक प्रामुख्यते दित्ता. शुद्ध वस्त्र नेस्ता. सान चेर्डूवँ आनि वृद्ध जऽण दैहिक स्वच्छतेक आनि सौंदर्याक लक्ष दीनांति. सरकाराचे होड हुद्देरि कामांक आश्शीले व्यक्तीन जनाले समक्षम येत्तना ताग्गेले वेश भूषण स्वच्छ आनि आकर्शक जाव्नु आस्सूका.

नागरीकालि संस्कृति उत्तम आस्स जाल्ल्यारि पौरकार्मिक जाव्वो, म्हालु व्हांव्तलो कूलि जाव्वो, बिल्डिंग बांदूचे कडेन काम कर्तलो कामगारु जाव्वो, प्रति एक नागरीकु स्वच्छतेरि गमन दीव्नु ताग्गेलो गाँवु शोभायमान कर्ता.

मनीषु ताग्गेले देह आनि घऽर शुद्ध दोव्वोर्चाक ताक्का दिसाक एक घंट्याकयि चऽड समय लाग्ता. जीवनांतु शिस्तु आनि नियमु पालने कर्तलो मनीषु आळसायि दाक्कैना. आळशे मनुष्याक स्वच्छतेरि ध्यान वच्चना. समाजांतु स्थान जायि जाल्ल्यारि मनुष्यान आप्ण्यालि रूढि आनि रिवाज़ व्यवस्थित कोर्नु घेव्का. घराचे भित्तरि मालिन्य आनि अव्यवस्था आस्स जाल्ल्यारि घराचे भाय्र स्वच्छता दोव्वोरूंक कष्ट जात्ता. समाजाक आनि देशाक वाय्ट नांव येनातश्शि नागरीकानि तांगेले घरदार आनि परिसर निर्मल दोव्वोर्का.

अध्यायु 14

वृद्धाप्य

प्रायेन होड्डु जाल्लेले वृद्दांक समाजांतु एक विशेष स्थानमान आस्स. सग्ळे जगत्तांतु प्रति एक देशांतु साठि वर्स प्राय पूर्ति केल्लेले व्यक्तीक, तो पुरुषु जाव्वो स्त्री जाव्वो, “सीनियर सिटिजन” म्होणु सांग्ताति. इंग्लीष भाषेंतु आश्शीलें हें शब्ध भारतांतु सक्कड राज्यांतु जनांक अर्थु जाव्चें शब्ध जाव्नु आस्स. सीनियर म्हळ्ळोलो शब्धु वैले क्लासांतु शिक्तले विद्यार्थीक, वैले स्तराचे सैनिक आफीसराक, ब्यांकांतु, कंपनींतु, सरकारी दफ्तरांतु वैले स्तराचे अधिकारीक, इत्यादि सक्कड जनांक लागु जात्ता जाल्ल्यारि सीनियर सिटिजन म्हळ्यारि बरी प्रायेन होड्डु म्होणु अर्थु जात्ता. एक कुटुंबांतु होड भावाक आनि होडि भैण्येक सीनियर आनि सान भावांक या भैण्यांक जूनियर म्हण्ताति. क्रिकेट टीमांतु जास्ति समय धोर्नु खेळ्तले प्लेयराक सीनियर म्हण्ताति. विंगड कडेन व्यक्तीलि प्राय 55 पूर्ति जाल्ल्यारि सीनियर म्हण्ताति. 55 धोर्नु 65 वर्स वरेक प्राय जाल्लेले नौकरांक निवृत्तीचि प्राय म्होणु नियमु केल्लेलें आस्स.

“सीनियर सिटिंजन” जनांक कानून प्रकार सरकारान अनेक रियायिति दिल्ल्याति. आयकर विभागान 60 वर्स प्राय जाल्लेले व्यक्तीक “सीनियर सिटिजन ट्याक्स पेयर” म्होणु

ट्याक्स रेटांतु रियायिति केल्ल्या. सामान्य इन्कम ट्याक्स पेयरान ताग्गेले ट्याक्स तीनि एड्वान्स ट्याक्स कंतांतु जमा कोर्का म्होणु नियमु आस्स. जाल्ल्यारि आयकर विभागान सीनियर सिटिजन्नान एड्वान्स ट्याक्साचो कंतु दीना जाल्ल्यारि जात्ता आनि पूरा ट्याक्स जुलै 15 तारीकेचे भित्तरि एक कंतांतु जमा कोर्येत म्होणु सढील नियमु केल्ला.

सीनियर सिटिजनांक टिकेट दरांतु रैलारि आनि सरकारी बस्सारि 20 धोर्नु 30 प्रतिशत डिस्कौंट रियायिति दित्ताति. ब्यांकांतु डिपाज़िट केल्लेले ठेवणींक चऽडि वाडि सीनियर सिटिजन्नांक दित्ताति. हेल्त इन्शूरेन्स कंपनीचे प्रीमियम दरांतु आनि सेवेंतु सीनियर सिटिजन्नांक विशेष नियमु आस्स. आस्पत्रेंतु सीनियर सिटिजन्नांक सेवादरांतु 25 प्रतिशत रियायिति दित्ताति. अशिश वृद्धाप्यांतु सुधारित समाज मस्त सक्कड धर्मांचे काम कोर्नु म्हांतारे जाल्लेले जऽण मार्गारि पऽणा तशिश पोळोनु घेत्ता.

पेन्शन

सरकारी नौकरांक तांगेलि निवृत्ति जाल्ले माग्गीरि मासिक पेन्शन म्होणु एक निर्दिष्ट रकम्म खजानेंतु ताक्कूनु काणु नौकराले ब्यांक खातेंतु पेटोनु दित्ताति. पेन्शनाचे रकम्म नौकराले मासिक सांब्ळाकयि ऊणे आस्ता. नौकरान जीवंत आस्सुतांयि ताक्का पेन्शन मेळ्ता. नौकरीचे कालमान धा वर्साकयि ऊणे जाल्ल्यारि पेन्शन मेळ्ना.

खासगी उद्योगाचे नौकरांक सरकारान तांगेले नौकरीताक्कूनु निवृत्ति जाल्ले माग्गीरि पेन्शन दिवोचेकतिर "एंप्लोयी प्रोविडेंट फंड स्कीम" (ई. पि. एफ. एस) म्होणु एक स्कीम मांडैलाँ. उद्योगाचे मालिकान अर्ध आनि नौकरान अर्ध

देणिगा प्रति मास फंडाचे खातेंतु रकम्म जमा कोर्का. नौकरान निवृत्त जात्तना ताक्का एक निर्दिष्ट होड रकम्म दित्ताति. आनि प्रति म्हैन्याक निवृत्ति जाल्लेले नौकराक पेन्शन रकम्म मेळूंक प्रारंभ जात्ता. ताग्गेले बाकीचे जीवमानांतु पूरा ताणे कित्लेयि वर्स वांचूनु वर्ल्यारि पूरा कालमानांतु पेन्शन येत्तऽ आस्ता.

सोशल सेक्यूरिटि - सामाजिक सुरक्षा

देशाचे सरकाराक नागरीकाले बरेपण पोळोनु घेव्चें एक अग्रिम जवाब्दारि जाव्नु आस्स. नागरीकाले कल्याण जाल्ल्यारि देश समृद्ध जात्ता. देशाचे जनाले ओट्टु राष्ट्रीय उत्पादन चऽड जाल्लेले तश्शींचि नागरीकाले हितरक्षणे जात्ता.

सामान्य जाव्नु देशाचे नागरीक तांगेले वीस वर्स प्रायेरि नौकरि, व्यापारु, वृत्ति इत्यादि सूरु कोर्नु सामानु आनि सेवे देशाक प्रदान कर्ताति. देशाचे नागरीकान वृद्धाप्यांतु निवृत्ति जाल्ले नंतर ताग्गेले जीवनाचे खर्चाक हात्तांतु धन ना जाल्ल्यारि तो भिकारि जात्ता. गॉंव भरि भिकारि दिस्लेति म्होणु जाल्ल्यारि सरकाराक अवमान जात्ता खंडित.

सल्प देशांतु निवृत्ति जाल्लेले सरकारी आनि खासगी नागरीकांक मासिक पेन्शन दिव्चि पद्धतीचे बदलाक सामाजिक सुरक्षा अथवा सोशल सेक्यूरिटि म्होणु एक स्कीम सरकारान रचने केल्लें. व्यापारांतु, वृत्तींतु, नौकरींतु, इत्यादि व्यवहारांतु जाल्लेले कमयेचो एकु सानु भागु सरकाराचे सोशल सेक्यूरिटि खातेंतु प्रति मास जमा कोर्का. उणेऽ म्हळ्यारि धा वर्स जमा कोर्का. मुकारि तो अथवा ती (पुरुषु अथवा स्त्री) एक दिवसु 60 वर्स प्रायेरि वृद्ध व्यक्ति जात्ता. वृद्ध व्यक्तीक विश्राम जायि. वृद्द व्यक्ति सांगीले

काम समऽ कऽर्नो म्होणु लेक्तातित. जवान व्यक्ति कामांक मेळतना वृद्ध व्यक्तीक कोणयि काम दीनांति.

तेद्दना ते व्यक्तीक सरकार आप्ण्याले सोशल सेक्यूरिटि खाते ताक्कूनु मासिक सोशल सेक्यूरिटि रकम्म धाणु दित्ता. ते वृद्ध नागरीकाक कायीं काम कर्नानात्तीले अश्शि दुड्डु हात्तांतु मेळता. ताक्का चंदायेरि जीवन कोरूक सोशल सेक्यूरिटि दीव्नु सरकार आप्ण्याले देशाचे नागरीकांले हितरक्षणे कर्ता.

असामान्य जीवन

प्राय जाव्नु व्यारु बंद कोर्नु कामांतु ताक्कूनु निवृत्ति घेव्नु घरकडे बैसूनु समय व्यर्थ कोर्चॅं सामान्य जीवन न्हंयि. सामान्य जीवनांतु सकाणि वग्गि उठानु कामांक वोच्चूका. शेतकरि जाल्ल्यारि फांत्यारि उठानु उद्दाक सोडूंक वत्तातित. व्यापारि जाल्ल्यारि आंग्डि वत्ता. सग्ळो दीसु काम कर्ता. फुर्सति आस्सना. निवृत्ति जाल्ले माग्गीरि सकाणि वग्गि उठाका म्होणु ना. घरकडे बेसूनु टी. वी. पोळोचें. न्यूसपेपर वाज्जूचें. बाय्लेक घराचे कामांतु सहायु कोर्चे इत्यादि कोर्नु वेळु काड्चो.

सक्कड नागरीकांक पेन्शन मेळना. नौकरि केल्लेल्यांक मांत्र पेन्शन मेळता. डाक्टरांक, लायरांक, आंग्डीचे व्यापारींक, शेतकरींक, दिनकूलि काम कर्तल्यांक, आनि सांब्ळाचे काम कर्ना नात्तीले इतर वृत्तीचांक, पेन्शन मेळना. तान्नि सोशल सेक्यूरिटि स्कीम आश्शीले देशांतु न्यूनतम धा वर्स काम कोर्नु सोशल सेक्यूरिटि फंडांतु दुड्डु भर्लो म्होणु जाल्ल्यारि तांका प्रति म्हैनॆं सोशल सेक्यूरिटि रकम्म मेळता.

पेन्शन अथवा सोशल सेक्यूरिटि मेळ्ना नात्तीले वृद्धानि काम धंधो बंद कोर्का म्होणु ना. वृद्धांक 60 वर्स प्राय जाल्लेले

तवळि तांगेलि वृत्ति अथवा काम कोर्चें बंद कोर्का म्होणु कानूनु जाव्वो नियमु जाव्वो ना. तान्नि तांका साध्य जाल्लेले तित्ले वर्स काम कोर्नु चांग कमय कोर्येत. कामारि आश्शीले अनुभवु आश्शीले लोकांक 75 वर्स तांयि कामारि दव्वर्तातित. तांका लाय्क सांबोळु दित्तातित. तान्नि केद्ना जाव्का तेद्ना काम सोड्येत.

सल्प निवृत्ति पावीले प्राय जाल्लेले पेन्शन या सोशल सेक्यूरिटि आदायु नात्तीले जऽण तांगेले जीवमानांतु तान्नि वोरोनु ओट्टु केल्लोलो दुड्डु सक्कड ब्यांकांतु ठेवणि दोव्वोरनु ठेवणीरि मेळ्ळेले वाड्डीचे दुड्वान जीवन सुधार्सीतातित. सल्प जऽण शॅर मार्केटांतु, कामोडिटि मार्केटांतु, भांग्राचे आनि इतर मेटल अथवा केमिकल वेंचर मार्केटांतु, इत्यादि व्यवहारांतु तांगेलो दुड्डु इन्वॅस्ट कोर्नु कार्यनिरत जात्तातित. तांका सदाकाळ शेराचे धारणेचेरि आनि मार्केटाचे तेजि मंदीरि गमन आस्ता.

वृद्धाप्प्यांतु इन्वेस्टमेंट

कष्टान सग्ळेऽ जीवमान वोरोनु दव्वर्लेले दुड्वाचो सदुपयोगु कोर्का म्होणु सक्कड वृद्धांक मनांतु आस्ता. सुर्वेक निवृत्ति जाल्लेले वृद्दान आप्प्ण्याले मासिक खर्चाक जायि जोल्लोलो दुड्डु कित्लो म्होणु लॅऽक कोर्का. तित्लो दुड्डु वाड्डीचे रूपारि मेळ्चाक कित्लि ठेवणि दव्वल्र्यारि मेळ्ता म्होणु लेऽक कोर्का. वोरोनु दव्वर्लोलो दुड्डु कित्लो आस्स म्होणु पोळोनु कित्लो दुड्डु ब्यांकांतु ठेवणि दोव्वोर्का म्होणु निश्चय कोर्का. ते दुड्वाक माग्गीरि आप्पोड्क नज्ज. वर्लेले दुड्वाचो कालु भागु इन्वेस्ट कोर्येत.

प्रति एक वृद्ध व्यक्तीलि सामाजिक, आर्थिक आनि सांसारिक परिस्थिति विंगविंगडि आस्ता. स्वंता घरांतु राब्बीलो

वृद्ध व्यक्तीक भाड्याचो खर्चु वर्ता. घऽर बांदूचांतु घाल्लोलो दुड्डु अत्युत्तम नमून्याचे इन्वेस्टमेंट जाव्नु आस्स.

घऽर बांदीतना दोनि तीनि माळयेचे बिल्डिंग बांदून तांतु दोनि तीनि बिडार केल्ल्यारि तें इन्वेस्टमेंट आनकयि उत्तम इन्वेस्टमेंट. भाड्याक दिल्लेले बिडार प्रति म्हैन्यांतु भाड्याचो दुड्डु ओव्नराक दीवैता. बिडार भाड्याक दिव्चे व्यवहारांतु मस्त काम आस्स. सल्प बिडाराचे भाडें दिव्चाक तोंद्रे दित्ताति. भाडे सम दीनांति. बिडाराक स्वच्छ दव्वर्नाति. घराचे वोण्तींक आनि नेलाक ड्यामेज कर्ताति. लैट आनि वाटराचे समस्ये तत्तवळि उठाय्ताति. बिडाराचे रिपेरि इत्यादि कोरूक समय आनि परिश्रम लाग्ता. भाड्याचे आदाय अत्यावश्यक न्हंयि जाल्ल्यारि बीडार नात्तीलें एकैक इंडिपेंडेंट घऽर बांदून घेव्चे चांग आलोचन.

सल्प वृद्ध जऽण तान्नि वरयिले दुड्वान एक दोनि खालि सैट घेव्नु दव्वर्ताति. धुव्वेक व्हार्डीक कर्तना एक सैट तिक्का उडगिरें म्होणु दित्ताति. पुत्ताक व्हार्डीक जात्तना एक सैट विक्कूनु ते दुड्वानि पुत्ताक एकि आंगडि कोर्नु दित्ताति.

पूतु शिक्कूनु कामाक लाग्लो म्होणु जाल्ल्यारि आव्सु बाप्सूंक येच्चना ना जात्ता. पुत्ताक व्हार्डीक कोर्नु ताग्गेले ओट्टु ताग्गेले घरकडे राब्ताति. तश्शि पुत्ताले ओट्टु राब्तले वृद्धानि सुन्नेलाग्गि स्नेह आनि सौहार्द कायम कोर्का. सुन्नेक आनि मांय्क मन:क्लेश जाय्ना तश्शि दोग्गानियि तांगेले मनांतु जाळ आनि हऽठ येना तश्शि पोळोका.

वृद्ध दंपतींक चेईवँ नांति म्होणु जाल्लयारि मुकारि तांगेलि रक्षणे कर्तले नांति न्हवेंऽ म्होणु येच्चना जात्ता. तान्नि चेईवँ आश्शीले वृद्ध दंपतींक पोळोनु तांगेले पैकि मस्त दंपतींक तांगेले चेईवँ पळैनांति म्होणु कोळ्नु तांगेलो बेजारु ऊणे जात्ता.

वृद्धाले दांपत्य जीवन

वृद्ध बाय्लमन्शेक तिग्गेले 40 वर्स प्रायेरि ताक्कूनु भष्टिपण राब्बूनु आस्ता. बाम्णाले पुरुषत्व 45 वर्स नंतर ऊणे जाव्नु आस्ता. बाम्णालि कामवासने चालु आस्ता परंतु बाम्मूणु 30-40 वर्स प्रायेरि केल्ल्या म्हण्कॆ बाय्लेक निरंतर फाटि लाग्गना.

बाय्लेक नौकरि आश्शीलि जाल्ल्यारि तिक्का बाम्णांक मेळ्ळेले वरीचि पेन्शन मेळ्ता. केलवु बाय्लमन्शांक सोशल सेक्यूरिटि मेळ्ता. बाय्लेक बाम्णाले सोशल सेक्यूरिटीचॆ तिन्नींतु एक वांटो मेळ्ता. बाय्लेन स्वत: नौकरि कोर्नु सरकाराचे सोशल सेक्यूरिटिचे फंडांतु क्रम प्रकार कंतु भर्लोलो म्होणु जाल्ल्यारि तिक्काऽचि विंगड सोशल सेक्यूरिटि रकम्म मेळ्ता.

बाय्लेले हात्तांतु आस्ति, नगद, भांगर, इत्यादि आस्स जाल्ल्यारि ती बाय्लमनीषि आर्थिक रक्षणेकतिर बाम्णाले वैरि निर्भर जाव्नु आस्सना. बाम्णांक ताग्गेले स्वंत आस्ति, नगद, भांगर, इत्यादि नात्तीले ताक्का उणेऽचि थोडॆंऽचि पेन्शन मेळ्चे म्होणु जाल्ल्यारि अथवा ताक्का पेन्शन ना म्होणु जाल्ल्यारि ताणे खंचेयि नौकरि केल्ल्यारि ताक्का आर्थिक अडचणे जाय्ना. ताग्गेले बाय्लेनऽयि खंचेयि एक वृत्ति, चोळि सिवोंचे, बीडि बांदूचें, खाण कोर्नु विक्चें, चिंचांब उद्राचें, माड्ड्या तोटांतु माड्ड्याक उद्दाक घाल्चें, घरान घर वोच्चूनु रांदप कोर्चॆं, बाळांतीर्याक राब्चें, हांत्लारि निद्दोनु आश्शीले रोगीक पोळोनु घेव्चाक राब्चें, इत्यादि काम कोर्येत.

वृद्दांकयि पोट्टाक भूक लाग्ता. तान्नीयि दिसाक तीनि पटि कांयि पुणि पोट्टाक घाल्का. बाय्ल आनि बाम्मूणु दोग्गॉऽयि ओट्टूचि एक्कऽ घरकडे राबल्यारि एक्ळया एक्ळयांक रक्षणे कोर्येत.

अकस्मात् बाय्ल हुषार ना जाव्नु निद्दल्यारि बाम्णान लाग्गि राब्बूनु तिग्गेली सुश्रूसे कोर्येत. बाम्णांक बाय्लेन पोळोनु घेव्येत.

वृद्धाप्यांतु बाय्लेक दुड्वाचि येच्चना चऽडि आस्ता. बाम्मूणु दुड्डु अनावश्यक खर्चीता म्होणु बाय्लेक येच्चना जात्ता. बाम्णान ताग्गेले आव्सु बाप्सूंक खर्चाक दुड्डु दिल्लोलो चऽड जाल्लो म्हण्ता. भैण्यांक, भावांक, माम्मांक, मांय्येक, इतर संबाधीकाले कतिर बाम्मूणु दुड्डु खर्चीता म्होणु बाम्णाले लाग्गि लडायेक राब्ता. हे परिस्थीतींतु बाम्णांक कोपु येव्नु ताणे बाय्लेक हिंसे दिव्चे आस्स. लडाइ जोरु जाव्नु बाम्णान घऽर सोणु विंगड कडेन वोच्चूनु राब्बीलें घटने जाल्ल्या. बाम्णान बाय्लेक समाधान कोरूंक ताग्गेले घऽर तिग्गेले नावारि कोर्चें आस्स. ताग्गेले ब्याकांतुलि ठेवणि सक्कड तिग्गेले नावारि केल्लेले आस्स. घराचो खर्चु सक्कड बाम्णानऽचि कोर्चाक बाय्लेन वत्तायु कोर्चें आस्स. कोपान बाय्ल घरकड्चे काम सक्कड बाम्णाले करान कोरोचें आस्स. आय्दन घासूचें, ताग्गेले सीत ताणेंचि सिज्जोचें, इत्यादि काम बाम्णाले हात्तांतु बाय्ल करैता. निवृत्ति पाव्नु आराम कोर्याँ म्होणु लेक्कीले मनुष्याक ताग्गेलि बाय्ल नाक्का नात्तीले कारण सृष्टि कोर्नु बाधा दिल्ल्यारि ताणे सहिसूनु घेव्चे एक्कऽचि उपाय.

बाय्ल कष्ट दित्ता म्होणु घऽर सोणु वत्तलो बाम्मूणु अविवेकि. बाय्लेन कित्लेयि कष्ट दिल्ल्यारीयि बाम्णान घऽर सोणु वोच्चाक नज्ज. घऽर सोणु गेल्ल्यारि मर्यादि वत्ता. सूण्या पेट्टो भौंक्ता म्होणु ताक्का मार्नाति. बाय्लेन सोव्ल्यारि बाम्णान “माक्का आय्कनि” म्होण्का. बाम्णान खर्चीलोलो दुड्डु ताग्गेलो दुड्डु, बाय्लेलो न्हंयि. बाम्णांक खूशि आश्शीले तश्शि तो खर्चीता म्होणु समझूका.

वृद्धाप्यांतु हव्यासु

हव्यासु म्हळ्यारि विवृत्ति. इंग्लीष भाषेंतु हॉब्बि म्हण्ताति. सामान्य वर्गाचे वृद्धाले हात्तांतु दैनंदिन खर्चाक जाव्का जाल्लोलो तित्लो मांत्र दुड्डु आस्ता. हव्यासाक दुड्डु खर्चऽता. खर्चूचाक दुड्डु नात्तीले वृद्धानि खंचोयि हव्यासु घेव्नु बोस्चाक नज्ज. एक म्हैन्यांतु मेळचो दुड्डु पूरा खर्चूचाक नज्ज. थोडो दुड्डु वोरोका. उणे म्हळ्यारि एक म्हैन्यांतु मेळचे दुड्वांतु अर्ध अथवा अर्धाकयि चऽड वांटो दुड्डु सक्कड खर्चु वोच्चूनु चऽड वर्ता म्होणु जाल्ल्यारि मांत्र मनुष्यान हव्यासाक हातु घाल्येत.

मनोल्लासाक मनीषु हव्यासांतु अभिरुचि कर्ता. नाण्य ओट्टु कोर्चें (काय्न कलेक्शन) एक सामान्य हव्यासु. अपरूप नाण्य जायि जाल्ल्यारि तें मोल्लाक घेव्का जात्ता. स्टांप ओट्टु कोर्चें एक हव्यास. अपरूपाचे स्टांप मेळयारि मोल्लाक घेव्का जात्ता. चित्र सोड्वाचें आनि बण्णु दिव्चें एक म्हारग हव्यासु. केन्वासारि चित्र बोरोनु बण्णु दीव्का. केन्वास म्हळ्यारि एक विशेष कागद. बण्णु मोल्लाक घेव्का. नमुनमून्याचे ब्रश्श मोल्ला घेव्का. बरैयिले पेंय्टिंग घरांतु लांबोका अथवा प्रदर्शन कोर्का. पैंय्टिंगाक चांग मोऽल आस्स.

बाय्लमन्शालो सामान्य हव्यासु कसूतीचे काम जाव्नु आस्स. स्वॅट्टर सिवोंचे (निट्टिंग) आनि बण्णबण्णाचे सुत्तानि आवंगल्यारि दृश्य, फूल, फल, रूकु, गायि, काय्ळो, इत्यादि कसूति कोर्चें (एंब्रॉय्डरि) एक मनोल्लास दिव्चो हव्यासु. ऊणाचे (वूलनाचे) कामाक दुड्डु चऽडु खर्चता. सान चेर्डाक मात्त्याक टोप्पि, पाय्याक चील्लँ, शियांक चोगो, सक्कड ऊणाचे कर्ताति. पोर्ने आवंगल्याचि गोद्दडि शिवोनु चेर्डाक·ताज्जेरि निदाय्ताति. हें सक्कड हो हव्यासु आश्शीले कर्ताति.

बगे बगेचे खाण कोर्चें सल्प जनालो हव्यसु जाव्नु आस्स. मिठायि, कुरकुरि खाण, रांदयो, इत्यादि कोर्नु वाड्चें तांका संतोषु दित्ता. मिठायेचो उंडो, तिळ्या उंडो, मैसूरपाकु, बेसन लाडु, साठ, काज्जूबिय्ये खडि, गोड्डु फोवु, सीरा, इत्यादि कर्तल्याक मस्त पटि केल्लेले पदार्थ अकस्मात् सम जाय्ना. खाव्चाक जाय्ना. नष्ट जात्ता. उड्डोका जात्ता. पुस्तक पोळोनु खाण कोरूंक शिक्ताति. हे हव्यासाक मस्त दुड्डु खर्चता.

फोटोग्राफि एक भारि म्हारग हव्यासु. केमेराक भारी मोडल आस्स. फूडे फिल्म घेव्का आश्शीलें. आत्त डिजिटल केमेरा उपयोग कोर्का. चित्र कंप्यूटरांतु स्टोर कोर्नु दोव्वोर्का. विडियो काणु सिनेमा कोर्चें आन्नेकु हव्यासु. हाक्का विडियो केमेरा जायि. भारी म्हारग हव्यासु. गाँवु भोंव्चाक गेल्लेले कडेन विडियो काणु दव्वल्यारि ते गाँवाचे चलनचित्र केद्ना जायि तेद्ना कंप्यूटरांतु, डी. वी. डी. प्लेयरांतु प्ले कोर्नु टी. वी. अथवा स्क्रीनारि पोळोयेत.

पुस्तक बोरोचो हव्यासु आश्शील्यांक तांगेले जीवमानांतु तांगेले कामाक फायदो मेळ्ना. आप्ण्यान बरयिलें पुस्तक जनानि वाज्जूका म्होणु लेखक पुस्तक बरैताति. लेखकान ताग्गेलि आलोचन आनि विचारु व्यक्त कोरूंक पुस्तक बोरोचें. काणियेंचें पुस्तक थोडे चडड वाज्जूनु वत्ताति. सल्प लेखक तान्नि बरयिलें लेखन न्यूसपेपराक अथवा म्यागज़ीनाक पेटोनु दित्ताति. म्यागज़ीनांतु सरणि कोर्नु काणि प्रकाशन कर्ताति.

अध्यायु 15

वक्कद

मनुष्याक अनारोग्य जाल्ल्यारि तो वक्कद घेत्ता. संस्कृतांतु वक्कदाक औषध म्हण्तातिि. मनुष्यालें शरीर एक यंत्र. जीवंत वैविध्यमय वैयक्तिक यंत्र. शरीरांतुलि वैविध्यता अनंत आनि अदृश्य. शरीराचे वैविध्यतेचे निमित्त एक रोगीक आय्यीलि व्याधि आन्नेक रोगीक चिकेऽचि विंगड तरारि येव्चाक साध्य आस्स. रोगीक वक्कद दिव्चे फूडे ताग्गेले दैहिक आनि मानसिक व्यत्यासु पोळोनु बदल्सूका जात्ता.

रोगग्रस्त मनुष्याले शारीरिक रचना आनि क्रिया रोगाचों निमित्त चऽडूणे जात्ता. ताग्गेले दैनंदिन जीवन कष्ट जात्ता. रोगाचे निमित्त देहांतु जाल्लोलो व्यत्यासु सोद्दूनु काड्चे कामांक रोगनिर्णय (डयाग्नोसिस) म्हण्तातिि. मनीषु कर्मशील प्राणि. विंगड प्राणीकयि वेग्ळो. प्राणींगेले पैकि मनीषु माक्शीचे दोनि पाय्यानि निटऽ चम्कूचो प्राणि.

सक्कड प्राणींन मेळ्नु हें जगत्त तांगेले वासस्थळ कोर्नु घेत्लाँ. प्रतिएक प्राणीक जन्मु आनि मरण आस्स. जन्माक येव्नु मरण पाव्वोतांयि लाग्गि अवधि जीवनाचि अवधि - जीवनावधि. जीवनावधिक आयुश्य म्हण्तातिि. आप्प्याले देहाचे रचनेरि होंदूनु प्राणीचे जीवनावधि निर्णय जात्ता.

जीवनावधींतु चारि मांचे आस्सति: बाल्य, तर्नाटो, प्रौढ़ आनि वृद्‌ध म्होणु चारि एक्काचे नंतर एक येव्चि अवस्था आस्सति. प्रौढ़ काळांतु प्राणि पिल्लांक जन्मु दित्ता. वृद्‌ध काळु पूर्ति जाल्ले नंतर मरण पाव्ता. ताज्जे फुडेचि प्राणि अनारोग्यानि, आकस्मिक पेट्टानि, विंगड प्राणीन खाव्नु, प्राकृतिक अवघडानि, इत्यादि कारणानि मरण पावूंक साध्य आस्स. सक्कड प्राणीक वृद्‌धाप्य येत्ता. वृद्‌धाप्य येव्चे फूडे विंगड कारण घऽढनि महोणु जाल्ल्यारि ती प्राणी वृद्‌धाप्यांतु मरण पाव्ता.

खंचेयि प्राणी अमर न्हंयि. प्राणींक अनंत काळु वांचूनु वोर्चाक अवकाशु ना. शारीरिक रचनेरि होंदूनु प्रकृतीचे नियमानुसार ताज्जी जीवनावधि निर्णय जात्ता. चारि दिवसाचे आयुश्य आश्शीलि प्राणि चारि दिवस भित्तरि बाल्य, तर्नाटो, प्रौढ़ आनि वृद्‌ध हे चारि मांचे चोणु मृतदेह जात्ता. ताज्जे प्रौढ़ अवस्थेरि ती प्राणी आप्ण्याले पिल्लांक जन्मु दित्ता. जन्माक आय्यीलें पील चारि दीस भित्तरि ताज्जे चारि अवस्था पूर्ति वांचूनु मरण पावूंक पूरो.

प्राणिले जगत्तांतु एक प्राणि आन्नेक प्राणीचो आहारु जाल्लेले निमित्त प्राणींक सहज मरण येना. मनुष्यान बांदीले अभयारण्यांतु आनि मृगालयांतु रक्षणे दिल्लेले प्राणींक वृद्‌दाप्य येव्नु सहज मरण येव्चाक पूरो. खंचेयि प्राणिक मनुष्याक खाव्चाक अवकाशु ना.

मनुष्याले जीवमान शेंबरि वर्स म्होणु सांग्ताति. शेंबरि वर्साकयि चऽड काळ वांचूचि प्राणि कासव (कूर्म) मांत्र. मनुष्याक सोळ्यारि विंगड खंचेयि प्राणीन नागरीकता दाक्कैनि. मनीषु विचारवंतु जाल्लेले कारणानि ताग्गेले जीवनांतु ताणे नागरीकता आस्स केल्लि.

नागरीकता म्हळ्यारि नगर व्यवस्था. नगर म्हळ्यारि मस्त लोकालें वासस्थळ आनि कर्मस्थळ. कर्म कोर्नु बेऽळे बेळेसूनु आहार उत्पन्न कोर्चो जागो. घऽर बांदूनु तांतु दंपतीन वास कोर्चो जागो. घरांतु संसारु कोर्नु वंशोद्धार कोर्चो जागो. हे नगर दोनि कुळानि सौहार्दतेरि वांचि व्यवस्था. हे नागरीक व्यवस्थेंतु दोनि मांत्र न्हंयि. अन्गणित कुळानि वंशोद्धारु कोर्नु घेव्येत. खंचेयि प्राणि नगर बांदीना.

नागरीकतेचे कारणान मनुष्यालें आयुष्य शेंबरि वर्स जाल्लाँ. हिंदुस्तानांतु मनुष्याले सरासरि आयुश्य गेल्लेले शेंबरि वर्सांतु चड्तऽ गेल्लाँ. 1951 इस्वेंतु हिंदुस्तानी नागरीकाले सरासरि आयुष्य 38 वर्स आश्शीले 2011 इस्वेंतु 70 वर्स जाल्ल्यांति.

स्वास्थ्य

स्वस्थ मनीषु कामांक वत्ता. सामानु उत्पादन कर्ता. जनांक ताग्गेलि सेवे दित्ता. उत्पादने आनि सेवे विक्कूनु धऽन संपादन कर्ता. ते धनानि स्वस्थ मनीषु ताक्का आनि ताग्गेले संसाराक जायि जाल्लेलें आहार पदार्थ, वस्त्र, राब्बूंक घऽर, चेर्डूवांक शिक्शण, इत्यादि खरीदि कर्ता. स्वस्थ मनुष्यालें जीवन सलील जाव्नु आस्ता.

अस्वस्थ मनीषु घरकडे निद्दोनु आस्ता. ताक्का घराचे भाय्र वोच्चूनु काम धंधो कोर्नु कमय कोरूंक जाय्ना. घराचे भित्तरि बैसूनु कांयिपुणि घर्वंदि वृत्ति कोर्नु दुड्डु कमय कोरूंक शरीराचे अनारोग्याचे निर्बलतेचे निमित्त जाय्ना. ताणे बचत कोर्नु दव्वर्लोलो दुड्डु काणु तो खर्चीता. बचत केल्लोलो दुड्डु कित्ले दिसाक येत्ता? अस्वस्थ मनुष्याक क़मयेचो मांत्र त्रास न्हंयि. ताग्गेलि आरैके कोरूंक कोणयि एक व्यक्ति आस्सूका.

सीकाचे मनुष्याक मस्त पूरा खर्चु आस्स. ताक्का डाक्टराले लाग्गि व्होर्का. डाक्टराले फीसाक खर्चु जात्ता. डाक्टरु वक्कद बोरोनु दित्ता. बोरोनु दिल्लेले वक्कदाक दुड्डु खर्चु जात्ता. रोगीन वक्कद हाडूंक फार्मसीक वोच्चाक जाय्ना. संबंधिकानि अथवा स्नेहितानि सीकाचे मनुष्याक डाक्टराले लाग्गि व्होरूंक आनि फार्मसींतु ताक्कूनु वक्कद हाडूंक सहायु कोर्का.

सीकाचे मनुष्यान चिकित्सेक नंता विंगड खर्चु पोळोनु घेव्का. घरांतु ताक्कूनु डाक्टराले शॉपाक आनि शॉपांतु ताक्कूनु फार्मसीक बस्सारि अथवा आटोरिक्शारि वोच्चाक यॅव्चाक खर्चु जात्ता. स्वंता कार आस्ल्यारि कार ड्रैवरु जायि. वक्कद मोल्लाक घेव्नु सीकाचे मनुष्याक हाणु दीव्नु ते वक्कद ताक्का खावोका. अस्वस्थ मनुष्याक नष्ट दोनि वाट्टेन जात्ता. एक कमय नात्तीले नष्ट. दुस्रे चिकित्सेचो खर्चु.

प्रकृति राक्ता

मनुष्याले आनि सक्कड प्राणीले स्वास्थ्य प्रकृती थोडे मट्टाक राक्ता. प्रकृतीचे वक्कदा पैकि आहारु मुख्य. जन्माक आय्यीले चेर्डाक आव्सून दिव्चे चिव्वेंचें दूध प्रकृतीचे वक्कद. चिव्वेंचे दुद्धांतु चेर्डाले स्वास्थ्याक जायि जाल्लेले सक्कड बऽग आस्स. मनुष्यान खाव्चें अन्न, दाळि, फल, गोड, मीट, इत्यादि सक्कड प्रकृतीन दिल्लेले स्वास्थ्य साधन.

शरीराचि सामान्य प्रक्रिया म्हळ्यारि फुस्कि आनि पादु सोड्चें, उत्कडे जाव्चें, मुत्तूंक जाव्चें, शिंकि येव्चि, तानि येव्चि, भूक लाग्चि, नीद येव्चि, खांखि येव्चि, आयासु जाव्नु धापि येव्चि, जांबऽयि येव्चि, दोळ्यांतु उद्दाक येव्चें, वोंक्चें, वीर्य स्खलन जाव्चें, हें सक्कड शारीरिक प्रक्रिया मनुष्याले शरीराक प्रकृतीन

दिल्लेले चलन. अनारोग्याचे वेळारि हांका रोगु अस्तव्यस्त कर्ता. हे प्रक्रियेंक मनुष्यान बंद कोरूंक जाय्ना.

आंगाक घायु जाल्ले कूड्ले रगत सोऽरता. आम्गेले देह घायाक दुरुस्ति कोरूंक सुर्वेक रगताक हेप्पु मांडैता. रक्ताचो हेप्पु रक्तनाळाक बंद कर्ता. तेचि वेळारि घायु वार्याक सुक्कूंक सूरु जात्ता. कडेरि घायारि चर्म येत्ता.

तापु आय्यीले तवळि देह सुर्वेक शीं खाव्नु येव्नु तापु ऊणे कोरूंक प्रयत्न कर्ता. तापाक वक्कद दीव्नु तापु ऊणे जाल्लेले वेळारि ह्रूम देव्नु ह्रूम सुक्तना उष्ण ऊणे जात्ता.

मनुष्याज हुषार नात्तीले वेळारि श्रऽम कोरूंक नज्ज. शरीराचे अंगांगांक विश्रांति दिल्ल्यारि रक्तांतु आश्शीले प्राकृतिक रोगनिवारक आनि रोगनिरोधक अंश काम कोरूंक अनुकूल जात्ता अनि तांचि प्रक्रिया तेज़ जात्ता. विश्रांतीचे नंता सीकाचे मनुष्यान ताग्गेले रोगाक तक्क वक्कद घेत्ल्यारि रोगउपशमन त्वरित गतीरि जात्ता.

शस्त्रचिकित्से जाल्लेले तवळि शरीराचि स्वंता दुरुस्ति कोर्चि प्रक्रिया मस्त उपयोगाक येत्ता. सर्जनान घायु घाल्नु खंखंयि कात्तर्लांकी, शिवैलांकी थंयि शरीर रगत हेप्पु मांडोनु, घायु सुक्कोनु चर्म पुनश्च पात्लानु दुरुस्ती कोचें काम कर्ता.

हुषार नात्तीले मनुष्यान निराशे दाक्कोचाक नज्ज. आप्पण खंडित हुषार जात्ता म्होणु ताणे शरीराक विश्रांति दीव्नु, डाक्टरान सांगीले वक्कद सम घेव्नु, मोवु आहार घेव्नु, मस्त उद्दाक पीव्नु, प्रकृतीक सहायु कोर्का.

उषिणे कोर्नु पूणी सान प्रावेचे व्यक्तीन ताग्गेलें रोगाक चिकित्से कोरोनु घेव्क़ा. जाल्लेतित्ले काळ वांचे प्रयत्न कोर्का.

वक्दाचो व्यापारु

नवे नवे वक्दांक सोद्दूनु काणु, पेटेंट कोर्नु, फॅक्टरींतु तयार कोर्चे सक्कड वक्दाचे कंपनी, तांगेले वक्दांक जगत्तांतु चऽड चऽड विक्कूंक वाट सोद्दीताति. नवे वक्दाचे नांव आनि इतर माहिति वैद्यकीय कालेजांतुले शिक्शकांक आनि प्राक्टीस कर्तले डाक्टरांक कोळोचे कतिर विशेष प्रतिनिधींक नेमक कर्ताति. हे प्रतिनिधींक “मेडिकल रिप्रेसेंटेटिव” म्होणु नांव दिल्लाँ.

वक्दाचे कंपनीक लाभु जाव्का जाल्ल्यारि तान्नि तांगेले वक्दांक परिष्करण कोरूंक लाग्गीलो प्रयोगालयचो खर्चु आनि फॅक्टरींतु तयार कोरूंक लाग्गीलो खर्चु कळ्वूनु वक्कद विक्कूनु लाभु प्राप्त कोर्का. डाक्टरानि तें नवें वक्कद चिकित्सेंतु लाय्ले शिवायि वक्कद विक्कूनु वच्चना. पेशंटाक तें नवें वक्कद बोरोनु दीव्का जाल्ल्यारि ते वक्कद रोगीक गूण कर्ता म्होणु डाक्टराक कोळ्का. ते वक्दांतु भरोसो वाड्ढोका. ते वक्कद पेशंटाक दीव्नु रोगु गूण जाव्का.

नवें वक्दांचें विवर टेक्स्ट पुस्तकांतु आस्सना. नवें वक्दांचें वर्णने कालेजांतु पुस्तकांतु वाज्जूंक मेळ्ना. विद्यार्थींक नवे वक्दाचि माहिति मेळ्ना. नवे वक्दाक तयार केल्लेले कंपनीन ते वक्दाचे विवर सक्कड डाक्टरांक सांग्ल्यारि मांत्र ते वक्कद विक्कूनु वोच्चाक पूरो.

नवे वक्दाक संशोधने केल्लेले विज्ञानि तांगेले कंपनीचे आदेशाचे प्रकार वक्दाचे विवर आनि इतर माहिति वैद्यकीय मासिक पत्रिकेंतु प्रकाशित कर्ताति. कंपनी एक डाक्टराले सम्मेळन आप्पोनु तांतु विज्ञानींचे करान व्याख्यान दिवोनु तांगेले वक्दाचो प्रचारु करैताति. सम्मेळनांक जाव्चो सक्कड खर्चु कंपनी दित्ता. डाक्टरांक वसति, खाण, जेवण, इत्यादि धर्मांक दीव्नु ते वक्दांतु

डाक्टराले मऽन आस्स कर्तातिं. विंगड तस्सलेंचि वक्कद बज़ारांतु मेळता जाल्ल्यारियि सम्मेळनांतु संभ्रमु केल्लेले कंपनीचे वक्दाक डाक्टरानि उल्लेख कोर्चो संभवु जास्ति आस्स. अशिश नमुनमून्यचो प्रचारु कोर्नु कंपनी आप्प्याले वक्कद चऽड विक्कूनु वोच्चे तशिश प्रयत्न कर्ता.

वैद्यकीय प्रतिनिधि ताग्गेले मालिक कंपनीचो एकु नौकरु. गाँवु गाँवु भोव्नु कंपनीचे वक्दांचो प्रचार कोर्चे प्रतिनिधीले काम. होळ्ळे आस्पत्रे जाव्वो सान आस्पत्रे जाव्वो प्रति एक आस्पत्रेक प्रतिनिधीन वोच्चूनु थंचे डाक्टरांक मेळ्नु कंपनीचे वक्दांचे विवर क्रमप्रकार सांगूका. कंपनी तांगेले प्रतिनिधींक कशिश डाक्टराले लाग्गि वर्तऽने कोर्का, खंचे रीतीरि डाक्टरांक वक्दाचे विवर सांगूका म्होणु दोनि तीनि म्हैनें तरबेति दित्ता. प्रति एक पटि प्रतिनिधि डाक्टराक मेळ्ळेले वेळारि डाक्टराक "स्यांपल वक्दँ" दित्ता. स्यांपल म्होणु स्वीकार केल्लेले वक्कद डाक्टरान पेशंटाक धर्मांक दीव्का. स्यांपल वक्कद दुड्वाक विक्कूंक नज्ज. स्यांपल्ल भरपूर दिल्ल्यारि डाक्टराक ते वक्दाक पेशंटाक दीव्नु ताज्जो उपेगु पोळोचाक जात्ता. वक्कद रोगाचे वैरि परिणामु कर्ता जाल्ल्यारि मांत्र डाक्टरान ते वक्कद मुकारि ताग्गेले पेशंटॉक बोरोनु दीव्का. खंचेयि विंगड कारणानि डाक्टराक वक्दाचे वैरि आनि ते कंपनीचे वैरि मऽन जाव्चाक नज्ज. डाक्टरानि तांगेले पेशंटाक वक्कद बोरोनु दित्तना पेशंटाले हीत मांत्र लक्षाक घेव्का. जेवण खाण आनि वसति सौकर्य दिल्ले म्होणु जाव्वो, भरपूर स्यांपल दिल्ले म्होणु जाव्वो पेशंटाले हिताचे विरुद्ध डाक्ट्रान वक्कद बोरोनु दिव्चाक नज्ज.

प्रामाणिक डाक्टरु ताग्गेले पेशंटाक आश्शीले पैकि उत्तम आनि ऊणे मोल्लाचे वक्कद बोरोनु दित्ता. रोगाक खंडित गूण कोर्चे

तस्सले वक्कद बोरोनु दीव्नु आप्ण्याले वृत्तीचे गौरव राक्ता. खंचि कंपनी चांग वक्कद सोदद्नु काड्ता की ती कंपनि जगत्तांतु नांव पाव्ता. ते कंपनीचे भविष्य उत्तम जात्ता.

वक्दांचे वर्गीकरण

वक्दांचो पेशंटाचेरि आनि रोगाचेरि जाव्चो परिणामु पोळोनु डाक्टरानि, तयारकानि, वैद्यकीय व्यवहारांतु भाग घेत्तल्यानि आनि सरकारानि वक्दांचे वर्गीकरण केल्लाँ. चारि मुख्य वर्ग केल्ल्यांति.

1. रोगाक संपूर्ण गूण कोर्चे वक्कद. उदा: टैफाय्ड गूण कोर्चे वक्कद क्लोरांफेनिकाल.

2. रोगाचे केलवु चिन्हेंक गूण कोर्चे वक्कद. उदा: पारासिटमोल तापाक आनि मात्त्या दुक्कीक दित्ताति.

3. रोगनिर्णयेचे परीक्शेंतु उपेगु जाव्चे वक्कद. उदा: रेडियो आक्टिव अयोडीन थैराय्ड परीक्शेंतु उपेगु कर्ताति.

4. रोगु येना तशिश दिव्चे वक्कद. उदा: टेटानस लसिका धनुर्वातु येना तशिश दित्ताति.

डाक्टराले प्रिस्क्रिप्शन नात्तीले फार्मसी कानूनांचे प्रकार केलवु नमून्याचे वक्कद फार्मसीन जनांक विक्कूंक नज्ज. सल्प वक्कद डाक्टराले प्रिस्क्रिप्शन नात्तीले विक्कूयेत.

वक्दांक विंगविंगड कडेन विंगविंगड नाव्वँ आस्सति.

1. रासायनिक नांव
2. मूळ नांव (जेनेरिक)
3. औद्योगिक नांव (ट्रेड आनि ब्रांड)

उदाहरणेक पारासिटामोल म्हळ्ळेले वक्कदाचे रासायनिक नॉंव एसेटामेनोफेन. ताज्जे मूळ नॉंव पारासिटामोल. ताज्जे ब्रॉंड नॉंव मेटासिन, क्रोसिन, इत्यादि.

सल्प वक्दांक खांकीचे, वोंकीचे, तापाचे, गोडमुत्ताचे, बी. पी. चे, मात्त्या घुव्वळीचे, इत्यादि रोगाचे नॉंव दित्तातिं.

चऽट लाग्चे वक्कद

केलवु वक्दँ रोगीक ताज्जे पदे पदे घेव्चे अभ्यासारि घाल्तातिं. उदाहरणेक निद्देचे वक्कद घेत्तलो मनीषु, समय गेल्लेले तश्शींचि वक्दाचे प्रमाण चऽड केल्ले शिवाय नीद पऽणा म्हण्ता. केलवु वक्दँ मनुष्याले मेंदूचेरि परिणामु कर्ता. अपीम, गांजा, इत्यादि पेशंटाक ते वक्दाचो गुलामु कोर्नु घेत्ता. अपीमाचो चऽट्टु चुक्कोचाक जाय्ना. अपीप खात्तल्यांक आळ्साियि चऽडि जाव्नु खंचेयि उद्योगु कोरूंक जाय्ना. निद्देचि मात्रा डाक्टराले प्रिस्क्रिपशन नात्तीले फार्मसींतु मेळ्ना. डाक्टरु एक पटि धा मात्रा बोरोनु दित्ता. चऽड दिल्ल्यारि पूरा घेव्नु जीवु काणु घेव्चाक उपेगु कर्तातिं म्होणु दीनांतिं. पन्नास निद्देचि मात्रा एक्कऽ पटि घेव्नु मेल्लेलिं आस्सति. एल्. एस् डी. म्हळ्ळेले वक्कद घेत्ल्यारि तांगेले शरीरांतु जाव्चो परिणामु अत्यंत सुखमय म्होणु सांग्तातिं. एल्. एस् डी. घेत्तीलो साक्षात् स्वर्गारि आश्शीले म्हण्के अनुभवु जात्ता म्हण्तातिं. एल्. एस् डी. घेत्ल्यारि बेजारु संपूर्ण नाश जात्ता. वोपास वोपास घेव्याँ म्होणु दिस्ता. एल्. एस् डी. वक्कद काळाबज़ारांतु मेळ्ता म्हण्तातिं. सामान्य डाक्टर अस्सले मानसिक स्थीति परिवर्तने कर्तले वक्दांक बोरोनु दीना. अपीम आनि अपीमाचें उपजनित वक्दँ दुक्कीक दित्तातिं. हृदयाघातानि जाव्चे दुक्कीक, क्यन्सरानि येव्चे दुक्कीक, अस्सलें वक्कद दित्तातिं. तांका ते वक्दाचे चऽट

जाव्चाक अवकाशु आस्सना. सल्प ओपरेशन्न जाल्ले माग्गीरि येव्चि दूकि तडिसूचाक जाय्ना. तेद्ना हे चऽट लाग्चे वक्कद दित्ताति. चऽट लाग्ता म्होणु दिव्चे न्हंयि. दूकि गूण जात्ता म्होणु दिव्चें.

परिशिष्टित वक्कद (स्केड्यूल्ड मेडिसिन)

दुष्प्रयोगु जाव्चे वक्दांचि एकि पट्टि कोर्नु तांतु सूचित केल्ल्यांति. प्रथम परिशिष्टित वक्दांचे दुरुपयोगानि अत्यधिक हानि जात्ता. द्वितीय, तृतीय, चतुर्थ आनि पंचम परिशिष्टित वक्दँ म्होणु पट्टि केल्ल्या. संख्ये चऽड जाल्लेले तश्शि हे वक्दाचि हानि उणे उणे जात्तऽ वत्ता. वक्दांक अंधादुंध बोरोनु दिल्ल्यारि जनांक हानि जात्ता म्होणु सरकारान कानूनु कोर्नु खंचे परिशिष्थित वक्दांक कित्ले जाग्रतेन बोरोनु दीव्का म्होणु नियमु केल्लाँ. प्रथम संख्येचे वक्दाक अत्यधिक जाग्रतेन दीव्का. पंचम वक्दाक मस्त येच्चने कोर्चें अगत्य ना.

ओ. टी. सी. वक्कद

ओवर द कौंटर वक्कद म्हळ्यारि वक्कद विक्कूंक दव्वर्लेले आंग्डि मेळ्चे वक्कद. ओ. टी. सी. वक्दांक कोणयि मोल्लाक घेव्येत. निद्देचों, मोशन् सिक्नेस्साचों, ग्यास्ट्रिक एसिडिटीचे, एल्लऽर्जीचों, वोंकीचे, सैत्याचे, मात्त्या दुक्कीचे, इत्यादि ओ. टी. सी. वक्दांक डिमांड आस्स.

1. निद्देचे ओ. टी. सी. वक्दांचे पैकि आंटि हिस्टामीन चौदा वर्स वैले जनांक वक्कद डैफेनहैड्रामीन आनि डोक्सिलामीन घेत्ल्यारि नीद पोड्रूंक पूरो. फार्मसिस्टान दिल्ल्यारि फेनिरामीन घेव्येत.

2. मोशन् सिक्नेस्साक ओ. टी. सी. वक्दांचे पैकि सैक्लिजीन, मेक्लिजीन, डैफेनिड्रेट्, डैफेन् हैड्रामीन, इत्यादि आश्शीले सिरप अथवा मात्रा, बस्सारि, बोटारि, काररि, प्लेनारि, इतयादि वाहनारि प्रयाणाक भाय्रसोर्चे एक घंटो फूडे घेव्येत.

जाग्रता सूचना: ग्लोकोमा, हृद्रोग, मलबद्धते (कान्स्टिपेशन), होडि जाल्लेलि प्रोस्टेट ग्रंथि आश्शील्यांक आन्टि हिस्टामीन चांग न्हंयि.

3. ग्यास्ट्रिक आसिडिटीक ओ. टी. सी. वक्दांचे पैकि आन्टासिड वक्दँ एलुमिनम, माग्नीसियम्, क्याल्सियम् आनि बैकार्बोनेट आश्शीलें मात्रा अथवा सिरप दित्ताति. सिमेटिडीन, फामिटिडीन, निज़ाटिडीन आनि रानिटिडीन म्होणु हिस्टमीन ब्लाकर वक्दँ उपेग जात्ता. एक चिम्टि बेकिंग सोडा (सोडापिट्टि) एक ग्लास पिव्चे उद्कांतु खिरोनु पीव्येत.

4. एल्लर्जीचे ओ. टी. सी. वक्दांचे पैकि क्लोरफेनिरामीन आनि डैफेनहैड्रामीन आश्शीले सिरप या मात्रा एल्लर्जीचे सैत्याक जात्ता. चर्माचि एल्लर्जीचे खोर्जूक डेफेनहैड्रामीन आश्शीले लोशन, क्रीम अथवा मुलामु लाव्येत. हैड्रोकार्टिज़ोन स्किन मुलामु (बेट्नोवेट) ज़ळार चाब्बूनु येव्चे खोर्जूक रामबाणु.

5. खांकीक ओ. टी. सी. वक्दांचे पैकि कोडीन अत्युत्तम वक्कद. कोडीन अपीमाचो भावु परंतु कोडीनाचि रूढि जाय्ना. डेक्स्ट्रो मेथार्फान खांकीक कम्मि कर्ता. कऽफ चऽड आस्स जाल्ल्यारि गुवायिफेनेसिन् आश्शीले एक्सपेक्टोरेंट सिरप प्रयोग कोर्येत.

6. सैत्याक ओ. टी. सी. वक्दांचे पैकि एल्लर्जीचे सैत्याक आन्टि हिस्टामीन आश्शीले वक्कद आनि पिण्सो आश्शीले सैत्याक डिकंजेस्टंट सूडोएफिड्रीन आश्शीले वक्कद दित्ताति.

7. मात्त्याक कणकण, दांताचि दूकि, पाय्याक दूकि, गांटीक दूकि, इत्यादि विधविध दुक्कींक ओ. टी. सी. वक्दांचे पैकि आस्पिरिन, पारासिटमाल, ऐबूप्रोफेन, डैक्लोफॅनाक, इत्यादि वक्दँ घेव्येत.
8. मूळव्याधि (पैल्स) हाक्का जाव्चे ओ. टी. सी. वक्दांचे पैकि हडेन्सा मुलामु प्रारंभिक स्तरारि उपेगु जात्ता.

चेर्डूवांक ओ. टी. सी. वक्कद दित्तना तांगेले प्रायेचे तकीत प्रमाण (डोसु) ऊणे कोर्का.

प्राय जाल्लेल्यांक ओ. टी. सी. वक्कद दित्तना वक्दाचो परिणामु विंगड जाव्चाक साध्य आस्स. तांगेले फुळ्ळे अनुभवारि ओ. टी. सी. वक्कदाचो प्रमाण चडडूणे कोर्का. खंचेयि ओ. टी. सी. वक्कद सीनियर सिटिज़न्नान एक पटि घेव्नु समाधान जाय्नि जाल्ल्यारि वोपास घेव्चाक नज्ज.

गुर्भीणि बाय्लमन्शानि ओ. टी. सी. वक्कद घेत्तना भारि जाग्रते कोर्का. गर्भांतुले चेर्डाक गुरभीणीन घेव्चे वक्कद कस्सलो परिणामु कर्ता म्होणु पोळोका. विरोधी ओ. टी. सी. वक्दांक गुर्भीणीन घेव्चाक नज्ज.

फार्मसी वक्कद

फुळ्ळे कंपौंडर म्हळ्ळेले डाक्टराले सहायक व्यक्ति आत्तँ मेडिकल शॉपांतु फार्मसी डिप्लोमा अथवा डिग्रि केल्लेले फार्मसिस्ट म्हळ्ळेले स्वतंत्र वैद्यकीय वृत्ति कोर्नु आस्सति. मॅट्रिक जाल्ले माग्गीरि पदविपूर्व कालेजांतु केमिस्ट्रि, फिसिक्स आनि बयॉलजि घेव्नु फार्मसी कालेजांतु शिक्कीले फार्मसिस्ट आस्ताति. दोन्नींचि पी. यू. सी. पास कोर्नु दोनि वर्स डिप्लोमा कोर्सु कोर्का अथवा तीनि वर्स डिग्रि कोर्सु कोर्का.

फार्मसिस्टाक वक्दांचो परिचयु आस्ता. फुळ्ळे काळांतु फार्मसिस्टान डाक्टरान बोरोनु दिल्लेले वक्कद तयार कोर्नु दिव्चे आश्शीलें. आत्तंचे काळांतु सक्कड वक्कद मात्रा, क्याप्सूल, इजेक्शन्नाचे रूपारि येत्ता. इंजेक्शन्न फार्मसिस्टु दीना. इजेक्शन दिव्चाक नर्साले लाग्गि वोच्चूका. डाक्टरान बोरोनु दिल्लेले वक्कद दिव्चि जवाब्दारि फार्मसिस्टालि जाव्नु आस्स. फार्मसिस्टु स्वत: रोगीक खंचे वक्कद घेव्का म्होणु सांगना.

आयुर्वेद आनि आधुनिक वैद्यकीय शास्त्र

जगत्ताचे प्रति एक जनांगांतु हज़ार हज़ार वर्स ताक्कूनु तांगेलीचि वैद्यकीय पद्धति आश्शीलि. ती पद्धति काळु बदल जाल्लेले तश्शि अभिवृद्धि जाल्लि. हिंदुस्तानांतु वैदिक काळु धोर्नु चालु आश्शीले वैद्यकीय पद्धतीक आयुर्वेद म्होणु नांव.

दोनि हज़ार वर्स फुळ्ळे मगध राज्याचे वैद्यांक रान्नांतु आश्शीले झाड, पाल्लो, पाळ, इत्यादि सस्यमूलि वस्तु आनि कीडो, पक्शि, प्राणि, इत्यादि जीवमूलि वस्तु वेंचूनु हाणु कषायु, अरिष्ट, लेह, पिट्टि, वाति, इत्यादि औषध तयार कोर्नु हुषार नात्तीले जनांक दिव्चि तांत्रिक वृत्ति आश्शीलि. तांका जीवनाक आवश्यक आश्शीले सौकर्य गांवाँचे जऽण दित्ताति आश्शीलींति. औषध रान्नांतु धर्मांक मेळ्चे जाल्लेले निमित्त औषधाक फ्री (मुफत) दित्ताति आश्शीलींति. औषधांचे परिचयु वंशानुवंश हस्तांतर जाव्चे आश्शीलें. आज्जान नात्वाक आनि बाप्सून पुत्ताक झाडमूळ ज्ञान शिकोचे आश्शीलें. पाठशाळेंतु औषधाचो पाठु ना आश्शीलो.

नंतर ज्योतिष्य ज्ञान आश्शीले पंडितानि रोगाक आनि औषधींक सम जाव्नु सिद्धांत रचने कोर्नु ज्योतिष्य आधारित आयुर्वेद शास्त्र सृष्टि केल्लें. धन्वंतरि म्हळ्ळेले वैद्याले कुटुंब

राय्याले आश्रयांतु नॉव पाव्लींति. तान्नि ग्रंथ बोरोनु आयुर्वेद शास्त्राक विस्तार केल्लें. जातक पोळोनु रोगीले जन्म काळारि आकाशारि आश्शीले ग्रहांक आनि नक्षत्रांक सम जाव्नु रोगनिर्णय केल्लें. मानसिक स्थिति आनि शारीरिक क्रिया रोगीले जन्म कुंडलींतु ग्रह, नक्षत्र, राशीरि होंदूनु आस्स म्हळ्ळेले विचाराका बऽल मेळ्ळें.

1857 इस्वेचे नंतर इंग्लेंडांतु मेडिकल विज्ञान शिक्कूनु आय्यीले डाक्टरानि हिंदुस्तानांतु आधुनिक वैद्यकीय वृत्ति प्रारंभ केल्लि. इंग्लेंडाचे मेडिसिन आनि हिंदुस्तानाचे आयुर्वेद ओट्टु मेळ्नु जनांक चिकित्से दित्ताति आश्शीलींति.

ब्रिटिष आडळिताचे काळारि क्रि. श. 1882 इस्वेंतु कल्कत्ता नगरांतु इंग्लेंडांतु ताक्कूनु हाळ्ळेले नवे प्रिंटिंग प्रेस्सांतु संस्कृत भाषेंतु आश्शीले हिंदुस्तानाचे आयुर्वेद शास्त्राचे ग्रंथँ सक्कड प्रिंट जाल्लींति.

सक्कड वैद्यानि उणेऽ मोल्लाक प्रमुख आयुर्वेद पुस्तकँ मोल्लाक घेत्लींति. तेद्दोळु तांयि वैद्यकीय विद्यार्थीन आयुर्वेध शिक्शण गुरूले लाग्गि कष्टारि प्राप्त कोर्का आश्शीलें.

चरक संहिता, शुश्रूत संहिता, वाग्भटाले अष्टांग हृदयं, इत्यादि पुस्तकँ विद्यार्थींक ताळेगरीरि हात्तानि बरयिलें ग्रंथ उशिणे घेव्नु अध्ययन कोर्का आश्शीलें.

आत्तँ सरकाराक प्रजेले आरोग्य ठीक कोरूक आसक्ति वाढ्ल्या. दुर्बळ्यांक सौरऽग चिकित्से मेळोचे कतिर सरकार कटिबद्ध जाल्लाँ.

मुकारि रोगांचि वैविध्यता वाड्डीले तश्शींचि असंख्य वक्दांचि आपूर्ति कोरूक वक्कदाचे कार्खाने तयार आस्सति.

रोगीले स्वातंत्र्य

रोगि मनीषु हु षारु जाव्चाक इच्छुक जाव्नु आस्ता. हु षारु जाव्चाक चिकित्से कोर्का.

1. स्वंता चिकित्से: पूर्वानुभवारि मनीषु ताग्गेले रोगाक वक्कद घेव्नु अथवा घेना नात्तीलें चिकित्से कर्ता. वक्कद घेना नात्तीलें विश्रांति कोर्नु, उपासु कोर्नु, उद्दाक, ज्यूस इत्यादि पीव्नु केलवु रोग गूण जात्तातिं. तापाक, मात्त्याचे दुक्कीक, सैतें, पोट्टाचि दूकि, पात्तळ उत्कडे, इत्यादि सामान्य बाधा जाल्ल्यारि डाक्टराले लाग्गि परीक्षे कोरोचाक वच्चनांति. फूडे तस्सलेंचि बाधेक घेत्तीलें वक्कद हे पटि पुन: घेत्तातिं.

2. डाक्टरालि चिकित्सा: पेशंटु डाक्टराले लाग्गि वत्ता. डाक्टरु टेस्ट आनि वक्कद बोरोनु दित्ता. पेशंटु आप्प्यालो रोगु कठिण न्हंयि म्होणु निश्चय कर्ता. डाक्टरान बोरोनु दिल्लेले टेस्ट कोरोनु घेना. वक्कद घेना. अथवा टेस्ट करैता. वक्कद घेना. अथवा टेस्ट करैता आनि वक्कद घेत्ता. गूण जाय्नि जाल्ल्यारि विंगड डाक्टराले लाग्गि वत्ता.

3. ओपरेशन्नाचे स्वातंत्र्य: केलवु रोगांक शस्त्रचिकित्से जाव्का. डाक्टरु ओपरेशन कोर्का म्हण्ता. पेशंटु ओपरेशन्न नाक्का म्हण्ता. पेशंटाक आप्प्याक ओपरेशन्न नाक्का म्होणचे स्वातंत्र्य आस्स. डाक्टरानि दिल्लेले सलहेक रोगीन स्वीकार कर्ना नात्तीले जाव्चे परिणामांक कोणयि जवब्दारु न्हंयि.

4. एड्मिट जाव्चे स्वातंत्र्य: डाक्टरान परीक्षे कोर्नु रोगीक आस्पत्रेंतु प्रवेश जाव्का म्हळ्ळें. रोगि एड्मिट जाय्ना. घरकडे येव्नु नाटि वक्कद घेत्ता. परिणामु मरण. आस्पत्रेंतु डाक्टरु ताग्गेले वृतीचे धर्माचे प्रकार पेशंटाक चिकित्से दित्ता.

डाक्टरालो धर्मु पेशंटाक चिकित्से दीव्नु रोगाक उपशमन कोर्चें. पेशंटालो रोगु कस्सलो म्होणु निर्णय कोर्चें सुलभ ना. डाक्टरान सुर्वेक पेशंटाले समक्षम बैसूनु पेशंटाक कस्सले सक्कड बाधा जात्ता म्होणु समझूनु घेव्का. पेशंटाक दोळ्यानि पोळोनु, कान्नानि आय्कूनु, हात्तानि आप्पोणु परीक्षा कोर्का. इत्ले कर्तना डाक्टराक रोगु कस्सलो आस्सूंक पूरो म्होणु अंदाज़ो जात्ता.

आस्पत्रेंतु रूमांचे भाडे धोर्नु नर्स सेवेचे खर्चु तांयि दुड्डु खर्चु जात्ता. डाक्टरान पेशंटाले समक्षम जाल्लेले परीक्षेरि होंदूनु मुकारि खंडित कोरूंक रक्तपरीक्षा, मूत्रपरीक्षा, एक्सरे, स्क्यानिंग, इत्यादि लेबोरेटरि परीक्षा करैता. हे परीक्षेंक एक राशि दुड्डु खर्चता. आस्पत्रेंतु खंचेयि एक टेस्ट कोरूंक सवलत्तु ना जाल्ल्यारि विंगड लेबोरेटरिंतु पेटोनु परीक्षा करैता. रोगनिर्णय कोरूंक जायि जाल्लेले टेस्ट सक्कड करैता. रोगाक चिकित्से दिल्लेले सम जाव्का जाल्ल्यारि रोगनिर्णय चुक्कूंक नज्ज. चुक्कना तश्शि अ धोर्नु टो तांयि सक्कड टेस्ट कर्तातिं. टेस्टांक कोरोचाक एक राशि दुड्डु खर्चता.

5. खर्चाक दुड्डु ना म्होणु जाल्ल्यारि येच्चना सूरु जात्ता. खंचे आस्पत्रेक एड्मिट जाव्चे आनि खंचे डाक्टराले लाग्गि चिकित्से कोरोका म्होणु येच्चना जात्ता. सरकारी आस्पत्रेंतु चिकित्से धर्मांक कर्तातिं. मस्त सक्कड टेस्ट धर्मांक कर्तातिं. ओपरेशन्नांक सर्जन्नु फीस घेना. सल्प वक्दांक मांत्र भाग्र ताक्कूनु हाड्का. खासगी आस्पत्रेंतु सक्कड कामांक फीस दीव्का. सरकारी आस्पत्रेचे खर्चाकयि धा वांट्यानि खासगी आस्पत्रेंतु खर्चु जात्ता.

पेशंटाक हेल्थ इन्शूरेन्स आस्स म्होणु जाल्ल्यारि एड्मिट जाव्चे फूडे आस्पत्रेचे आफीसांतु इन्शूरेन्स कार्ड दीव्का. आस्पत्रेचि सिब्बंदि इन्शूरेन्स कंपनीक फोनु कोर्नु विचार्सीतातिं.

6. इच्छामरण: पेशंटान रोगनिर्णय कोरोनु माग्गीरि तो रोगु सामान्य जाव्नु गूण जाय्ना नात्तीलो रोगु म्होणु जाल्ल्यारि खालि दुक्कीचे वक्कद मांत्र घेव्नु घरकडे मरण येव्वो तांयि राक्कूयेत. आस्पत्रेंतु सल्प चिकित्से घेव्नु विशेष चिकित्से करैना नात्तीलें मरणाक राक्कूयेत. हार्टाचे रोगाक चिकित्से फलकारि जात्ता. किड्नीचे रोगाक डयालिसिस् वरेक कोरोयेत. लिवराचे रोगाक जेनरल वार्डांतु निद्दोनु समय लोकोयेत. ब्रेय्न रक्तस्रावाक ओपरेशन 90 प्रतिशत फलकारि जात्ता. स्ट्रोक (पक्षवात) जाल्ल्यारि 98 प्रतिशत चिकित्से फलकारि जात्ता. क्यान्सर मांत्र 50 प्रतिशत पेशंट 5 वर्स वांताति.

सक्कड क्यान्सर निराशाजनक न्हंयि. बात्लमन्शांले क्यान्सर - ओवरि, चींवँ, गर्भकोश, इत्यादि क्यान्सर 90 प्रतिशत पेशंट 10 वर्स वांताति. लिवर, गालब्लाडर, पांक्रियस, अन्न नाळ, अन्नकोश, सान आंत, होड आंत, इत्यादि क्यान्सर 1-2 वर्स वांताति. केमोथिरपि, रेडियेशन, इत्यादि दीव्नु कडेचे स्तरारि ऐ सी यू हांतु घाल्नु चिकित्से कर्तना हेल्थ बिल्ल धा लक्ष जाव्चाक पूरो. सरकारी आस्पत्रेंतु एड्मिट जाव्नु ऊणे खर्चारि चिकित्से कोरोनु घेव्येत.

7. सर्वैवल काळ: चिकित्से जाव्नु कित्ले काळ आरामारि जीवन कोर्येत (सर्वैवल काळु) म्होणु डाक्टरानि पेशंटाक सांगूका. सामान्य जाव्नु सान प्रायेचो पेशंटु चिकित्से फलकारि जाल्ल्यारि अधिक काळ आरामारि जीवन काड्ता. सीनियर सिटिज़न्नु चिकित्से फ़लकारि जाव्नु 50 प्रतिशत रोगांताक्कूनु भाग्र येव्नु धा बारा वर्स वांचूक साध्यास्स.

8. लिंग उच्छेदन: सा़न चेर्डाक जन्माक आत्यीले बार दीस नंतर ताज्जे लिंग संहार कोर्चो क्रऽमु सल्प कडेन आस्स. इस्लाम धर्मु

आचरणे कर्तले आव्सु बाप्पूसु तांगेले दार्ले चेर्डाले मिण्णीचे एद्राचे चर्म (प्रिप्यूस) डाक्टराले करान कात्तराय्ताति. बाय्ले चेर्डाले योनीचे कामुक बीज (क्लैटोरिस) कात्तराय्ताति. हे ओपरेशन केल्लेले चेर्डुवांक मुकारि लैंगिक क्रियेंतु साधारण अनुभवु जाय्ना.

सल्प साधु सन्यासी दीक्षा घेत्तना तांगेले लिंग संपूर्ण उच्छेदन कोरोनु घेत्ताति. नंतर तान्नि नपुंसक (हिजडा) जात्ताति.

वक्दाचे नेवान

विनाकारण भंय आनि घाब्रि जाव्नु आप्ण्याक हुषार ना म्होणु सांगूनु वक्कद दी म्होणु डाक्टराले लाग्गि येत्तले पेशंटांक वक्दाचे नेवनारि फट्टि मात्रा अथवा इंजेक्शन दीव्येत. “प्लासीबो” नावाँचे हे वक्दांक दिसाक तीनि पटि दोनि तीनि दीस दीव्नु परिणामु पोळोयेत. हे वक्कद पोळोचाक अस्लि मात्रेचे वरीचि आस्ता. तांतु खंचेयि औषध घाल्नांति. साक्रेचि पिट्टि आनि तांद्लाचि पिट्टि मिश्रण कोर्नु हे वक्कद तयार कर्ताति. प्लासीबो घेत्तीले पेशंटाक मनांतु समाधान जात्ता. प्लासीबो घेव्नु रोगु आस्स म्होणु फट्टीकऽचि भिल्लोलो मनीषु सौख्य जात्ता.

सल्प वक्दाचे ब्लैंड (अदृश्य) वेज्ञानिक वीक्शणँ कोरूक थोडे पेशंटांक वक्कद नात्तीली प्लासीबो मात्रा दीव्नु आनि थोडे पेशाटांक वक्कद आश्शीले अस्लि मात्रा दीव्नु जाल्लोलो परिणामु पळैताति. मल्टि विटामिन मात्रा घेत्तले पेशंटांक मनांतु समाधान जात्ता की तांका भरपूर विटामिन मेळ्ता आनि तांगेले आरोग्य चांग आस्ता. मुल्टि विटामिन मात्रा घेत्तीले निमित्त हृदय-रक्तनाळ रोगु ऊणे जाय्ना.

अध्यायु 16

समारोप

तर्क कैद जाव्चे म्होणु ना. मनुष्याक केद्दोळु तांयि भास आस्स की तेद्दोळु तांयि तो तर्क कोर्चे राब्बैना. मनुष्याले भाषेचे केंद्र मेंदूंतु उड्गासाचे केंद्राचे ओट्टु संपर्कारि आस्स. मनुष्याक खंचोयि विषयु उड्गासु जाल्ल्यारि तो ते विषयांतु तर्क कोरूंक भाग्र सर्ता.

मनुष्यालो उड्गासु ताग्गेले जीवनाचे घटनेंतु जाल्लेले विषयांतु येव्चे चऽड. ताणे केल्लेलि चूकि सक्कड ताक्का उड्गासु आस्ता. ताणे चांग केल्लेले ताक्का उड्गासु येव्चे ऊणे. खंचे काम मनुष्यान सुर्वेचे एक पटि कर्तना सऽम कऽर्नि की ते काम ताक्का वोपास कोरूंक अवकाशु मेळ्यारि तो सुर्वेचे पटि केल्लेल्याकयि सम कोर्नु कर्ता.

मनुष्याक फुर्सति आस्स जाल्ल्यारि तो कित्लेंयि तर्क कोर्चोक तयार जात्ता. मऽन जागि आश्शीले वेळारि तर्क कोर्येत. कामारि लाग्गीले तवळि मनाक ते कामारि ध्यासु आस्ता. काम नात्तीलें मऽन आलोचन कोरूंक फाव जात्ता. "ऐडल मैंड ईस डेविल्स वर्कशाप" म्होणु इंग्लीष गादे आस्स. काम नात्तीले मऽन सैतानाले शिबिर म्होणु अर्थु. जाल्ल्यारि काम नात्तीले मऽन तर्कशास्त्राचे कार्यशाळा म्होनु सांगूयेत.

तर्काक मूळ कारण वैचारिक समस्या. सुद्दि मेळ्ळे तक्षण मनांतु प्रश्ने उठाय्ता. प्रश्न्यांक विंगविंगड उत्तर आस्ताति. खंचे

उत्तर सम अथवा तप्पु म्हळ्ळेले तर्काक कारण जात्ता. सुद्दि कित्ले वग्गि मनांतु येव्नु पाव्ता की तित्ले वग्गि प्रश्ने उठाय्ता. सुद्दि अपघाताचि, मरणाचि, चुनावणेचि, कानूनाचि, न्यायालयाचि, इत्यादि वास्तविक संगतीचि आस्ता. अपघात इत्याक जाल्लें? कश्शि जाल्लें? कोऽण मेल्लें? कश्शि मेल्लि? मर्तना कित्ति प्राय? चुनावणेंतु खंचि पार्टि जिंक्लि? जिंकीले पार्टीक सरकार बांदूक जायि जाल्लेले तित्ले सीट मेळ्यांतिवे? कस्सलो कानूनु बदलसला? बदल जाल्लेले कानूनान जनांक कष्ट चऽड जात्तवे? बदल जाल्लेले कानूनाचो फायदो कस्सलो? न्यायालयांतु दूरु दिल्लेल्यान चांग काम केल्लें. कैदीक बेऽल मेळ्ळेवे? मरण दंड दीव्काकी नज्ज? इत्यादि सुद्दीक संबंध पावीले तर्क जात्तऽ आस्ता.

पारमार्थिक तर्क

पारमार्थिक विषयांतु तर्क सत्य अन्वेशणे कोरूक जायि. सत्य म्हळ्ळेले दोळ्याचे एद्राक जाल्ल्यारि, कान्नांक आय्कता जाल्ल्यारि, चर्मांक लाग्ता म्होणु जाल्ल्यारि, नांकांतु हुंगूक मेळ्ता म्होणु जाल्ल्यारि जिब्बेक ताज्जि रूचि कळ्ता म्होणु जाल्ल्यारि तें असत्य जाय्ना. इंद्रियांक परिचयु जाय्ना नात्तीले खालि मनांतु लेक्कीले सत्य की न्हंयि म्होणु सांग्चे कष्ट.

देवु इंद्रियांक कऽळ्ना. मनांतु ताक्का रूपित कोर्का. देवु सर्वांतर्यामि म्होणु सांग्ल्यारि सक्कड वस्तूंतु आस्स म्होणु अर्थु. दोनि वस्तु एक जाग्यारि ओट्ट्रूचि आस्सूंक असाध्य. मनुष्याले आंगांतु ताग्गेलो जीवु आस्स. जीवाचे ओट्ट्रूचि देवूयि आस्सवे? जीवूचि देवु म्होणु सल्प बुद्धिवंत जऽण तर्क कर्तात्ति. शरीरांतु जीवु खंयि आस्स? म्हळ्ळेले प्रश्ने जटिल प्रश्ने. हृदय काम

केल्ल्यारि मेंदु काम कर्ता. रगत सग्ळे शरीरांतु होळ्ता. रगत होळ्चे बंद जाल्ल्यारि मनीषु मर्ता. हृदय काम कर्ना जाल्ल्यारि रगत होळ्ना. मेंदु, हृदय, श्वासकोश, पित्तकोश, मूत्रजनकांग, इत्यादि प्रमुख अंग सक्कड ठीक काम कर्तातिं म्होणु जाल्ल्यारि मांत्र आंगांतु जीवु वर्ता.

गर्भिणीले पोट्टांतु जीवंत चेड्डु आस्स. अकस्मात् गर्भिणि अपघात जाव्नु मेल्लि म्होणु जाल्ल्यारि चेड्डूयिँ मर्ता. चेर्डाले आंगांतु येव्चो जीवु आव्सूलो जीवु. चेर्डाले शरीराचे सत्व आव्सूले आनि बाप्सूले दोग्गालेयिँ. मनुष्यालो जीवु ताणे मर्तना वाड्वऽता. उज्जो वाड्वतना उज्जाचि ज्योति, उष्ण, इत्यादि नाश जात्ताति. मनुष्यान मर्तना ताग्गेलो जीवु वाड्वता.

जीवु आनि आत्मु एक्कऽचि विषयु. जीवु शरीराचे ओट्ट्रूचि आस्ता. आत्मु मनुष्यान मोर्चे वेळारि देहांतु ताक्कूनु भाग्र येव्नु उब्बूनु वोच्चूनु एकयि स्वर्गारि, अथवा, नरकाक, अथवा आन्नेक शरीरांतु वत्ता म्होणु सांग्चे तर्काचो विषयु.

मनुष्यान मर्तना शरीर त्याग केल्लें म्होण्चाक कारण आत्माक जनानि दिल्लेले लक्षण.

आत्मान शरीर त्याग कोर्चे आनि उज्जान इंगळो त्याग केल्लें म्होण्चे वरीचि जात्ता. उज्जो वाडवतना नाश जात्ता. तो उज्जो इंगळो जाव्नु कडेरि वाड्वता.

तश्शींचि मनीषु मर्तना ताग्गेलो आत्मु वाड्वता शिवायि आत्मान शरीर त्याग कोर्चे न्हंयि. आत्मु विंगड कडेन खंयीं वच्चना. मेल्लेले वेळारि आत्मु संपूर्ण नाश जात्ता. मेल्लोलो मनीषु मुक्ति पाव्ता. ताग्गेले सक्कड कष्ट सूख आन्नि मुकारि ना. ताक्का पुनर्जन्मु ना.

पुनर्जन्मु

जीवाक आत्मु म्होणु नाँव दीव्नु प्राचीन काळांतु ऋशीनि आनि मुनीनि तांगेलो विचारु व्यक्त केल्लों. ते विचाराचे प्रकार जगत्तांतु प्रारंभांतूंचि कोटि कोटि जीवात्म आश्शीलेति म्होणु विचारु व्यक्त केल्लो. फूडे धोर्नु चालु आश्शीले विचाराक कोणयि विरोध कर्नांति. आत्मांक असत्य म्हणांति.

मेल्लोलो मनीषु वोपास येना. जाल्ल्यारि ताग्गेलो आत्मु खंयि वत्ता म्होणु विंगविंगड धर्मांतु विंगविंगड विचारु व्यक्त केल्ला. हिंदू धर्मांतु मनुष्यान मेल्ले माग्गीरि ताग्गेलो आत्मु आन्नेक देहांतु वत्ता. आत्मांचे ओट्टु नवे देहांतु ताणे केल्लेले पाप सक्कड वत्ता. ताक्का ताग्गेले पापाक जन्मजन्मांतर शिक्शा मेळ्ता म्होणु विचारु व्यक्त केल्ला. मनुष्याले पाप सक्कड चुक्ता जाल्ले माग्गीरि तो स्वर्गारि वत्ता म्हण्ताति. स्वर्गाक वैकुंठ म्होणु पुराणांतु नांव दिल्लाँ.

मनीषु ताग्गेले पूर्वजालो प्रतिबिंब. हज़ार हज़ार वर्स धोर्नु लक्ष लक्ष पीळिगेंतु जन्मांक येव्नु विंगविंगड गोत्राचे बाय्ले आनि दार्ले मेळ्नु जाल्लेले चेड्डु ताज्जे पूर्वजाले वैविध्यमय प्रतिबिंब. रूपान आनि बुद्धीन, ज्ञानान आनि शक्तीन प्रतिरूप. मनुष्यालो गुणस्वभावु ताग्गेले पूर्वजाले सार्कें वोरोनु घेत्ता. पूर्वजानि सात्विक जीवन केल्लाँ म्होणु जाल्ल्यारि चेर्डाले जीवन सात्विक जाव्चाक साध्य आस्स. पूर्वजानि ज्ञान संपादन केल्लेले म्होणु जाल्ल्यारि चेर्डाक सक्कड विद्ये शिक्कूक साध्य जात्ता. पूर्वज समाजाचे मार्गदर्शक जाव्नु आश्शीले जाल्ल्यारि चेड्डु गाँवांतु एक लीडर जात्ता. चेर्डाक आव्सु बाप्सूले गुणस्वभावु स्थापने जाव्चाक वेळु वच्चना.

पापाचे आनि पुण्याचे प्रतिफल हे जन्मांतु मेळ्ता म्होणु सल्प जऽण नंब्गताति. जाल्ल्यारि कित्लेकी पापि लोकु खंचेयि

कष्ट भोग्गऽना नात्तीले आरामेरि जीवन काड्चे जगत्तांतु दिस्ता. कित्लेकी चांग काम केल्लेले जनांक सुखाचे बदलाक कष्ट मेळ्ळाँ. चांग काम कोर्नु तान्नि जीवनांतु सूख पाव्का आश्शीले. जाल्ल्यारि तान्नि सूख पाव्चे बदलाक कष्ट भोग्चे दिस्ता.

तश्शि जाव्नु पाप पुण्याचे सिद्धांताक समर्थने कर्तले लोकानि पुनर्जन्माचे सिद्धांत सृष्टि केल्लें. पाप केल्लोलो हे जन्मांतु न्हंयि जाल्ल्यारि मुकावैले जन्मांतु ताग्गेले पापाचे प्रतिफल भोग्ता म्होणु सिद्धांत उल्लेख केल्लें. चित्रविचित्र काणियों बोरोनु पापीले हात्तांतु पीडा भोग्गीले जनांक मनांक समाधान कोरूक हो उपायु केल्लो. एक काणियेंतु पाप केल्लोलो एकु रायु ताग्गेले मुकावैले जन्मांतु हस्ति जाव्नु येत्ता. हस्ति जाव्नु सामानु व्हाव्नु जीवन काड्ता म्होणु काणि केल्लि.

मनुष्याले चित्त

मनुष्याले चित्त शुद्ध आनि सात्विक आस्सूका. वायट काम कोरूक नज्ज म्होणु ताक्का ताग्गेले चित्तांतु प्रामाणिकता स्थापने जाव्का. मनुष्याले चित्तांतु आप्ण्यान चांग काम कोर्का म्हळ्ळेलि इच्छा आस्सूका. मानव प्राणीलो गुणस्वभावु काम, क्रोध, लोभ, मोह, मद, मत्सर चित्तांतु बैसूनु आस्ताति. मानवान सभ्यता प्राप्त कोर्का जाल्ल्यारि ताग्गेले चित्तांतु ताक्कूनु हे सह दुष्ट प्रकृतींक काणु उड्डोका. मनुष्यान जन्मु घेऽत धोर्नु ताक्का मेळ्ळोलो संस्कारु ताग्गेले चित्ताक तयार कर्ता.

मनुष्याक मेळ्ळेले दोस्तिजऽण वायट गुणस्वभावाचे जाल्ल्यारि मनीषु तांगेले गुणस्वभावाक आप्ण्याले चित्तांतु स्थापने कर्ता. मनुष्यान वाज्जूचे पुस्तकांतु शिष्टाचारु आनि सभ्य वर्तने जीवनाक आवश्यक म्होणु सांग्चे बदलाक नुस्तें दुष्ट प्रवृत्तीक

सांग्लाँ म्होणु जाल्ल्यारि ताग्गेले चित्तांतु वाय्ट बुद्धि प्रवेश कोर्नु ताग्गेले जीवन मोसु आनि हिंसेचे तर्फि वत्ता. एक पटि मनुष्यालो गुणस्वभावु वाय्ट मार्गारि चल्लो म्होणु जाल्ल्यारि ताक्का चांग वाट दिस्चें भारी कष्ट आस्स.

राजकीय तर्क

प्रजाप्रभुत्व चालु आश्शीले देशांतु प्रति एक नागरीकाक देशाचे राजकीय एक तर्क कोर्चो विषयु जात्ता. भारताक स्वातंत्र्य मेळ्चे फूडे राजकीय मुखंडांक सत्याग्रह एक तर्काचो विषयु जाव्नु आश्शीलो. सुभाशचंद्र भोसान एक सैन्य स्थापने कोर्नु ब्रिटिष सैन्याचे विरुद्ध युद्ध केल्लें. महात्मा गांधीन अहिंसेचे सूत्र धोर्नु असहकार आंदोलन आनि स्वदेशि चळुवळि केल्लि. स्वातंत्र्य मेळ्ळे नंतर कम्यूनिस्ट आनि सोशलिस्ट विचार तर्काक खाण जाव्नु आय्लींति.

सोवियट यूनियन्न कोस्सोळ्नु वोच्चोतांयि कम्यूनिसं सामाजिक व्यवस्थेचे पैकि एद्राक आश्शीलें. चीना देशांतु सोशलिसं अव्वल जाग्यारि आश्शीलें. चीनादेशान ताज्जे आर्थिक आनि श्रमिक नीतिचे सुधारणे केल्ले माग्गीरि सोशलिसं माक्शि पळ्ळें. जगत्तांतु क्यूबा आनि चीना देशांतु मांत्र कम्यूनिसं वर्लें.

कांग्रेस पार्टि भारतांतु अत्यधिक काळ अधिकारारि आश्शील. क्रि. श. 2014 इस्वेंतु पार्लिमेंट चुनावणेंतु कांग्रेस्स खालि 44 सीट जिंकूनु बलहीन जाल्लें. भारतीय जनता पार्टि 2014 इस्वेचे चुनावणेंतु बहुमत पाव्नु दिल्लींतु केंद्र सरकार रचने कोरूंक फाव जाल्लि.

2017 इस्वेंतु काश्मीर समस्ये जोरु जाल्ल्या. इस्कूलाचे आनि कालेजाचे विद्यार्थी पोलीस आनि अर्ध सैनिक दळांचेरि

फात्तोरु उड्डोचि हिक्मती कर्तातिः पाकिस्तानाक काश्मीर मेळ्का जाल्ल्यारि पाकिस्तान सैन्यान इंडियाचेरि सैन्य पेटोनु यूद्ध कोर्नु काश्मीर घेव्का. काश्मीराचे सल्प लोकानि हिंसात्मक आंदोलन कोर्नु काश्मीर समस्ये नाश जाय्ना.

2017 इस्वींतु नक्सल समस्ये भारतांतु जोरु जाल्ल्या. चीनादेशाचे कम्यूनिस्ट लीडरु दिवंगत मावो ट्से तुंग हाग्गेले सिद्धांताक समर्थने कर्तले नक्सल आतंकी संघठण मस्त कडेन भारताचे विकास नीतींतु बाधा कर्ता. छत्तीसगढ राज्यांतु सुख्मा जिल्लेंतु राज्याचे पोलीस आनि भारताचे केंद्रीय अर्ध सैनिक दळाचे वैरि नक्सल दळानि गेरिल्ला नमून्याचे युद्ध छेड्डूनु दंगो केल्ला. 2016 आनि 2017 वर्सांतु एद्दोळु तांयि 100-200 पोलीसांचांक आनि सैनिकांक गुंडु मार्नु जीवु काळ्ळो. नक्सलांक कश्शि नाश कोर्चे म्हळ्ळेले एक तर्काचो विषयु जाव्नु आस्स.

गाय्येक रक्षणे कोर्का म्होणु भारताचे संविधानांतु एक वाक्य आस्स. सक्कड न्हंयि जाल्ल्यारि अधिकांश राज्यानि गाय्येक जिव्शि मारूक नज्ज म्होणु कानूनु केल्ला. सल्प दुष्ट लोकु गाय्येंक चोर्नु व्होर्नु जिव्शि मार्नु ताज्जे मास विक्कूनु दुड्डु कर्तातिः हें कानूनाचे उल्लंघने जात्ता. गौ रक्षक म्होणु सांगोनु घेत्तले सल्प जऽण गाय्येंक चोर्तल्यांक धोरनु पोलीसांक दित्तातिः सल्प गौ रक्षक जऽण गाय्येंक चोर्तल्यांक मार्तातिः आनि घायु कर्तातिः 1-2 चोर मेल्लींतिः हो विषयु समाचार पत्रिकेंतु आनि टी. वी. वाहिनींतु होडि सुद्दि जाव्नु येत्ता.

श्री नरेंद्र मोदीन भारतीय जनता पार्टीचें (बीजेपी) सारथ्य धर्लें माग्गीरि दिल्लींतु केंद्र सरकार बीजेपीले हात्तांतु आय्लें. केरळा, पश्चिम बंगाळ आनि बिहाराचे चुनावणेंतु सोलु जाल्ले माग्गीरि अस्साम, गोवा, मणिपुर आनि उत्तर प्रदेश राज्यांचे

चुनावणेंतु बीजेपीन बहुमत प्राप्त कोर्नु सरकार बांद्लें. दिल्ली नगर निगमाचे चुनावणेंतु जिंकूनु आय्यीलें बीजेपीक भारताचे प्रजेलि आनिकयि चऽड मान्यता मेळ्ळया.

राष्ट्रीय स्वयं सेवक संघाचे सिद्धांतांक अनुमोदन कर्तलो प्रधान मंत्रि मोदि भारतांतु ह्िदू धर्माक निर्लक्ष कर्ना म्होणु सक्कड हिंदू जऽण समझ्ताति. जाल्ल्यारि भारताचे संविधान धर्मनिरपेक्ष विधान जाल्लेले निमित्त विंगड धर्मांक नष्ट कोर्नु हिंदू धर्मांचाक लाभु मेळोचाक जाय्ना. कांग्रेस सरकारान हिंदू धर्माक उत्तेजन दीनि. मुस्लिम लोकांक व्होट ब्यांक म्होणु लेक्कूनु तांगेले धर्माधिकारीनि सांगीले आय्कूनु मुसलिमांक खुश कोरूंक प्रयत्न घेत्लें. हाज्जे परिणाम मुस्लिम नागरीक विकास पाव्निंति. तांगेले सामाजिक व्यवस्था पोर्नि जाल्लेले निमित्त तान्नि माक्शि वर्लींति.

प्रधान मंत्रि नरेंद्र मोदीन “सब्का साथ, सब्का विकास” म्होणु नारो घाल्नु सांग्ला की मुस्लिमांकयि भारताचे वर्लेले नागरीकाले वरीचि सामाजिक, आर्थिक आनि सांस्कृतिक विकास मेळ्का. तश्शि जाव्नु दिल्लीचे आनि इतर राज्याचे जनानि चुनावणेंतु मुस्लिमानीयि तांगेलो व्होटु मोदीक आनि बीजेपीक दिल्लो म्होणु दिस्ता.

शैक्शणिक तर्क

भारतांतु चेर्डूवांक आट्ठाचे क्लासांतु येत्तना चोदा वर्स जात्ता. चोद वर्स जाल्लेले चेर्डूवांक तान्नि आट्ठाचे क्लासाचि परीक्षा पास्स जाल्ल्यारि तांगेले जीवन वृत्ति खंचि म्होणु निर्धार कोर्चाक जाव्चे तश्शि तांका सेकेंडरि स्कूल लीविंग सर्टिफिकेट (एस. एस. एल. सी.) दीव्का म्होणु मस्त जऽण शैक्शणिक विद्वांस सांग्ताति.

आत्तँ आस्सूचि पद्धतीचे प्रकार विद्यार्थीन धांचे क्लास पास्स जाल्ले शिवायि ताक्का अथवा तिक्का एस. एस. एल. सी. मेळ्ना. विविध वृत्तींक जीवनवृत्ति कोर्नु घेव्का जाल्ल्यारि आट्ठाचे क्लासाचे वरेक शिक्कीलो विषयु पूरो जात्ता. मुकारि तीनि वर्स शिक्चो विषयु बेकार वत्ता.

उदाहरणेक शेतकरी वृत्ति घेत्तल्यांक मस्त गणित, चरित्रे, साहित्य, इत्यादि शिक्कूका म्होणु ना. बडगी, धोबी, दर्जी, रान्पो, इत्यादि वृत्ति कर्तल्याक आट्ठाचे क्लास तांयि शिक्ल्यारि पाव्ता. तांका एक एस. एस. एल. सी. प्रमाणपत्र दीव्नु स्कूल सोडूंक अनुकूल केल्ल्यारि तांका “स्कूल ड्रापौट” म्होणु वाय्ट नांव येना.

समाचार पत्रकेंतु आनि इतर माध्यमांतु आट्ठाचॆ क्लास तांयि शिक्कूनु शिक्शण कैद केल्लेल्याक स्कूल सोणु धावीलो म्होणु वाय्ट नांव दित्ताति. हें सम न्हंयि. सक्कडांक 16 वर्स तांयि नौकरी कर्ना तश्शि निर्बंध घाल्चे अन्याय जात्ता.

आट्ठाचे क्लास पास्स जाल्ले तक्शण प्रति एक विद्यार्थीन ताग्गेलि जीवनवृत्ति कस्सलि म्होणु निर्धार कोर्का. ताणे वेंचीले जीवनवृत्तींतु ताक्का तरबेति मेळ्का.

प्रति एक तरबेतीक नौवाचे आन्नि धांचे क्लासांतु शिकोचे विषयु शिक्चे आवश्यक ना. मुक्कालु वास विद्यार्थी तांगेले पंद्राचे आनि सोळाचे वर्स प्रायेरि मुकारि तांगेलि जीवनवृत्ति कस्सलि म्होणु कळ्ना नात्तीले शिक्वणेंतु मऽन दीनांति.

पंद्राचे आनि सोळाचे वर्स प्रायेरि भविश्य अनिश्चित से देक्कि पड्तले युवकांक आनि युवतींक वग्गि वाय्ट मार्गु दिस्ता. तान्नि शिक्वणेंतु मऽन दिव्चे बदलाक सिनेमाक वत्ताति. क्यांटीनांतु समय व्यर्थ कर्ताति.

विविध तर्कयोग्य विषय

मनुष्याक समाजांतु सुधारणे जाल्लेले तश्शि विशेष शारीरिक श्रऽम कोर्चे अगत्य पऽणा. घरांतु मिक्सी, मैक्रोवेव ओवेन, वाशिंग मशीन, इत्यादि येव्नु कलर टी. वी., फ्यान, ए/सी, इत्यादि आराम दिव्चे सवलत्तु आस्स. शारीरिक श्रऽम नात्तीले आम्का बोज्जु बेळवऽता. बोज्जु आय्यीले व्यक्तीक ब्लडप्रेशर, डयाबिटिस, हार्ट, कोलेस्टेरोल, इत्यादि कायिले येत्ताति. दिसाक धा मिनिट व्यायाम आनि मितऽ आहार सेवने केल्ल्यारि अस्सली कायिले येनांति.

1. वृद्धांक समाज मर्यादेन पोळोनु घेत्ता. जाल्ल्यारि वृद्ध जनानि तांगेलो पोर्ने आलोचनेंक आधुनिक परिस्थितींतु चालु कोरूक सान प्रायेचांक वत्तायु कोरूक नज्ज. नवे नवे वैज्ञानिक आनि तांत्रिक संशोधने कोर्नु सक्कड विचारु नऽवो जाल्ला. वृद्धानि नवे नवे विषयांक शिक्कूनु काड्का.

2. जगत्ताचि चरित्रे बरयितले तांगेले स्वंत विचाराक पुष्टि दीव्नु चरित्रे बरयिताति. मुकावैले भविष्याक मनीषु स्वंत परिश्रमान रूप दित्ता. चरित्रे कोळ्नु ताक्का ताग्गेलि वाट चुक्कूक नज्ज. ताग्गेलो ध्येयु माक्शीचे सम कोरूक वोच्चे बदलाक मुकारि चांग कोर्चे आस्सूका.

3. आम्गेले धैर्य आनि शक्ति स्वंता संतोषाक मांत्र न्हंयि परंतु आम्गेले समाजाचे, सेज़ारिले, स्नेहिताले, संबंधिकाले, घरांतुले जनाले, कुटुंबाचाले चांगाकऽयि उपेगु जाव्का.

उपांग

हाव हे पुस्तक कोंकणींतु बोरोचाक भाग्रसर्लो इत्याक म्हळ्यारि मात्र भाषेन बरयिलें पुस्तक लेखकालि आत्मसाक्षि जात्ता. कोणाकयि ताग्गेलि अथवा तिग्गेलि भावना आनि चिंतना प्रकट कोर्का जाल्ल्यारि मातृभाषेन प्रकट कोरूंक साध्य जाल्ल्यारि तें सौभाग्य म्होणु लेक्कूका.

हे पुस्तकांतु हावें बरयिलि कोंकणि गौड सारस्वत ब्राह्मण (गौसाब्रा) जनालि कोंकणि भास. हे भाषेक 'आम्चिगेलि भास' म्होणु आप्पोचे सामान्य संगति. हे पुस्तक गौसाब्रा लोकांक वाज्जूंक आनि अर्थु कोरूंक सुलभ जात्ता म्होणु मेग्गेलो अभिप्रायु. विंगड कोंकणि भास उल्लैतल्यांक मस्त कष्ट जाय्ना म्होणु मेग्गेलि नंबिका. कोंकणि भाषेचें बरप वाज्जूंक कष्ट इत्याक जात्ता? कोंकणि जनांक कोंकणि उल्लोनु अभ्यासु आस्स. जाल्ल्यारि तांका कोंकणि लेखन वाज्जूचो अभ्यासु ना. कोंकणि अभिवृद्धि जाव्का जाल्ल्यारि कोंकणि जनानि कोंकणि पुस्तक वाज्जूका. तान्नि कोंकणि नियतकालिकांक (म्यागज़ीन) वर्गणीदार जाव्का. ई-मैल आनि पत्र कोंकणीन बोरोका. घरकडे चेड्वाले लाग्गि कोंकणीन उल्लोका. कोंकणी नाटक बोरोकाति. कोंकणी नाटक खेळ्का. कोंकणी सिनेम निर्माण कोर्का. सक्कड भाषेंक कोंकणी शब्धँ मेळोचाक कोंकणी शब्धकोश कोर्का. विंगड भाषेचे पुस्तक कोंकणींतु भाषांतर कोर्का.

कोंकणि लिपि

गौसाब्रा जनालि कोंकणि एकि संपूर्ण भास. ही भास कन्नड, देवनागरि, रोमन, मलयाळं इत्यादि खंचेयि लिपीन बोरोयेत. देवनागरी लिपि कोंकणि भाषेक एकि स्वयंसिद्ध लिपि. हावें कन्नड लिपीन दोनि चारि कोंकणि पुस्तक बरैल्यांति. कर्नाटकांतु कोंकणि भाषेक कन्नड लिपि उपेगु कर्तांति. कोंकणि भास संस्कृत भाषेचि तद्भव भास. संस्कृत भाषेन उल्लैतले कोंकणी लोकानि तांगेले संस्कृत शब्धांचो उच्छार सुचारु केल्लेँ.

खंचीयि भास उल्लोचाक मनुष्यान ताग्गेले सान प्राय धोर्नु शिक्ल्यारि माग्गीरि वीसर्ना. उल्लोनु उल्लोनु अभ्यासु जात्तरि माग्गीरि ते भाषेंतु उत्साहु वाढ्ता. संवादु कोरूंक भास गोत्तु आस्सूका. श्रवण शक्ति आश्शील्यांक मांत्र भास शिक्कूंक जात्ता. जन्मांक येतधोर्नु कानु आय्कनात्तील्यांक उल्लोचाक शिक्कूंक जाय्ना. तान्नि पोट्टे जात्ताति.

चेर्डु होड जात्ता जात्ता होड्डानि उल्लयिलेँ आय्कूनु चेर्डु उल्लोचाक शिक्ता. उल्लोचाक अक्षरमाला शिक्कूका म्होणु ना. उल्लोचाक मांत्र गोत्तु आस्सूनु बोरोचाक गोत्तुनात्तीले लोकांक अनक्षरस्थ म्हण्ताति. अनक्षरस्थांक उल्लोचाक येत्ता बोरोचाक येना. अनक्षरस्थांक अ, आ, इ, ई, सांगूंक येना. क, ख, ग, घ, सांगूंक येना. तांका पत्र बोरोचाक येना. गणित बोरोचाक येना.

अनक्षरस्थ मनीषु व्यर्थ मनीषु जाव्का म्होणु ना. क्रि. श. 1850 इस्वेवरेक ह्दिुस्तानांतु सरासरि 10 प्रतिशत मांत्र अक्षरस्थ नागरीक आश्शीलींति. अक्षरस्थ बाय्लमन्शँ हात्था बोट्टानि मोज्जूंक जाव्चे तित्लिँ मांत्र आश्शीलींति. गौसाब्रा लोकु आनि इतर ब्राह्मण लोकु फूडेधोर्नु अक्षरस्थ समाज जाव्नु आश्शीलींति. दलितांक अक्षर शिक्चे अगत्य पऽणा आश्शीलेँ. क्षत्रियांक,

गाद्द्यांतु काम कर्तल्यांक, अगसांक, बडगींक, लोहारांक, कुंभारांक, इत्यादि वृत्तीचांक कस्सलेंयि बोरोचे काम ना आश्शीलें. गावांतु समाचार पत्र छापना आश्शीलें. छाप केल्लेले पुस्तकँ ना आश्शीलें. कोणयि अक्षर बोरोचांतु उत्साहु दाक्कैनांति आश्शीलींति.

जगत्तांतु मनुष्यगऽण सृष्टि जाल्लेले वेळारि तान्नि सुर्वेक शिक्कीलें उल्लोचाक. सक्कड विषयु तोंडपाठु कोर्नु उड्गासांतु दोव्वोर्नु घेत्ताति आश्शीलींति. मस्त काळ नंतर मनीषु बोरोचाक शिक्लो. उड्गासांतु आश्शीलें सक्कड बोरोनु दव्वलें. वेद, वेदांग, इत्यादि बोरोचाक अक्षरमाला आनि व्याकरण तयार केल्लें. छंदस्सु, प्रासु इत्यादि माग्गीरि मांडैलें. मनीषु व्याकरण शिक्कूक आनि शिकोचाक लाग्लो. श्लोक, मंत्र इत्यादि तयार केल्लींति. वेद, वेदांगाचे ताळेगरीचे पुस्तकँ तयार जाल्लींति. प्रति एक भास बोरोचाक शिक्कत धोर्नु ते भाषेचि अक्षरमाला, व्याकरण इत्यादि तयार कोर्नु प्रति एक भाषेक रूप दिल्लें.

भास शिक्तल्यानि उल्लोचे आनि बोरोचे म्होणु दोनि खंड शिक्कूका. भास संपूर्ण शिक्कूका जाल्ल्यारि उल्लोचाक आनि बोरोचाक दोन्नीयि शिक्कूका. आम्मि शिक्कीलि भास आम्गेले मेंदूतु नोंद जात्ता.

मनुष्याले भाषेचे यंत्र

उल्लोचाक मेंदु नंता पुफ्फुस, कंठमणि आनि तोंड इत्लें जाव्काति. आम्मि उल्लैतना येव्चो नादु आम्गेले कंठमणींतु (ताळ्यांतु) आश्शीले दोनि पऽरें कंपन जाव्नु सृष्टि जात्ता. आम्गेले श्वास कोशांतु (पुफ्फुसांतु)वायु सदा आस्ता. आम्मि सदा श्वासु घेत्तऽचि सोड्तऽचि आस्ताति. पुफ्फुसांतु आश्शीलो वायु कंठमणींचे मुखांतर भाय्र सोड्तना नादु जात्ता. चेर्डान रड्तना अश्शि नादु जात्ता.

हो नादु तोंडांतु उच्छारु जात्ता. तोंडाक वैलो जबडो आनि सकल्चो जबडो आस्सति. सकल्चो जबडो उल्लोचांतु चऽड भागि जात्ता. सकल्चो जबडो सकल कोर्नु तोंड उदारे कोर्नु आ--- म्होणु चेई्ड रड्ता. विंगविंगड सोरु काड्डूंक गाल फुग्गोका. जीब ताळ्याक लाव्का. वोंटाक विविध आकारु दीव्का. अश्शि कोर्नु कंठांतु ताक्कूनु येव्चे नादाक खेळोका. उच्छारु कोर्नु विविध सोरु काड्का. कंठमणीचे पऽरेचे कंपन चऽडूणे कोर्नु रागु दीव्का.

"प" कश्शि उच्छारु कोर्चे? गाल्लँ फुग्गोनु, वोंऽट मुच्वूनु सकल्चो जबडो देवोनु वायु सोड्का. वोंऽट मुच्वीना जाल्ल्यारि येव्चो सोरु "अ". "अ" आश्शीले "आ" कोरूक तोंड चऽड उदारे कोर्नु दीगु आवाज़ु काड्का. "आ" आश्शीले "इ" कोरूक तोंड सपूर कोर्का. "इ" आश्शीले "ई" कोर्चाक आवाज़ु दीगु केल्ल्यारि जाल्लें.

शब्दाचि पेऽट

आम्गेले तोंड एक शब्धाचि पेऽट. सौंड बाक्स. तोंडांतु ताक्कूनु येव्चि भास विंगडांक कोळ्का जाल्ल्यारि नमुनमून्याचि तोंडि कोर्का जात्ता. 'तोंडि' म्हळ्यारि शब्धाचे पेट्टेचो गात्र आनि आकारु. हे तोंडीक ताळो, जीब, गाल्लँ आनि वोंटानि मेळ्नु बांद्लाँ. सकल्चे जबडाक खेळोनु हज़ारकट्ले आकार आनि गात्र दीव्नु जाव्चे हे पेट्टेंतु आम्मि उल्लयिलो शब्धु उठाय्ता. ताळ्यांतु उठायिलो नादु हे तोंडीचे आकार आनि गात्राचे कारणान अर्थभरित शब्धु जात्ता. तोंडींतु शेंबरि इत्ले मांसपेशि आस्सति. मांसपेशींतु दोन्शिअड्डेशि इत्ले नऽर मेळ्यांति. हे नऽर सक्कड त्रिजन्य (ट्रैजिमिनल) नरगांटींतु (गेंग्लियान्) मेळ्तातिं. त्रिजन्य नराचि गांटि मात्त्याचे मुळांतु गळ्याचे वैले भागांतु आस्स आनि मेंदूचे सर्व कडेन संपर्कु

दोव्वोर्नु आस्स. नादाचे उगम स्थान कंठमणि. नादाक शब्धु जाव्नु परिवर्तन कोरूक तोंडि जायि.

मनुष्याक उल्लोचाक मेंदु मुख्य. आम्मि उल्लोचाक सिद्ध जाल्लेले तेद्दना आम्गेले पुफ्फुसांक, कंठमणीक आनि तोंडाचे मांसपेशींक त्रिजन्य गांटीचे आनि विंगड नरांचे मुखांतर मेंदु संज्ञे धाड्ता. आम्मि खंचे भाषेन उल्लोचाक तयारि कर्तांति की ती भास मेंदूतु दाखल जाव्नु आस्स. मेंदूतु भास दाखल जाव्चे केंद्राक वाक्केंद्र (स्पीचसेंटर) म्हण्तांति. हे केंद्राक पेट्टु जाल्ल्यारि मनुष्याक उल्लोचाक आनि बोरोचाक जाय्ना.

अक्षरमाला

स्वऽर (सोरु): अ, आ, इ, ई, उ, ऊ, ए, ऍ, ऐ, ऑ, ओ, औ, अं, अ: इत्ले स्वऽर कोंकणी भाषेंतु आस्सति.

कंठाचे बाग्लांतु सृष्टि जाव्चे सोर - अ, आ, ऐ.

कंठाचे भित्तरि सृष्टि जाव्चे सोर - इ, ई.

वोंटांतु सृष्टि जाव्चे सोर - उ, ऊ, औ

नासिक शब्धु: कोंकणी भाषेंतु अधिकांश शब्ध तोंडानि मांत्र येत्ता. तांका शुद्ध मुखी म्हण्तांति. आनि केलवु शब्धाचे अंत्यारि “म्” म्हळ्ळेले अनुस्वर नांकांतु (नासिक) सृष्टि जात्ता. ताज्जे चिन्हे ॅ जाव्नु आस्स. तांका नासिक म्हण्तांति. उदाहरणेंक शब्धु “केल्लें” हांतु आखेरि ॅ चिन्हे नासिक अनुस्वर आस्स.

व्यंजन: व्यंजन म्हळ्यारि मीश्रण सोरु. क=क्+अ (क व्यंजन क् आनि अ सोरांचे मिश्रण.) ख व्यंजन क्+ह+अ.

कंठाचे बाग्लांतु सृष्टि जाव्चे व्यंजन - क, ख, ग, घ, ऩ.

कंठाचे भित्तरि सृष्टि ज़ाव्चे व्यंजन - च, छ, ज, झ, ञ.

माडमांतु सृष्टि जाव्चे व्यंजन - ट, ठ, ड, ढ, ण.

दांतांतु सृष्टि जाव्चे व्यंजन - त, थ, द, ध, न.

वोंटांतु सृष्टि जाव्चे व्यंजन - प, फ, ब, भ, म.

अंतस्थ व्यंजन - य, र, ल.

उष्म व्यंजन - श, ष, स, ह.

मिश्र व्यंजन (संधि व्यंजन) - क्ष, त्र, ज्ञ

समयान्वित शब्धु: शब्धाचो उच्छारु कर्तना कित्लो वेळु (मात्रा) काड्तातित की ताज्जे वर्णने.

वर्ण शब्ध - एक मात्रेचो वेळु. उदा: क्.

ह्रस्व शब्ध - दोनि मात्रा. उदा: क.

प्लुत शब्ध - तीनि मात्रा. उदा: कऽ.

दीर्घ शब्ध - चारि मात्रा. उदा: का.

कोंकणी भाषेंतु प्लुत शब्ध मस्त उपेग कर्तीति. उदा: घऽर.

संधि पद: दोनि शब्धांक मेळोचें. उदा: जाव्नाश्शीलें = जाव्नु (पूर्वपद) + आश्शीलें (उत्तरपद). कोंकणींतु लागु जाव्चि संध्यो - सुवर्णदीर्घ, प्रकृतिभाव, यांतवादादेश, अनुनासिक, इत्यादि.

शब्धविध: कोंकणींतु चारि विधाचे शब्ध आस्सति. नॉव, आख्यात, उपसर्ग आनि निपात.

1. नॉव: खंचेयि वस्तूचे नॉव. उदा: उमेशु, कोडियाळ, घऽर, दायि.

2. आख्यात: क्रियापद. उदा: आय्लो, हाळ्ळें, केल्लें.

3. उपसर्ग: क्रियापदाक जोडिसूचे पऽद.

4. निपात: अव्यय. बदल जाय्ना नात्तीले शब्ध. उदा: आनि, एकयि, समेत, ताक्कूनु, वरेक.

नामविशेषण, क्रियाविशेषण, इत्यादि विंगड शब्ध आस्सति.

लिंग: कोंकणींतु तीनि लिंग भेध आस्सति.

1. पुल्लिंग. उदा: सतीशु, चेल्लो, बुद्धोंतु, बैलु, छाप, म्हालु, उपदेशु, म्हाल्घडो, उपवन.

2. स्त्री लिंग. उदा: लक्ष्मि, चेल्लि, नणंद, तळसाणि, बांयि, रचना, भास, वाटिका.

3. नपुंसक लिंग. उदा: दार्वंदु, दौलो, भाडें, धुव्वोरु, पित्तळ, डब्बो, मांकड.

<u>वचन:</u> एकवचन. उदा: चेल्लि, चेर्कों.

बहुवचन. उदा: चेल्ल्यो, चेर्के.

शब्धु आनि वाक्य

शब्धु म्हळ्यारि एक अथवा एक्काकयि चऽड सोरु मेळ्नु जाव्चे अर्थभरित उच्छारु अथवा उत्तर. शब्धाक अर्थु आस्ता. अस्सले दोनि तीनि उच्छारु मेळ्नु वाक्य जात्ता. एक वक्यांतु दोनि अथवा दोन्नीकयि चऽड शब्ध अस्तातिं. वाक्याक दावे दिकड्चान उज्वेदिकडे वळारि बोरोचो क्रऽमु. वऽळ म्हळ्यारि रेखे (लैन). वाक्याक दावे दिकड्चान सूरु कोर्नु पान्नांचे रुंदाये तकीत उज्वे बदीन तांयि वळारि बोरोका. मुकारि बोरोचाक वोपास दावे बदीन ताक्कूनु दोन्नींचे वऽळ बोरोका. दोन्नींचे वऽळ जाल्ले माग्गीरि तिन्नींचे वऽळ दावे दिकड्चान बोरोचाक सूरु कोर्का. अशि प्रति एक वऽळ दावे दिकडे सूरु कोर्नु बोरोका. वाक्याचे अंत्यांतु एक बिंदु बोरोका. हो बिंदु विराम चिन्हे. अल्प विराम चिन्हे बाल्लाचो बिंदु. विषयु बदल कोरूंक माग्गिवैले वाक्याचे वऽळ दावे बदीन थोडो जागो सोणु प्रारंभ कोर्का. पांच मात्रा सोणु कोर्चो एकु क्रऽमु.

तेद्ना सुर्वेचे परिच्छेद माग्गिवैले परिच्छेदाक ताक्कूनु वेग्ळे जात्ता. मस्त परिच्छेद मेळ्नु अध्यायु जात्ता. अध्याय मेळ्नु ग्रंथ लेखन जात्ता.

<u>वाक्य रचना:</u> काय्ळो रड्ता. कीरु फऽल खात्ता. गाड्डव किर्डीता. गायि तऽण चर्ता. हे सक्कड अर्थु जाव्चे कोंकणि वाक्य.

विभक्ति

शब्धांक विभजन कोर्नु तांगेलि विभक्ति सांग्ल्या.

1. प्रथमा विभक्ति - कर्ता. उदा: वस्तु, विषयु, व्यक्ति.

कर्त्र पद - रामु धाव्लो. भीमु पळ्ळो. कृऽश्णु रळ्ळो. हे वाक्यांतु रामु, भीमु, कृऽश्णु, हे सक्कड नामपद; प्रथमा विभक्तीचे नामपद. हान्नि कांयिपुणी केल्लें. हांका कांयिपुणि जाल्लें.

2. द्वितीया विभक्ति - कर्म (कर्तान केल्लेले काम). उदा: भेत्लें, पोश्शीलें, पाडय्लें.

क्रियापद - सीते पळिळ. कामांचो धाव्लो. पक्शि उब्लि. हे वाक्यांतु पळिळ, धाव्लो आनि उब्लि हें सक्कड कर्तृन केल्लेले म्होणु सांग्ता. कर्तृले काम सांग्चे शब्धाक द्वितीया विभक्तीचे क्रियापद म्हण्तातित.

3. तृतीया विभक्ति - करण (कर्तान कश्शि काम केल्लें तें, खंचान केल्लें तें, कस्सल्यान केल्लें तें).

कर्मपद - मास्तरान पुस्तक वाज्लें. रामान पाय्जाम घाल्नुघेत्लें. तांब्यान आय्दन कर्तातित. कोब्बान साक्कर कर्तातित. हे वाक्यांतु पुस्तक, पाय्जाम, तांबे, कोब्बु, तृतीया विभक्तीचे नामपद

4. चतुर्थ विभक्ति - संप्रदान (कोणाक, इत्याक, केल्लें.)

संप्रदानपद - सतीशु गावाँक गेल्लो. रामाक उद्दाक दी. फुल्लाक पैसें कित्ले? हे वाक्यांतु गावाँक, रामाक, फुल्लाक कोणाक केल्लें म्होणु सांग्ता. चतुर्थ विभक्तीचे संप्रदानपद.

5. पंचम विभक्ति - अपादान (कोर्चाक कारण कस्सलें.)

अपादानपद - रामान पुस्तक पेन्नानि बरैलें. मोटर पेट्रोलु घाल्ल्यारि चल्ता. हे वाक्यांतु पेन्न आनि पेट्रोलु खंचे म्होणु सांग्ता. पंचम विभक्तीचे अपादानपद.

6. षष्टम विभक्ति - संबंधु (कोणाले, खंचे.)

संबंधपद - किट्टालि आंगडि. देवळाचे तऽळें. हे वाक्यांतु किट्टालि, देवळाचे, षष्टम विभक्तीचे संबंधसूचकपद.

7. सप्तम विभक्ति - अधिकरण (खंयी, खंचांतु.)

अधिकरणपद - पेट्टेंतु दुड्डु आस्स. रुक्कारि आंबो दिस्ता. हे वाक्यांतु पेट्टेंतु आनि रुक्कारि स्वामित्व सांग्ता. सप्तम विभक्तीचे अधिकरणपद.

8. अष्टम विभक्ति - संभोधन (संभोध कोर्चो शब्दु).

संभोधनपद - चेर्डा, योरे हांगा. लक्ष्मी, तूँ खंयि गेल्लिगो? हे वाक्यांतु चेर्डा आनि लक्ष्मी अष्टम विभक्तीचे संभोधनपद जाव्नुआस्सति.

कोंकणि विशेषणपद इत्यादि

1. विशेषणपद - उदा: काळो. विशेषणपदांक तीनि लिंग आस्सति. काळो मनीषु (पुल्लिंग), काळि चेल्लि (स्त्री लिंग), काळे आवंगलें (नपुंसक लिंग).

2. संख्यावाचकपद - हे काराक शेंबरि चदरडि विस्तीर्णाचे ग्यारेज जायि. माक्का दोन्नींचे कूड भाड्याक दी. हे दोनि वाक्यांतु शेंबरि आनि दोन्नींचे संख्यावाचकपद जाव्नास्सति.

3. सर्वनाम -

<u>विभक्तिविशेष सर्वनामपद</u> - सतीषु आप्राय्यालो पूतु. सतीषाक पेंटांतु आंगड़ि आस्स. सतीषान शेन्वारा सिनॅम पळैलें. हे तीनि वाक्यांतु तीनि पटि सतीषाक सांग्ला. ताज्जे बदलाक -

सतीषु आप्राय्यालो पूतु. <u>ताक्का</u> पेंटांतु आंगडि आस्स. <u>ताणे</u> शेन्वारा सिनेम पळैलें - अशिश बरैतना दोनि पटि सतीषाले जाग्यारि <u>ताक्का</u> आनि <u>ताणे</u> म्होणु सांग्लाँ.

ताक्का - तृतीया विभक्तीचे सर्वनामपद.

ताणे - द्वितीया विभक्तीचे सर्वनामपद.

ताग्गेले - षष्टम विभक्तीचे सर्वनामपद.

<u>वचनविशेष सर्वनामपद</u> - एक वचन - हाँव, तूँ, तो.

बहु वचन - आम्मि, तुम्मि, तान्नि.

<u>लिंगविशेष सर्वनामपद</u> - पुल्लिंग - तो, ताक्का, ताग्गेले, ताणे, ताग्गेतंयि.

स्त्री लिंग - ती, तिक्का, तिग्गेले, तीणे, तिग्गेतंयि.

<u>सार्वत्रिक सर्वनाम</u> - वचन आनि लिंग अन्वय जाय्ना नात्तीले सर्वनाम - पूरो, माग्गीरि, केद्ना, कशिश, ओट्ट्रचि, अय्यो, शिवायि, नाक्का, जायि, इत्यादि.

4. सकर्मक आनि अकर्मक क्रियापद - सतीषान पान्न हाळ्ळींति. गाय्येन वासु घाल्लें. कपट उघड्लें. हे वाक्यांतु हाळ्ळींति आनि घाल्लें सकर्मक क्रियापद जात्ता. उघड्लें अकर्मक क्रियापद जात्ता.

5. कालसूचक क्रियापद - तूँ केद्ना आय्लो? आजि क्रिकेट म्याच आस्स. हाँव दन्पारा मांत्र जेव्ता. हे वाक्यांतु आय्लो (भूतकाल), आस्स (वर्तमानकाल) आनि जेव्ताँ (भविष्यत्काल) कालसूचक क्रियापद "केद्ना" प्रश्न्यांक उत्तर दित्ता.

6. भावनाम - आलस्य चांग न्हंयि. तूँवे बरयिले लाय्क आस्स. चोर्चि बुद्धि वाय्टि. हे वाक्यांतु आलस्य, लाय्क आनि चोर्चि बुद्धि भावनाम जाव्नु आस्सति.

7. पुरुष व्यत्यासु -

<u>उत्तम पुरुष</u> - हाँव चम्कलों (पुल्लिंग). हाँव चम्कलि (स्त्री लिंग). माक्का ते नाक्का. मेग्गेलि बाय्ल चंदि. मेग्गेलो बाम्मूणु कष्टीगु. आम्मि न्हाल्लींति. हांवे रांदप केल्लें. हे वाक्यांतु हाँव, माक्का, मेग्गेलि, मेग्गेलो, आम्मि, हाँवे, इत्यादि उत्तम पुरुष सर्वनाम जाव्नु आस्स.

मध्यम पुरुष - तूँ चम्कलो (पुल्लिंग). ती चम्कलि (स्त्री लिंग). तुक्का ते नाक्का. तुग्गेलि बाय्ल चंदि. तुग्गेलो बाम्मूणु कष्टीगु. तुम्मि न्हाल्लींति. तूँवे रांदप केल्लें. हे वाक्यांतु तुक्का, तुग्गेलि, तुग्गेलो, तुम्मि, तूँवे, इत्यादि मध्यम पुरुष सर्वनाम जाव्नु आस्सति.

प्रथम पुरुष - तो चम्कलो (पुल्लिंग). ती चम्कलि (स्त्री लिंग). ताक्का (पुल्लिंग) तिक्का (स्त्री लिंग) ते नाक्का. ताग्गेलि बाय्ल चंदि. तिग्गेलो बाम्मूणु कष्टीगु. तान्नि न्हाल्लींति. तीणे (स्त्री लिंग) ताणे (पुल्लिंग) रांदप केल्लें. हे वाक्यांतु तो, ती, ताक्का, तिक्का, ते, ताग्गेलि, तिग्गेलि, तिग्गेलो, तान्नि, तीणे, ताणे, इत्यादि प्रथम पुरुष सर्वनाम जाव्नु आस्सति.

विभक्ति प्रत्यय इत्यादि

सतीष् + उ = सतीषु, सतीष् + आन = सतीषान, सतीष् + आक = सतीषाक, सतीष् + आलें = सतीषालें. उ, आन, आक, आलें, हे शब्धांक प्रत्यय म्हण्ताति.

उदाहरण 1: गोयांतुताक्कूनु गौसाब्रा लोकु मस्त काळ फूडे मंगळूराक आय्लींति.

गोंय + आंतु ताक्कूनु (प्रत्यय) = गोयांतुताक्कूनु.

मंगळूरु + आक (प्रत्यय) = मंगळूराक.

उदाहरण 2: चोरांक नरकांतूयि जागो ना.

चोरु + आँक (प्रत्यय) = चोराँक.

नर्कु + आंतूयि (प्रत्य य) = नर्कांतूयि.

उदाहरण 3: हनुमंताले बाल्लाक उज्जो दिल्लो.

हनुमंतु + आले (प्रत्यय) = हनुमंताले

बाल + ल + आक (प्रत्यय) = बाल्लाक.

उदाहरण 4. जन्नु बस्सारि चळ्ळो. बस्सांतु जागो आस्स.

बस्स + आरि (प्रत्यय) = बस्सारि.

बस्स + आंतु (प्रत्यय) = बस्सांतु.

उदाहरण 5. पेट्टेचे भित्तरि आवगलें दव्वर्लो.

पेऽट + एचे (प्रत्यय) = पेट्टेचे.

विध्यर्थ क्रियापद

विधि + अर्थ = विध्यर्थ. कोणांकयि हें करि तें करि म्होणु सांगूंक कोंकणि भाषेंतु उपेगु कोर्चे शब्धाक विध्यर्थ क्रियापद म्हण्ताति. विधि = नियमु, आशा, विज्ञापना, विनंति इत्यादि.

उदाहरण 1. सतीषा, तूँ बोड्डो माक्का दी.

संभोदन प्रत्यय - सतीष + आ = सतीषा.

द् + ई = दी (दिव्चे काम - विध्यर्थ क्रियापद).

उदाहरण 2. तुम्मि हे वाट्टेन वच्चाति.

वच् + च् + आति (प्रत्यय) = वच्चाति (बहुवचन विध्यर्थ क्रियापद).

वाट + ट+ एन (विभक्ति प्रत्यय) = वाट्टेन.

उदाहरण 3. येय्या, आम्मि खेळ्याँ. वच्चा, तुम्मि खेळाति.

यो - एकवचन. येय्या - बहुवचन

खेळ्याँ - आशा (विध्यर्थ क्रियापद.)

खेळाति - आज्ञा (बहुवचन विध्यर्थ क्रियापद.)

क्रियापद

<u>निषेधार्थ क्रियापद</u>

काम कोर्नाक्का, काम जाय्ना, काम जाय्नि, इत्यादि वाक्यांतु निषेध व्यक्त जात्ता.

उदाहरण: हाँव आजि वच्चना.

तुम्मि साक्कर खाव्नाक्काति.

पेपर वाज्जूनु जाय्नि.

मांचो घट्टि ना.

चेर्डाक मार्नाक्काति.

सतीषान सांगीले काम कऽर्नि.

आजि चेर्डु हाग्गऽनि.

कालि गाय्न दूध दीनि.

चेल्ल्यो पेंटांतु घूव्निंति.

हे वाक्यांतु वच्चना, खाव्नाक्काति, जाय्नि, ना, मार्नाक्काति, कऽर्नि, हाग्गऽनि, दीनि, घूव्निंति, इत्यादि निषेदार्थ क्रियापद जाव्नु आस्सति.

<u>क्रियापद विशेषण</u>

उदाहरण: सतीषु जोरान उल्लैलो.

माज्जर सरक्कनि धाव्लें.

पाव्सु धाराकार सुर्वीलो.

लक्ष्मीक वोपास आप्पैलें.

दिव्वो मस्त वेळु जळ्ळो.

हे वाक्यांतु केल्लेले एकयि जाल्लेले कामांक विशेषण क्रियापद - जोरान, सरक्कनि, धाराकार, वोपास, मस्त वेळु.

<u>कृदंत</u>

कोंकणी भाषेंतु मस्त कृदंत शब्ध आस्सति. आय्यीले, बरयिलें, कूड्ले, इत्यादि.

उदाहरण: पेल्ले पाट्ट्यारि आय्यीले रैल उड्पाक वत्ता.
सतीषान बरयिलें पुस्तक लक्ष्मीन घेत्लें.
गाय्येन आप्पयिले कूड्ले वास्रु धाव्नु आय्लें.

<u>कृदंत प्रत्यय</u>

कोंकणी भाषेंतु केलवु शब्धांक कृदंत प्रत्यय म्हण्ताति.
घरांतु पोळोचाक जाय्ना. पोळोचे+आक = पोळोचाक
सतीषु दुड्डु खर्चूचाक दित्ता. खर्चूचे+आक = खर्चूचाक
वसर्तीक आप्पोड्ूंक नज्ज. आप्प+ओड्चे+ऊंक=आप्पोड्ूंक
आक आनि ऊंक कृदंत प्रत्यय जात्ताति.

<u>सततकाळ क्रियापद</u>

उदाहरण 1. सतीषु चम्कतऽ आस्स. हे वाक्यांतु “चम्कतऽ आस्स” सततकाळ क्रियापद जात्ता.

उदाहरण 2. लक्ष्मि उद्दाक पित्तऽ राब्लि. हे वाक्यांतु “पित्तऽ राब्लि” सततकाळ क्रियापद जात्ता.

उदाहरण 3. तुम्मि वत्तऽ राब्बाति. हे वाक्यांतु “वत्तऽ राब्बाति” सततकाळ क्रियापद जात्ता.

उदाहरण 4. तूँवे काम कर्तऽ आस्सूका. हे वाक्यांतु “कर्तऽ आस्सूका” सततकाळ क्रियापद जात्ता.

<u>काळ व्यत्यासु</u>

सततकाळ क्रियापद तीनि काळ दाक्कैताति. भूत, वर्तमान आनि भविष्यत्.

उदाहरण: भाषणकारु उल्लैतऽ गेल्लो. (भूतकाळ)
पाव्सु पड्तऽ आस्स (वर्तमान)
फाल्लेंतांयि घाणि येत्तऽ आस्तवे? (भविष्यत्)

कोंकणी प्लूत शब्धँ

कोंकणींतु शब्धांचो उच्छारु सम ना जाल्ल्यारि उत्तर अर्थु जाय्ना. प्लूत अक्षराक तीनि मात्रेचो नादु जात्ता.

उदाहरण 1. तिग्गेलि सखि (सऽखि) लाग्गि ना आश्शीलि.
सखि शब्धु सऽखि म्होणु उच्छारु कोर्का.
उदाहरण 2. कृष्णु (कृऽष्णु) बैकारि गुरुपुराक गेल्लो.
कृष्णु शब्धु कृऽष्णु म्होणु उच्छारु कोर्का.
उदाहरण 3. चेर्क्याले गुण (गूण) चांगु आस्स.
गुण शब्धु गूण म्होणु उच्छारु कोर्का.
उदाहरण 4. पोळोनु मन (मऽन) चंचल जात्ता.
मन शब्धु मऽन म्होणु उच्छारु कोर्का.
उदाहरण 5. ताणे नवे (नऽवे) घर (घऽर) बांद्लें.
नवे शब्ध नऽवे म्होणु आनि घर शब्ध घऽर म्होणु उच्छारु कोर्का.

अश्शि कोंकणींतु अनेक शब्ध दीग तांड्डनु उच्छारु कोर्का. ध्वज - ध्वऽज. जप - जऽप, इत्यादि.

कोंकणी अनुनासिक शब्धँ

कोंकणी भाषेचे केलवु शब्धांक उच्छारु कर्तना तांका अनुनासिक अंत्य आस्स जाल्ल्यरि ते शब्धांक बरैतना ॅ चिन्हे दीना

जाल्ल्यारि चूकि जात्ता. उदाहरणेक हे शब्ध पळया. अश्शि - अश्शिँ; आश्शीले - आश्शीलें; दिल्ला - दिल्लाँ; उत्र - उत्रँ; शियाळे - शियाळें; तांगेले - तांगेलें; पाच्वे - पाच्वें; दीनिवे - दीनिवें; हे केलवु वाक्य पळया.

1. हावें कन्नड लिपीन दोनि चारि कोंकणि पुस्तक बरैल्यांति.
2. डाक्टरान परीक्षे कोर्नु रोगीक आस्पत्रेंतु प्रवेश जाव्का म्हळ्ळें.
3. पंचम वक्दाक मस्त येच्चने कोर्चँ अगत्य ना.
4. सदाकाळ आम्का सफलता मेळ्ना म्हळ्ळेलें मनांतु दोव्वोर्नु घेव्का.

हावें, म्हळ्ळें, कोर्चँ, म्हळ्ळेलें. हे शब्धँ अनुनासिक शब्धँ.

अर्क शब्ध

अर्ध "र" आश्शीले शब्धांक अर्क शब्ध म्हण्ताति. "र्" अथवा "र्न" अक्षर बोरोकां जात्ता. उदा: आयुर्वेद, अर्थ, धर्मु, अर्पण, हर्दँ, नार्लु, पूर्ति, इत्यादि.

कोंकणीकृत कन्नड क्रियापद

उदाहरण 1. "ओप्पु" कन्नड शब्ध कोंकणींतु उपेगु जात्तना "ओप्वी" जात्ता. तश्शींचि ओप्वता, ओप्वना, ओप्वीलें इत्यादि.

उदाहरण 2. "कूडिसु" कन्नड शब्ध कोंकणींतु उपेगु जात्तना "कूड्सि" जात्ता. तश्शींचि कूड्सूचाक, कूड्सीतलो, कूड्सीना, कूड्सूकाकंयि, इत्यादि.

उदाहरण 3. "बरे" कन्नड शब्ध कोंकणींतु उपेगु जात्तना "बरयि" जात्ता. तश्शींचि बोरोचें, बरप, बरैतलो, इत्यादि.

उदाहरण 4. "सेरु" कन्नड शब्ध कोंकणींतु उपेगु जात्तना "सेर्वी" जात्ता. तश्शींचि सेर्सी, सेर्वूका, सेर्वायिलें, इत्यादि.

परकीय भाषेचे शब्ध

सक्कड भारतीय भाषेंतु मस्त संस्कृत शब्ध आस्सति. कोंकणी भास संस्कृत भाषेचि धाक्लि भैणि. मराठि, कन्नड, मलयाळं, बंगालि, इंग्लीष, पोर्तुगीस, गुजराति, उर्दु, फार्सि, इत्यादि परकीय भाषेचे मस्त शब्ध कोंकणींतु मेळ्यांति.

गोयांक कन्नड राय्यानि आळ्वीतना कन्नड शब्ध मेळ्ळींति. केरळांतु वलसे वोच्चूनु राब्बीले गौसाब्रा लोकाले कोंकणींतु मलयाळं शब्ध येव्नु बस्लींति. व्यापाराचे आनि वृत्तीचे कारणानि गौसाब्रा लोकु गोवाताक्कूनु पूर्वाक आनि दक्शिण दिक्कान वलसे गेल्लींति. पश्चिम घाट्टारि आनि कनडा देशांतु वास कोर्नु आश्शीले वेळारि तांगेले कोंकणी भाषेंतु तान्नि कन्नड शब्ध सेर्वूनु घेत्लें. आर्बि लोकानि आनि तुर्कांचानि गौसाब्रा जनाले ओट्टु व्यारु कर्तना केलवु आर्बी आनि तुर्की भाषेचे शब्ध आम्चिगेले भाषेंतु मेळ्नु गेळ्ळींति. पोर्तुगीस शासनाचे वेळारि पोर्तुगीस भाषेंतुले अनेक शब्ध कोंकणींतु मेळ्ळींति. क्रि. श. आठ्राचे शतमानांतु आय्यीले इंग्लीष लोकाले संपर्कु जाव्नु मस्त इंग्लीष शब्धांक कोंकणींतु मेळय्लॉ.

कोंकणी भास गोंय्चि भास. गोंय्चो भाग्र उत्तर दिक्कांतु आश्शीलो लोकु तांगेलें कोंकणी भाषेंतु अनेक मराठी शब्द उपयोग कर्तातिं. गोंय्चे भाग्र पूर्व दिक्काक अनि दक्शिणांक वास कर्तलो कोंकणीलोकु तांगेले कोंकणीभाषेंतु अनेक कन्नड शब्द उपयोगकर्तातिं.

Konkan... Foundation (R.) *

आम्चिगेलि भास मस्तनमून्यारि गोंयाचे कोंकणीभाषेचान भिन्न जाव्नु आस्स. आम्चिगेलि भाषेवैरि आम्का गर्व आस्स. हाँव आम्चिगेलि भाषेरि माक्का आश्शीलो मोगु हे भाषेन अनेक पुस्तक बोरोनु दाक्कैताँ.

कोंकणी भाषेचे प्रथक्करण

गोवा राज्य कोंकणी भाषेचें केंद्र स्थान जाल्लेले निमित्त गोंय्चि कोंकणीक सक्कड कडेन अनुकरण कोर्का. सक्कड राज्यांतु कोंकणीक देवनागरी लिपीन बोरोका. जाल्ल्यारी कर्नाटक अनि केरळा राज्यांतु वास कोर्नु आश्शीले कोंकणी लोकानि गोंय्चि कोंकणी भास शिक्चाक आनिकयि पन्नास वर्स वोच्चाक पूरो. सग्ळे जगत्तांतु एक रूपाची कोंकणी भास चालु जाव्चाक म्हळ्यारी कोंकणी भाषेचे प्रथक्करण जाव्चाक मस्तु समयु लाग्तलो.

कोंकणी पुस्तकँ कन्नड लिपीन बरैल्यारि वाज्जीतलो लोकु अत्यधिक संख्येचे आस्सति. कर्नाटक सरकाराचि कोंकणी साहित्य अकाडेमी लेखकांक प्रोत्साह दित्ता. देवनागरी लिपीन बरैल्यारि गोवा सरकार आनि तांगेली कोंकणी साहित्य अकाडेमी मान्यता दित्ता. मलयाळं भाषेन बरैल्यारि केरळाचि अकाडेमी लेखकांक उत्तेजन दित्ता. कोंकणीभाषेक खंचि लीपी उपयोग कोर्का म्होणु सक्कड कोंकणी लोकांक प्रश्ने उठायिलाँ. हे प्रश्न्यांक समाधान आत्तँ दिस्सना.

इंडेक्स

अ
अंकुरबीज, 42
अंड, 13
अंडाशय, 69
अकाडेमी, 8
अक्षरमाला, 188
अद्वैत, 23
अधर्मु, 46
अधिकृत लीपि, 6
अनक्षरस्थ, 188
अनुनासिक, 201
अनुसूचिक जाति, 57
अनुसूचित जनजाति, 57
अपराजित, 5
अपीम, 97
अभयारण्यांतु, 160
अभिवृद्धि, 114
अमर, 160
अम्चिगेलि, 3
अयस्कांत, 31
अर्क शब्ध, 202
अर्धांगिणि, 122
अवमर्यादे, 58
अविवेकि, 142
असूये, 123
अस्पर्शता, 56
अस्वस्थ मनीषु, 161
अहिंसा सिद्धांत, 17
आ
आंगाक घायु, 163
आकांक्षा, 134
आकारु, 22
आत्मु, 11
आदायु, 153
आध्यात्म, 146
आम्लजनक, 15
आयुर्वेद, 171
आय्दन, 156
आरक्शण, 57
आरक्षण, 112
आर्थिक, 121
आर्य समाज, 56

आविष्कार, 33
आवेशु, 3
आशीर्वादु, 133
आस्पत्रे, 174
आहरिमन, 29
आहु रा माज़्डा, 29
इ
इंगळो, 93
इंजेक्शन्न, 171
इंटरनेट, 128
इन्वॅस्ट, 153
इहलोक, 38
इजिनियर, 136
ई
ई-मैल, 187
ईह, 37
उ
उज्छ जाती, 52
उज्जो, 31, 94
उझ्वाडु, 61
उड्गासु, 177
उत्तेजन, 8
उत्रँ, 112
उपनयन, 59
उपनिषद्, 70
ऋ
ऋतुवंति, 69
ए
एंप्लोयी प्रोविडेंट फंड स्कीम, 150
एग्सास्ट, 95
एट्मॉस्फियर, 99
एडिक्ट, 97
एड्मिट, 173
एम् बि बि एस, 88
एस. एस. एल. सी., 184
ऐ
ऐडी कार्ड, 135
ओ
ओ. टी. सी, 168
ओक्टेव, 105
ओर्केस्ट्रा, 107
औ
औषध, 171
क
कत्तल, 10
कन्नड, 5, 188
कन्यापण, 84
कन्यावस्था, 84
कर्नाटक, 7
कर्म, 26

कर्मपद, 194
कसाइखानेंतु, 19
कसूती, 157
कसेट टेपु, 107
कांग्रेस पार्टि, 182
कान्स्टेबल, 125
कापर-टि, 124
कामि, 30
काया वाचा मनसा, 64
कायिले, 186
कालेज शिक्शण, 71
किडरगार्टन, 60
किशोर नौकरी, 45
कुड्को, 31
कुलदेवा, 7
कृदंत, 200
केमोथिरपि, 175
केशव चंद्र सेन, 56
कोंडोमु, 124
कोंकणी पुस्तकँ, 204
कोंकणी भास, 203
कोतवालु, 125
कोमल, 105
क्यान्सर, 175
क्रिमिकीट, 34
क्रिश्चन मिशनरी, 7
क्रिस्ताँव, 8
क्रीमी, 17
क्रेडिट कार्ड, 128
क्रैस्त, 28
क्ष
क्षऽमे, 141
क्षत्रिय, 51
क्षमाभावान, 122
ख
खाण, 16
ग
गणित, 185
गरुड पक्शी, 29
गर्भपात, 123
गाबु, 42
गुट्टु, 120
गुडगुड्डु 32
गुरुकुल, 59
गुरुकुलांक, 68
गुर्भीणि, 12
गूंडा, 91
गूण स्वभाव, 33
गेस्ट, 60
गोंदोळु, 132
गोत्र, 74
गोब्बोरु, 19

गोमांस, 18
गोवा, 5
गोहत्या, 19
गौडपादाचार्या, 47
गौसंरक्शण, 19
गौसाब्रा, 187
घ
घडर, 81
घाणि, 42
घायु, 163
च
चंदि, 90
चंदि चेल्लि, 90
चडट, 167
चरक संहिता, 172
चर्चे, 2
चांग काम, 26
चिंव्वो, 69
चिकित्से, 163
चित्त, 181
चित्त (कान्शन्स), 43
चिव्वेंचे दूध, 115
चूकि, 142
चेंडु, 31
चेडियेतंयि, 46
छ
छाप, 56
ज
जडड वस्तू, 24
जनसंख्ये, 35
जन्मु, 10
जपानांतु, 30
ज़रातुष्ट्रा, 29
जातक, 75
जाति भेदु, 49
जान्नूवँ, 63
जामीनु, 127
जीवतत्व, 29
जीवनचक्र, 36
जीवनवृत्ति, 185
जीवात्मु, 23
जीवु, 10
ज़ेंड अवेस्टा, 29
जैन, 26
जैल शिक्शा, 10
जैवीक वस्तु, 12
ज्ञान, 1, 13
ज्ञानि, 139
ज्ञानेंद्रिय, 43
ज्ञानेश्वरा, 5
ज्योतिष्य, 171

झ
झळ्के, 16
झळ्के खाव्चे ब्राह्मण, 47
ट
टिकेट, 150
ट्रुयिशन, 83
टेक्स्ट, 164
ट्याक्स, 116
ट्रंपेट, 106
ट्विट्टर, 4
ड
डयालिसिस्, 175
डयालेक्ट, 6
डाक्टरु, 86
डिजिटल व्यवहारु, 128
डिप्रेस्ड क्लासस, 145
डुक्करमांस, 18
डौरि प्रोहिबिषन ऐक्ट, 76
ड्रग लाबि, 98
ड्रग्स, 96
त
तंति, 103
तंबाकु, 96
तऽळे, 32
तप्पु, 70
तमिळ, 6
तर्क, 2
तर्नाटो, 160
तर्पीन, 2
तांदूलु, 1
ताळ, 104
तिलांजली, 11
तुर्काचानि, 203
तोंड, 190
त्याग, 179
त्रिजन्य, 190
द
दंड, 68
दऽये, 141
दक्शिणकन्नड, 8
दब्बाळिके, 5
दयाभावान, 122
दान, 111
दिव्वो, 61
दुड्डु, 89, 157
देणे, 75
देवाले प्रतिबिंब, 26
देवालो दूतु, 30
देशप्रेमु, 143
दोस्ति, 120
दोस्तिजऽण, 181
द्वैत सिद्धांत, 24

ध
धनसहायु, 63
धर्म ग्रंथं, 65
धर्मशास्त्र, 130
धर्मात्मु, 63
धर्मु, 37
धुव्वोरु, 93
न
नंबीके, 22
नपुंसक, 176
नांव, 48
नागरीकता, 161
नाडि, 41
नादु, 99
नाम्देवा, 5
नारी, 143
नासिक, 191
नास्तिक, 138
निंदन, 129
निर्जीव, 13
निवृत्ति, 150
निश्चितार्थ, 79
निषेदार्थ क्रियापद, 199
निष्क्रिय, 140
नृत्यसंगीत, 108
नैमित्तिक ज्ञान, 14
न्याय, 118
न्यायेचो दिवसु, 28
प
पऽद, 4
पऽर, 37
पठ्य पुस्तकँ, 6
परकीय, 203
परमात्मु, 23
परमोशु, 124
परलोक, 38
परिकल्पने, 44
परिच्छेद, 193
परिशिष्टित, 168
पर्स, 126
पशुमांस, 18
पाड्डो, 19
पादु, 162
पाप, 41
पापकृत्य, 113
पारमार्थिक, 178
पाळँ, 100
पिंडदान, 11
पिनल कोड, 127
पियोनु, 117
पिस्सो, 142
पील, 12

पुण्य, 28
पुनर्जन्मु, 119
पुफ्फुस, 189
पुरुष व्यत्यासु, 196
पुरुषार्थ, 133
पुरोहित वृत्ति, 131
पुल्लिंग, 196
पुस्तक, 158
पूजा, 30
पूर्ण जीवन, 39
पूर्वज, 180
पूर्वजाले, 42
पेन्शन, 150
पेश्वा, 48
पेस्काति, 3
पोर्तुगीस, 5
पोलीस, 126
पौराणिक, 113
प्रजाप्रभुत्व, 144
प्रतीकारु, 3
प्रदूषण, 147
प्रधान मंत्रि, 184
प्रवेशनयन, 62
प्रशस्ति, 86
प्राकृत, 5
प्राणिबुद्धि, 121
प्रामाणिक डाक्टरु, 165
प्रौढ़, 160
प्लासीबो, 176
प्लूत, 201
फ
फट्टि, 119
फड्दो, 100
फात्तोरु, 137
फार्मसिस्ट, 170
फार्मसी डिप्लोमा, 170
फुरंगो (फंगस), 11
फुर्सति, 177
फुस्कि, 162
फेल्लोपालि नऽळि, 124
फेसबुक, 4
फोटोग्राफि, 130, 158
ब
बण्णु, 32
बदलावणे, 131
बद्द, 117
बरप, 49
बलात्कारु, 64
बहु दैव सिद्धांत, 27
बहु मत, 184
बहु संख्यक, 114
बाम्मूणु, 156

बाल विवाह, 70
बी पी एल, 92
बुद्धवंति, 120
बेळें, 9
बैपास मार्गु, 139
बैबल, 7
बैरासु, 30
बौध, 27
ब्यांड, 106
ब्रह्मचर्य, 59
ब्राह्म समाज, 56
ब्राह्मण, 47
ब्रिटिष, 49
ब्लैंड (अदृश्य), 176
भ
भंय, 132
भक्ति, 109
भजन, 62
भट्टुमामु, 61
भविश्य, 185
भागवतु, 106
भारत माता, 143
भारतीय जनता पार्टि, 182
भावना, 109
भिकारि, 151
भिक्शा, 62
भूक, 43
भूत प्रेत, 30
भ्रामक लोकु, 39
भ्रूण, 42
म
मंत्र, 110
मऽडे, 13
मऽन, 21
मठाधिपती, 67
मत्सर, 122
मधुर गायन, 110
मनुष्यत्वाक, 146
ममता, 84
मरण, 10, 35
मर्यादि, 3
मलयाळं, 6
मल्टि विटामिन, 176
महात्मा गांधी, 56
महाभारत, 70
मांकड, 33
मांसाहारु, 18
मातृभूमि, 7
मानव हक्कु, 144
मानसिक परिणामु, 11
मायासृष्टि, 23
मारामारी, 3

माळो, 25
माव्ळो, 74
मिशनरी, 7
मीट, 32
मुसलमानु, 71
मूंजि, 62
मृगालयांतु, 20, 160
मृदंग, 103
मेंडॊ, 20
मेंदू, 15
मेडिकल इन्शूरेन्स, 88
मेडिकल रिप्रेसेंटेटिव, 164
मेल्लोलो मनीषु, 180
मैक्रोस्कोपु, 11
मैनर, 78
मैना, 33
मैसूर, 6
मोक्शु, 40
मोगु, 4
मोट्टो, 9
मोसु, 139
म्याजिस्ट्रेट कोर्ट, 127
म्यारियेज सर्टिफिकेट, 77
म्यूसिक, 107
म्हाल्घडे, 81
य
यांग, 28
यिन, 28
योग्यते, 50
र
रक्त संबंधु, 74
रक्षणे, 132
राक्कूड, 41
रागबद्ध, 104
रामायण, 70
रेकार्ड, 107
रेजिस्टर, 68
रेडियेशन, 175
रॊऽक् संगीत, 108
रोगनिर्णय, 174
ल
लंचु, 90
लऽय, 135
लय, 36
लिंग तपासणे, 124
लिक्कर लाबि, 98
लिस्ट, 115
लीडरु, 92
लेंगिक संबंधु, 70
लैट, 61
लैसेन्स, 127

लोजिक, 2
लोवर नर्सरी, 60
लौव, 72
व
वड्ड, 60
वक्कद, 159
वक्लेलो, 76
वन्य प्राणीं, 9
वर्गीकरण, 166
वर्ण भेदु, 53
वाक्केंद्र, 191
वाक्य, 193
वागु, 16
वाज्जीतलो लोकु, 8
वाट, 186
वातावरण, 101
वाद, 2
वाद्य, 102
वायु, 189
वायु मालिन्य, 95
वाय्ट काम, 27
वासस्थळ, 159
वास्तविक, 1
वास्तुँ, 19
विकास, 184
विचारधारा, 3
विचारवादि, 129
विजयनगर, 5
विधेयता, 133
विध्यर्थ, 198
विध्यर्थ क्रियापद, 198
विभक्ति, 194
विवाह, 80
विवेक, 17
विशिष्ट ज्ञान, 15
विशिष्टाद्वैत, 23
विशेषणपद, 195
विश्वासु, 41
विषवस्तु, 94
वीर्य संवर्धन, 66
वीर्यस्खलन, 66
वृद्ध, 151
वृद्धाप्यांतु, 156
वेद पुराण, 67
वेद, वेदांग, 189
वेश भूषण, 148
वैदिक धर्मु, 54
वैरि, 112
वैश्य, 51
व्यंजन, 191
व्हरेतु, 76
व्हार्डीक, 73

श
शंकराचार्या, 54
शक्ति, 39
शक्ति वर्धन, 63
शब्धकोश, 187
शब्धु, 193
शरणु, 132
शरीर, 10
शस्त्रचिकित्से, 163
शारीरिक क्रिया, 172
शारीरिक दंड, 122
शिंतो, 30
शिलहार, 5
शिलाशासन, 5
शुचित्व, 147
शुद्धीकरण, 130
शूद्र, 51
शैको, 12
शैत, 116
शेतकरी, 136
श्रवण शक्ति, 188
श्राद्ध, 11
श्वासु, 15
स
संख्यावाचकपद, 195
संगीत, 103
संगीत चिकित्सा, 110
संदर्भु, 131
संधि, 61
संपर्क, 37
संपादने, 133
संप्रदायवादि, 129
संयुक्तराष्ट्र संस्थे, 20
संविधान, 57, 113
संशोधने, 164
संस्कृति, 7
सकल्चे जाती, 51
सकल्प, 64
सगोत्र, 74
सत्यान्वेशण, 134
सत्यार्थ प्रकाश, 71
सन्यासि, 38
सफलता, 137
समुद्रु, 25
सम्मेळन, 164
सरकारी नौकरि, 87
सर्वांतर्यामि, 178
सस्याहारी, 20
साक्शिदारु, 119
सात्विक आहारु, 66
साधु सन्यासी, 176
सानु मनीषु, 92

सामान्य वर्ग, 57
सार्कँ, 180
सार्थक, 38
साहित्य, 109
सिगरेट, 96
सिनॅम, 130
सिविल कोड, 127
सीडी (डीवीडी), 107
सीनियर सिटिजन, 149
सीरियल्, 110
सुरक्षित काळु, 124
सुश्रूसे, 156
सूक्श्म वस्तु, 12
सूतक, 55
सूर्यालो कुड्को, 31
सृष्टि, 21
सेकशन 498A, 76
सेक्युलरिसम्, 134
सेफ पीरियड, 124
सेवा, 115
सॊळा संस्कारु, 65
सोप्पन, 35
सोरु, 105
सोशल सेक्यूरिटि, 151
सौरऽग, 172
सौरीक, 74
सौहार्द, 111
स्टांप, 157
स्टाफ, 105
स्त्री लिंग, 196
स्त्रीसंग, 146
स्थिति, 36
स्पीचसेंटर, 191
स्यांपल वक्कद, 165
स्वंता चिकित्से, 173
स्वर्ग, 25
स्वस्थ मनीषु, 161
स्वाभाविक ज्ञान, 14
स्वामी दयानंद, 24
ह
हक्कु, 114
हव्यासु, 157
हस्थमैथुन, 66
हार्मनि, 105
हार्मोन, 69
हिंदू म्यारियेज एक्ट, 74
हि्दुस्तानि, 105
हु रुपु, 131
हू न उद्काचो घोटु, 142
होडि, 149
होडु, 149
होड्डस्तिका, 83

ऋणभार

हावें हे पुस्तकांतु बरयिले सक्कड मेग्गेलोचि विचारु. मस्त कडेन ताक्कूनु माहिति ओट्टु कोर्नु हें पुस्तक बरैलाँ. हांतु थोडे नाव्वँ हांगा दित्ताँ.

1. राजहंस इंग्लीष कोंकणि डिक्शनरि, प्रकाश जि. थालि, एडिटर दामोदर के घानेकर.

2. मिनिमम हिंदुयिसं प्राक्टीस, डा मोहन शेणै

3. वैकिपीडिया, अंतर्जाल वेब्सैट, चरित्रे, संगीत, प्राणी.

4. हाँव डाक्ट्रु जाल्लों!, डा मोहन शेणै.

5. लिपिकार साफ्टवेर फार विंडोस.

6. मैक्रोसाफ्ट वर्ड 2016 साफ्टवेर

हांका सक्कडांकयि हाँव आभारि जाव्नु आस्स. चूकि आस्स जाल्ल्यारि हान्नि कोणयि चूकीक जवाब्दारि नांति. सक्कड चुक्कीक हे पुस्तक बरयिलो जवाब्दारि.

पुस्तक बरयिलो डा. मोहन जी. शेणै.

डा मोहन जी शेणै

डा मोहन गोपाल शेणै एकु रिटायर्ड पेथोलोजिस्ट्. ताणे मंगळूराचे प्रसिद्ध गणपति है स्कूलांतु मेट्रिक कोर्नु, मुंबैचे माटुंगाचे रामनारायण रूया कालेजांतु इंटर सायन्स केल्लें. माग्गीरि ताणे मुंबैचे बैकळांतुले ग्रांट मेडिकल कालेजांतु एम्. बी. बी. एस्. केल्लें. तो माग्गीरि अमेरिकाक गेल्लो. थंयि ताणे पेथोलोजि बोर्ड पास केल्लें. तीनि वर्स प्राक्टीस कोर्नु तो वोपास इंडियाक आय्लो. ताणे बेंगळूरांतु घऽर केल्लें. ताग्गेलि बाय्ल गुरुपुरचि. तिग्गेले नाँव ललिता (कुळारचे नाँव लीला). तांगेली दोग्ग जऽण चेर्डुवँ अमेरिकांतु राब्बूनु आस्सति. ताणे बरयिले पुस्तकाचि पट्टि सकल दिल्ल्या.

Konkani Books
Radhali Padyaavali; Secularism; Amgeli Arthavyavastha; Hodu ani Sanu (novel); Hav Daktru Jallom!

Kannada Books
Navadharma; Innu Nanage Beda (novel).

English Books
Hindu Gentleman and Lady; Karnaataka Rajyotsava & Other Essays; Minimum Hinduism Practice; Adyar Gopal World; Let's Get On With Our Lives (novel); Find Yourself Young Man (novel); The Sense of Vacancy (novel); What's Wrong, Doctor? (novel); Bond of Land (fantasy).

Hindi Book
Dharmic Chinthan.
All the books are available online at www.amazon.in
हे सक्कड पुस्तकँ एमज़ोन स्टोरांतु मेळ्तातिं.

ABOUT THE AUTHOR

Dr. Mohan G. Shenoy is an Indian citizen living in India. He is a retired Pathologist. He was born in Mangalore, situated on the West Coast of India, which is the center for Gowda Saraswath Brahmans (GSBs) in India. The mother tongue of GSBs is Konkani, a language adopted as the state language in Goa. All Konkani people have originated from Goa but the speech varies from region to region. Dr. Shenoy has written this book using Devnagari script and also the Konkani spoken by GSBs of Mangalore area.

The contents of this book are of general interest to every person but only those who know how to read Devnagari and understand GSB Konkani will be able to read this book and also enjoy it.

5877 5677
Konkani Language & Cultural Foundation (R.) Mangaluru
G.I.DEV
MO A

70327297R00126

Made in the USA
Columbia, SC
04 May 2017

आम्चिगेलि भाषेंतु कोंकणी पुस्तक

ज्ञान वाड्ढोचाक तर्क कोर्चे आवश्यक. ज्ञान वांटूचाकयि तर्क कोर्चे एक समंजस सूत्र. तर्क शांत आस्सूका. तर्क कर्तल्यान तर्काचि विचारधारा व्यक्त कोर्का शिवाय व्यक्तीक खंडन कोरूक नज्ज. तर्क कर्तल्यान ताग्गेलो शिष्टाचारु पालन कोर्का. अवहेळनकारि वक्तव्य दिव्चाक नज्ज. एकु विचारु विरोध केल्ल्यारि कोप्पूंक नज्ज. पर्तूनु तर्क कोर्नु प्रतीकारु कोर्का शिवाय हिंसेक हाथु घालूंक नज्ज. अनागरिक भाषेक तर्कांतु जागोना. सोव्चाक नज्ज. सोव तर्कांतु येना. मर्यादि दीव्नु उल्लोका. भाषेंतु मर्यादि दाक्कोका. आवेशु हाडोनु मारामारि कोरूक नज्ज. हे पुस्तक वाज्जूनु कित्ले जायि तित्लें तर्क कर्या

A Konkani Language book in Devnagari Script

Published by Adyar Gopal Parivar, Publishers.

Adyar Gopal Parivar

कवर डिसैन - दोर्को

ISBN 9781546419242

90000 >

9 781546 419242